ಮೌಕ್ತಿಕ

(ಬಿ. ವಿ. ಬಾಳಿಗಾಲೇಂ ಪುಂಜಾಯಿಲೇಂ ಸಾಹಿತ್ಯ)



389
G-7KON
SAN
335
Al. No.

ಬರಪೀ

ಸಂಧ್ಯಾ ಶೇವಗೂರ

ಮೌಕ್ತಿಕ

(ಬಿ. ವಿ. ಬಾಳಿಗಾಲೇಂ ಪುಂಜಾಯಿಲೇಂ ಸಾಹಿತ್ಯ)

KONKANI BHAS ANI SANSKRIT PRATHISTAN (R)
Navarathna Palace K.S. Rao Road Mangalore-1
335

L: B03- R20 (Kon.-1)
000389

ಸಂಪಾದಕೀ

ಸಂಧ್ಯಾ ಶೇವಗೂರ್

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
335
I, SAN

ಪ್ರಕಾಶಕ

ಕರ್ನಾಟಕ ರಾಜ್ಯ ಕೊಂಕಣಿ ಭಾಷಾ ಅಲ್ಪಸಂಖ್ಯಾತಾಂಗೆಲೊ
ವಿದ್ಯಾ ಸಂಸ್ಥ್ಯಾಂಚೊ ಸಂಘು
ಮಂಗಳೂರು, ಕರ್ನಾಟಕ

389
G> KON

Mouktik (B.V. Baligaale Punjayilen Sahitya) collected by Smt. Sandhya Shevgoor, Mangalore - 575 001.

Copy rights : @ Karnataka State Konkani Linguistic Minority Educational Institutions' Association, Mangalore. (Dakshina Kannada District) 575 001.

Price : **100/-**

I, SAN

Published by : Karnataka State Konkani Linguistic Minority Educational Institution's Association, Mangalore. (Dakshina Kannada District) 575 001.
Srinivas Patashala Complex, V.T. Road, Mangalore - 575 001.

389
G→KON
SAN

Printed at : Shri Ganesh Printers, IInd Floor, City Point, Kodialbail, Mangalore - 575 003

Cover Photograph : Sri Ramdas Shevgoor
Shevgoor Arts, Carstreet, Mangalore.

ಪ್ರಕಾಶಕಲೇ° ಉತ್ರಾ°

ಶ್ರೀ ಬಂಟ್ವಾಳ್ ವಾಸುದೇವ ಬಾಳಿಗ - ಬಿ. ವಿ. ಬಾಳೋ - ಕೊಂಕಣಿ ಕಳೋ - ನ ಸಂಪದಾಂತ ಲೋಕ ಮೋಗಾಳ್ ಜಾವ್ನು ಆಶಿಲೋ. ಕೊಂಕಣಿ ಮಾಯ ಭಾಷೇಚೆ ದರ್‌ಗತಿ ಖಾತಿರ್ ತಾಗೆಲೆ ಜೀವಿತ್‌ಭರೀ ವಾವುರಲ್ಲೋ. ಕರಾವಳಿ ಕರ್ನಾಟಕಾಂತು ಂಕಣಿ ಸಮಾಜಾಚೆ ದೋನೀ ಪಿಳ್‌ಗಿಕ್ ಕೊಂಕಣಿ ಭಾಸ್, ಸಂಸ್ಕೃತಿ, ಕಲಾ, ಸಂಗೀತ, ಟಕ ಇತ್ಯಾದಿ ಕ್ಷೇತ್ರಾಂತ ಮಾಹಿತಿ ದೀವ್ನು ಸೇವಾ ಕರಚಾಕ್ ನಿರಂತರ ಉತ್ಸಾಹ ಹಾಳ್ಳೋ ಹಾನ್ ಚೇತನ.

ತಾಗೆಲೆ ತರ್ನಾಟೆ ಪ್ರಾಯೇರೀ ದಿ. ವಿ. ಎಸ್. ಕುಡ್ವಾಂಲೇ "ಸಾರಸ್ವತ" (1940-6) ಕೊಂಕಣಿ ನೇಮಾಳೇಂತ್ ಸಹಸಂಪಾದಕ ಜಾವ್ನು ಪತ್ರಿಕೋದ್ಯಮಾಂತು ಅನುಭವ ೇವ್ನು, ನಂತರ 1967 ಇಸ್ವಿಂತು ಶ್ರೀ ಕಾಶೀಮಠ ಸಂಸ್ಥಾನಾಂಚೇ ಪರಮಗುರು ಶ್ರೀ ಧೀಂದ್ರ ತೀರ್ಥ ಸ್ವಾಮೀಜಿಂಗೆಲೋ ಆಶೀರ್ವಾದ್ ಘೇವ್ನು "ಪಂಚ್ಕದಾಯೀ" ಕೊಂಕಣಿ ೈನ್ಯಾಳೇ ತಾಣೆ ಶುರುವಾತ್ ಕೆಲೆಂ. "ಪಂಚ್ಕಾದಾಯೀ" ಪತ್ರಿಕಾ ಮುಖೇನ್ ಕೊಂಕಣಿ ಾಷಾ ಪ್ರಚಾರ ಆನೀ ಕೊಂಕಣಿ ಸಮಾಜಾಂತ್ ಏಕ್ವಟ್ ಹಾಡ್‌ಚಾಕ್ ತೋಚೀ ಏಕ್ ಂಸ್ಥೋ ಜಾವ್ನು ಅಹರ್ನಿಶಿ ೩೦ ವರಸ ಬಾಳಿಗಾ ಮಾಮಾನ್ ಸಂಪಾದಕ್ ವೃತ್ತೀ ಕೆಲೆಲಿ. ಂತಾ "ಪಂಚ್ಕಾದಾಯೀ" ಮಾಸ ಪತ್ರಿಕಾ ಕೊಂಕಣಿ ಭಾಸ್ ಉಲೋವಚೆ ವೇಗವೇಗ್‌ಳೇ ಾತೀ ಧರ್ಮಾಚೇ ಮುಖ್ಯ ಜಾವ್ನು ಕೊಂಕಣಿ ಕ್ರೈಸ್ತ ಭಾಂವ್ಡ್ ಆನೀ ಆಮ್ಗೆಲೆ ಸಮಾಜಾಚೆ ಧ್ಯೇಂತ್ ಏಕ್ ಸಂಕಾವ್ ಜಾವ್ನು ಪರಸ್ಪರ್ ಮಧುರ್ ಸಂಬಂಧ್ ವಾಡುನ್ ಯವಚಾಕ್ ್ರಯತ್ನ ಕೆಲೇಂ. 30 ವರಸ ಸಂಪಾದಕ ಜಾವ್ನು ಆಸುನ್, ತಾಗೆಲೆ ಉತ್ತರ ವಯಾರೀ ಣಿಪಾಲಾಚೆ ಕೊಂಕಣಿ ಭಾಷೋದ್ಧಾರ ಟ್ರಸ್ಟ್ ಸಂಸ್ಥಾಕ್ ಪಂಚ್ಕಾದಾಯೀ ಪತ್ರಿಕಾ ಾತಾಂತರ ಕರ್ನ್ ನಿವೃತ್ತ ಜಾಲೋ.

ಶ್ರೀ ಬಿ. ವಿ. ಬಾಳಿಗಾ 1-12-2005 ದಿವಸ್ ಅಂತರ್ಲೋ . ತ್ಯಾ ಕೊಂಕಣಿ ಹಾಮಹಿಮಾಲೋ ಉಡ್ಗಾಸ್ ಕರ್ನ್, ತಾಂಗೆಲೇ ಜೀವಾತಾಚೋ ಸಂದೇಶ ಆಮ್ಗೆಲೆ ಖಾವಯ್ಲೆ ಪೀಳ್ಗಿಕಯ ಪಾವ್‌ಕಾ ಆನೀ ಕೊಂಕಣಿ ಮಾಯ ಭಾಸೇಚೇ ಸೇವಾ ಕರಚಾಂತ್ ್ಫೂರ್ತಿ ದೀವ್ಕಾ ಮ್ಹಳೇಲೆ ಉದೇಶಾನ್ ಆಮ್ಗೆಲೆ ಕರ್ನಾಟಕ ರಾಜ್ಯ ಕೊಂಕಣಿ ಭಾಷಾ ಲ್ಪಸಂಖ್ಯಾಕ್ ವಿದ್ಯಾ ಸಂಸ್ಥಾಂಚೆ ಸಂಘಾನ್ 9-4-2006 ದಿವಸ್ ಮಂಗಳೂರಾಂತ್

"ಕೊಂಕಣಿ ಕಳೋ ಬಿ. ವಿ. ಬಾಳಿಗಾ ಸಂಸ್ಮರಣ" ಸಮಾರಂಭ ದಬಾಜೇನ್ ಆಚರಣ್ ಕರ್‌ಚೇ ಠರಯಲೇಂ.

ಬಿ. ವಿ. ಬಾಳಿಗಾ ಮಾಮ್ಮಾನ್ ಬರೇ ಪತ್ರಿಕಾ ಚಲಾಯಸೂನು ಕರಚೇ ಕಾರ್ಯ್ ಕರ್‌ನಾಸೀ, ತಾಜೆ ಜವಳ್ ತಾಣೇ ಸ್ವತಃ ಬರ್‌ಪೂರ ಸಾಹಿತ್ಯ ರಚನಾ ಕರನು ಕೊಂಕಣಿ ಬರೋವಚೇಂ ಕಶೇಂ ಮ್ಹಣು ದಾಖೋವನೂಯಿ ದಿಲ್ಲಾಂ. ತಾಣೆ ಬರಯಿಲೇಂ ಕಾಣಿಯೋಂ, ಕವಿತಾ, ಭುರ್ಗ್ಯಾಂಚಿ ಕಾಣಿಯೋಂ, ತಾತ್ವಿಕ ವಿಚಾರ ಹಾಂತು ಥೋಡೇ ಪುಂಜಾನು ಹೇಂ ಪುಸ್ತಕ್ ತಯಾರ್ ಕೆಲ್ಲಾಂ.

ಕೊಂಕಣಿ ಭಾಶೇಂತು ಸಾಹಿತ್ಯ ರಚನಾ ಕರಪೀ, ನಾವಾದೀಕ ಬರೋವಪೀ ಶ್ರೀಮತಿ ಸಂಧ್ಯಾ ಶೇವಗೂರ್ ಹೀಣೆ, 'ಪಂಚ್ಕಾದಾಯೀ' ಮ್ಹಯನ್ಯಾಳಾಂತ್ 30 ವರಸಾಂತು ಶ್ರೀ ಬಿ. ವಿ. ಬಾಳಿಗಾನ ಬರೆಯಿಲೇ ಸಾಹಿತ್ಯ ಪುಂಜಾವಚೇ ಕಾಮ್ ಬರೇಂ ಥರಾನ್ ಕರನು ದಿಲಾಂ. ತಿಕಾ ದೇವು ಬರೇಂ ಕೋರೋ.

'ಮೌಕ್ತಿಕ' (ಬಿ. ವಿ. ಬಾಳಿಗಾಲೇ ವೆಂಚಿಲೇ ಸಾಹಿತ್ಯ) ಪುಸ್ತಕ ಸುಂದರ, ಶೋಬೀತ್ ಜಾವ್ನು ಛಾಪ್ಸಿಲೇಂ ಮಂಗಳೂರಾಚೇ ಗಣೇಶ್ ಪ್ರಿಂಟರ್ಸ್ ಹಾಚೋ ಧಣೀ ಶ್ರೀ ಸುಶೀಲ್ ಪೈ ಹಾಂಕಾ ದೇವು ಬರೇಂ ಕೋರೋ.

ಪುಸ್ತಕ್ ಪ್ರಕಾಶನ ಕರಚಾಂತ ದುಡ್‌ವಾ ಮದತ್ ಕೆಲೆಲೇಂ ಡಾ. ಟಿ. ಎಮ್. ಎ. ಪೈ ಫೌಂಡೇಶನ್, ಮಣಿಪಾಲ್ ಹಾಂಕಾ ದೇವು ಬರೇಂ ಕೋರೋ.

ಡಾ. ಯು. ಎಸ್. ಮೋಹನ್‌ದಾಸ್ ನಾಯಕ್

ಅಧ್ಯಕ್ಷ

ಕರ್ನಾಟಕ ರಾಜ್ಯ ಕೊಂಕಣಿ ಭಾಷಾ ಅಲ್ಪಸಂಖ್ಯಾತಾಂಗೆಲೋ
ವಿದ್ಯಾ ಸಂಸ್ಥ್ಯಾಂಚೋ ಸಂಘು, ಮಂಗಳೂರ, ಕರ್ನಾಟಕ

ಮಂಗಳೂರ,
1-4-2006

ಮೆಗೆಲಿಂ ದೋನಿ ಉತ್ರಂ

ಕೊಂಕಣೇಚೆ ಶ್ರೇಷ್ಠ ಸಾಹಿತಿ ದಿ| ಶ್ರೀಮಾನ್ ಬಿ.ವಿ. ಬಾಳಿಗಾ ಹಾನ್ನಿ ಪ್ರಾರಂಭ ೋರ್ರ್ನು ತೀಸ ವರ್ಸಥಾಂಯಿ ಖುದ್ದಾ ಚಲಾಸುನು ವ್ಹೆಲ್ಲೇಲಿ ನಾವಾಧೀಕ ಕೊಂಕಣಿ ಾಸಪತ್ರಿಕಾ 'ಪಂಚ್ಕಾದಾಯಿ'. ಪ್ರಾರಂಭ ಧೋರ್ರ್ನು ತಾನ್ನಿ ಸ್ವತಃ ರಚನ ಕೆಲ್ಲೆಲೆಂ ಸಾಹಿತ್ಯಕಚಿ ್ಯ ಪತ್ರಿಕೇಕ ಘಾಟಿಬಲ. ತಾಂತು ಪೈಕಿ ಥೊಡೆಂ ಪುಂಜಾನು ಹ್ಯಾ ಪುಸ್ತಕಾಂತು ಪ್ರಕಟ ್ಲಾ.

ದೀಸ ನಿತ್ಯಾಚೆ ಸಾಮಾನ್ಯ ಘಡಣೂಕ ಅಸಾಮಾನ್ಯ ದೃಷ್ಟೀರಿ ನಿಯಾಳ್ನು ತಾಜ್ಜೆ ್ಲೇಷಣ ಕೋರ್ರ್ನು ಮೊಡ್ಯಾಳ ಬರಪಾವಳೇರಿ ವಿಸ್ಕಾರಾಚಿ ತಾಂಗೆಲಿ ಶೈಲಿ. ತಾಂಗೆಲೆ ರಪಾವಳ ವಾಜ್ಜಿತನಾ ತಾಂತು ಫಕತ್ ವಸ್ತು ನಿಷ್ಠತಾ ನ್ಹಂಯಿ, ಮಾಯ ಭಾಷೇಚೊ ೋಗು, ಅಭಿಮಾನು ಉದ್ದೇನು ದಿಸ್ತಾ. ತ್ಯಾ ನಂತಾ ಮಾಯಾಭಾಷೇಚೆ ಪುನರುತ್ಥಾಚೆ ತಿ ತಾಂಗೆಲೆ ಅರ್ಪಣಾಭಾವಯಿ ವೊಳ್‌ಕತಾ. ಕೊಂಕಣಿ ಭಾಷಾ ಜಾಗೃತಿ ಕೊಂಕಣ್ಯಾಲಾಂತು ೇರ ಕೊರುಂಕ 'ಪಂಚ್ಕಾದಾಯಿ' ಪತ್ರಿಕಾ ಬರೋಬರ್ ವಾಪರ್‌ಲ್ಯಾ.

ಕರ್ನಾಟಕ ರಾಜ್ಯ ಕೊಂಕಣಿ ಭಾಷಾ ಅಲ್ಪ ಸಂಖ್ಯಾತಾಂಗೆಲೆ ವಿದ್ಯಾ ಸಂಸ್ಥ್ಯಾಂಚೆ ಂಥಾನ ಬಾಳಮಾಮ್ಮಾಲೆ ಕೊಂಕಣಿ ಅಭಿಮಾನಾಕ ಗೌರವ ದೀವ್ನು ತಾಂಗೆಲೆ ಸಂಸ್ಮರಣ ಂದರ್ಭಾರಿ ಹೆಂ ಪುಸ್ತಕ ಪ್ರಕಟ ಕೆಲ್ಲೆಲೆಂ ಅತ್ಯಂತ ಯೋಗ್ಯ ಜಾವ್ನು ಆಸ್ಸ. ಹಾಜ್ಜೆ ಸಂಪಾದನ ಾಕ್ಕಾ ದಿಲ್ಲೆಲ್ಯಾಕ ಹಾಂವಂ ತಾಂಕಾ ಕೃತಜ್ಞತಾ ಸಾಂಗ್ತಾ. ಸುಂದರ ಆನಿ ಶೋಭಿತ ಮುದ್ರಣ ೋರ್ರ್ನು ದಿಲ್ಲಲೆ ಕೊಡಿಯಾಲ್ಚೆ ಶ್ರುತಿ ಪ್ರಿಂಟರ್ಸಾಚೆ ಶ್ರೀ ಸುಶೀಲ್ ಪೈ ಕಂಯಿ ಹಾಂವ ಭಾರಿ. ಮುಖಪ್ರಷ್ಠಾರಿ ಬಿ.ವಿ. ಬಾಳಿಗಾ ಮಾಮ್ಮಾಲೆ ಆಕರ್ಷಕ ಭಾವಚಿತ್ರ ಬರಯಿಲೆ ಂಗೆಲೆ ಯಜಮಾನ ಶ್ರೀ ರಾಮದಾಸ್ ಶೇವಗೂರ್ ಹಾಂಕಾಯಿ ಹಾಂವ ಕೃತಜ್ಞತಾ ಸಾಂಗ್ತಾ

ಉಮೇದವಾರ ಕೊಂಕಣಿ ಲೇಖಕಾಂಕ ತರಿ ಹೆಂ ಪುಸ್ತಕ ಪ್ರೇರಕ ಜಾಲ್ಲೆಂ, ಕಾಶಕಾಲೊ ಉದ್ದೇಶು, ಶ್ರಮಾಕ ಗೌರವ ಮೆಳ್ತಾಲೆ ಆನಿ ಬಾಳಮಾಮಾಲೆ ಆತ್ಮಾಕಯಿ ಂತಿ ಮೆಳ್ತಲಿ ಮ್ಹೋಣು ಮೆಗೆಲೊ ವಿಶ್ವಾಸು.

ವಿಷಯ ಸೂಚಿ

1. ಕವನ 2

2. ಕಾಣ್ಯೊ 6

3. ಚೆರ್ಡುವಾಂಲೆಂ ಕಾಣ್ಯೊ 30

4. ಮೌಕ್ತಿಕ 41

5. ಒವ್ಯಾಂ 48

ಹಾಂವ, ಕೊಂಕಣಿ ಆನಿ 'ಪಂಚ್ಕಾದಾಯಿ'

ಹಾಂವ ಏಕು ಸಾಮಾನ್ಯ ಮನುಷ್ಯು. ತೊಂಡಾಂತುಂ ರುಪ್ಪ್ಯಾ ಚಮ್ಚ್ಯೊಂ ದವೊರ್ನು ಹೋಡ ಜಾಲ್ಲಲೊಂ ನ್ಹಂಯಿ. ಪಿತೃ ಪ್ರೇಮಾನ ವಂಚಿತ ಜಾಲ್ಲೆಲೆ ಮಾಕ್ಕಾ ಮಾತೃ ಪ್ರೇಮಾಚೆ ಅಮೃತಧಾರೇನ ಕಷ್ಟಾನ ಹೋಡ ಕೆಲ್ಲಲೊ ಮೆಗ್ಗೆಲೆ ಆವ್ವೂನ. ತಿಗ್ಗೆಲೆ ಬಾಪ್ಪೂಸಲ್ಯಾ (ಮೆಗ್ಗೆಲೆ ಆಜ್ಜಾಲೆ) ಘರಾ ಮೆಗ್ಗೆಲೆಂ ಬಾಲ್ಯ, ಶಿಕ್ಷಣ, ತಾರುಣ್ಯ ಸಂಪ್ಲೆಂ. ಶಿಕ್ಚಿ ತಾನಿ ಆಸಿಲಿ ಜಾಲ್ಯಾರಿಯಿ ತೆಂ ಮುಕಾರ್ಸುಚಿ ಅನೂಕೂಲತಾ ನಾತ್ತಿಲೆಂ 'ಇಂಟರ್‌ಮಿಡಿಯೇಟ್' ತಾಂಯಿ ಮಾತ್ರ ಶಿಕಲೊಂ.

ಮೆಗೆಲಿ ಮಾತೃಭಾಸ ಕೊಂಕಣಿ. ತ್ಯಾ ಭಾಷೇಚ್ಯಾ ಸೇವೇಕ ಮಾಕಾ ಪ್ರೇರೇಪಣ ದಿಲೆಲಿ ಅಮೋಘು ಶಕ್ತಿ ಮೆಗ್ಗೆಲಿ ಆವಯಿ. ಪತ್ರಿಕೇ ಮುಖಾಂತ್ರ ತ್ಯಾ ಭಾಷೇಚಿ ಸೇವಾ ಕರುಂಕ ಮಾಕಾ ಪ್ರಥಮ ಅವಕಾಶ ಮೆಳಲೊ 1941 ಇಸ್ವಿಂತುಂ. 'ಸಾರಸ್ವತ' ನಾಂವಾಚ್ಯಾ ಸಾಪ್ತಾಹಿಕ ಪತ್ರಾ ದ್ವಾರಾ ಸೇವಾ ಕರುಂಕ ಮಾಕಾ ಅವಕಾಶುಕರನು ದಿಲಲೊ ಮಹಾನುಭಾವು ದಿ| ವಾಮನ ಶ್ರೀನಿವಾಸ ಕುಡವು. ಕೊಂಕಣಿ ಸಾಹಿತ್ಯ ಸೇವೇಚೊ ಗುರು ದಿ| ಕುಡ್ವಿ ವಾಸುದೇವ ಶೆಣ್ಯೆ. ಹ್ಯಾ ತೀಗ ಜನಾಂಲೊ ಋಣಭಾರು ಜೀವನಾಂತ್ಯ ಪರ್ಯಂತ ವಿಸೊರ್ಚೊ ನ್ಹಂಯ.

'ಪಂಚ್ಕಾದಾಯಿ' ಮಾಸ ಪತ್ರಿಕಾ ಆರಂಭ ಕರುಂಕ ಪ್ರೇರಣಾ ಮೆಳ್ಳೆಲಿ ಧರ್ಮಗುರು ಶ್ರೀ ಕಾಶೀ ಮಠಾಧೀಶ ಪರಮಪೂಜ್ಯ ಶ್ರೀಮದ್ ಸುಧೀಂದ್ರ ತೀರ್ಥ ಸ್ವಾಮ್ಯಾಂಲೆ ಕಡಚ್ಯಾನ. ಮೆಗೆಲೆ ದೋನಿ ಹಾತ್ತಾಂನಿ ತ್ಯಾ ಪತ್ರಿಕೇಚೆಂ ಕಾಮ ಏಕ್ವೀಸ ವರ್ಷಂ ಧರ್ನು ಸಾಂಗ ಜಾವ್ನು ಚಲ್ಲೆಲೆಂ ತಾಂಗೆಲೆ ಆಶೀರ್ವಾದ ಆನಿ ಅನುಗ್ರಹ ಬಲಾನ ಹೊ ಮೆಗ್ಗೆಲೊ ದೃಢ ವಿಶ್ವಾಸು. ಪತ್ರಿಕಾ ಆರಂಭ ಕರತಾನಾ ಮೆಗೆಲಿ ಪ್ರಾಯ ಪನ್ನಾಸಾಕ ಏಕ ಊಣೆ. ಆಜಿ ತೀ ಸತ್ತರಿಕ ಪಾವಲ್ಯಾ. ಹಾಂವೆಂ ಪ್ರೀತೀನ ಪಾಲನ, ಪೋಷಣ ಕೆಲ್ಲೆಲೆ, ಪ್ರಸುತಃ ವಿಶಾಲ ಗೌಡ ಸಾರಸ್ವತ ಸಮಾಜಾಚೆ ಏಕಮಾತ್ರ ಮುಖಪತ್ರಾ ಸಾರಖೆಂ ಆಸುಚೆ, ಹ್ಯಾ ಪತ್ರಿಕೇಚೆಂ ಭವಿಷ್ಯ ಭದ್ರ ಕರಕಾ ಮ್ಹಳ್ಳಿ ಏಕಿ ಆಶಾ ಮಾತ್ರ ಬಾಕಿ ಉರಲ್ಯಾ.

ದೈವಾನುಗ್ರಹು ಆನಿ ಧರ್ಮ ಗುರೂಂಲ್ಯಾ ಆಶೀರ್ವಾದ ಬಲಾನ ತಾಕಾಯಿ ಏಕ ಸದವಕಾಶು ದೃಗ್ಗೋಚರ ಜಾಲಾ. 'ಕೊಂಕಣಿ ಭಾಷೋದ್ಧಾರ ಟ್ರಸ್ಟ್' ನಾಂವಾಚೆಂ ಏಕ ಟ್ರಸ್ಟ್ ನಿರ್ಮಾಣ ಜಾವ್ನು, ಮುಕಾರಿ ತ್ಯಾ ಟ್ರಸ್ಟಾಚೆ ನಾಂವಾರಿ ಆನಿಕೆಯಿ ಸರ್ವಾಂಗ ಸುಂದರ ಕರನು ಪತ್ರಿಕಾ ಕಾಯಂ ಚಲಚೆ ವ್ಯವಸ್ಥೇಕ ಹಾಂವ ಸಹಿ ಕರನೂಯಿ ಆಯ್ಲಾಂ. ಹ್ಯಾ ಟ್ರಸ್ಟಾಚೇ ಪ್ರಧಾನ ಕಾರ್ಯಾಲಯ ಮಣಿಪಾಲಾಂತುಂ ಆಸತಲೆಂ. ಟ್ರಸ್ಟಿ ಮಂಡಲಾಂತುಂ ಹಾಂವಯಿ ಏಕು 'ಟ್ರಸ್ಟಿ' (ಆಜೀವ) ಆಸೂನು ಪತ್ರಿಕೇಕ ಮೆಗೆಲಿ ಸೇವಾ ಆಖ್ಯೆರಿಚೊ ಉಸ್ವು ಆಸ್ಸೊ ಮ್ಹಣುಸರಿ ಮುಕಾರ್ಸುಚಿ ಆಶ್ವಾಸನ, ಪತ್ರಿಕಾ ಸುಸೂತ್ರ ಜಾವ್ನು ಚಲಚ್ಯಾಕ ಪ್ರತ್ಯಕ್ಷ ವ ಪರೋಕ್ಷ ಸಹಕಾರು ದಿಲ್ಲೆಲೆ ಸರ್ವಾಂಕ ದೀವ್ನು, ಹ್ಯಾ ವ್ಯವಸ್ಥೇಕ ತಾಂಗೆಲಿ ಸಮ್ಮತಿ ಆಸತಲಿ ಮ್ಹಣು ದೃಢ ವಿಶ್ವಾಸು ಲೆಕತಾಂ.

– ಬಿ. ವಿ. ಬಾಳೊ

ಸಂಪಾದಕ 'ಪಂಚ್ಕಾದಾಯಿ'

WORLD KONKANI LIBRARY

Accn No: 000389

ಭಾಷಾಭಿಮಾನ

ಭಾಷಾಭಿಮಾನು ಜಾಯಿ

ಆನಿ ತೊ ಬರೊ

ದೇಶಾಭಿಮಾನು ಸೋಣ್ಣು

ಭಾಷಾಭಿಮಾನು ನ್ಹಂಯ

ಹೆಂವ್ಂಯಿ ಯಾದಾಂತು ಉರೊ

ಪ್ರೀತಿಚಿ ಜ್ಯೋತಿ ಜೊಳೊಯಾಂ

ವಿಶ್ವ ಕೊಂಕಣಿ ಕೇಂದ್ರ ಗ್ರಂಥಾಲಯ ✦ WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
335

ವಾರೆಂ, ವತ, ಥಂಡಿ ಪಾವ್ಸು
ಪ್ರಕೃತಿ ನಿಯಮ
ಜಾತಿ, ಮತ ಪಂಥ ಭೇದ
ಮನುಷ್ಯಾಲಿ ರಚನ

ಗೋರೊ, ಕಾಳೊ, ದೀಗು, ಗುಡ್ಡೊ
ದೇವಾನ ಕೆಲ್ಲೆಲೆ
ಮ್ಹಾರು, ಮ್ಲೇಂಛು, ಭಟ್ಟು ಬೇದ
ಮನುಷ್ಯಾನ ಹಾಳ್ಳೆಲೆ

ದಾರ್ಲೆ, ಬಾಯ್ಲೋ, ದೋನೀಚಿ ಭೇದ
ಜಾತ್ತನಾ ದಿಸ್ಸುಚೆ
ಹಿಂದೂ, ಮುಸ್ಲೀಮ್, ಕ್ರೈಸ್ತ ತಾಂಕಾಂ
ಮನುಷ್ಯಾನಃಚಿ ಕರಚೆ

ನೆಲ, ಜಲ, ವಾಯು, ಗಗನ
ಸರ್ವಾಂ ಖಾತಿರ
ಗಾಂವು, ಜಿಲ್ಲೊ ಗಡಿ ಬಾಂದ್ಲ್ಯಾ
ಸ್ವಾರ್ಥಾ ಖಾತಿರ

ತಮಿಳು, ತೆಲುಗು, ಹಿಂದಿ, ಸಿಂಧಿ
ಭಾಸೋ ಹಜಾರ
ಆಸ್ಲ್ಯಾರಿತ್ತೆಂ ಸರ್ವಾಯಿ
ಭಾರತೀಲೆಂ ಪರಿವಾರ

ಜಾತಿ, ಕಾತಿ ಭೇದು ಸೋಣ್ಣು
ನೀತೀನ ಚಲಕಾ
ಭಾವ, ಭೈಣಿ, ಪ್ರೀತಿ -ಜ್ಯೋತಿ
ಸಗಳ್ಯಾನ ಜೊಳೋಕಾ

-ಬಿ. ವಿ. ಬಾಳಿಗಾ

ಆಮಿ ಸರ್ವ ಏಕ

ಆಜಿಯಿ ಫಾಯಿಯಿ ಆಮಿ ಸರ್ವ ಏಕ
ಗೇಲು ಯೆವ್ವೊ ಸೋಲು ಯೆವ್ವೊ ಆಮಿ ಸರ್ವ ಏಕ
ಯೊ ಅಣ್ಣಾ, ಯೊ ಅಕ್ಕಾ, ಸರಯಾಂ ಮುಕಾರ

ತೊ ಮತು ಹೊ ಮತು ತೀ ಜಾತಿ ಹೀ ಜಾತಿ
ಹೊ ಭೇದು ಕಿತ್ಯಾಕ? ಆಮಿ ಜಾವಯಾಂ ಏಕ
ಚಂದಾಯೇನ ಏಕತ್ರಂ ಸರಯಾಂ ಮುಕಾರ

ಕಾಲಿಯಿ ಫಾಯಿಯಿ ಆಮಿ ಸರ್ವ ಏಕ
ದುಃಖಾಂತುಂ ಸುಖಾಂತುಂ ಆಮಿ ಸರ್ವ ಏಕ
ಯೊ ಭಾವಾ, ಯೊ ಭೈಣಿ, ಸರಯಾಂ ಮುಕಾರ

ತೆಂ ರಾಜ್ಯ ಹೆಂ ರಾಜ್ಯ, ತೀ ಭಾಸ ಹೀ ಭಾಸ
ಹೊ ದ್ವೇಷು ಸಮ ನ್ಹಂಯ ಆಮಿ ಸರ್ವ ಏಕ
ಹಾತಾಕ ಹಾತು ದೀವ್ನು ಸರಯಾಂ ಮುಕಾರ

ಹಾಂಗಾಯಿ ಥಂಯಿಯಿ ಆಮಿ ಸರ್ವ ಏಕ
ಹಾಸಾಂತುಂ ರಣ್ಯಾಂತುಂ ಆಮಿ ಸರ್ವ ಏಕ
ಯೊ ಆನ್ನಾ, ಯೊ ಅಮ್ಮಾ, ಸರಯಾಂ ಮುಕಾರ

-ಬಿ. ವಿ. ಬಾಳಿಗಾ

(ಮಂಗಳೂರ ಆಕಾಶವಾಣಿ ಕೃಪೇನ)

ಆಮ್ಚಿ ಆವ್ಯೆ ಭಾಸ್ ಕೊಂಕಣಿ

ಭಾಸ ಕೊಂಕಣಿ ಅತಿ ಪುರಾತನಿ
ಗೋಡಿ ಗೋಡಿ ಪಯೆಸ್ಸಿನಿ
ಚಾರಿ ರಾಜ್ಯಾಂತುಂ ಹೊಳಚಿ ವಾಹಿನಿ
ಆಮ್ಚಿ ಆವ್ಯೆ ಭಾಸ್ ಕೊಂಕಣಿ ॥ ಪಲ್ಲ॥

ಪ್ರಥಮ ಮುದ್ರಿತ ಬರಪ (ಬೂಕ) ಕೊಂಕಣಿ
ವ್ಯಾಕರಣ ಬೀ ಕೊಂಕಣಿ
ಜ್ಞಾನದೇವಾಚಿ ಅಮರ ಕೃತಿ
'ಜ್ಞಾನೇಶ್ವರಿ' ತೀ ಕೊಂಕಣಿ
ಹಿಂದೂ, ಮುಸಲೀಮ್,
ಕ್ರೈಸ್ತ ಬಾಂಧವಾಂಲಿ
ಮಾತೃ ಭಾಷಾ ಕೊಂಕಣಿ ॥೧॥

ಪ್ರಾಕೃತಾಂತೂನ ಉಬ್ಜಲಿ ತೀ
ಮಧುರ, ಸುಂದರ ಕೊಂಕಣಿ
ರಾಯಾಂಲಾಶ್ರಯು ನಾತ್ತಿಲೆಂಯಿ
ಶ್ರೀಮಂತ ಉರಲಿ ತಿಚಿ ಧ್ವನಿ
ಜಾನಪದ ಸಾಹಿತ್ಯ ಅಕ್ಷಯ
ಅಮರ ಅಮಗೆಲಿ ಕೊಂಕಣಿ ॥೨॥

ವೀಸಾಂಕ ವಿಂಕ್ಹೂನು ವ್ಯಾಕರಣಂ
ಪಂಚ್ವೀಸ ಶಬ್ದ ಕೋಶಾಂಚಿ ಗನಿ
ದೋನಿ ಸಹಸ್ರ ಸಾಹಿತ್ಯ ಕೃತ್ಯೋ-
ನಿರ್ಮಾಣ ಜಾಲ್ಲೆಲಿ ಕೊಂಕಣಿ
ನಾ ಸ್ವತಂತ್ರ ಸಾಹಿತ್ಯ ಮ್ಹಣ್ತಲ್ಯಾಂಕ
ಹೀಚಿ ಅಮಚಿ ಪ್ರತಿಧ್ವನಿ ॥೩॥

ಜನ್ಮಭೂಮಿ ಗೋಮಾಂತಕಾಂತ್ ತೀ
ರಾಜ್ಯ ಭಾಸ ಕೊಂಕಣಿ
ಬೋಲಿ ನ್ಹಂಯೆ ಆಯ್ಕಾ ಮರಾಠಿಚಿ
ತೀ ಸ್ವತಂತ್ರ ಕೊಂಕಣಿ
ಕೇಂದ್ರ ಸಾಹಿತ್ಯ ಅಕಾಡೆಮಿನ
ಮಾನ್ಯ ಕೆಲ್ಲೆಲಿ ಕೊಂಕಣಿ ॥೪॥

ರಾಷ್ಟ್ರ ಭಾಷಾ ಮಾನ್ಯತಾ ತಿಕಾ
ಅಜೂನ ತೀ ಕಿತ್ಯಾಕ ಯೇನಿ?
ರಾಜಕೀಯ ಕೈವಾಡ ಕಸ್ಲೆಂ ಹೆಂ
ಅಜೂನ ಆಮ್ಕಾಂ ಸಮ್ಜನಿ
ಜಾಯ್ಯಾ ಜಾಗೃತ ಸ್ವರು ಉಬಾರಾ
ಏಕ ಕಂಠಾಚಿ ಧ್ವನಿ ॥೫॥

ರಚನಾ : ಬಿ.ವಿ. ಬಾಳಿಗಾ, ಮಂಗಳೂರ

ವಿಟ್ಟಪಾಲೊ ವಿನಾಯಕು

★........'ಗೊಡ್ಡಾಚೊ ಗಣಪತಿ' ಮ್ಹಳ್ಳಿ ಯೇಕ ಮ್ಹಣ್ಣಿ ಆಮ್ಗೆಲ್ಯಾಂತುಂ ರೂಢಿಂತುಂ ಆಸ್ಸ ತ್ಯಾ ಮ್ಹಣ್ಣೀ ವಯ್ರಿ ಅವಲಂಬೂನು ಹೀ ಕಾಣಿ ಗಾಂತ್ಲ್ಯಾ. ಹಾಂತುಂ ಯೆವ್ಚಿಂ ಸರ್ವನಾಂವ ಕಾಲ್ಪನಿಕ ಆಸ್ಸತಿ.....★

ಕತ್ಯಾರ ಕಿಟ್ಟೋಪು ಚೌತಿಚೆ ಗಣಪತಿ ಕರುಂಕ ನಾಂವ ಪಾವ್ಪಿಲೊ. ವಿನಾಯಕ ವಿಗ್ರಹಾಚೊ ಆಂಗಲೋಟು ಆನಿ ಆಂಗಾಚೊ ವರ್ಣು ಪೊಳೋನೂಚಿ ಹೊ ಕತ್ಯಾರ ಕಿಟ್ಟಪಾಲ್ಲೊ ಹಾತು ಮ್ಹಣು ಸಾಂಗುಯೇತ -ತಿತ್ತುಲೆಂ ನಾಜೂಕ ಕಾಮ (ಕಿಟ್ಟ ಪಾಲೆಂ). ತಾಗ್ಗೆಲೆ ವಿನಾಯಕಾಂಲೆ ಕಿರೀಟಾಟೆ ಚಿರನಿಕೇಕ ದೀವ್ಕಾ ರುಪ್ಪಯಿ ದೇಡಿ. ಇತ್ತುಲೊ ಬುದ್ವಂತು ಜಾಲ್ಯಾರಿಯಿ ವಿನಾಯಕು ಲೆಪ್ಪಿಲೆ ಕಾಮಾಕ ಘಾವ ಆಶ್ಶಿಲೆಂ ಕಿಮತ ಘೆತ್ತಲೊ ಶಿವಾಯ ಯೆಕ್ಕಾಕ ದೋನಿ ಸಾಂಗೂನು ಜನಾಂಕ ಸುಲ್ಪಿನಾ ಆಶ್ಶಿಲೊ. ಆಶೆಂ ಜಾವ್ನೂಚಿ ತಾಗ್ಗೆಲಿ ಕೀರ್ತಿ ವಾಡ್ಡಿಲಿ ಆಸುಂಕ ಪುರೊ. ಚೌತಿ ದೇವಾಕಯಿ ಹಾಗ್ಗೆಲಿ ನಿಸ್ವಾರ್ಥ ಬುದ್ಧಿ ಪೊಳೋನು ಹಾಜ್ಜೇರಿ ಅನುಗ್ರಹ ಪರಿಪೂರ್ಣ ದವ್ರೋರ್ಕಾ ಮ್ಹಣು ಮನ ಜಾಲ್ಲೆಲೆಂ ಆಸ್ಸೂಕಾ. ಕಶ್ಶಿಂಯಿ ಜಾವ್ನೊ ಮೊರೊ ವರೇನ ಗಣಪತಿ ವಿಗ್ರಹ ಕರಚೆ ಮಟ್ಟಾಕ ಯೆಕ್ಕಾ ನಂಬ್ರಾಚೊ ಹಾತು ಮ್ಹಣೊನು ಘೆವ್ನೂಚಿ ಅಂತರ್ಲೊ ಬಾವ್ನೊ. ಮರಣಾ ದೀಸೂಯಿ ಚಾಂಗು ಮೆಳ್ಳೊ. ಮಾಘು ಶುದ್ಧ ಚೌತಿ ದಿವಸು ತಾಗ್ಗೆಲೆಂ ಅವಸಾನ ಜಾಲ್ಲೆಂ. ಚೌತಿ ದಿವಸು ಮರಣ ಪಾವ್ಪಿಲೆ

ನಿಮಿತ್ತ ಗಣಪತಿ ಲ್ಯಾಚಿ ಪಾಯ್ಯಾ ಲಾಗ್ಗಿ ಪಾವ್ಲೊ ಮ್ಹುಣು ಲೆಕ್ಕುಯೇತ. ಕಶ್ಶಿಂಯಿ ಆಸ್ಸೊ. ಕಿಟ್ಟ ಪಾನ ಗೆಲ್ಯಾರಿಯಿ ತಾಗ್ಗೆಲಿ ಕೀರ್ತಿ ಉರಲಿ. ಕತ್ಯಾರ ಖೆಡ್ಯಾಕ (ಗ್ರಾಮಾಕ) (ಕಿಟ್ಟ ಪಾಲೆಂ) ನಾಂವ ಯೇಕ ಭೂಷಣ ಜಾವ್ನು ಉರಲೆಂ. ಚೌತಿ ವಿನಾಯಕಾಂಲೊ ಪ್ರಸ್ತಾಪು ಆಯ್ಯಿಲೆ ಕಡೇನ ಕತ್ಯಾರಚ್ಯಾನಿ ಮಿಶ್ರ್ಯೋ ಫುಲ್ಲಾಚಿ ರಿವಾಜ ಅತ್ತಂಯಿ ಆಸ್ಸ ಕಂಯ.

'ಬಾಪ್ಪ್ಸ ವರಿ ಪೂತು' ಮ್ಹುಣು ಯೇಕಿ ಮ್ಹುಣ್ಣಿ ಆಸ್ಸ. ಹೀ ಮ್ಹುಣ್ಣಿ ಪುಡೇ ಕಾಲಾಂತುಂ ಕ್ರಮಾನುಗತ ಜಾವ್ನು ಚಲ್ತಲಿ ಜಾಲ್ಲ್ಯಾರಿಯಿ ಅತ್ತಂ ಕೊಣಾಕ ಕೊಣ ನಾ. ಬಾಪ್ಪುಸು ಧರ್ಮರಾಯಾ ಸಾರಖೆಂ ಆಸಲ್ಯಾರಿ ಪೂತು ದುಶ್ಶಾಸನಾ ವರಿ ಆಸತಾ. ಗಾಡವಾ ಪೊಟ್ಟಾಂತುಂ ಹಸ್ತೇನ ಜನನಾಕ ಆಯಿಲ್ಯಾ ವರಿ ಬರೇ ಮೂಢ ಬಾಪ್ಪೂಸ್ಕ ಸುಜ್ಞಾನವಂತ ಚೆರ್ಡುಂ ಜಾಲ್ಲೆಲಿ ಘಟನಾಯಿ ದೊಳ್ಯಾ ಮುಕಾರಿ ದಿಸತಾ. ಆಶೆಂ ಆಸತಾನಾ ವಱಯ್ಲ್ಯಾ ಮ್ಹಣ್ಯೇಕ ಮೋಲ ಕಶೆಂ ದಿವ್ಯೇತ ಮ್ಹಳ್ಳೊ ಸವಾಲು ಮುಕಾರಿ ಯೆತ್ತಾ. ಬಾಪ್ಪ್ಸ ವರಿ ಪೂತು ಆಶ್ಶಿಲೆ ಕಡೇನ ಮಾತ್ರ ತೀ ಮ್ಹುಣ್ಣಿ ಪ್ರಯೋಗಾಂತುಂ ಹಾಡಾ, ಇತರ ಕಡೇನ ಸೋಡಾ ಮ್ಹುಣು ಇತ್ಲೀಚಿ ಜವಾಬ ದಿವ್ಯೇತ ಶಿವಾಯಿ ತಾಜ್ಜ್ಯಾ ಪೇಕ್ಷಾಂ ಚಱಡ ಕಸ್ಸಲೆಂಯಿ ಸಾಂಗೂಂಕ ಜಾಯ್ನಾ.

ಕಿಟ್ಟಪಾಕ ವಿಟ್ಠೋಪು ಮ್ಹುಣು ಯೇಕು ಪೂತು ಆಶ್ಶಿಲೊ. ಗುಣಾನನ್ನುಂಯ ತರಿ ರೂಪಾನ ತೊ ಬಾಪ್ಪ್ಸ ವರೀಚಿ ಆಶ್ಶಿಲೊ. ಕೀರ್ತಿನಯಿ ಬಾಪ್ಪೂಸ್ಕ ಸಮ ಜಾಯ್ಶಿ ಜಾವ್ಕಾ ಮ್ಹುಣು ವಿಟ್ಟಪಾನ ಮಸ್ತ ಪ್ರಯತ್ನಂ ಕೆಲ್ಲಿಂತಿ. ಸಾನಪಣ ಧರನೂಚಿ ವಿಘ್ನೇಶ್ವರು ಕರುಂಕ ತೊ ಪ್ರಯತ್ನ ಕರತಾಲೊ. ಜಾಲ್ಲ್ಯಾರಿ ಹಾತು ಮಾತ್ರ ಬಡ್ಡು. ವಿಘ್ನೇಶ್ವರಾಕ ಸೊಂಡಾಲಿ ದವಲ್ಯಾರಿ ಗಾಬ್ಬ್ಯಾ ಕುಡಕೊ ಮೋಣ್ಣು ದವಲ್ಯಾರ ವರಿ ದಿಸತಾಲೆಂ. ಪೊಟ ಲೆಪಲ್ಯಾರಿ ಗ್ರಾಣೆಚೆಂ ಚೆರ್ಡುಶೆಂ ಜಾತ್ತಲೆಂ. ಕಿರೀಟ ಕೆಲ್ಲ್ಯಾರಿ ಗೆರಶಿ ಮಾತ್ಯಾರಿ ದವಲ್ಯಾರ ವರಿ ದಿಸತಾಲೆಂ. ಸರ್ವ ಗುಣಾನ ಪರಿಪೂರ್ಣ ಜಾಲ್ಲೆಲಿ ಯೇಕಿ ಮೂರ್ತಿಯಿ ಕರುಂಕ ಜಾಯ್ನಾ ಆಶ್ಶಿಲಿ ಬಾವ್ಡ್ಯಾಚ್ಯಾನ. ಜಾಲ್ಲ್ಯಾರಿಯಿ 'ಸಾಧನ ಕೆಲ್ಲ್ಯಾರಿ ಸಱರಿ ಜಿರೊಯೇತ' ಮ್ಹಳ್ಳೆಲೆಂ ಆಯ್ಲೂನು ಯತ್ನಂ (ಮುಕಾರ್ಶಿ ತಾಲೊ.) ಸಱರಿ ಮಾತ್ರ ಜಿರಚೆ ಉಲಟ ಥೋರಿ ಜಾವ್ನು ಆಯ್ಯಿಲಿ. ಆಪ್ಣ್ಯಾಕಯಿ ಮೂರ್ತಿ ಕರಚಿ ಕಲಾ ಯೇವ್ಕಾ ಮ್ಹುಣು ವಿನಾಯಕಾ ಲಾಗ್ಗಿ ಮಾಗ್ಲೂನು ಪುರ್ಥೊಜಾಲ್ಲೆಂ ಬಾವ್ಡ್ಯಾಕ. ಆಂಗ್ವಣ ಸಾಂಗೂನು ಸಾಡಿತೀನಿ ಮೂಡೆ ಗೊಂವಾಚೆ ಆಪ್ಪೆ ಗಣಪತಿಕ ಪಾವ್ಲೆ. ಜಾಲ್ಲ್ಯಾರಿಯಿ ಹಾಗ್ಗೆಲಿ ಕಲಾ ವಾಡ್ಡನಾ.

ಆಖ್ಯೆರಿಕ ವಿಟ್ಟಪಾಲಿ ಹೋಡಿ ಆಮ್ಮಾ ನೇತ್ರು ಮಾಂಯ್ಯ ಯೇಕು ಉಪಾಯು ಸಾಂಗಲೊ ವಿಟ್ಟಪಾಕ. "ಪುತ್ತಾ, ವಿಟ್ಠೋ, ವಿನಾಯಕಾಕ ತೂಂವೆ ಮಸ್ತಿ ಆಂಗ್ವಣ ಸಾಂಗೂನು ಜಾಲ್ಲಿ. ಜಾಲ್ಲ್ಯಾರಿಯ ಕಾಹೀಂ ಫಲ ಮೆಳ್ಳೆಲೆಂ ದಿಸ್ಸನಾ. ತುಕ್ಕಾ ಗಣಪತಿ ವಿಗ್ರಹ ಕರಚ್ಯಾಕ ಹಾತು ಬೈಸೂಚಿ ಇಚ್ಛಾ ನ್ಹಂಯವೆಂ? ತಾಕ್ಕಾ ಸಮಜಾಯ್ಶಿ ಯೇಕು ಗೊಡ್ಡಾ ಗಣಪತಿ ಕರತಾಂ ಮ್ಹುಣು ಆಂಗ್ವಣ ಸಾಂಗುನು ಘೆ. ತಾಜ್ಜೆ ನಿಮಿತ್ತ ಖಂಡಿತ ತುಕ್ಕಾ ಕಾಹೀಂ ತರಿ

ಪ್ರಯೋಜನ ಮೆಳ್ಣಾತಿಲೆಂ ರಾಬ್ಬುಶಿನಾ. ಮೆಗ್ಗೆಲೆ ಉತ್ತರ "ಖಂಚೆ ಕಾಲಾಕಯಿ ಘಟ್ಟಿ ಜಾಯ್ನಿನಾ. ಜಿಬ್ಭೇಕ ಚಾಂಗ ಲಾಶೆಂ ಆಸ್ಸ ಮೆಗ್ಗೆಲ್ಯಾ" ಮ್ಹಣು ರಾಗಾಚೆಂ ಉತ್ರಂ ಉಲ್ಲಯ್ಲಿ ನೇತ್ರ ಮಾಂಯಿ.

ನೇತ್ರುನ ರಾಗಾನ ಉಲ್ಲಯಾನ್ತಾ ಎದುರ ಬೀಡಿ ತಾಂಡೂನು ಬಶ್ಶಿಲ್ಯಾ ವಿಟ್ಟಪಾಕ ಸರ್ಪಾ ಎದುರ ನಾಗಸ್ವರು ವಾಜಲ್ಯಾ ವರಿ ಜಾಲ್ಲೆಂ. ಹೋಡಿ ಆಮ್ಮಾನ ಸಾಂಗಿಲೆ ಉತ್ತರ ವ್ಹೋಯಿ ದಿಸ್ಲೆಂ ತಾಕ್ಕಾ. ತೆಂ ಕಾರ್ಯರೂಪಕ ಹಾಡ್ಚೊ ನಿರ್ಧಾರುಯಿ ಕೆಲ್ಲೊ ತಾಣೆ ಮನಾಂತುಂ.

ಚವತಿಕ ಒಟ್ಟುಂ ದೋನಿ ಮ್ಹೈನೆ ಉರಲ್ಯಾತಿ. ಗೊಡ್ಡಾ ವಿಘ್ನೇಶ್ವರಾ ಕಾಮ ಆತ್ತಂಚಿ ಧರಕಾ ಮ್ಹಣು ಲೆಕ್ಕೂನು ಉಪ್ಪೂರಾಂತುಂ ಆಶ್ಶಿಲೆ (ಚೆಡ್ಡ ಪೈಕ) ಅಡ್ಡೇಚ ಮಣ ಚಾಂಗ ಉಪ್ಪೂರ ಗೋಡ ದೀವ್ನು ಪೆಟೋಚ್ಯಾಕ ಬರ್ಯೆಲೆಂ ವಿಟ್ಟಪಾನ. ತೆಂ ಕಾಗದ ವಾಜೂನು 'ಸೇರಗಟ್ಲ್ಯಾನಿ ಗೋಡ ಘೆವ್ಚ್ಯಾಕ ಮಾಕ್ಸಿ ಸರಚೆ ವಿಟ್ಟಪಾಕ ಅಡ್ಡೇಚ ಮಣ ಗೋಡ ಕಿತ್ಯಾಕ ಅಬ್ಬಾ! ನಾಣ್ಣೇಕ (ವಿಟ್ಟಪಾಲಿ ಧೂವ) ವ್ಹಾಡ್ಡಿಕ ಆಯ್ಲಿವೆ?" ಮ್ಹಣು ಚೆಡ್ಡಪೈ ಆಶ್ಚರ್ಯ ಪಾವ್ಲೊ. ಗೊಡ್ಡಾ ವಿಘ್ನೇಶ್ವರಾ ಖಬರ ತಾಕ್ಕಾ ಕಶ್ಶಿಂ ಕಳಕಾ ಪಾಪ! ವಿಟ್ಟಪಾಲೆ ಕಾಗ್ದಾ ಪ್ರಕಾರ ಗೋಡ ತಾಣೆ ದೀವ್ನು ಪೆಟ್ಯೆಲೆಂ. ಕಿಟ್ಟಪಾನ ಮರತಚಿ ವಿಟ್ಟಪಾ ಲಾಗ್ಗಿ ವಿಘ್ನೇಶ್ವರು ಕರುಂಕ ಕೊಣಯಿ ದೀನಾಂತಿ ಆಶ್ಶಿಲೆ. ಕಿಟ್ಟಪಾಲೆ ದಾಯ್ಜಾಂಲೆ ಯೇಕ ದೋನಿ ವಿಘ್ನೇಶ್ವರ ಮಾತ್ರ ವಿಟ್ಟೋಪು ಲೆಪತಾಲೊ. ತ್ಯಾ ವರಸ ಗೊಡ್ಡಾ ವಿಘ್ನೇಶ್ವರು ಕರಚೆ ಗೌಜೇನ ತೆ ವಿಘ್ನೇಶ್ವರಯಿ ಸೋಣ್ಣು ದಿಲ್ಲೆ ವಿಟ್ಟಪಾನ.

ಯೇಕ ಹಪ್ತ್ಯಾನೀಚಿ ಗೊಡ್ಡಾ ವಿಘ್ನೇಶ್ವರಾ ಕಾಮ ಶುರು ಜಾಲ್ಲೆಂ. ಯೇಕ ದಿವಸ ಭಿತರಿ ಘಾಟಿ, ಪೊಟ ಆನಿ ಹಾತ ಲೆಪ್ಪೂನು ಜಾಲ್ಲೆ. ಹೆರ್ದಿವಸು ಫಾಲ್ಯಾರಿ ಉಟಾನು ಪಳಯ್ತಾ, ವಿಘ್ನೇಶ್ವರಾಕು ಭಲರಿ ಮೂಂಯಿ ಭರಲ್ಯಾ. ಮೂಂಯಿ ಯೇನಾ ತಶಿಂ ಕಸ್ಸಲೆ ಉಪಾಯ ಮ್ಹಣು ನೇತ್ರು ಮಾಂಯ್ಯೇ ಲಾಗ್ಗಿ ನಿಮ್ಗಿಲೆಲ್ಯಾಕ. 'ವಿಘ್ನೇಶ್ವರಾ ಮಾಣಯಿ ಯೇಕ ಮೆಜೇರಿ ದವೊರ್ನು, ತ್ಯಾ ಮೆಜೇಚೆ ಪಾಯ ಉದಕಾಂತುಂ ದವೊರ್ಕಾತಿ', ಮ್ಹಣು ತೀಣೆ ಮುಂಯ್ಯೇಕ ವಕ್ಕದ ಸಾಂಗೂನು ದಿಲ್ಲೆಂ. ಹೆರ್ದಿವಸುತೆ ಉಪಾಯ ಕರನು ಪಳಯ್ಲೆ ವಿಟ್ಟಪಾನ. ಹೆರ್ದಿವಸುತೆ ಉಪಾಯ ಕರನು ಪಳಯ್ಲೆ ವಿಟ್ಟಪಾನ. ಹೆರ್ದಿವಸು ಲೆಪ್ಪಿಲ್ಯಾ ವಿಘ್ನೇಶ್ವರಾಲೊ ಅರ್ಧಪಾಯ್ಯು ಏಂದ್ರಾಂನಿ ಖೆಲ್ಲೊ. "ಅರೇ, ಗಣಪತಲೆಂ ವಾಹನ ಏಂದೂರು ಗಣಪತಿಲೆ ಪಾಯ ಖಾತ್ತಾ. ಅಸ್ಸಲೆ ವಾಹನಾರಿ ಕಶಿಂ ಬಸ್ತಾ ಅಬ್ಬಾ ತೊ ವಿನಾಯಕು?" ಮ್ಹಣು ವಿಟ್ಟಪಾನ ನಾಂಕಾರಿ ಬೊಟ ದವರ್ಲೆಂ. ಆಖ್ಯೆರಿಕ ಚವತಿಕ ದೋನಿ ದಿವಸ ಆಸ್ತಾನಾ ಗಣಪತಿ ತಯ್ಯಾರ ಕರಚೊ ಮ್ಹಣು ವಿಟ್ಟಪಾನ ಠರ್ಯೆಲೆಂ.

ಭಾದ್ರಪದ ಶುದ್ಧ ಬೀ. ಚವತಿಕ ದೋನಿ ದಿವಸ ಉರಲ್ಯಾತಿ. ವಿಟಪಾತಂಯ ಗೊಡ್ಡಾ ಘ್ನೇಶ್ವರಾಚಿ ತಯ್ಯಾರಿ ಭರಭರಾಟೇನ ಚಲತಾ. ಬಾಪ್ಪೂಸು ವಿಟ್ಠೋಪು ಆನಿ ಪೂತು ನ್ನೋಪು ದೊಗ್ಗಂಯಿ ಮೇಳ್ನು ದೀಸ ರಾತ್ರಿ ಕಾಮ ಕರತಾತಿ. ರಾತ್ರಿಚೆಂ ವಿಘ್ನೇಶ್ವರಾಕ ಬೂಂಯಿ ಯೆನಾ ತಶೆಂ ಪೊಳೋಚ್ಯಾಕ ಸರ್ತಿ ಪ್ರಕಾರ ಜಾಗರಣ ಬಸತಾತಿ. ಗೊಡ್ಡಾ ಘ್ನೇಶ್ವರಾ ಖಬರ ಭಾಂಯಲ್ಯಾಂಕ ಕಳಚ್ಯಾಕ ನಜ್ಜ ಮ್ಲಣು ಬಾಗ್ಲಂ ಫಾಲ್ನು ಕಾಮ ರತಾತಿ.

ಚವತಿ ತೇಸು ಕಶ್ಶಿಂಯಿ ಪುಣಿ ವಿಘ್ನೇಶ್ವರು ಸುಖಮುಕೀಚಿ ಪೂರ್ಣ ಜಾಲ್ಲೊ. ಗೊಡ್ಡಾಚೊ ಕೆಲ್ಲೆಲೆ ನಿಮಿತ್ತಿ ಕಿ ಇತ್ತೆಂ ಕಿ ವಿಘ್ನೇಶ್ವರು ವಿಟ್ಠಪಾಲೆ ಹಾತ್ತಾಚೊಸೊ ದಿಸ್ಸನಾ ಶ್ಶಿಲೊ. ಸರ್ವ ಅಂಗಂ ವಿಟ್ಠಪಾನ ಮೇಣಮಾತ್ತೇನ ಲೆಪ್ಲ್ಯಾ ವಿಘ್ನೇಶ್ವರಾ ಪೇಕ್ಷಾಂ ಚಂದ ಾಲ್ಲೆಲಿಂತಿ.

ದಂಪರ್ಾರಾ ಪೂಜಾ ಜಾಲ್ಲಿ. ಗಣಪತಿಲ್ಯಾ ನಾಂವಾರಿ ಚಾರಿಪಾಂಚ ಬಗೇಚಿಂ ಭಕ್ಷಂ ರನು ಗಮ್ಮತೇ ಜೆವಣಯಿ ಜಾಲ್ಲೆಂ ಜೆವ್ಣಂ ಜಾವ್ನು ಉಟಾಯ್ತಾನಾ ಗಣಪತಿಕ ಭರಿಮೂಂಯಿ ಯ್ಯಿಲೆ ವಿಟ್ಠಪಾಲೆ ನಜ್ರೇಕ ಆಯ್ಲೆಂ ಆರತಿಚ್ಯಾ ಹೂನಸಾಣೇಕ ಗೋಡ ತೆಂವೆಲ್ಯಾ ವರಿ ಾವ್ನು ತ್ಯಾ ತೆಂವಸಾಣೇಕ ಮೂಂಯಿ ಭರಲೆಲಿ ಮ್ಹಣು ಮಾಗ್ಗೀರಿ ಕಳ್ಳೆಂ: ರಾತ್ರಿ ತಾಂಯ ಘ್ನೇಶ್ವರು ದವಲ್ಯಾರಿ ವಿಘ್ನೇಶ್ವರು ಪೊಳೊಚ್ಯಾಕ ಆಯ್ಯಿಲೊ ಲೋಕು ಹಾಸ್ಸತ ಮ್ಹಣು ೀವ್ನು ದಂಪರ್ಾರಾಂಚಿ ವಿಘ್ನೇಶ್ವರು ಬಾಂಯ್ತುಂ ಘಾಲ್ಚಿ ಆಲೋಚನ ಕೆಲ್ಲಿ ವಿಟ್ಠಪಾನ. ವಿಸರ್ಜನೆಚಿ ಆರ್ತಿ ಆತ್ತಂಚೆ ಜಾವ್ಪೊ ಭಟ್ಟೊ" ಮ್ಹಣಾಲೊ ವಿಟ್ಠೋಪು, ಜೇವ್ನು ಢೇಂಕು ಿಡಚ್ಯಾ ಭಟ್ಟಾ ಲಾಗ್ಗಿ, "ಹಾಂ ಜಾವ್ಯೇತ ನೈವೇದ್ಯಾಕ ಭಿತರಿ ಸಾಕ್ಕರ ಆಸಲ್ಯಾರಿ ಹಾಡಾ" ಮ್ಹಣಾಲೆ ಭಟ್ಟ. "ವ್ಹೊಯಿಗೊ ಥೊಡೀ ಸಾಕ್ಕರ ಹಾಡಿ" ಮ್ಹಣಾಲೊ ವಿಟ್ಠೋಪು ಬಾಯ್ಲೇಕ ಪೊವೇನು. "ಗೊಡ್ಡಾ ಡಬ್ಬೊ ಧುಲ್ಲಾ; ಸಾಕ್ರೇ ಭರನಿ ಪುಸಲ್ಯಾ" ಮ್ಹಣಾಲಿ ಗಿರಿಜಾ ಮಾಂಯಿ ವಿಟ್ಠಪಾಬಾಯ್ಲ) ವಾಸರೇಂತೂನು. ಅತ್ತಂ ಕಸ್ಸಲೆಂ ಕರಚೆಂ? ತಿತ್ತುಲೆ ಭಿತರಿ ವಿಟಪಾಕ ಕೇಕು ಉಪಾಯು ಸೂಚೆಲೊ. "ಭಟ್ಟೊ, ವಿಘ್ನೇಶ್ವರಾಕ ಮಾಕ್ಕಿ ಗೊಽಡ ಜಾಸ್ತಿ ಲೆಪ್ಲಾಂ ಹೊಡೇಂಚಿ ಖರಡೂನು ಕಾಡಾತಿ" ಮ್ಹಣಾಲೊ ವಿಟ್ಠೋಪು. ವಿಟ್ಠಪಾನ ಸಾಂಗ್ಲೆ ನಂತರ ಟ್ಟು ಮಾಕ್ಕಿ ಸರತಾವೆ? ತಾಣೆ ತೀರ್ಥಾ ಚಿಪ್ಪಾನಿ ವಿಘ್ನೇಶ್ವರಾಲೆ ಪಾಟಿಚೆಂ ಥೊಡೆಂ ಗೊಽಡ ರಡೊನು ನೈವೇದ್ಯ ಕೆಲ್ಲೆಂ. ಆರ್ತಿ ದಾಕ್ಕೊನು ವಿಸರ್ಜನೇ ಪೂಜಾ ಜಾಲ್ಲಿ.

ಕುಂಕುವಾ ಉದಕಾಂತುಂ ವಿಘ್ನೇಶ್ವರಾಲೆಂ ಪ್ರತಿಬಿಂಬ ಪೊಳೂನು ಜಾಲೆಂ ಬಾಂಯ್ತುಂ ಘೂಲುಂಕ ಮ್ಹಣು ವ್ಹರತಾನಾ ವಿಟ್ಠಪಾಲೊ ಧಾಕ್ಲೊ ಚೆಲ್ಲೊ ನಾಣ್ಣೋಪು

ಸಾಂಗತಾ". ಆನ್ನಾ, ವಿಘ್ನೇಶ್ವರು ಬಾಂಯ್ತುಂ ಘೂಲತಾನಾ ಚಾರಿ ಲಿಂಬಿಯೆಯಿ ಬಾಂಯ್ತುಂ ಪೀಳಿ; ಥೊಡಿ ಏಳಾಚಿ ಪಿಟ್ಟಿಯಿ ಉಡ್ಡಾಯಿ . ಫಾಯಿ ಸಕಾಳಿಂ ಕಾಫಿ ನಾಕ್ಕಾ. ಗಮ್ಮತ ಪಾನಕ ಪೀವ್ಯಾಂ ಜಾಯ್ನಾವೆ? ನಾಣ್ಣಪಾಲಿಂ ಚೆರ್ಡುಪಣಾಚಿಂ ಉತ್ರಾಂ ಆಯ್ಕುನು ಪುರೋಹಿತ ಭಟ್ಟಾಕ ಪೊಟ ಭಃರಿ ಹಾಸು ಆಯ್ಲೊ. ವಿಟ್ಠೋಪು ಮಾತ್ರ ಭಟ್ಟಾ ಎದುರು ಪುತ್ತಾನ ಆಪ್ಪಾ್ಯಲಿ ಮರ್ಯಾದಿ ಕಾಳ್ಳಿ ಮ್ಹಣು ದಾಂತ ವಂಟ ಚಾಬತಲೊ.

ಘುಡಿಯಾರಾರಿ ತೀನಿ ಮಾರತಾನಾ 'ಧುಡುಮ್‌ಂ ಮ್ಹಣು ವಿಟ್ಟಪಾಲೆ ಬಾಂಯ್ತುಂ ಶಬ್ದು ಆಯ್ಕಾಯ್ಲೊ. ಗೊಡ್ಡಾಚೊ ಗಣಪತಿ ಉದಕಾಕ ಪಾವ್ಲೊ. ಗಣಪತಿ ಮಾಣಯಿ ವಃಯಿರ್ರಿ ಆಶ್ಶಿಲಿ. ತಾಕ್ಕಾ ಚಾಬೂನು ಬಶ್ಶಿಲೆ ಗೊಡ್ಡು ಕುಡಕ್ಯಾ ಖಾತಿರ ನಾಣ್ಣೋಪು ಆನಿ ಪ್ರೇಮಾ (ವಿಟ್ಟಪಾಲಿ ಧಾಕ್ಲಿ ಚೆಲ್ಲಿ) ಝುಗಡ್ತಾಲಿಂತಿ. ಮುಕಾವೆಲೆ ವರಸ ಆಪ್ಪಾ್ಯಲೆಂ ನಾಂವ ಮಾಳಬಾಕ ಪಾವ್ತಲೆಂ ಮ್ಹಳ್ಯಾ ಸಂತೋಷಾನ ಮಿಶ್ಯೋ ಪುಲ್ಲಾನು ವಿಟ್ಠೋಪು ಪೆಂಟಾಂತುಂ ಗೆಲ್ಲೊ.

ದುಸ್ರಿ ಚವತಿ ಯೆತ್ತನಾ ವಿಟ್ಠೋಪು ಉರಲೊ ನಾ. ಘಾಟೀಕ ಯೇಕು ಬಾವು ಜಾಲ್ಲಲೋಚಿ ವಿಷಮಾಕ ಒಚ್ಚೂನು ಅಂತರ್ಲೊ. ಗೊಡ್ಡಾ ಗಣಪತೀಕ ಪೂಜಾ ಕಲ್ಲಲೊ ಅನಂತ ಭಟ್ಟು ಸಾಂಗತಾ : "ವಿಘ್ನೇಶ್ವರಾಲೆ ಘಾಟಿಚೆಂ ಗೋಡ ಖರಡಿಲಲೊ ದೋಷೂಚಿ ತಾಕ್ಕಾ ಮಾತ್ಯಾರಿ ಬಸ್ಲೊ." ವಿಟ್ಟಪಾನ ಮೊರಚೆ ದೋನಿ ಮ್ಹೈನ್ಯಾ ಪೈಲೆಂ ನೇತು ಮಾಂಯ್ಯೇನ ವಃಯ್ಲ್ಯಾ ರಾಜ್ಯಾಕ ಪೊಟ್ಲಿ ಬಾಂದಿಲಿ. ತಿಕ್ಕಾ ಕಸ್ಸಲೊ ದೋಷ ಮಾತ್ಯಾರಿ ಬಸ್ಲೊ ಅನಂತ ಭಟ್ಟೊ?

ನ್ಯಾಯ ದೇವತಾ ಕುರಡಿ ನ್ಹಂಯ

ಯೇಕ ದೊಳ್ಯಾಕ ಚುನ್ನೊ ; ಆನ್ಯೇಕ ದೊಳ್ಯಾಕ ಲೋಣಿ - ಹೋ ವೀಸಾ ಶತಮಾನಾಚೊ ನ್ಯಾಯು ಜಾಲ್ಲಾ. ಕಿತ್ತುಲೆಂ ಮ್ಹಳ್ಯಾರಿಯು ನ್ಯಾಯದೇವತಾ ಕುರಡಿ (ಅಂಧಿ) ನ್ಹಂಯವೆಂ ? ಯೇಕ ವೇಳಾ ಜಾತ್ತನಾಚಿ ಕುರಡಿ ನ್ಹಂಯ ಜಾಲ್ಯಾರಿಯಿ ಶ್ರೀಮಂತಾಂಲ್ಯಾ ದುಡ್ವಾಚೊ (ಪೈಸ್ಯಾಚೊ) ಝುಗಝುಗು ತಿಗ್ಗೆಲ್ಯಾ ದೊಳ್ಯಾಂಕ ಮಿಂಚು ಸೊ ಮಾರನು ತೀ ಕುರಡಿ ಜಾಲ್ಲ್ಯಾ. ಜಾಲ್ಯಾರಿ ದುರ್ಬಳ್ಯಾಂನಿ ಚೂಕಿ (ಕರ ತಾನಾ) ತಿಕ್ಕಾ ದೊಳೆ ದಿಸತಾತಿ. ತಾನ್ನಿ ಬಿಂಧು (ಸಾನು ಬೊಟ್ಟು) ಪ್ರಮಾಣಾರಿ ಚೂಕಿ ಕೆಲ್ಲೆಲಿ ತಿಕ್ಕಾ ಹೋಡ ಪರ್ವತಾ ಪ್ರಮಾಣಾರಿ ದಿಸತಾ.

ಲೆಕ್ಕಾರಿ ಆಶ್ಶಿಲ್ಯಾಕಯಿ ಕೇವಲ ದೋನಿ ಸೇರ ತಾಂದೂಲು ಜ್ಯಾಸ್ತಿ ದವೊರ್ನು ಘೆತ್ತಿಲೆ ಖಾತಿರ ಯೇಕ ಗರೀಬ ದುಕಾನದಾರಾಕ ದೊಸ್ಸಿ ರುಪ್ಪಯಿ ಜುಲ್ಮಾನೊ, ದಿವಚ್ಯಾಕ ಚುಕಲ್ಯಾರಿ ದೋನಿ ಮ್ಹೈನ್ಯಾಚಿ ಶಿಕ್ಷಾ ಜಾಲ್ಲಿ.

ಆನ್ನೆಕ್ಡೆ ಯೇಕ ಶ್ರೀಮಂತಾಲೆ ಘುರ್ಕ ಡೆ ನೆಲಾ ಪಂದಾಂತುಂ ಪೂರ್ನು (ದವರ್ಲೆ ಲೊ) ಯೇಕ ವರ್ಷಾಕ ಜಾಯ ಜಾವಚೊ ತಾಂದೂಲು ನಿಪ್ಪೂನು ಆಶ್ಶಿಲೊ. ಅಧಿ ಕಾರ್ಯಾಂನಿ ಹೀ ಖಬರ ಉಜ್ವಾಡಾಕ ಹಾಣ್ಣು, 'ಅರೇ ಪಾಪ್ಯಾ, ಅಕ್ರಮ ರೀತಿ ತಾಂದೂಲು ಸಂಗ್ರಹು ಕೆಲ್ಲೊವೆ?' ಮ್ಹಣು ನಿಮ್ಗಿಲೆಲ್ಯಾಕ "ನಾ ಸ್ವಾಮಿ! ದೇವ ಸಾಕ್ಷಿ ಹೆಂ ಕಾಮ ಹಾಂವೆಂ ಕೆಲ್ಲೆಲೆಂ ನ್ಹಂಯ (ಕೆಲ್ಲೆಲೆಂ ನ್ಹಂಯ -ಕರಯಿಲೆಂ) ಮೆಗ್ಗೇ ಆಜ್ಜಾಲ್ಯಾ ಕಾಲಾರಿ ತಾಂದೂಲು ದಾಸ್ತಾನು ಕರಚೊ ಕ್ರಮು ಆಶ್ಶಿಲೊ. ವಿಂದ್ರಾಂನಿ ತಾಂದ್ಲಾ ಚೀಲಾಕ ಒಟ್ಟೊ ಕರನು,ತೊತಾಂದೂಲು ನೆಲಾ ಪಂದಾಕ ವ್ಹೆಲ್ಲಲೊ ಆಸ್ಸೂಕಾ. ದುಸ್ರಿ ಕಸ್ಸಲಿಯಿ ಖಬರ ಹಾಂವ ಜಾಣ ನ್ಹಂಯ" ಮ್ಹಣಾಲೊ ಘರಾಚೊ ಧನಿ. ನ್ಯಾಯಾಲಯಾಂತುಂ ತಾಗ್ಗೆಲೆಂ ಕೇಸ ಸೋಣ್ಣು ಗೆಲ್ಲೆಂ.

ದೋನಿ ಸೇರ ತಾಂದೂಲು ಸಂಗ್ರಹ ಕೆಲ್ಲೆಲ್ಯಾಲಿ ಚೂಕಿ ಚೂಕೀಚಿ - ದೋನಿ ಕೋರ್ಜಿ ಸಂಗ್ರಹ ಕೆಲ್ಲೆಲ್ಯಾಲಿ ಚೂಕಿ ಚೂಕಿ ನ್ಹಂಯ. ನ್ಯಾಯದೇವತೇಕ ಹೀ ದೃಷ್ಟಿ ಕ್ಹಂಯತಾನು ಆಯ್ಲಿ?

ನೀತಿ ಶಿಕೊಚ್ಯೋ ಚಾರಿ ಕಾಣ್ಯೋ

[ನೀತಿ ಶಿಕೊಚ್ಯೋ ಕಾಣ್ಯೋ ಹರಯೇಕ ಭಾಷೆಂತುಂ, ಹರಯೇಕ ಪ್ರಾಂತಾಂತುಂ ರೂಢಿಂತುಂ ಆಸ್ಸತಿ. ರಷ್ಯನ್ ಮೂಲಾಂತೂನು ಸಂಗ್ರಹ ಕೆಲ್ಲೆಲ್ಲೋ ಸತ್ರಾ ಶತಮಾನಾಂಚ್ಯೊ ಚಾರಿ ಕಾಣ್ಯೊ ಹಾಂಗಾ ವೆಂಚೂನು ದಿಲ್ಲ್ಯಾತಿ]

ಬೋಳ ಮಾತ್ಯಾ ಚ್ಯಾಂನಿ ತಾಂಗೆಲೊ ಕೇಸಾಂಚೊ ಲೋಪು ದುಸರ್ಯಾಂಕ ಕಳಚೊ ನಾಕ್ಕಾ ಮ್ಹಣು 'ಟೋಪನ್' (ಕೃತಕ ಕೇಶರಾಶಿ) ದವೊರ್ನು ಭೊಂವ್ಚೊ ಯೇಕು ಕಾಲು ಆಶ್ಶಿಲೊ. ಯೆಕ್ಕ್ಯಾನ ತಸ್ಸಲೆಂ ಯೇಕ 'ಟೋಪನ್' ಘೇವ್ನು ಮಾತ್ಯಾಕ ದವರ್ಲೆಂ. ತಾಜ್ಜೆ ಕೃತಕ ಕೇಸ ಸತ್ಯ ಕೇಸಾ ಸಾರಖೇಂಚಿ ದಿಸ್ತಾಲೆ.

ಯೇಕ ದಿವಸು ತೊ ತಾಗ್ಗೆಲೆ ಮಿತ್ರಾಂಲೆ ಸಂಗಾತಿ ಅಶ್ವ ಸವಾರಿಕ ಭಾಯ್ರ ಸರಲಲೊ. ವಾಟ್ಟೇರಿ ಜೋರು ವಾರೆಂ ಬಿಸ್ಸಲೆಂ. ತ್ಯಾ ವಾರ್ಯಾಕ ಮಾತ್ಯಾರಿ ಆಶ್ಶಿಲಿ ಟೊಪ್ಪಿ 'ಟೋಪನ್'

ಸಮೇತ ಉಬ್ಬೊನು ಗೆಲ್ಲಿ, ಹಾಗ್ಗೆಲೆಂ ಬೋಳು ಮಾತ್ತೆಂ ಪೊಳೋನು ಸಂಗ್ಸಡಿಚೆ ಹಾಸ್ಲೆ. ತಾಕ್ಕಾಯಿ ಹಾಸು ಅಯ್ಲೊ, ತೊವಯಿ ಕುಚಕುಚೀಚಿ ಹಾಸ್ಲೊ. ಹಾಸ್ತನಾ ಮ್ಹಣಾಲೊ: 'ದೋಸ್ತಾನೋ ಹಾಂವಂಯಿ ಇತ್ತ್ಯಾಕ ಹಾಸ್ಚಾಕ ನಜ್ಜ, ಹೀ ಖಬರ ಹಾಸ್ಚೀಚಿ ಆಸತಾನಾ? ಮೆಗ್ಗೆಲೆ ಸ್ವಂತ ಕೇಸ ರಕ್ಷಣ ಕರುಂಕ ಜಾಯ್ನಾತಿಲೆ ಹಾಂವೆ ದುಸ್ರೆ ಕೇಸ ದವೊರ್ನು ಘೆವ್ಚ್ಯಾಕ ಇತ್ತ್ಯಾಕ ಪ್ರಯತ್ನ ಕರಕಾ?'

ತಾತ್ಪರ್ಯ : ಕಸ್ಸಲೊಯಿ ಅಹಿತ ಜಾವ್ನಾಸ್ಸುಚೊ ವಿಷಯು ವಿಸೊರ್ಚೆ ಖಾತಿರ ಉತ್ತಮ ಉಪಾಯು ಕಸ್ಸಲೊ ಮ್ಹಳ್ಯಾರಿ, ತೊ ಅಹಿತ ವಿಷಯ ಆಪ್ಲ್ಯಾಲೆ ಸ್ವರೂಪಾಚೊ ಅಂಶು ಮ್ಹಣು ಲೆಕ್ಕೂನು ಆಮ್ಕಾಂ ಆಮಿಚಿ ಹಾಸೂನು ಘೇವ್ಕಾ.

★

ತೂಂವೆ ಆಮ್ಗೇರಿ ಯೇವ್ನು ರಾಬಚೆಂ ಜಾಲ್ಯಾರಿ ಮಾಕ್ಕಾ ಭೋ ಸಂತೋಷು? ಮ್ಹಣು ವಿಂಗಾಳೊ ವಿಕ್ತಲೊ ಯೆಕ್ಲೊ ಮಡಿವಾಳಾಂಚೇಲಾಗ್ಗಿ ಯೇಕ ಪಟಿ ಸಾಂಗ್ಲಾಲೊ.

ತುಗ್ಗೆಲೆಂ ನಯ, ವಿನಯ, ದಯಾ, ದಾಕ್ಷಿಣ್ಯ ಹೆಂ ಸರ್ವ ಮಾಕ್ಕಾ ಪಸಂದ ಜಾಲ್ಲಾಂ. ಜಾಲ್ಯಾರಿ ಆಮ್ಕಾಂ ದಾಂಪತ್ಯ ಸಮ ಪೋಣ್ಣು ಯೇಶಿನಾ, ಕಾರಣ ತುಗ್ಗೆಲಿಂ ಆಂಗ್ವಾಲಿಂ ಹಾಂವೆ ಕಿತ್ತುಲಿಂ ಧವಿಂ ಕೆಲ್ಯಾರಿಯಿ ತೂಂ ತೀಂ ಕಾಳಿಂ ಕರತಲೋಚಿ' ಮ್ಹಣಾಲಿ ಮಡಿವಾಳಾಂಚಿ.

ತಾತ್ಪರ್ಯ : ಮಿತ್ರಾಂಕ ವ ಜೀವನಾಚೆ ಸಂಗಾತಿಕ ಸೊದುನು ಕಾಡತಾನಾ ಮನುಷ್ಯಾನ ಸ್ವಂತ ವಿವೇಚನ ಆನಿ ಮನಾಚಿ ಪರಿಪಕ್ವತಾ ವ್ಯಕ್ತ ಕರಕಾ.

★

ಯೇಕ ಪಟಿ ಯೇಕು ಮಂಡಲು ಸರೋಪು ಆಪ್ಣ್ಯಾಲ್ಯಾ ಧುವೇ ಲಾಗ್ಗಿ ಮ್ಹಣತಾಃ 'ಪುತ್ತಾ, ತೂಂ ಚಮ್ಕತಾನಾ, ಓರೆ ಕೋರೆ ವಚ್ಚನಾತ್ತಿಲೆಂ ಸರೂತ ವಚ'.

"ಆನ್ನಾ, ಸರೂತ ಒಚ್ಚೆಂ ಕಶ್ಶಿಂ ಮ್ಹಣೂ ತೂವೆ ದಾಕ್ಕೋನು ದಿಲ್ಯಾರಿ ಹಾಂವಂಯಿ ತಶೆಂಚ ಒಚ್ಚಾಕ ಪ್ರಯತ್ನ ಕರತಾಂ" ಮ್ಹಣಾಲಿ ಧೂವ.

ತಾತ್ಪರ್ಯ : ತೊಂಡಾನಿ ಸಾಂಗ್ಚಾಕಯಿ ಕಾರ್ಯಾನ ಕರನು ದಾಕ್ಕೊಚೆಂ ಮುಖ್ಯ.

★

ಯೇಕ ಪಟಿ ಯೇಕು ಕಾಯ್ಲೊ ಘೂವ್ನು ಘೂವ್ನು ದಣ್ವೂನು ಆಯ್ಲೊ. ತಾಕ್ಕಾ ವಿಪರೀತ ತಾನಿ ಲಾಗ್ಗಿಲಿ, ಲಾಗ್ಗೀಚಿ ಯೇಕಿ ಉದಕಾಚಿ ಹೂಜಿಯಿ ತಾಕ್ಕಾ ದಿಸಲಿ. ಜಾಲ್ಯಾರಿ ತ್ಯಾ ಹೂಜಿಂತುಂ ಪಂದಾಕ ಮಾತ್ರ ಥೊಡೇಂಚಿ ಉದಾಕ ಆಶ್ಶಿಲೆಂ. ಕಾಯ್ಯ್ಯಾಲಿ ಚೋಂಚಿ ತ್ಯಾ ಪಂದಾಕ ತಾಂಯ ಪಾವ್ನಾ ಆಶ್ಶಿಲಿ. ಮಾತ್ತ್ಯೇಚಿ ತೀ ಹೂಜಿ ಆಡ ಘಾಲ್ನು ಭಿತೂನು, ತಾಂತುಂ ಆಶ್ಶಿಲೆಂ ಉದಾಕ ಪೀವ್ಕಾ ಮ್ಹಣು ಕಾಯ್ಯ್ಯಾನ ಶುರುವೆಕ ಲೆಕ್ಕಿಲೆಂ ಜಾಲ್ಯಾರಿಯಿ ತಾಕ್ಕಾ ದುಸರೇಕಿ ಆಲೋಚನ, ಯೇವ್ನು, ಸಾನ ಸಾನ ಫಾತ್ತರ ಚೊಂಚಿನಿ ಹಾಣ್ನು ತ್ಯಾ ಹೂಜಿಂತುಂ ಘಾಲುಂಕ ಲಾಗ್ಲೊ. ಫಾತ್ತರ ಹೂಜಿಂತುಂ ಭರಲೆ ತಶೆಂ ಪಂದಾಕ ಆಶ್ಶಿಲೆಂ ಉದಾಕ ವಯ್ರಿ ಆಯ್ಲೆಂ. ಚೊಂಚಿಕ ಪಾವ್ಚೆ ತಿತ್ತುಲೆ ವಯ್ರಿ ಆಯ್ಲಿ ತಕ್ಷಣ ಕಾಯ್ಲೊ ಉದಾಕ ಪೀವ್ನು , ತಾನಿ ಶಮನ ಕರನು ಉಬೂನು ಗೆಲ್ಲೊ.

ತಾತ್ಪರ್ಯ : ಆವಶ್ಯಕತಾಯಿಚಿ, ಅನ್ವೇಷಣಾಕ ಆನಿ ವಿವೇಕಾಕ ವಾಟ ದಾಕಯ್ತಾ. ಬಲಾತ್ಕಾರಾನ ಕರುಂಕ ಸಾಧ್ಯ ಜಾಯ್ನಾತಿಲೆಂ ಕಾಮ ತಾಳ್ಮೇನ, ವಿವೇಕಾನ ಸುಲಭ ಜಾವ್ನು ಸಾಧ್ಯ ಕರುಂಕ ಜಾತ್ತಾ

ಯಾಚಕಾಕ ಉಪದೇಶು

ರಘುರಾಮು ಹೋಡು ಆಸ್ತಿವಂತು. ಏಕ ದಿವಸು ಏಕು ಯಾಚಕು ತಾಗ್ಗೆ ಲಾಗ್ಗಿ ಗೆಲ್ಲೊ. ತಾಣೆ ಆಯ್ಯಿಲೆಂ ಕಾರಣ ರಘುರಾಮಾಕ ಸಮ್ಜಲೆಂ ಆಯ್ಲೊವೆ, ಯೊ, ಯೋ!' ಮ್ಹಣು ರಘುರಾಮಾನ ಯಾಚಕಾಕ ಸ್ವಾಗತ ಕೆಲ್ಲೆಂ, ರಘುರಾಮು ಖಂಡಿತ ಅಪಣ್ಯಾಕ ಕಾಹೀಂ ತರಿ ದಿತ್ತಲೊ ಆಶೆಂ ಯಾಚಕಾಕ ಸಂತೋಷು ಜಾಲ್ಲೊ. 'ಹೆಂ ಘರ ದೋನಿ ಲಕ್ಷ ರುಪ್ಪಯಿ ಖರ್ಚೂನು ಬಾಂದಯ್ಲೆಂ' ಮ್ಹಣಾಲೊ ರಘುರಾಮು.

ಚಾಂಗ ಸ್ಥಿತೀರಿ ಅಸ್ಸತಿ ತುಮಿ' ಮ್ಹಣಾಲೊ ಯಾಚಕು. ರಘುರಾಮಾನ ಯಾಚಕಾಕ ಸಗಳೇ ಘರಾಂತುಂ ಭೊಂವಡಾಯ್ಲೊ. ಏಕ ಕೂಡಾಂತುಂ ಹೋಡಿ ಲೊಕಂಡಾ ಪೇಟ ತಾಂತುಂ ಭಸರಿ ಭಾಂಗ್ರಾ ದಾಗೀನಂ. ಅನ್ಯೇಕ ಕೂಡಾಂತುಂ ರುಪ್ಪ್ಯಾಚಿ ಸಾಮಾನ. ತಿಸ್ರ್ಯಾ ಕೂಡಾಂತುಂ ಧಾನ್ಯಾಚೆಂ ಚಿಲ್ಲಂ, ನವ್ಯಾ ನಮೂನ್ಯಾಚೆಂ ಆಸನಂ - ಹೆಂ ಸರ್ವ ದಾಕಯ್ಲೆಂ.

ಖಂಡಿತಾಕಯಿ ತುಮಿ ಲಕ್ಷ್ಮೀ ಪುತ್ರ ಸ್ವಾಮಿ' ಮ್ಹಣಾಲೊ ಯಾಚಕು.

ಆಖ್ಯೆರಿಕ ರಘುರಾಮಾನ ಯಾಚಕಾಕ ಮಾಗಶಿ ಬಾಗ್ಲಾ, ಲಾಗ್ಗಿ ವ್ಹೋರನು, 'ಹೆಂ ಸರ್ವ ಹಾಂವೆಂ ಕಷ್ಟ ಪಾವ್ನು ಸಂಪಾದನ ಕೆಲ್ಲೆಲೆಂ ಶಿವಾಯಿ ಕೋಣಾ ಲಾಗ್ಗಿಯಿ ಯಾಚನ ಕರನು ನ್ಹಂಯಿ' ಆಶೆಂ ಮ್ಹಣು ಮಾಗಶಿ ಬಾಗಿಲ ಉದಾರೆಂ ಕರನು, 'ಹ್ಯಾ ವಾಟ್ಟೇನ ತೂಂವೆಂ ಒಚ್ಚುಯೇತ' ಮ್ಹಣು ಸಾಂಗಲೆಂ.

ಯಾಚಕು ದುಸ್ರಂ ಉತ್ತರ ಉಲಯ್ನಾತಿಲೆಂ ತ್ಹಂಯಿ ಥಾವ್ನ್ ನಿಸರಲ್ಲೊ,

ಅಭ್ಯುದಯಾಚೆಂ ರಹಸ್ಯಂ

ಏಕ ಗರೀಬ ಪಂಡಿತಾನ ಲೆಕ್ಲೆಂ ಕೀ ಅಭ್ಯುದಯಾಚೆಂ ರಹಸ್ಯಂ ಶಾಸ್ತ್ರಾಂತುಂ ನಿಪ್ಪೂನು ಆಸ್ಸತಿ. ಅಶೆಂ ಜಾವ್ನು ತಾಣೆ ಗಾಢ ಶಾಸ್ತ್ರಾಧ್ಯಯನ ಶುರು ಕೆಲ್ಲೆಂ. ಲೆಕ ನಾತ್ತಿಲೆಂ ಪುಸ್ತಕಂ ವಾಚತಚಿ ಗೆಲ್ಲೊ. ಇತ್ಲೆಂ ವಾಚಿಲೆಂ ಆಸ್ಸುನೂಯಿ ಮರಣ ಸನ್ನಿಹಿತ ಜಾವ್ಚೆ ಕಾಲಾಕ ಆಪ್ಪಣ ಆನಿಕೆಯಿ ಶೋಧಾಚೆ ವಾಟ್ಟೇರಿ ಆಸ್ಸ ಮ್ಹಳ್ಳೆಲೆಂ ತಾಗ್ಗಲೆ ಮನಾಂತು ಗೆಲ್ಲೆಂ ತೆನ್ನಾ ತಾಣೆ ಏಕ ಮುನೀಕ ಆಪೋವ್ನು, 'ಕಿತ್ತುಲೆಂ ಶಾಸ್ತ್ರಂ ಅಧ್ಯಯನ ಕರನೂಯಿ ತಾಂತೂನ ಅಭ್ಯುದಯಾಚೆಂ ರಹಸ್ಯ ಸಮ್ಜುಕ ಜಾಲ್ಲೆ ನಾಮು?' ಆಶೆಂ ತೊ ಪ್ರಲಾಪ ಕರುಂಕ ಲಾಗ್ಲೊ. ಮುನಿ ಹಾಸ್ಲೊ ಆನಿ ಸಾಂಗುಂಕ ಲಾಗ್ಲೊ : 'ಅರೇ ಪಿಶಾ, ತುಕ್ಕಾ ಚಮ್ಕೂಚೆಂ ಆನಿ ಉಲೊವಚೆಂ ಅಭ್ಯಾಸ ಕರುಂಕ ಪುಸ್ತಕಾಂಚೊ ಸಹಾಯು ಜಾಯಿವೆ? ನಾಕ್ಕಾ. ಆಶೆಂ ಜಾವ್ನು ಕಸ್ಸಲೊ ವಸ್ತು ಜಾವ್ಕಾ ಮ್ಹಣು ಇಚ್ಛಾ ಪಾವತಾಕಿ, ಅಭ್ಯುದಯ ಖಂಚೆ ವಸ್ತಾಂ ನಿಮಿತ್ತ ಮೆಳತಾಕಿ ತೆಂ ಅಭ್ಯಾಸ ಕೆಲ್ಲ್ಯಾರಿ ಪಾವ್ನಾ ಆಶ್ಶಿಲೆವೆಂ?'

ನೀತಿ : ಅಭ್ಯಾಸಾನ ಮಾತ್ರ ಕಸ್ಸಲೆಂಯಿ ಸಾಧ್ಯ ಕರನು ಘೆವ್ಯೇತ.

ದುಸ್ರ್ಯಾಂಲೆ ದೋಷ ಸೊದ್ದೂಚೆ

ಗಾಡವಾಕ ಹೆರಾಂಲೆ ಅಥವಾ ದುಸ್ರ್ಯಾಂಲೆ ದೋಷ ಮಾತ್ರ ದಿಸತಲೆ ಶಿವಾಯಿ ಆಪ್ಲ್ಯಾಲೆ ದಿಸ್ಸನಾ ಆಶ್ಶಿಲೆ. ದುಸ್ರ್ಯಾಂಕ ಸುಧಾರಣ ಕರಚೆ ಉತ್ಸಾಹಾರಿ ತಾಣೆ ಮಾಂಕಡಾಕ ವೆಂಚಲೆಂ. ತೂಂವೆಂ ಕರಚೆ ಸುಧಾರಣೇಕ ಹಾಂವ ತಯ್ಯಾರ ಆಸ್ಸಂ. ಜಾಲ್ಯಾರಿ ಮಾಕ್ಕಾ ಜಾಯಿ ಜಾಲ್ಲಲೊ ಆಹಾರು ತೂಂವೆಂ ದೀವಕಾ? ಆಶೆಂ ಸಾಂಗ್ಲಾಲೆಂ ಮಾಂಕಡ. ಉತ್ಸಾಹಭರಿತ ಗಾಡವಾನ ಆಪ್ಲ್ಯಾಲೊ ಸ್ವಂತ ಆಹಾರು ಮಾಂಕಡಾಕ ದಿಲ್ಲೊ. ಪಾಠ ಶಿಕ್ಕುಂಕ

ಶುರು ಕರಚೆ ಪೈಲೆಂ ಮಾಂಕಡಾನ ಅನ್ನೇಕ ಶರ್ತ ಗಾಡವಾ ಮುಕಾರಿ ದವರ್ಲೆಂ ಕಿ ಗಾಡವಾನ ತಾಚೆ ಆಂಗಾ ರೋಮು ದೀವಕಾ ಮ್ಹಣು. ಹಾಕ್ಕಾಯಿ ಗಾಡವಾನ ಕಬೂಲ ಕೆಲ್ಲೆಂ. ಪಾಠಾಂ ದಿಶಾನ ಲಕ್ಷ್ಯ ದಿವ್ಚೆ ಪೈಲೆ ಗಾಡವಾನ ರುಕ್ಕಾರಿ ಚಡಕಾ ಮ್ಹಳ್ಳೆಂ ತಿನ್ನಿಚೆಂ ಶರ್ತಯಿ ಮಾಂಕಡಾನ ಮುಕಾರಿ ದವರ್ಲೆಂ. ಮಾಂಕಡಾನ ಸಾಂಗಲ್ಯಾ ವರಿ ರುಕ್ಕಾರಿ ಚಡುಂಕ ಒಚ್ಚೂನು, ಅರ್ಧಾಯೆರಿ ಥಾಕುನು ಸಕಲ ಪಣ್ಣು ಗಾಡವಾನ ಗಳೊ ಮೋಣ್ಣು ಘೆತ್ಲೊ.

ನೀತಿ : ಕೊಣಾಕ ಸುಧಾರಣ ನಾಕ್ಕಾಕಿ ತಾಂಕಾಂ ಸುಧಾರ್ಚಾ ಪೊರ್ಲೊಚೆಂ ಪಿಶ್ಯಾಪಣ

ಪಾಪ ಆನಿ ಪುಣ್ಯ

ಪಾಪ ಆನಿ ಪುಣ್ಯ ಏಕ ಪಟಿ ಏಕ ಮನುಷ್ಯಾಲ್ಯಾ ಘರಾ ಬಾಗ್ಲಾಕ ಮಾರುಂಕ ಲಾಗಲಿಂತಿ. ತೂಂವೆಂ ಮಾಕ್ಕಾ ಕಸ್ಸಲೆಂ ಹಾಳ್ಳಾಂ?' ಮನುಷ್ಯಾನ ಪಾಪಾ ಲಾಗ್ಗಿ ನಿಮ್ಗಿಲೆಂ. 'ಸ್ವರ್ಗಾಚೆಂ ಆನಿ ಭೂಲೋಕಾಚೆಂ ಸರ್ವ ಸುಖ, ವಿಲಾಸು ತುಗ್ಗೆಲೆ ಖಾತಿರ ಹಾಳ್ಳಾ ಮ್ಹಣಾಲೆಂ ಪಾಪ.

'ತೂಂ ಕಸ್ಸಲ್ಯಾಚಿ ಆಶ್ವಾಸನ ದಿತ್ತಾ?' ಪುಣ್ಯಾಕ ಮನುಷ್ಯಾನ ನಿಮ್ಗಿಲೆಂ,

"ಕಸ್ಸಲೆಂಯಿ ನಾ. ಹಾಂವ ಆನಿ ಮೆಗ್ಗೆಲೆಂ ಆಗಮನಃಚಿ ತುಕ್ಕಾ ಹೋಡ ಭಾಗ್ಯ" ಪುಣ್ಯಾನ ಜವಾಬ ದಿಲ್ಲಿ.

ಮನುಷ್ಯಾನ ಪುಣ್ಯಾ ದಿಶಾನ ತಾತ್ಸಾರು ವ್ಯಕ್ತ ಕರನು, ಪಾಪಾಕ ತಾಗ್ಗೆ ತಂಯ ಪ್ರವೇಶು ದಿಲ್ಲೊ ಥೊಡೆ ಕಾಳ ಮನುಷ್ಯು ಭಾರೀ ವಿಲಾಸ ವೈಭವು ಅನುಭವ್ನೂಸ್ಚ್ಯಾಕ ಲಾಗ್ಲೊ. ಸುಖ ಮ್ಹಣು ಖಂಚೆಂ ದಿಸತಾಕಿ ತಾಚೊ ಸಂಪೂರ್ಣ ಭೋಗು ಮನುಷ್ಯಾನ ಘೆತಲೊ. ಜಾಲ್ಲ್ಯಾರಿ ಥೊಡೇ ಕಾಳಾನಿ ಏಕಿ ಪರಿವರ್ತನ ತಾಣೆ ಎದುರ್ರೂಸ್ಕಾ ಪಳ್ಳಿ. ಪಾಪಾನ ಚೋರುಂಕ ಶುರು ಕೆಲ್ಲೆಂ. ಮನುಷ್ಯಾಲೆಂ ಆರೋಗ್ಯ ಸಂಪೂರ್ಣ ಪಾಡ ಜಾಲ್ಲೆಂ. ತಶೆಂಚ ತಾಣೆ ಕಮಾಯಿಲೊ ಪೈಸೂಯಿ ಸರಲೊ, ತಾಗ್ಗೆಲಿ ಪ್ರಸಿದ್ಧಿಯಿ ಧೂಳಿಂತುಂ ಮೇಳ್ನು ಗೆಲ್ಲಿ. ಸರ್ವ ನಾಶ ಜಾಲ್ಲೆಂ, ತೆನ್ನಾ ಮನುಷ್ಯಾಕ ವಿವೇಕೋದಯು ಜಾವ್ನು ತಾಣೆ ಪಾಪಾಕ ಧಾಂವ್ಡಾನು, ಪುಣ್ಯಾಕ ಭಿತರಿ ರೀಗು ದಿವ್ಚೆಂ ಠರ್ರೈಲೆಂ.

ಆಶೆಂ ಕೆಲ್ಲೆಲೆ ಥೊಡೇ ಕಾಳಾನಿ ತಾಗ್ಗೆಲೆಂ ಆರೋಗ್ಯ ಸುಧಾರಲೆಂ. ಕಮಾಯಿ ವಾಡಲಿ. ಪ್ರಸಿದ್ಧಿಯಿ ಆಪೋಆಪ ಪರತ ಆಯ್ಲಿ. ಹಾಚೇನ ಹ್ಯಾ ಫುಡೆ ಕೆದನಾಹಿಂ ಅನುಭವ್ನಿನಾತ್ತಿಲೆಂ ತಸ್ಸಲೆಂ ಅತ್ಯಮೋಘ ಸುಖ ತೊ ಅನುಭವ್ನೂಸ್ಚ್ಯಾಕ ಲಾಗಲೊ. ಪುಣ್ಯಾಚೆ ಅಸ್ತಿತ್ವಾನ ಕಸ್ಸಲೆಂ ಸೌಭಾಗ್ಯ ಪ್ರಾಪ್ತ ಜಾತ್ತಾ ಮ್ಹಳೆಲ್ಯಾಚೊ ತಾಕ್ಕಾ ಪ್ರತ್ಯಕ್ಷ ಅನುಭವು ಮೆಳ್ಳೊ.

ನೀತಿ : ನಿಮ್ಗಿನಾತಿಲೆಂ ಕೊಣ ವಿಪುಲ ದಿತ್ತಾತಿ ಕಿ ತೆ ಆಮ್ಗೆಲೆ ಕಡಚ್ಯಾನ ವಿಪುಲ ಖಿಚೂನುಯಿ ಘೆತ್ತಾತಿ.

ತಾಣೆ ಪಳಯಿಲಿಂ ತೀನಿ ದೃಶ್ಯಂ

ತೊ ಯೇಕ ದೀಸು ಪರಮಾತ್ಮಾಲೆಂ ದರ್ಶನ ಘೆವ್ಚೆ ಖಾತಿರ ದೆವ್ಳಾಂತುಂ ಗೆಲ್ಲೊ. ತಾಗ್ಗೆಲೆ ವರೀಚಿ ತ್ಥಂಯ ಮಸ್ತ ಜನಂ ಭಕ್ತ ಜಮೆಲೆಲೆ.

ಯೇಕು ಹೋಡು ಶ್ರೀಮಂತ ಕಾರಾರಿ ಬೈಸೂನು ತ್ಥಂಯ ಆಯ್ಲೊ. ಜರಾ ಕಾಂಬಿಚಿ ಧೋತಿ, ಮಾತ್ತ್ಯಾಕ ಪೇಟಾ, ಹಾತ್ತಾಕ ಮುದ್ರ್ಯೋ ಅಶೆಂ ಸರ್ವಾಲಂಕೃತ ಜಾವ್ನು ಆಯ್ಯಿಲ್ಯಾ ತ್ಯಾ ಶ್ರೀಮಂತಾನ ದೆವ್ಳಾಚೆ ಪೂಜಾರಿಕ ಪಾಂಚ ರುಪ್ಪಯೋ ದಕ್ಷಿಣಾ ದಿಲ್ಲಿ. ತಾಕ್ಕಾ ಯೇಕ ಸೇರಾ ಇತ್ತುಲೊ ಪ್ರಸಾದು ಮೆಳ್ಳೊ!

ಆನ್ನೆಕ್ಲೊ ಆಯ್ಲೊ ತಾಣೆ ದೋನಿ ರುಪಯೋ ದಕ್ಷಿಣಾ ದಿಲ್ಲಿ ತಾಕ್ಕಾ ಅರ್ಧ ಸೇರು ಪ್ರಸಾದು ಮೆಳ್ಳೊ.

ತಿಸ್ರೊ ಆಯ್ಲೊ. ತಾಗ್ಗೆಲೆ ಹಾತಾಂತುಂ ಯೇಕಿ ದಮ್ಡಿಯಿ ನಾ ಆಶ್ಶಿಲಿ. 'ಪತ್ರ ಪುಷ್ಪ, ಫಲಂ, ತೋಯಂ' ಮ್ಹಳ್ಳ್ಯಾವರಿ ದೇವಾಕ ಥೊಡಿ ಪುಲ್ಲಂ ಅರ್ಪಣಕರನು ತೊ ಪಾಂಯಪಣ್ಣು ರಾಬಿಲೊ. ತಾಕ್ಕಾ ಪೂಜಾರೀನ ಯೇಕ ಚಿಮ್ಟಿ ಸುಧಾಂ ಪ್ರಸಾದು ದೀನಿ. ಪೂಜಾರಿ ಸರೂತ ಭಿತರಿ ಗೆಲ್ಲೊ. ಹೋ ಕಸ್ಸಲೊ ಪೂಜಾರಿ? ದುಡ್ವಾ ಪೂತು!

❑❑❑

ತಾಂಗೆಲೆ ಘುರಾ ಭಾರೀ ಗೌಜೇಚಿ ವ್ಹಾಡ್ಡಿಕ ಚಲ್ತಾಲಿ. ಕೊಣಾಕ ವ್ಹಾಡ್ಡಿಕ ಮ್ಹಣು ತಾಣೆ ಯೇಕ ಶೆಜಾರಿ ಲಾಗ್ಗಿ ನಿಮ್ಗಿಲೆಲೆ ವೇಳಾರಿ, 'ಘುರಚೆ ಧನಿಯಾಕ, ಹೀ ತಿನ್ನೀಚಿ ವ್ಹಾಡ್ಡಿಕ' ಮ್ಹಣು ಜವಾಬ ಆಯ್ಲಿ. ತ್ಯಾಚಿ ಘುರಾಚ್ಯಾ ಯೇಕ ಕಾಳ್ಯಾ ಕೂಡಾಂತುಂ ಶ್ರೀಮಂತಾಲಿ ಸೋಳಾ, ವರ್ಷಾಚಿ ವಿಧವಾ ದೂವಖೊಳ್ಳೆ ಕಾಣ್ಣು ರಡತಾಲಿ. ತಿಗ್ಗೆಲೆ ದಿಶಾನ ದೊಳೆ ಉಬಾರ್ನು ಸುಧಾಂ ಚೊಯ್ತ್ತುಲೆ ನಾಂತಿ. ವಿಚಿತ್ರ ಸಮಾಜ !

❑❑❑

ತ್ಯಾ ದೀಸು ತ್ಯಾ ಗಾಂವಾಂತುಂ ಯೇಕಿ ಹೋಡಿ ಸಭಾ ಭರಚಿ ಆಶ್ಶಿಲಿ. ಸಭಾ ಭವನಾಚೆ ದ್ವಾರಾರಿ ಸೇವಕ ರಾಬ್ಬಿಲೆ. ಯೆವ್ಚ್ಯಾ ಆಗಂತುಕಾಂಕ ತೊಂಡ ಪೊಳೋನು ಭಿತರಿ ಸೊಡ್ತಾಲೆ. ಭಿತರಿ ಬೊಸ್ಚಾಕ ಪುಷ್ಕಳ ಜಾಗೊ ಆಶ್ಶಿಲೊ ಜಾಲ್ಯಾರಿಯಿ ತೆ ಸೇವಕ ಥೊಡೆ ಜನಾಂಕ

ಶಿರಿ ಸೊಣ್ಣಾತಿ ಆಶ್ಶಿಲೆ. ತಾನ್ನಿ ಮಲೀನ ವಸ್ತ್ರಂ ನ್ಹೆಸಲ್ಯಾತಿ ಮ್ಹಳಲೋಚಿ ತಾಂಗೆಲೊ ಪರಾಧು. ಥೊಡೆ ವೇಳಾನಿ ಯೇಕು ಶ್ರೀಮಂತು ತಾಗ್ಗೆಲೆ ತೀನಿ ವರ್ಷ ಪ್ರಾಯೇಚೆ ಚೆಲ್ಯಾಕ ು ಸೂಣ್ಯಾಕ ಘೇವ್ನು ತ್ಥಂಯ ಆಯ್ಲೊ. ತ್ಯಾ ಚೆಲ್ಯಾಕ ಆನಿ ಸೂಣ್ಯಾಕ ಭಿತರಿ ಪ್ರವೇಶು ಳ್ಳೊ. ಬೊಸ್ಚ್ಯಾಕ ಯೋಗ್ಯ ಆಸನಂಯಿ ಮೆಳ್ಳಿಂತಿ. ಭಾಯ್ರು ರಾಬ್ಬಿಲ್ಯಾ ಮನುಷ್ಯಾಂಕ ಳ್ಳಿ. ವಿಚಿತ್ರ ಜಗತ್ತ?

ಖಾಂಡ್ಯಾಚೆಂ ಮೋಲ

ಏಕು ಹೋಡು ಶಿಲ್ಪಿ ಆಶ್ಶಿಲೊ ತಾಣೆ ಶಿಲ್ಪ ಸೌಂದರ್ಯಾನ ಭರಿತ ಜಾವ್ನಾಸ್ಸುಚೆಂ ಕ ಖಡ್ಗ ತಯ್ಯಾರ ಕರನು, ರಾಯಾಲೆ ಜಾಯದೀಸ ತೇಸು ತೆಂ ವ್ಹೊರನು, ವಿನಯಪೂರ್ವಕ ಯಾಕ ಉಡಗಿರೆಂ ಜಾವ್ನು ದಿಲ್ಲೆಂ.

ರಾಯಾನ ತೆಂ ಘೇವ್ನು ಕೋಶಾಧಿಕಾರಿ ಲಾಗ್ಗಿ, 'ಹಾಕ್ಕಾ ಶೆಂಬರಿ ವರ ದೀವ್ನು ಪೆಟಯಿ' ತೆಂ ಆಜ್ಞಾ ಕೆಲ್ಲಿ.

'ಇತ್ತುಲ್ಯಾ ಅಪೂರ್ವ ಶಿಲ್ಪ ಸೌಂದರ್ಯಾಕ ಎದ್ದೊ ಸಾನು ಬಹುಮಾನು?' ಶಿಲ್ಪಿನ ಮ್ಗಿಲೆಂ.

'ಪೊಳೋಚ್ಯಾಕ ಚಂದ ಅಸಲ್ಯಾರಿ ಜಾಲ್ಲೆವೆ? ಹೆಂ ಪ್ರದರ್ಶನಾಕ ದವೊರ್ಯೇತ ವಾಯಿ ದುಸ್ರೆ ಕಸ್ಸಲೇಯಿ ಪ್ರಯೋಜನಾಕ ಯೆನಾ' ಮ್ಹಣಾಲೊ ರಾಯು.

'ಕಲೇಚೆಂ ಮೋಲ ಗೊತ್ತು ನಾತ್ತಿಲ್ಯಾ ತುಜ್ಜೆ ಅಸಲ್ಯಾ ರಾಯಾನ ಆಸಲ್ಯಾರಿ ಇತ್ತೆಂ, ಲ್ಲ್ಯಾರಿ ಇತ್ತೆಂ?' ಮ್ಹಣು ಕೋಪಾನ ಶಿಲ್ಪಿನ ತಾಗ್ಗೆಲ್ಯಾ ಕುರಟಾ ಬಾಂದಿಲ್ಯಾ ಶಾಲಾಂತುಂ ಂಬೂನು ದವರ್ಲೆಲಿ ಕಠಾರಿ ಕಾಣ್ಣು ರಾಯಾಕ ಘಾಲುಂಕ ಗೆಲ್ಲೊ.

ರಾಯಾನ ತಾಗ್ಗೆಲ್ಯಾ ಹಾತಾಂಶುಂ ಆಶ್ಶಿಲ್ಯಾ ಶಿಲ್ಪ ಖಡ್ಗಾನ ಶಿಲ್ಪಿಕ ಎದುರ್ಸೂನು ಗ್ಗೆಲ್ಯಾ ಹಾತಾಂತುಲಿ ಕಠಾರಿ ಸಕಲ ಪಾಡಯ್ಲಿ.

ತಕ್ಷಣ ಶಿಲ್ಪಿ ಮ್ಹಣಾಲೊ: 'ಪ್ರಭೋ, ಮಗ್ಗೆಲ್ಯಾ ಧೂರ್ತತ್ವಾಕ ಕ್ಷಮಾ ಕರಾ. ಹಾಂವೆಂ ಯ್ಯಾರ ಕೆಲ್ಲೆಲೆಂ ಖಡ್ಗ. ಕೇವಲ ಪ್ರದರ್ಶನಾಚೆಂ ಬೊಮ್ಮೆ ನ್ಹಂಯಿ ಮ್ಹಳ್ಳೆಲೆಂ ಸಾಬೀತ ಂಕ ಆಶೆಂ ಕೆಲ್ಲೆಂ.

ರಾಯಾಕ ಖುಶೀ ಜಾಲ್ಲಿ, ತಾಣೆ ಶಿಲ್ಪೀಕ ಹಜಾರ ವರ ಬಹುಮಾನ ದಿವಯ್ಲೆ.

ಬುಧ್ವಂತಿಕಾ

ಏಕ ಹೋಡ ಶಹರಾಂತು° ಏಕ ವ್ಯಾಪಾರ್ಯಾಲೆ ಘರ್ಕಡೆ ಚೋರಿ ಜಾಲ್ಲಿ. ಸುಮಾರ ವೀಸ ಹಜಾರ ರುಪ್ಪಯೇ ಸೊತ್ತು ಚೋರನು ಗೆಲ್ಲೊ. ಪರಮ ಲೋಭಿ ಜಾವ್ನಾ ಸ್ಸೂಚೆ ತಾಕ್ಕಾ ಇತ್ತುಲೆ° ಹೋಡ ನಷ್ಟ ಮ್ಹಣತಾನಾ ಏಕ ಪಟಿ ಜೀವು ಉಡ್ಡೂನು ಗೆಲ್ಲ್ಯಾವರಿ ಜಾಲ್ಲೊ. ತಾಣೆ ರಾಯಾ ಲಾಗ್ಗಿ ಫಿರ್ಯಾದಿ ಕೆಲ್ಲಿ. ರಾಯಾನ ಚೋರಾಂಕ ಧರಚೆ° ಪ್ರಯತ್ನ ಕೆಲ್ಲೆ°. ದಿವಸ ಗೆಲ್ಲೆ ತಶೆ° ವ್ಯಾಪಾರ್ಯಾಕ ಮನೋವ್ಯಾಧಿ ಲಾಗ್ಲಿ.

ತೊ ಪ್ರತಿನಿತ್ಯ ಶಹರಾಂತುಲೆ ಪ್ರತೀ ದೆವಳಾಕ ಒಚ್ಚೂನು, "ದೇವಾ, ಶ್ರಾವಣ ಪುನ್ನಂವ ಭಿತರಿ ಗೆಲ್ಲಲೊ ಮೆಗ್ಗೆಲೊ ಸೊತ್ತು ಮೆಳ್ಳ್ಯಾರಿ ತ್ಯಾ ದಿವಸೂಚಿ ತುಕ್ಕಾ ಧಾ ಹಜಾರ ರುಪ್ಪಯಿ ಕಾಣಿಕ ದಿತ್ತಾ°" ಅಶೆ° ಗಟ್ಟಿ ಸಾಂಗತಲೊ. ಧಾ ದೆವಳಾಂತಂಯಿ ತಾಣೆ ತಶೆ° ಮ್ಹಣಚೆ° ಆಯ್ಕೂನು ಗಾಂವಚೆ ಜನ°, ಹಾಕ್ಕಾ ಇತ್ತೆ° ಪಿಶ್ಶೆವೆ°? ಗೆಲ್ಲೆಲಿ ಒಟ್ಟು ವೀಸ ಹಜಾರ' ಮ್ಹಣತಾಲಿಂತಿ.

ರಾಜಭಟಾಂಲ್ಯಾ ಬುಧ್ವಂತಿಕೇನ ಕಿ ತ್ಯಾ ವ್ಯಾಪಾರ್ಯಾಲೆ ಅದೃಷ್ಟಾನ ಚೋರ ಮೆಳ್ಳೆ. ಚೋರಿ ಜಾಲ್ಲಲೊ ಸೊತ್ತೂಯಿ ಮೆಳ್ಳೊ.

ಶ್ರಾವಣ ಪುನ್ನಂವ ಆಯ್ಲಿ. ವ್ಯಾಪಾರ್ಯಾನ ಖಂಚೆ ದೆವಳಾಕಯಿ ಸಾಂಗಿಲಿ ಅಂಗ್ವಣ ಪಾವ್ವಯಿಲಿ ನಾ. ದೆವಳಾಂಚೆ ಪೂಜಾರಿಂನಿ ತಾಕ್ಕಾ ಮೇಳ್ನು ನಿಮ್ಗಿಲೆಲ್ಯಾಕ, 'ಸಾಂಗಿಲಿ ಅಂಗ್ವಣ ಅತ್ತಾ° ಹಾಂವ ಪಾವೊಚ್ಯಾಕ ತಯ್ಯಾರ ಆಸ್ಲ°. ಖಂಚೆ ದೆವಳಾಚೆ ದೇವಾಲ ದಯೇನ ಚೋರಿ ಜಾಲ್ಲಲೊ ಮ್ಹಾಲು ಮೆಳ್ಳೊ ಮ್ಹಳ್ಳೆಲೆ° ಗೊತ್ತು ಜಾಯ್ನಾಮು" ಮ್ಹಣಾಲೊ.

ಶಾಂತಿ ಪ್ರಿಯ ಏಕನಾಥು

ಪ್ರಸಿದ್ಧ ಸಂತಾಂಲ್ಯಾ ಯಾದಿಂತು° ಏಕನಾಥಾಲೆ° ನಾಂವಯಿ ಆಮ್ಕಾ° ಮೆಳತಾ. ಶಾಂತಿ ಪ್ರಿಯತೇಕ ನಾಂವ ಪಾವ್ವಿಲೊ ಏಕು ಸಂತ ಮಹಾಶಯು ಹೊ. ಕೋಪುಮ್ಹಳ್ಳಲೊ ಹೊ ಜಾಣ ನ್ಹಂಯ. ಹಾಕ್ಕಾ ಖಂಚ್ಯೇಯಿ ರೀತಿನ ಕೋಪು ಹಾಡೋಕಾ ಮ್ಹಣು ಏಕನಾಥಾಲೆ ಗಾಂವಚೆ ಏಕ ದುರ್ಜನಾಕ ಹಟ ಪಳ್ಳೆ°. ಕೋಪು ಹಾಡೊಚೊ ಉಪಾಯೂಯಿ ತಾಕ್ಕಾ ತಕ್ಷಣ ಸೂಜೆಲೊ.

ಏಕನಾಥಾನ ನಿತ್ಯ ಸ್ನಾನಾಕ ಗಂಗಾ ನದೀ ತಟಾಕ ಒಚ್ಚೆಂ ವಸಯ್ರಿ ಸಾಂಗಿಲೊ ದುಷ್ಟು
ಾಣ. ಏಕ ದಿವಸು ಏಕನಾಥಾನ ಸ್ನಾನಾರ್ಥಿ ಜಾವ್ನು ಒಚ್ಚೆ ವಾಟ್ಟೇರಿ ಹೊ ದುಷ್ಟು ರಾಕೂನು
ಸ್ಲೊ. ಸ್ನಾನ ಸಂಧ್ಯಾ ವಂದನ ಪೂರ್ಣ ಕರನು ಶುಚೀರ್ಭೂತ ಜಾವ್ನು ಏಕನಾಥಾನ ನದೀ
ೀರಾರಿ ತಾಕುನು ಪರತ ಯೆತ್ತಾನಾ ಮಧ್ಯೆಂ ಮಾರ್ಗಾರಿ ಹಾಣೆ ತಾಕ್ಕಾ ಆಡ ಯೇವ್ನು ತೊಂಡ
ಸರಿ ಜಮಾ ಕರನು ದವರ್ಲೆಲಿ ತಾಂಬ್ಡಿ ಪೀಕ ಏಕನಾಥಾಲೆ ಆಂಗಾರಿ ತೊ ದುಷ್ಟು 'ಥೂ'
ರ್ಚಾಕ ಲಾಗ್ಲೊ. ಏಕನಾಥಾಕ ಕೋಪು ಯೇನಿ. ತೊ ಪರತ ನಂಯ್ಚೆ ತೀರಾಕ ಒಚ್ಚೂನು
್ನಾನ ಕರನು ಆಯ್ಲೊ. ದುಷ್ಟಾನ ದುಸರೇಕ ಪಟಿ ಪೈಲೆ ವರೀಚಿ ಏಕನಾಥಾಲೆ ಆಂಗಾರಿ
ುಕ್ಕೇಚೊ ಪಾವ್ನು ವಿರಕಾಯ್ಲೊ. ದುಸರೆಯಿ ಪಟಿ ಏಕನಾಥಾಲಿ ಶಾಂತಿ ಭಂಗ ಜಾಲ್ಲಿ ನಾ.
ೊ ಥಂಡು ಉರಿಲೊ. ದುಸರಿ ಸ್ನಾನಾರ್ಥಿ ಜಾವ್ನು ಗಂಗಾತೀರಾಕ ಗೆಲ್ಲೊ.

ಏಕನಾಥಾನ ಸ್ನಾನ ಕರನು ಯೆವ್ಚೆಂ, ದುಷ್ಟಾನ ತಾಗ್ಗೆಲೆ ಆಂಗಾರಿ 'ಥೂ' ಕರ್ಚೆಂ ಹೀ
ರಿಯಾ ತ್ಯಾ ದಿವಸು ಸಕಾಳಿಂ ಧರ್ನು ಸಾಂಜ ಪರ್ಯಂತ ಏಕ್ಕೆ ಆಟ ಪಟಿ (108) ಚೆಲ್ಲೆ
ಉಪರಾಂತೆ ದುಷ್ಟು ಥಕವಲೊ. ಏಕ್ಕೆ ನವ್ವಾ ಪಟಿ ಏಕನಾಥಾನ ಪರತ ಯೆತ್ತನಾ ತೊ
ುಷ್ಟ ಮನುಷ್ಯ ನಿತಂಬ ಸಂತಾಕ ಆಡ ಪಣ್ಣು, "ತುಮ್ಕಾಂ ಕೋಪು ಹಾಡೋಕಾ ಮ್ಹಳೈಲೆಂ
ಮೆಗ್ಗೆಲೆಂ ಯತ್ನ ವ್ಯರ್ಥ ಜಾಲ್ಲೆಂ. ಹಾಂವ ಹಾರ ಜಾಲ್ಲೊಂ. ಮೆಗ್ಗೆಲೊ ಅಪರಾಧು ಕ್ಷಮಾ
ೆರಕಾ" ಮ್ಹಣು ಮಾಗ್ಗುಂಕ ಲಾಗ್ಲೊ.

ಏಕನಾಥು ತಾಕ್ಕಾ ವಸಯ್ರಿ ಉಬಾರ್ನು ಹಾಸ್ತ್ಯಚಿ ಸಾಂಗ್ತಾ: 'ಹಾಂವೆ ಕೊಪ್ಪುಕಾ
ಿತ್ತ್ಯಾಕ? ತುಗ್ಗೆಲೆ ನಿಮಿತ್ತ ಮಾಕ್ಕಾ ಏಕ್ಕೆ ಆಟಪಟಿ ಗಂಗೆಂತುಂ ಸ್ನಾನಾ ಕೆಲ್ಲೆಲೆಂ ಪುಣ್ಯ
ಆಜಿ ಪ್ರಾಪ್ತ ಜಾಲ್ಲೆಂ'.

ದುಷ್ಟ ಮನುಷ್ಯ ಮಾನ ಬಾಗ್ಸೂನು ತ್ಥಂಯ ಥಾವ್ನ್ ದೂರ ಗೆಲ್ಲೊ.

ಮ್ಹಾಲ್ಗಡಿ ನಾಕ್ಕಾ ಧಾಕ್ಲಿ ಜಾಯ್ತ

ಸುಂದರ ನಾಯ್ಕು ಆಮ್ಗೆಲ್ಯಾ ಸಮಾಜಾಚೆ ಏಕ ಕುಲೀನ ಘರಾಣ್ಯಾಚೊ ಗೃಹಸ್ಥು.
ಿಶೇಷ ಶ್ರೀಮಂತು ನ್ಹಂಯ ಜಾಲ್ಯಾರಿಯಿ ತಾಗ್ಗೆಲೊ ಮ್ಹಳ್ಳಲೋಚಿ ಏಕು ಜವಳೇ ವ್ಯಾರು,
ುರದಾರ ಕರನು ಆಸ್ಸ ಬಾವಡೊ. ಕಮಲ ಮಾಂಯಿ ತಾಕ್ಕಾ ಅನುಕೂಲ ಬಾಯ್ಲ. ವಿಮಲಾ
ಆನಿ ನಿರ್ಮಲಾ ಅಶೆಂ ದೊಗ ಜನಂ ಚೆಲಿಯೇ ಚೆರ್ಡುಂವ; ಏಕು ಚೆಲ್ಲೊ- ವಾಮನು.

ಚೆಲ್ಲೊ ದಾಖಲೊ. ಆಜಕಾಲಚ್ಯಾ ನಿಯಮಿತ ಕುಟುಂಬಾಕ ಸಾಂಗಿಲ್ಯಾ ಹ್ಯಾ ಸಂಸಾರಾಂತುಂ ವಿಮಲಾಕ ಆನಿ ನಿರ್ಮಲಾಕ ದೋನಿ ವರಸಾಂಕ ಮಾತ್ರ ಫರಕ.

ವ್ಹಾಡ್ಡಿಕೇಕ ವಾಡ್ತನಾ ದೊಗ್ಗಂಯಿ ಒಟ್ಟೋಚಿ ವಾಡ್ಲ್ಯೋ. ವಿಮಲಾಲೆಂ ಶಿಕ್ಷಣ ಎಸ್.ಎಸ್.ಎಲ್.ಸಿ. ಪಾಸ್ ಜಾತ್ತನಾಃಚಿ ರಾಬಯ್ಲಾಂ. ನಿರ್ಮಲಾ ಶಿಕ್ಪಾಂತುಂ ಹುಶ್ಯಾರ್ ಆಶಿಲ್ಯಾನ ತಿಕ್ಕಾ ಕೊಲೇಜಾಕ ದಾಖಲ ಕರನು ತೀ ಆತ್ತಾಂ. ಬಿ.ಎಸ್.ಸಿ. ಶಿಕತಾ. ಲಗ್ನಾಕ ವಾಡ್ಡಲೆ ಚೆಲಿಯಾಂಲೆ ವಿವಾಹಾಚೊ ಸಮಸ್ಸೊ ಅನುಕೂಲಸ್ಥ ಸುಂದರ ನಾಯ್ಕಾ ಕಯಿ ಹೋಡೂಚಿ ಜಾಲ್ಲಾ. ಮ್ಹಾಲ್ಗಡೇಕ ಸುಮಾರ ಏಕ ವರಸ ಧರ್ನು ಸೊಯ್ರಿಕ ಸೊದ್ದೂನು ಸೊದ್ದೂನು ತೊವಯಿ ಕಂಗಾಲ ಜಾಲ್ಲಾ. ಘುರ್ಲ್ಯಾಗೀಚಿ ಹೋಡು ಜಾಲ್ಲಲೊ ಸ್ವಂತ ಭೈಣಿಲೊ ಪೂತು ವೆಂಕಟ್ರಾಯು ಲಾಗ್ಗೀಚಿ ಆಸ್ಸ, ಅನುಕೂಲಯಿ ಆಸ್ಸ, ನುಪ್ರೊ ಜಾಲ್ಲೆಲ್ಯಾಕ ಮ್ಹಾಲ್ಗಡಿ ವಿಮಲಾಕಯಿ ತಾಜ್ಜೇರಿ ಮನ ಆಸ್ಸ. ಜಾಲ್ಯಾರಿಯಿ 'ಹಿತ್ಲಾಂತುಲೆಂ ಝಾಡ ವಕ್ಹಾಕ ನ್ಹಂಯ' ಮ್ಹಳ್ಯಾಗ್ಯಾದಿ ವರಿ ಕಮಲ ಮಾಂಯ್ಯೇಕ ತೊ ನಾಖುಶಿ. ಅಶೆಂ ಜಾವ್ನು ನಾಯ್ಕು ಮಾಮ್ಮಾಕಯಿ ತೊ ನಾಕ್ಕಾ ಜಾಲ್ಲಲೊ ಜಾವ್ನಾಸ್ಸ, (ವ್ಹಾಡ್ಡಿಕೇ ಸಮಸ್ಯಾಕ ಶೀಘ್ರ ಆನಿ ಸುಲಭ ಪರಿಹಾರಂ ಲಾಗ್ಗೀಚಿ ಆಸ್ತನಾಯಿ ಘೊಡೆ ಕಡೆ ಚೆಲಿಯೋ ಪ್ರಾಯ ಜಾವ್ನೂಯಿ ಭಿತರಿ ಉರಚ್ಯಾಕ ಹೆಂವಂಯಿ ಏಕ ಕಾರಣ).

ಸೊಯ್ರಿಕೋ ಕರನು ಘಾಲಚೊ ಏಕ ಧಂಧೋಚಿ ಕರನು ಘೆತ್ತಿಲೊ ಆಪ್ಪಾಭಟ್ಟು, ಶ್ರೀಮಂತು ಮ್ಹಣಂ ಗಾಂವಾಂತುಂ ಪುಕಾರ ಆಶ್ಶಿಲೆ ಸಾಂತಪ್ಪ ಕಾಮ್ತಿಲೊ ಚೆಲ್ಲೊ ನಾಣ್ಣೂಲಿ ಸೊಯ್ರಿಕ ಸುಂದರ ನಾಯ್ಕ್ಯಾಕ ದಾಕ್ಕೋನು ದಿತ್ತಾ. ವಧು ಪರೀಕ್ಷೇಕ ಚೆಲ್ಲೊ, ಚೆಲ್ಲ್ಯಾಲೊ ಬಾಪ್ಪೂಸು ಆಪ್ಪಾ ಭಟ್ಟಾಕ ಘೇವ್ನು ನಾಯ್ಕ್ಯಾತಂಯಿ ಯೆತ್ತಾತಿ. ಚೆಲ್ಲಿ ಪಸಂದ ಜಾಲ್ಲಿ ಮ್ಹಣು ಜಾತ್ತಚಿ, ದೇಣ್ಯಾಚೆಂ ಚರ್ಚೆಂ ಜಾತ್ತಾ. ಖಾಂಡಿ ವಃಯ್ರಿ ಮೂಳ [`ಪಂಚ್ವೀಸ' ಸಂಖ್ಯಾಕ ಆಮ್ಗೆಲೊ ಏಕ ಕೋಡ್ (Code) ಶಬ್ದು ಹೊ] ಮೇಳ್ಕಾ ಮ್ಹಣತಾ ಸಾಂತಪ್ಪ ಕಾಮತಿ. ನುಪ್ರೊ ಜಾಲ್ಯಾರಿ ದೊನ್ನೀಯಿ ಕಾನ್ನಾ ಘಾಳ್ಯೋಯಿ ಪರಶಿತಾ - ಹಾಕ್ಕಾ ಇತ್ತೆಂ ಆಯಾಚಿತ್ ಕಾನ್ನಾ ದೂಕಿ ಬಿನಿ ಶುರು ಜಾಲ್ಲಿವೆ ? ಕೆಪ್ಪ್ಯಾಲೆಂ ತೆಽಲ ಸೊದೂಕಾ ಜಾಯ್ತಕಿ ಮ್ಹಣ್ತಾನಾ ತಾಜ್ಜೊ ಅರ್ಥು ವೆಗಳೋಚಿ ಮ್ಹಣು ಮಾಗ್ಗಿರಿ ಕಳತಾ. ಪಂಚ್ವೀಸ ಹಜಾರ ರುಪ್ಪಯಿ ನಗದಿ ದೇಣೆ, ಚೆಲಿಯೇಲೆ ಕಾನ್ನಾಕ ವಜ್ರಾ ಕುಟೀಕ ಘಾಲ್ಕಾ ಮ್ಹಳ್ಳೊ ಕಾಮ್ತಿಲೊ 'ಕೋಡ್' ಶಬ್ದಾಚೊ ಆನಿ ನಟನೇಚೊ ಅರ್ಥು. ಕಾಹೀಂ ನಾತ್ತಿಲೊ ಸಾಮಾನ್ಯ ಜಾಲ್ಯಾರಿ ಹೆಂ ಆಯ್ಕುನೂಚಿ ದೊಳ್ಯಾಂ ಕಾಳೋಕು ಯೇವ್ನು ಧಡ್ಡನೆ ಪಡ್ಚೆ ವ್ಯಾರು. ಜಾಲ್ಯಾರಿ ನಾಯ್ಕು ಬಿನಿ ತಶೆಂ ಪಣ್ಣೆ. ಗುಲ್ಲುಲೊ ಹಾಡೋನು ಘುಟಘುಟಿ ದೋನಿ ಗೋಟ ಉದಾಕ ಪಿತ್ತಾ. ಶರ್ತಂ ಕಬೂಲ ಕರುಂಕ ಗೆಲ್ಯಾರಿ ರಾಬಚ್ಯಾಕ ಆಶ್ಶಿಲೆಂ ಘುರ ವಿಕ್ಕೂನು ಜವಳೇ

ಕಾನಾಂತೂಚಿ ಬಿಡಾರ ಕರಚೆ ವ್ಯಾರ. ಜಾಲ್ಲ್ಯಾರಿಯಿ ಮ್ಹ್ಯಾಲ್ಗಡಿ ಚೆಲಿಯೆಲೆಂ ಕಾರಣ
ಂಯವೆಂ ? ದುಡ್ವಾ ತೊಂಡ ಪೊಳೋನು ಬೊಸ್ಸಾಕ ಜಾಯ್ನಾ ಮ್ಹ್ಣು ಕೊಣಾಲಾಗ್ಗಿಯಿ
ತಿಣೆ ಘೇವ್ನು ಪುಣೆ ಸಾಂತಪ್ಪ ಕಾಮ್ತಿಲೆ ನಾಣ್ಣೂಕಚಿ ವಿಮಲಾಕ ಲಗ್ನ ಕರನು ದಿವ್ಚೆಂ
ಯ್ತಾ. ಲಗ್ನಾಚಿ ತಯ್ಯಾರಿ ಭರಭರಾಟೇನ ಚಲತಾ.

ಕೊಲೇಜಾ ಮೆಟ್ಟ ಚಳ್ಳೆಲೆ ನಿರ್ಮಲಾನ, ತಿಕ್ಕಾ ಅನುಕೂಲ ಜಾಲ್ಲೆಲೆ ವಾತಾವರಣಾಕ
ಯು ಜಾವ್ನು, ತಿಗ್ಗೆಲಿ ಸೊಯ್ರಿಕ ತಿಣೇಚಿ ಕರನು ಘೆವ್ಚೆಂ ಠರೌನು ಡಾಕ್ಟರ್ ನಾರಾಯಣ
ಂಲೊ ಚೆಲ್ಲೊ ರವೀಂದ್ರಾಲಿ ದೋಸ್ತಿ ಕರನು ಜಾಲ್ಲ್ಯಾ. ರವೀಂದ್ರು ಚೆಲ್ಲೊ ಜಾವ್ನೆತ.
ಯ್ ಸೊಯ್ರಿಕೇಕ ನಿರ್ಮಲಾಲೊ ಹಕ್ಕಾಚೊ ಬಾಮ್ಮ್ಣು (ಸುಂದರ ನಾಯ್ಕಾಲೊ ಭಾಚ್ಚೊ)
ಂಕಟ್ರಾಯೂಯಿ ಅನುಕೂಲ ಆಸ್ಸ. ತಾಣೆ ಪ್ರೀತಿ ಕರಚೆ ವಿಮಲಾನ ಮಾತ್ರ ಸಾಂತಪ್ಪ
ಮ್ತಿಲೆ ನಾಣ್ಣೂಲೆ ಗಳ್ಯಾಕ ಮಾಳಾ ಘಾಲ್ಚೆಂ ತಾಕ್ಕಾ ಕಬೂಲ ನಾ ರವೀಂದ್ರಾಲಿ ಅನಿ
ರ್ಮಲಾಲಿ ಪ್ರೀತಿ (ನಿಷ್ಕಳಂಕ ಆನಿ ನಿಷ್ಕಲ್ಮಷ ವ್ಹೋಯಿ) ಕ್ಹಂಯ ತಾಂಯ ಮುಕಾರಿ
ಲ್ಲ್ಯಾ ಮ್ಹಳ್ಯಾರಿ ಬಾಪ್ಪೂನ ಪಯ್ಯನೂರಾಕ ಗೆಲ್ಲಲೊ ಏಕು ದಿವಸಂ ಪೊಳೋನು
ವೀಂದ್ರಾನ ನಿರ್ಮಲಾಕ ತಾಂಗೆಲೆ ಘರ್ಲ್ಯಾಗಿ ಆಪ್ಪೋನು ಹೋರನು ಘಂಟೆ ಕಟ್ಟ್ಯಾನಿ
ಗ್ಗೆಲಾಗ್ಗಿ ಕೂಡಾಂತುಂ ಉಲ್ಲೋನು ಬಶ್ಶಿಲೊ ಸನ್ನಿವೇಶೂಯಿ ಆಸ್ಸ. ದೊಳೆ ಧಾಂಪೂನಂ
ೂದ ಪಿಲ್ಲೆಲೆ ಮಾಜ್ರಾನ ಕೊಣಹಿ ಪಳಯ್ನಿ ಮ್ಹ್ಣು ಲೆಕ್ಕಿಲೆಂ ಕಂಯ. ಜಾಲ್ಲ್ಯಾರಿ ಖಬ್ಬರ
ಕ್ಕಾಬ್ರ ತ್ಹಂಚೊ ರಾನಪ್ಪೊ ಪಂಡರೀಕ ಕಳ್ಳಿ. 'ಕೂಡಾಂತುಂ ಗುಣುಗುಣಂ ಶಬ್ದು ಕಸ್ಸಲೊ
?' ಮ್ಹ್ಣು ಪಂಡರೀನ ನಿಮ್ಗಿಲೆಲ್ಯಾಕ ತೆಂವೆಂ? ತೆಂ ಹಾಂವ ಟ್ರಾನ್ಸಿಸ್ಟರ್ ದವ್ರೊನ್ರ್ಮು
ೂಕ ವಾಚಿತಲೊಂ ಧಾರವಾಡ ಸ್ಟೇಶನ್ 'ಪಂಚ್ಯಾಕದಾಯಿ' ಕಾರ್ಯಕ್ರಮ ತಾಚೇರಿ ಪ್ರಸಾರ
ಲ್ಲಲೊ ತೂಂ ಭಾಯ್ರುತಾನು ಆಯ್ಕಲಲೊ ಮ್ಹ್ಣ ದಿಸತಾ' ಮ್ಹ್ಣು ರವೀಂದ್ರಾನ ಕಾರಣ
ಂಗುಂಕ ಪ್ರಯತ್ನ ಕೆಲ್ಲ್ಯಾರಿಯಿ, ಘರಾ ಒಚ್ಚ್ಯಾಕ ವೇಳು ಜಾಲ್ಲೊ ಮ್ಹ್ಣು ಭಾಯ್ರು
ಯ್ಯಿಲೆ ನಿರ್ಮಲಾಕ ಪೊಳೋನು, ಹೇಂಚಿವೆ ಧಾರವಾಡ ಸ್ಟೇಶನ್, ರವೀ?' ಮ್ಹ್ಣು
ಂಡರಿನ ತೊಂಡ ಭಕರಿ ದಾಂತ ಸೊಡತಾನಾ ರವೀಂದ್ರು ಶಿಕ್ಕಿಲೊ ಜಾಲ್ಲ್ಯಾರಿಯಿ ಶೇಳು
ಲ್ಲೊ.

ಪ್ರೀತೀನ ಹಾತು ಧರಲೆಲೆ ರವೀಕ ನಿರ್ಮಲಾ, ವೆಂಕಟ್ರಾಯಾಕ ತಾಗ್ಗೆಲಿ ಹಕ್ಕಾಚಿ
ಮಲಾ ಹಾನ್ನಿ ಮೇಳ್ನು ನಾಯ್ಕ ಮಾಮ್ಮಾಲೆ ಮಾತ್ತ್ಯಾವೆಲೆಂ ವಜೆಂ ಹಗೂರ ಕಶ್ಶಿಂ ಜಾವ್ಕಾ?
ವಾನುಕೂಲ ಆಸಲ್ಯಾರಿ ಕಸ್ಸಲೆಂಯಿ ಸಾಧ್ಯ ವ್ಹ್ಹಳೆಲ್ಯಾಕ ಹ್ಯಾ ಕಾಣಿಯೆಚೆಂ
ರ್ಯಾವಸಾನಕಚಿ ಸಾಕ್ಷಿ. ಸಾಂತಪ್ಪ ಕಾಮ್ತಿಲೊ ಚೆಲ್ಲೊ ನಾಣ್ಣೂನ ಸುಂದರ ನಾಯ್ಕಾಲೆ

ಧಾಕ್ಲೆ ಚೆಲಿಯೇಕ ಪಳಯಲೀಚಿ ತಾಕ್ಕಾ ಮ್ಹಾಲ್ಗಡಿ ವಿಮಲಾ ನಾಕ್ಕಾ ಜಾಲ್ಲಿ. ಲಗ್ನಾಚೊ ದಿವಸು ನಿಶ್ಚಯ ಜಾವ್ನು ಲಗ್ನ ಪತ್ರಿಕಾ ವಾಂಟೂನು ಜಾಲ್ಲ್ಯಾ ಜಾಲ್ಲ್ಯಾರಿಯಿ 'ಮ್ಹಾಲ್ಗಡಿ ನಾಕ್ಕಾ ಧಾಕ್ಲೀಚಿ ಜಾವ್ಕಾ' ಮ್ಹಣು ತೊ ಹಟಾಕ ಬಸ್ಲೊ. ಹೆಂ ಆಯ್ಕೂನಂ ನಾಯ್ಕಾಕ ಆಕಾಶು ತುಂಟೂನು ಮಾತ್ಯಾರಿ ಬಸ್ಲ್ಯಾ ವರಿ ಜಾಲ್ಲೆಂ. ಧಾಕ್ಲೇಕ ದಿವಚಿ ಜಾಲ್ಲ್ಯಾರಿಯಿ ದೇಣೇಯಿ ನಾಕ್ಕಾ ಮ್ಹಣಂ, ದಿಲ್ಲೇಲಿ ದೇಣ್ಯಾ ರುಪ್ಪಯಿಯಿ ಪರತ ಆಯ್ಲಿ. ದೀವ್ಯಾಂ ಮ್ಹಣು ನಿರ್ಧಾರಾಕ ಯೆತ್ತನಾ ಡಾಕ್ಟ್ರಾ ಪೂತು ರವೀಂದ್ರಾನ ನಿರ್ಮಲಾಕ ಬರಯಿಲೆಂ ಪ್ರೇಮ ಪತ್ರ ಸುಂದರ ನಾಯ್ಕಾಲ್ಯಾ ಹಾತಾಕ ಪಾವ್ಕಾವೆ ? ಡಾಕ್ಟ್ರಾಲಿ ಸೊಯ್ರಿಕ ಕರಯಾಂ ಮ್ಹಣು ಗೆಲ್ಲ್ಯಾರಿ ಪೂರ್ವ ದ್ವೇಷು ಕಸ್ಸಲೊ ಕಿ ಆಡಯೆತ್ತಾ (ಥೊಡೆ ಕಡೇನ ಅರ್ಥು ನಾತ್ತಿಲೆ ಅಸ್ಸಲೆ ದ್ವೇಷಾನಯಿ ಚೆಲಿಯಾಂಲ್ಯೋ ವ್ಹಾಡಿ್ಕೋ ರಾಬ್ಬಿಲ್ಯೋ ಆಸ್ಸತಿ). ಮ್ಹಾಲ್ಗಡೇಕ ಭಾಚ್ಚಾಕಽದೀವ್ಯಾಂ ಮ್ಹಳ್ಯಾರಿ ವಿನಾ ಕಾರಣ ತಾಗ್ಗೆಲೆ ವಽಯ್ರಿ ಹಾತ ಕರನು ತೊ ಘರ ಸೋಣ್ನು ಗೆಲ್ಲಾ. ತಶೆಂ ಜಾಲ್ಲ್ಯಾರಿ ಹಾಜ್ಜೆಂ ಸುಖಾಂತ್ಯ ಕಶ್ಶಿಂ ಜಾಲ್ಲೆಂ ?

ಏಕು ರಾನಪೊ ಆನಿ ಬೊಂಬಯ್ಚೊ ಏಕು ಸಿ.ಐ.ಡಿ. ಹಾನ್ನಿ ಘುಡಿ ಭಿತ್ತರಿ ಸಮಸ್ಯಾ ಪರಿಹಾರ ಕೆಲ್ಲಿ. ಸೊಯ್ರಿಕೇ ನೆವನಾರಿ ಬನಾವಟ ನೋಟಂ ಚಲಾವಣ ಕರಚೆ ಕಾಮ್ತಿಲೆ ನಾಣ್ಣೂಲೆಂ ಪೂರ್ವ ವೃತ್ತಾಂತ ಬೊಂಬಯ್ಚೆ ಸಿ.ಐ.ಡಿ. ನ ಬಹಿರಂಗ ಕೆಲ್ಲೆಂ. ರವೀಂದ್ರಾಲೆಂ ಜನ್ಮ ವೃತ್ತಾಂತ, ರವೀಂದ್ರಾನ ಜಾವ್ಚೆ ಪಶಿ ಧಾ ವರಸ ಫುಡೆ ಧರ್ನು ಡಾಕ್ಟ್ರಾ ತ್ಸ್ಹಂಯ ರಾನ್ನಾಕ ಆಶ್ಶಿಲೆ ಪಂಡರಿ ಮಾಮ್ಮಾನ ಸಾಂಗೂನು ನಿರ್ಮಲಾಲೆ ಆನಿ ರವಿಲ್ಯಾ ವ್ಹಾಡಿ್ಕೇಕ ಆಶ್ಶಿಲಿ ಮ್ಹಾಲ್ಗಡ್ಯಾಂಲಿ ಪೂರ್ವ ದ್ವೇಷಾ ಅಡಚಣಾ ದೂರ ಕೆಲ್ಲಿ.

ಸುಂದರ ನಾಯ್ಕಾಕ ಚೆಲಿಯಾಂಲೆ ವ್ಹಾಡಿ್ಕೇ ಸಮಸ್ಸೊ ಪರಿಹಾರಂ ಜಾಲ್ಲೊ. ಚೆಲಿಯಾಂಕ ತಾನ್ನಿ ಮನಾಂತುಂ ಲೆಕ್ಕಿಲೆ ಚೆಲ್ಲೇಚಿ ಬಾಮ್ಮುಣ ಜಾವ್ನು ಮೆಳ್ಳೆ. ಸರ್ವ ಸುಖಾಂತ್ಯ ಜಾವ್ನು ಪರ್ಯವಸಾನ ಜಾಲ್ಲೆಂ. ಮ್ಹೈನ್ಯಾಚಿ ಕಾಣಿಯಿ ಹಾಂಗಾಕ ಅಂತ್ಯ ಜಾಲ್ಲಿ.

[ವಽಯ್ರಿ ದಿಲ್ಲೇಲಿ ಮ್ಹೈನ್ಯಾಚಿ ಕಾಣಿ ತೇಚಿ ನಾಂವಾಚೆ ಏಕ ಸುಂದರ ಸಾಮಾಜಿಕ ನಾಟಕಾಚಿ ಕಾಣಿಯಿ ಜಾವ್ನಾಸ್ಸ. ನಾಟಕಕರ್ತ; ತರುಣ ಕಲಾವಿದ ಶ್ರೀ ಕೆ. ಶ್ರೀಧರ ಭಟ್ ಮಂಗಳೂರಚೆ ಮಿತ್ರ ವೃಂದ ಕಲಾವಿದಾಂನಿ, ತೀನಿ ಕಡೇನ ಹೆಂ ನಾಟಕ ಏದ್ಹೊಳು ಪ್ರದರ್ಶನ ಕೆಲ್ಲೆಂ. ಹಾಸ್ಯ ಪ್ರಧಾನ ಜಾವ್ನಾಸ್ಸುಚೆಂ ಹೆಂ ನಾಟಕ ಆಮ್ಗೆಲ್ಯಾ ವ್ಹಾಡಿ್ಕೇಂಚ್ಯಾ ಸಮಸ್ಯಾ ವಽಯ್ರಿಯಿ ಯೋಗ್ಯ ಕ್ಷ ಕಿರಣ ಪಸರತಾ. ಮಂಗಳೂರ ಸುಜೀರ ಸಿ.ವಿ. ನಾಯಕ ಹೊಲಾಂತಂ ಪ್ರಥಮ ಕೊಂಕಣಿ ನಾಟಕಾಚೊ ಕಾರ್ಯಕ್ರಮು ಜಾವ್ನು ವಽಯ್ಲೆಂ ನಾಟಕ ಮಾರ್ಚ್ ತೇವೀಸ ತಾರೀಕ ದಿವಸು ಗೌಡ ಸಾರಸ್ವತ ಬ್ರಾಹ್ಮಣ ಸೇವಾ ಸಂಘು ಮಂಗಳೂರ ಹಾಜ್ಜೆ ಆಶ್ರಯಾರಿ ಪ್ರದರ್ಶಿತ ಜಾಲ್ಲೆಲೆಂ.]

ಮೌಲ್ವಿಲೆಂ ಮೌಲಿಕ ಉತ್ತರ್ಂ

ಏಕ ನವಾಬಾಕ ದೋಗ ಜನ್ಂ ಪೂತ. ತಾಂಗೆಲೊ ಗುರು ಜಾವ್ನಾಸ್ಸುಚೆ ಮೌಲ್ವೀಕ
ಾಗ್ಗಾಂಲಿಯಿ ಗುರುಭಕ್ತಿ ಪರೀಕ್ಷಾ ಕರಕಾಮ್ಹಣು ದಿಸಲೆಂ. ಆಪಣ್ಯಾಲೆ ಪಾಯ್ಯಾಚಿಂ ಚಪ್ಪಲ್ಂ
ಣೆಯೇ ಲಾಗ್ಗಿ ಸೋಣ್ಣು ಯೇವ್ನು, ತೀಂ ಹಾಡಚ್ಯಾಕ ಮೌಲ್ವೀನ ಶಿಷ್ಯಾಂಕ ಆದೇಶು
ಲ್ಲೊ.

ತಕ್ಷಣ ದೊಗ್ಗಂಯಿ ಚಪ್ಪಲ್ಂ ಆಸ್ಸುಚೆ ಜಾಗ್ಯಾಕ ಧಾವ್ನು ಗೆಲ್ಲೆ, ಹಾಂವ ತೂಂ
ಣು ಲಡಾಯಿ ಕರನು. ಆಖ್ಯೆರಿಕ ತಾಂಚೆ ತಾಂಚೆ ಭಿತರಿ ರಾಜಿ ಜಾವ್ನು ಏಕೆಕ್ಲೊ ಏಕ್ಯೇಕ
ಪ್ಪಲ ಹಾತಾಂತುಂ ಧರನು ಮೌಲ್ವಿ ಲಾಗ್ಗಿ ಆಯ್ಲೆ.

ಹೀ ಖಬರ ನವಾಬಾಕ ಕಳ್ಳಿ. ತಾಣೆ ಮೌಲ್ವೀಕ ಆಪಣ್ಯಾಲೆ ಕೂಡಾಕ ಆಪೋವ್ನು,
ಖಬರ ತೀ ಖಬರ ಉಲೋವ್ನು, 'ಹ್ಯಾ ಕಾಲಾರಿ ಪ್ರಪಂಚಾಂತುಂ ವಿಶೇಷ ಅದೃಷ್ಟವಂತು
ಣ ಮ್ಹಣು ಸಾಂಗತಾತಿವೆ"? ಅಶೆಂ ಏಕು ಪ್ರಶ್ನೊ ಕೆಲ್ಲೊ.

ರಾಜ್ಯ ಆಳ್ಳುಚೆ ತುಕ್ಕಾ ಮಿಕ್ವಲಲೊ ಅದೃಷ್ಟವಂತು ದುಸ್ರೊ ಕೊಣ ಆಸ್ಸ?'
ಣಾಲೊ ಮೌಲ್ವಿ.

ತಶೆಂ ನ್ಹಂಯಿ, ಕೋಣಾಲೆಂ ಚಪ್ಪಲ ವ್ಹಾಂವಚ್ಯಾಕ ನವಾಬಾಲೆ ಪೂತ ಝುಗಳ್ಳೆ ಕೀ
ನ್ಹಂಯಿವೆಂ ಅದೃಷ್ಟವಂತು ?' ರಾಯಾಲೆಂ ವ್ಯಂಗ್ಯ.

ತಸ್ಸಲೆ ಸುಪುತ್ರಾಂಲೊ ಬಾಪ್ಪುಸು ನ್ಹಂಯಿವಂ ಹೋಡ ಅದೃಷ್ಟಶಾಲಿ?' ಮೌಲ್ವಿಲಿ
ಟಿಕ್ಕನೆ ಜವಾಬ.

ನವಾಬಾಕ ಮೌಲ್ವಿಲೆಂ ಹೆಂ ಮೌಲ್ವಿಕ ಉತ್ತರ ಪಸಂದ ಜಾವ್ನು ತಾಣೆ ತಾಕ್ಕಾ ಖೊಬ್
ನಾಂ ದೀವ್ನು ಪೆಟಯ್ಲೊ.

ಮಹಾತ್ಮಾಂಲೆಂ ಹೊಡಪಣ

ದಯಾನಂದ ಸರಸ್ವತಿ ಏಕ ಪಟಿ ಫರೂಖಾಬಾದ್ ಗಂಗಾ ತೀರಾರಿ ವಾಸ್ತವ, ಕರನು
ಸಿಲೊ. ತಾಣೆ ರಾಬಿಲೆ ಕಡೇನ ಥಾವ್ನ್ ಥೊಡೇಚಿ ದೂರ ಏಕ ಸಾಧುಲೆಂ ಕುಟೀರ ಆಸಿಲೆಂ.
ಸಾಧುಕ ದಯಾನಂದಾಲಿಂ ಸಿದ್ಧಾಂತ ಆವಡ್ನಾಂತ್ ಆಸಿಲಿಂ. ದಯಾನಂದ ಸರಸ್ವತಿಕ
ಳಯ್ಲೊ ಮ್ಹಳ್ಯಾರಿ ತೊ ಸಾಧು ಖಂಡಾಪಟ್ಟೆ ಸೊವತಾಲೊ. ತಾಗ್ಗೆಲೆ ಸೊವೆ ಆಯ್ಕೂನು
ಯಾನಂದು ಹಾಸತಾಲೊ. ಹಾಚೇನ ಸಾಧುಲೊ ಕೋಪು ದುಬಾರಿ ಜಾತ್ತಲೊ.

ಶಿಷ್ಯಾಂಕ ಹೆಂ ಪೊಳೋನು ಪುರೊ ಜಾಲ್ಲೆಂ. ಏಕ ಪಟಿ ತಾನ್ನಿ ಸರ್ವ ಗುರು ಕಡೆ ಯೇವ್ನು, ತುಮಿ ಸೈ ಮ್ಹಳ್ಯಾರಿ ಪುರೊ, ಆಮಿ ತ್ಯಾ ಸಾಧುಕ ಸಮ ಕರತಾಂತಿ' ಆಶೆಂ ಮ್ಹಣಾಲೆ. 'ತುಮಿ ಕಷ್ಟ ಪಾವಚೆಂ ಇತ್ತ್ಯಾಕ ? ತೊ ಜಾವ್ನು ಸಮ ಜಾತ್ತಾ' ಅಶೆಂ ದಯಾನಂದು ತಾಂಕಾಂ ಸಮಧಾನ ಸಾಂಗತಾಲೊ. ತಶ್ಯಾಣ ಸಾಧುಲೆ ಸೊವೆ ಚಡತತಚಿ ವತ್ತಲೆ.

ಏಕ ದಿವಸು ದಯಾನಂದಾಕ ತಾಗ್ಗೆಲೆ ಏಕ ಭಕ್ತಾನ ಫಲವಸ್ತೂಚಿ ಬುಟ್ಟಿ ಪೆಟಯ್ಲಿ. ತ್ಯಾ ಬುಟ್ಟೇ ಥಾವ್ನ್ ಚಾಂಗ ಫಲಂ ವೆಂಚೂನು ಆನ್ಯೇಕ ಬುಟ್ಟೆಂತುಂ ಘಾಲ್ನು ದಯಾನಂದಾನ 'ಹೀ ಬುಟ್ಟಿ ತ್ಯಾ ಸಾಧುಕ ದೀವ್ನು ಯೊ' ಮ್ಹಣು ಆಜ್ಞಾ ಕೆಲ್ಲಿ. ಶಿಷ್ಯಾಕ ಆಶ್ಚರ್ಯ ದಿಸಲೆಂ. ಜಾಲ್ಯಾರಿ ಗುರೂಲ್ಯಾ 'ಆಜ್ಞೇಕ ಎದುರ ಉಲಯ್ನಾತಿಲೆಂ ತೊ ತೀ ಬುಟ್ಟಿ ಘೇವ್ನು ಸಾಧು ಲಾಗ್ಗಿ ಆಯ್ಲೊ. 'ಹಾಂವೆಂ ನಿತ್ಯ ತಾಕ್ಕಾ ಸೊವಚೆಂ ಆಯ್ಕೂನೂಯಿ' ತಾಣೆ ಮಾಕ್ಕಾ ಬುಟ್ಟಿ ಇತ್ತ್ಯಾಕ ಪೆಟಯ್ಲಿ' ಮ್ಹಣು ಸಾಂಗೂನು ಸಾಧೂನ ಬುಟ್ಟಿ ಪರತ ಪೆಟಯ್ಲಿ.

ಜಾಲ್ಯಾರಿ ದಯಾನಂದಾನ ದುಸರಿ ತೀ ಬುಟ್ಟಿ ಸಾಧುಕ ಪೆಟೊವ್ನು, 'ನಿತ್ಯತಚಿ ಸೊವ್ಯಾಂಚೊ ಪಾವ್ಸು ರಖೋಕಾ ಜಾಲ್ಯಾರಿ ಶಕ್ತಿ ಜಾವ್ಕಾ. ಹ್ಯಾ ಬುಟ್ಟೆಂತಲೆಂ ಫಲಂ ಖಾವ್ನು ತೀ ಶಕ್ತಿ ರಕ್ಷಣಕರನು ಘೆಯ್ಯಾ' ಅಶೆಂ ತಾಚೆ ಜವಳ ಸಂದೇಶೂಯಿ ಪೆಟಯ್ಲೊ.

ಶಿಷ್ಯಾಲೆ ಮುಖಾಂತ್ರ ಸಂದೇಶು ಆಯ್ಕೂನು ಸಾಧು ಲಜ್ಜೆಲೊ, ಆಪ್ಲ್ಯಾಲೆ ಆಶ್ರಮಾ ಥಾವ್ನ್ ಭ್ಹಾಯ್ರ ಯೇವ್ನು ದಯಾನಂದ ಸರಸ್ವತಿಲೆ ಪಾಯ್ಯಾರಿ ಪಳ್ಳೊ. ಹೀ ಪರಿವರ್ತನ ಪೊಳೋನು ದಯಾನಂದು ಪ್ರಸನ್ನ ಜಾಲ್ಲೊ.

ವಿರೋಧ್ಯಾಂಕ ಆತ್ಮೀಯ ಕರನು ಘೆವಚ್ಯಾಂತೂಚಿ ಮಹಾತ್ಮಾಂಲಿ ಶ್ರೇಷ್ಠತಾ ನಿಪೂನು ಆಸ್ಸ.

ಧರ್ಮಶೀಲು

ಏಕ ಪರೋಪಕಾರ ಬುದ್ಧಿಚ್ಯಾ ಧರ್ಮಶೀಲಾನ ಜನಾಂಕ ಜಾಲ್ಲೆ ತಿತ್ತುಲೆಂ ಬರೆಪಣ ಕರಚೆ ಉದ್ದೇಶಾನ ಯಾತ್ರಿಕಾಂಕ, ವಾಟ್ಸುರ್ಯಾಂಕ ಅನ್ನ, ವಸತಿ ಸೌಕರ್ಯ ದಿವ್ಚೆಂ ಏಕ ಧರ್ಮಛತ್ರ ಕರಯೆಯ್ಲೆಂ. ವಿಶಾಲ ಕೂಡಂ ಮೋವೂಚಿ ಹಾಂತ್ಲೆಂ ಚಂದ ಮಾಂಚೆ, ಬಣ್ಣಬಣ್ಣಾಚೆ ..... ಆಶೆಂ ಯಾತ್ರಿಕಾಂಕ ಉಪಯುಕ್ತ ಸರ್ವ ವಸ್ತ ತ್ಯಾ ಧರ್ಮ ಛತ್ರಾಂತುಂ ಆಶ್ಶಿಲೆ.

ಛತ್ರ ಜನಾನಿ ಕಶ್ಶಿಂ ವಾಪರ್ನು ಘೇವ್ಕಾ ಬದ್ದಲ್ ತ್ಯಾ ಧರ್ಮಶೀಲಾನ ನಿರ್ದಿಷ್ಟ ಸಲಹಾ ಸೂಚನಾಯಿ ದಿಲ್ಲೆಲಿ. ಭಿತರಿ ಯೆವ್ಚೆ ಜಾಗ್ಯಾರೀಚಿ ತೆಂ ಬೊರೋನು ಆಸಿಲೆಂ.

ಛತ್ರಾಂತುಂ ಕಿತ್ತುಲೇಯಿ ದಿವಸ ರಾಬ್ಬುನು ಜಾಯಿ ಜಾಲ್ಲೆಲ ಖಾವ್ನು, ಪೀವ್ನು ಆರಾಮು ಜಾವ್ನು ಅಸ್ಸುಯೇತ, ತ್ಥಂಯ ಅಸು ಚೊ ಪ್ರತೀ ಏಕ ವತ್ತು ಆಪಣ್ಯಾಲ್ಯಾ ಮನಾಕ ತೃಪ್ತಿ ಜಾವ್ನೊ ವರೇಕ ಅನುಭವ್ನ್ಯಾಯೇತ. ಅನಾವಶ್ಯಕ ವಾಯ್ಟ ಕರುಂಕ ನಜ್ಜ. ಹೆಂ ಛತ್ರ ವ್ಹೋಯಿ ಜಾಲ್ಲ್ಯಾರಿ ಜನಾಂನಿ ತಾಂಗೆಲೆ ಆವಶ್ಯಕತೇಕ ಮಿಕ್ಸ್ವಾನು ವಾಪರ್ನು ವಾಯ್ಟ ಕರುಂಕ ನಜ್ಜ. ಛತ್ರ ಫುಟಃಚಿ ಆನಿ ವ್ಯವಸ್ಥಿತ ಜಾವ್ನು ದವೊರ್ಕಾಅಶ್ಶಿ. ಹೋಡ ಫಲಕಾ ವಃಯ್ರಿ ಸೂಚನೋ ಬೊರೋನು ಆಸಿಲ್ಯೋ. ಹೀ ವ್ಯವಸ್ಥಾಕರನು ತೊ ಧರ್ಮಶೀಲು ಛತ್ರಾಚೆ ಜವಾಬ್ದಾರೇ ಥಾವ್ನ್ ನಿವೃತ್ತ ಜಾಲ್ಲೊ.

ಕಾಲಕ್ರಮೇಣ ಛತ್ರಾಂತುಂ ರಾಬ್ಬುಂಕ ಯೆವಚ್ಯಾ ಯಾತ್ರಿಕಾಂನಿ ಸೂಚನೋ ಅಲಕ್ಷ ಕೆಲ್ಲ್ಯೊ ಖಂಡಾಪಟಿ ಖಾವ್ನು, ಪೀವ್ನು, ಡೇಂಕ ಕಾಳ್ಳೆ. ಸಹಯಾತ್ರಿಕಾಂಲೆಂ ಹಿತ ಪಳಯ್ನಾತಿ ಅಗತ್ಯ ನ್ಥಂಯ ಜಾಲ್ಲ್ಯಾರಿಯಿ ಆಹಾರ ವಸ್ತು ಪಾಡ ಕೆಲ್ಲೆ. ನಿತ್ಯ ಝಗಡೆ, ಸೋವೆ, ಮಾರಾಮಾರಿ ಶುರು ಜಾಲ್ಲಿ. ಪ್ರತೀ ಎಕ್ಲ್ಯಾಲ್ಯಾಂತುಂ ದುರಾಶಾ ಆನಿ ಸ್ವಾರ್ಥ ಭೂತಾನ ಪ್ರವೇಶ ಕೆಲ್ಲೆ:

ಅಶೆಂ ತ್ಥಂಯ ಆಸಿಲೆಂ ಸರ್ವ ಪಾಡ ಕೆಲ್ಲೆ ಉಪರಾಂತೆಂ ತಾನ್ನಿ ಭೂಕೆನ, ವೇದನೇನ ರೋಡು ಲಾಗ್ಲೆ ಆಖ್ಯೆರಿಕ ಸರ್ವಾಂನಿ ಧರ್ಮ- ಶೀಲಾಕ ಸೊವ್ವಾಕ ಶುರು ಕೆಲ್ಲೊ. ಛತ್ರಾಂತುಂ ಪೊಟ ಭರಚೊ ತಿತ್ತುಲೊ ಆಹಾರು ಮೇಳ್ನಾ ರಾಬ್ಬುಂಕೆ ಜಾಯತೀ ವ್ಯವಸ್ಥಾ ನಾ, ನೀಚ ವ್ಯಕ್ತಿಂಕಯಿ ಹಾಂಗಾ ಪ್ರವೇಶು ಆಸ್ಸ ಅಶೆಂ ಧರ್ಮಶೀಲಾಕ ತೆಗಳ್ಸುಚ್ಯಾಕ ಶುರು ಕೆಲ್ಲೆಂ. ಕೊಣಾಕಯಿ ಸೋವ್ನು ಪ್ರಯೋಜನ ನಾ. ತೆಂ ಛತ್ರ ಉದ್ಭವ ಜಾಲ್ಲೆಂ; ದೆಕುನು ಹೊ ಜಾಗೋಚಿ ವಾಯ್ಟ ಅಶೆಂ ಜಾಗ್ಯಾಕ ಸೊವ್ವಾ ಲಾಗಲೆ. ಹ್ಯಾಚಿ ರೀತಿ ಆಜಿ ಜಗತ್ತ್ಯಾಚಿ ಪರಿಸ್ಥಿತಿ ಜಾಲ್ಲ್ಯಾ. ಕೊಣಹಿ ಸಾಂಗಚ್ಯಾ ವಿವೇಕಾಕ ಅಮಿ ಕಾನು ದೀನಾಂತಿ. ಆಮ್ಗೆಲೆಂ ಜೀವನ ಸಮ ಜಾವ್ನು ಆಸ್ಸುಚೆ ವಾಟ್ಟೇರಿ ಹೊರಚ್ಯಾಕ ಜಾಯಿ ಜಾವ್ಚಿ ಸಲಹಾ. ಸೂಚನಾ ಆಮಿ ತಿರಸ್ಕಾರು ಕರತಾಂತಿ. ಮನು ಕುಲಾಚ್ಯಾ ಮಹಾನ್ ಸಂತಾನಿ ಸಾರ್ವುನು ಸಾಂಗಿಲ್ಯೋ ದಿವ್ಯ ಬೋಧನೋ ಆಲಕ್ಷ್ಯ ಕರತಾಂತಿ. ಸಕಡಾಕಯಿ ದೇವು ಕೊಪ್ಪಿಲೋಚಿ ಕಾರಣ ಮ್ಹಣು ದುರ್ಶ್ವಿತಾಂತಿ.

ಆಮ್ಗೆಲೊ ಉದ್ಧಾರು ಆಮ್ಗೆಲೇಚಿ ಹಾತಾಂತುಂ ಆಸ್ಸ. ಆಮ್ಗೆಲೆ ಸಂರಕ್ಷಕಾಲೊ ಸಂಕಲ್ಪು ಪೂರ್ಣ ಕೆಲ್ಲ್ಯಾರಿ ಅಪೂರ್ವ ಮನಶ್ಯಾಂತಿ, ಕಲ್ಪನ ಕರೂಂಕಯಿ ಅಸಾಧ್ಯ ಮನಶ್ಯಾಂತಿ ಆಮ್ಕಾಂ ಜಾತ್ತಾ.

[ವಿಶ್ವ ವಿಖ್ಯಾತ ಸಾಹಿತಿ, ದಾರ್ಶನಿಕು ಲಿಯೊ ಟಾಲ್ಸ್‌ಟಾಯಿಲೆ ನೀತಿ ಕಥಾಚೊ ಅನುವಾದ - ಸಂ|.]

ನಾರದ ತುಂಬುರಾಂಕ ಹನುಮಂತಾನ ಮಾಕ್ಸಾಯ್ಲೆ

ನಾರದು ಆನಿ ತುಂಬುರು ವೈಕುಂಠಾಚೆ ನಾಂವ ಪಾವ್ಲಿಲೆ ಸಂಗೀತಗಾರ. ಸಂಗೀತ ಕಲೆಂತುಂ ಹೊಡ ಕೋಣ ಮ್ಹಳ್ಳೆ ವಿಷಯಾಂತುಂ ಏಕಪಟಿ ತಾಂಗೆಲ್ಯಾಂತುಂ ವಿವಾದು ಆಯ್ಲೊ. ದೊಗ್ಗಂಯಿ ಶ್ರೀ ಮನ್ನಾರಾಯಣಾ ಲಾಗ್ಗಿ ತೀರ್ಪು ನಿಮ್ಗುಚ್ಯಾಕ ಗೆಲ್ಲೆ.

"ತೀರ್ಪು ದಿವಚ್ಯಾಕ ಹಾಂವ ಇತ್ತೆಂ ಸಂಗೀತರಾಗುವೆ ? ಓ ತ್ಥಂಯ ಮುಲ್ಯಾಕ ತೊ ಯೆಕ್ಕೊ ಬಸ್ಲಾ ಚೊಯ್ಯಾ. ತೊ ಸಂಗೀತ ವಿದ್ವಾಂಸು. ತಾಗ್ಗೆಲಾಗ್ಗಿ ನಿಮ್ಗಿಯಾ" - ಅಶೆಂ ಮ್ಹಣು ಶ್ರೀ ಮನ್ನಾರಾಯಣಾನ ದೊಗ್ಗಾಂಕಯಿ ಹನುಮಂತಾ ಲಾಗ್ಗಿ ಪೆಟಯ್ಲೆ.

ನಾರದು ಆನಿ ತುಂಬುರು ಆಂಜನೇಯಾ ಲಾಗ್ಗಿ ಒಚ್ಚುನು ತಾಂಗೆಲಿ ಹಕೀಕತ ನಿವೇದನ ಕರುಂಕ ಲಾಗ್ಲೆ. ತೊ ಪೂರ್ಣ ಆಯ್ಕಲೊ. 'ಪೈಲೆಂ ಹಾಂವ ಸಂಗೀತ ಮ್ಹಣ್ತಾಂ ಜಾಯ್ನಾವೆ ?' ಮ್ಹಣಾಲೊ 'ಜಾವ್ಯೇತ' ಮ್ಹಣು ನಾರದು ಆನಿ ತುಂಬುರು ತಾಂಗೆಲೆಂ ತಂಬೂರ ಆನಿ ವೀಣಾ ಏಕ ಪಾತ್ಥ್ರಾಕ ವರಗಾನು ತ್ಥಂಯ ರಾಬ್ಲೆ. ಹನುಮಂತಾನ ಸಂಗೀತ ಶುರು ಕೆಲ್ಲೆಂ. ತಾಗ್ಗೆಲೆ ಸಂಗೀತಾಕ ಘಾತ್ಥರು ಕರಗಲೊ. ಆಂಜನೇಯಾನ ಸಂಗೀತ ರಾಬಯ್ತಾನಾ ತೊ ದುಸರಿ ಗಟ್ಟಿ ಜಾಲ್ಲೊ. ನಾರದಾಲೆಂ ತಂಬೂರ ಆನಿ ತುಂಬುರಾಲಿ ವೀಣಾ ಪಾತ್ಥ್ರಾ ಮಧ್ಯೆಂ ಶಿರಕಲಿಂ. ತಾನ್ನಿ ಹೊ ವಿಷಯು ಹನುಮಂತಾಲೆ ನಜ್ರೇಕ ಹಾಳ್ಳೆಲೆ ತೆನ್ನಾ, 'ತುಮಿ ಹೋಡ ಸಂಗೀತ ವಿದ್ವಾಂಸ. ಸಂಗೀತಾನ ತೊ ಪಾತ್ಥರು ಕರಗಶಿಯಾ' ಮ್ಹಣಾಲೊ.

ದೊಗ್ಗಾನಿಂಯಿ ಶಕ್ತಿ ಮಿರ್ರ್ಯೂನು ಪ್ರಯತ್ನಂ ಕೆಲ್ಲಿಂತಿ. ಪಾತ್ಥರು ಕರಗನಾ. ದೊಗ್ಗಾಲೆಂಯಿ ಗರ್ವ ಭಂಗ ಜಾಲ್ಲೆಂ. ಹನುಮಂತಾನ ದುಸರಿ ಸಂಗೀತ ಮ್ಹಣ್ಣು ತೊ ಪಾತ್ಥರು ಕರಗಶಿಲೊ.

ನಾರದು ಆನಿ ತುಂಬುರು ತಾಂಗ್ತಾಂಗೆಲಿಂ ಸಂಗೀತ ಸಾಧನಂ ಘೇವ್ನು ಹನುಮಂತಾಕ ಪಾಂಯ ಪಣ್ಣು ತಾಂಗೆಲೆ ಸ್ವಸ್ಥಾನಾಕ ಚಮಕಲೆ.

1985

ಮೋಸ ಕರತಾಲೊ ಮೋಸಾಂತಂ ಪಳ್ಳೊ

ಏಕು ಮಹಾ ಪಂಡಿತು ಕೃಷ್ಣ ದೇವರಾಯಾಲ್ಯಾ ಆಸ್ಥಾನಾಕ ಒಚ್ಚೊನು, ತಾಗ್ಗೆಲೆಂ ಪಾಂಡಿತ್ಯ ಪ್ರದರ್ಶನ ಕರನು ಏಕ ಹಜಾರ ವರಹ ಬಹುಮಾನ ಘೆವ್ಚ್ಯಾಕ ಲಾಗ್ಲೊ.

ತಾಕ್ಕಾ ತ್ಯಾ ಗಾಂವಾಂತುಂ ಕೊಣಹಿ ಪರಿಚಯಾಚಿಂ ನಾತ್ತಿಲೆ ನಿಮಿತ್ತ ತ್ಯಾ ದಿವಸು ರಾತ್ರಿ ಏಕ ಛತ್ರಾಂತುಂ ರಾಬಲೊ. ತ್ಯಾ ಪಂಡಿತಾಕ ರಾಯಾಲೆ ಕಡಚ್ಯಾನ ಏಕ ಹಜಾರ ವರಹ ಮೆಳ್ಳಿಲೆ ಛತ್ರಾಂತುಲ್ಯಾಂಕ ಕಶ್ಶಿಂ ಕಿ ಕಳ್ಳೆಲೆಂ.

ರಾತ್ರಿ ಪಂಡಿತಾನ ಸಕ್ಡಾಂ ವರಿ ಛತ್ರಾಚೆ ಚಾವಡೇರಿ ಆಪಣ್ಯಾಲಿ ಮಾಂದ್ರಿ ಘಾಲ್ಲಿ. ತಾಗ್ಗೆ ಲಾಗ್ಗೀಚಿ ಅನ್ನೆಕ್ಲ್ಯಾನಯಿ ಮಾಂದ್ರಿ ಘಾಲ್ಲಿ. ಪಂಡಿತಾಲೆ ಹಜಾರ ವರಹಾಂಕ ಹಾತು ದೀವ್ಕಾ ಮ್ಹಣು ತಾಗ್ಗೆಲೊ ಇರಾದೊ ಆಶ್ಶಿಲೊ.

ಮಧ್ಯ ರಾತ್ರಿ ಸಕ್ಡಾಂನಿ ಗಾಢ ನಿದ್ದೆಂತುಂ ಆಶ್ಶಿಲೆ ತೆನಾ ತ್ಯಾ ಮೋಸಗಾರಾನ ಪಂಡಿತಾಲೆ ಮಾತ್ತ್ಯಾ ಪಂದಾಕ ಆಶ್ಶಿಲೆಂ ಚೀಲ ಕಾಣ್ಣು ಪಳಯ್ಲೆಂ. ತಾಂತುಂ ವರಹ್ ದಿಸ್ಲಿಂ ನಾಂತಿ. ಪಂಡಿತಾಲೆ ಮಾಂದ್ರೇ ಪಂದಾಕ ಕಿತ್ತುಲೆಂ ಸೊದಲ್ಯಾರಿಯಿ ತಾಕ್ಕಾ ಕಾಹೀಂ ಮೆಳ್ಳೆಂ ನಾ. ಹಾಣೆ ವರಹ ಘಾಲ್ಲೆಲೆಂ ಚೀಲ ಕ್ಡಂಯಿ ನಿಪ್ವೋನು ದವರ್ಲೆಂ ಮ್ಹಣು ಆಲೋಚನ ಕರನು ತೊ ಘಾಲ್ಲೆಂ ತಾಂಯೆ ಜಾಗೋಚಿ ಉರಲೊ.

ಘಾಲ್ಲೆಂ ಜಾತ್ತನಾ ಪಂಡಿತಾನ ಉಟಾನು, ತ್ಯಾ ಮೋಸಗಾರಾಲ್ಯಾ ಉಶ್ಯಾ ಪಂದಾಕ ಹಾತು ಘಾಲ್ನು ಆಪ್ಣ್ಯಾಲೆಂ ವರಹ ಘಾಲ್ಲೆಲೆಂ ಚೀಲ ಕಾಣ್ಣು ಘೇವ್ನು ತ್ಥಂಯೆ ಥಾವ್ನು ಭಾಯ್ರುಸರ್ನು ಗೆಲ್ಲೊ. ನೀದ ಖೋಳ್ತು ಬಶ್ಶಿಲೊ ಮೋಸಗಾರು ತಾಣೆ ಒಚ್ಚೆಂ ಟುಕಟುಕೀಚಿ ಚೊಯ್ತೆಲೊ.

1972

ಮಾದ್ದೊಲಿ ಮಾವ್ಶಿ

ಮಾಧವಾಕ ಆಟ ವರ್ಷಂ ಪ್ರಾಯ. ಮರ್ತಿಮಾಂಯ್ಯೇಕ ತೊ ಎಕ್ಕೊಚಿ ಚೆಲ್ಲೊ. ಊರಿ ಕಾಣ್ಣು, ಮಸ್ತ ದೇವಾಂಕ ಆಂಗ್ವಣ ಸಾಂಗೂನು ಜಾಲ್ಲಲೊ. ತಃಯಿ ದಿವಸು ಜಾಲ್ಲೆಲೆ ನಿಮಿತ್ತ ಮಹಾ ದೇವಾಲೆ ಉಡ್ಗಾಸಾಕ ಮಾಧವು ಮ್ಹಣು ನಾಂವ ದವರ್ಲೆಲೆಂ.

ಮಾಧವು ಆತ್ತಂ ವಿಸ್ಕೂಲಾಕ ಬರಪ ಶಿಕ್ಕೊಂಕವತ್ತಾ. ತಿನ್ನಿಚೆ ಕ್ಲಾಸಾಂತುಂ ಶಿಕತಾ. ಶಿಕ್ಕೊಂಕ ಹುಶ್ಯಾರ ಆಸ್ಸ. ಜಾಲ್ಲ್ಯಾರಿ ತಾಕ್ಕಾ ಏಕು ವಾಯ್ಟು ಅಭ್ಯಾಸು ಆಸ್ಸ. ಕೆದನಾಯಿಂ ಹಾತ್ತಾ ಬೊಟ್ಟಂ ತೊಂಡಾಂತುಂ ಘಾಲ್ನು ನಾಂಕೂಟ ಚಿಂವಚೆಂ.

ತಾಗ್ಗೆಲೊ ಹೊ ದುರಭ್ಯಾಸು ಸೊಡ್ವಾಚೆ. ಖಾತಿರ ಮರ್ತೇನ ಭಾರಿ ಪ್ರಯತ್ನಂ ಕೆಲ್ಲಿಂತಿ. ಜಾಲ್ಲ್ಯಾರಿ ಕಾಹೀಂ ಪ್ರಯೋಜನ ಮೇಳ್ಳಿ. ಆಖ್ಯೆರಿಕ ಏಕಿ ಭಿಸ್ವಾವಣ ಘಾಲ್ನು ತಾಕಾ ಸಮವಾಟ್ಟೇಕ ಹಾಡಚಿಂ ಯತ್ನಂ ತೀಣೆ ಕೆಲ್ಲಿಂತಿ.

"ತುಗ್ಗೆಲ್ಯಾ ವರೀಚಿ ತೋಡ್ಡಾಂತುಂ ಬೊಟ್ಟಂ ಘಾಲ್ನು ನಾಂಕುಟ ಚಿಂವ್ಚೊ ಅಭ್ಯಾಸು ಫುಡೆ ಎಕ್ಲ್ಯಾಕ ಆಶ್ಶಿಲೊ. ಆಖೈರಿಕ ತೂ ಪುಗ್ಗ್ಯಾ ವರಿ ಪುಗ್ಗುನು ಭೆತುನು ಗೆಲ್ಲೊ" ಮ್ಹಣಾಲಿ ಮರ್ತಿ.

ಮಾಧವು ಭಿಲ್ಲೊ. ತೊಂಡಾ ಲಾಗ್ಗಿ ಹಾತ್ತಾ ಬೊಟ್ಟಂ ವ್ಹರುಂಕ ಭಯ ಕೆಲ್ಲೆಂ ಬಾವ್ಡ್ಯಾಕ. ದೋನಿ ದೀಸ ತಾಂಯಿ ತೊ ನಾಂಕುಟ ಚಿಂವಿಲೊ ನಾ. ತಿನ್ನೀಚೆ ದಿವಸು ತಾಂಗೆ ತಂಯಿ ಸೊಯ್ರಿಂ ಆಯ್ಲಿಂತಿ. ಅಪ್ರು ಬಾಯ್ಯೇ ಸೊಯ್ರಿಂ. ಮಾಧವಾಲಿ ಮಾವ್ಶಿ ಕೆಜ್ಜಿ ಮಾಂಯಿ ಆನಿ ತಿಗ್ಗೊಲ್ಯೋ ಚೆಲಿಯೋ ತಾರು ಆನಿ ಮೀರು.

ಸೊಯ್ರ್ಯಾಂಕ ಸಮ್ಮಾನಾ ಜೆವಣ ತಯ್ಯಾರ ಜಾಲ್ಲೆಂ. ಸರ್ವ ಒಟ್ಟೊಂಚಿ ಜೆವ್ಣಾಂಕ ಬಸ್ಲಿಂತಿ. ಮಾಧವು ಆಪ್ಣ್ಯಾಲಿ ಮಾವ್ಶಿ ಕೆಜ್ಜೇ ಎದ್ರಾಕ ವಾಟ್ಟೆಂ ದವೊರ್ನು ಬಶ್ಶಿಲೊ. ಜೆವ್ತನಾ ತಿಕ್ಕಾಚಿ ಟುಕಟುಕೀಚಿ ಚೊಯ್ತಲೊ. ತಿಗ್ಗೆಲೆಂ ಭಾಣಾ ಎದ್ದೆಂ ಪೊಟ. ಗಾಬ್ಯಾ ವರಿ ಹಾತ ಹೆಂ ಪೋಳೋನು ಮಾಧವಾಕ ಕಸ್ಸಲೆಂ ದಿಸ್ಲೇಕಿ! ಆಮ್ಮಾನ ಆಪ್ಣ್ಯಾಕ ಸಾಂಗಿಲೊ. ಉಪದೇಶೂಯಿ ಉಡ್ಗಾಸಾಕ ಆಯ್ಯಿಲೊ ಆಸ್ಸೂನಕಾ. ತಕ್ಷಣ, "ಮಾವ್ಶೇ, ತುಕ್ಕಾ ನಾಂಕ್ಟಂ ಚಿಂವ್ಚೊ ಅಭ್ಯಾಸು ಆಸ್ಸವೆ ?" ಮ್ಹಣಾಲೊ.

ನಾಂಕ್ಟಂ ಚಾಬ್ಬೂನು ಪುಗ್ಗೂನು ಮಾವ್ಶಿ ಭೆತ್ತುನು ಒಚ್ಚಾಕ ತಯ್ಯಾರ ಜಾಲ್ಯಾ ಮ್ಹಣು ತಾಣೆ ಅಭಿಪ್ರಾಯು ಕೆಲ್ಲಲೊ ಆಸ್ಸೂನಕಾ ಕಶ್ಶಿಂ ? ಚೆರ್ಡುಂವಾಲಿ ಕಲ್ಪನಾ ಶಕ್ತಿ ?

ವರಪ್ರದಾನಾಚೆ ದೋಷ

ಏಕ ಪ್ರಾಮಾಣಿಕ ಮನುಷ್ಯು ದೇವಾ ಲಾಗ್ಗಿ ಒಚ್ಚೂನು, ಅಧಿಕಾಧಿಕ ದಾನ ದೀವ್ನೂಯಿ ಕೆದನಾಹೆಂ ದಿವಾಳಿ ಜಾಯ್ನಾತಿಲೆ ರಾಬಚೊ ವರು ಮಾಗಚ್ಯಾಕ ಲಾಗಲೊ. ದೇವಾನ ತಾಕ್ಕಾ ರಾಯು ಕೆಲ್ಲೊ. ಏಕ ಸ್ವಾರ್ಥೀ ಶ್ರೀಮಂತ ಜಮೀನದಾರಾನ ಹೆಂ ಪಳಯ್ಲೆ. ತೊವಯಿ ದೇವಾ ಲಾಗ್ಗಿ ಒಚ್ಚೂನು ಪ್ರಾಮಾಣಿಕ ಮನುಷ್ಯಾನ ಮಾಗ್ಗಿಲೋಚಿ ವರು ಮಾಗುಂಕ ಲಾಗ್ಲೊ. ದೇವು ಆಪಣ್ಯಾಕಯಿ ರಾಯು ಕರತಾಲೊ ಅಶೆ ತೊ ಲೆಕ್ಕೂನು ಆಶ್ಶಿಲೊ. ತೊವಯಿ ದೇವಾ ಮುಕಾರಿ ರಾಬ್ಬೂನು. ದೀವ್ನು, ದೀವ್ನೂಯಿ ಸರನಾ ತಸ್ಸಲೊ ವರು ದೀ ದೇವಾ ಮ್ಹಣು ಮಾಗ್ಗುಂಕ ಲಾಗಲೊ. ದೇವಾನ 'ತಥಾಸ್ತು' ಮ್ಹಳ್ಳೆಂ. 'ತಾಣೆ ದಾನಧರ್ಮು ಜಾವ್ನು ತಾಗ್ಗೆಲೊ ಸಂಪತ್ತು ವಿತರಣ ಕರುಂಕ ಲಾಗ್ಲೊ. ಕಾಹೀ ಜಾಲ್ಲೆಲೆಂ ನಾ. ಅಧೀರ ಜಾಯ್ನಾ ತಿಲೆಂ ಸರ್ವಸ್ವ ದಾನ ದೀವ್ನು ತಾಕ್ಕಾ ಭೀಕ ಮಾಗಚಿ ಗತಿ ಆಯ್ಲಿ. ಇತ್ತುಲೆಂ ಜಾಲ್ಲ್ಯಾರಿಯಿ ದೇವು ಆಪಣ್ಯಾಕ

ಯು ಕರತಲೊ ಮ್ಹಣು ತಾಕ್ಕಾ ಭರವಸಾ ಆಶ್ಶಿಲಿ. ಆಶಾ ಪೂರ್ಣ ವಾಡ್ವಲೆ ಉಪರಾಂತೆಂ ಣೆ ದೇವಾ ಲಾಗ್ಗಿ ದುಸರಿ ಪ್ರಾರ್ಥನಾ ಕೆಲ್ಲಿ ಆನಿ ದೇವಾನ ಪ್ರತ್ಯಕ್ಷ ಜಾವ್ನು ಆಪ್ಣೆ ದಿಲ್ಲಲೊ ರು ಸಫಲ ಜಾಲ್ಲೊ ಮ್ಹಣು ಸಾಂಗ್ಲೆಂ. ವರು ಮಾಗ್ಗಿಲ್ಯಾಕ ಆಶ್ಚರ್ಯ ಜಾವ್ನು ತಾಣೆ ೀವಾ ಲಾಗ್ಗಿ ವಿವರಣ ನಿಮ್ಗಿಲಿ, ದೇವಾನ ಸಾಂಗ್ಲೆಂ. ತೂಂ ಭಿಕ್ಷುಕು ಜಾಲ್ಲೊ ಕೆದ್ದನಾಕಿ ನಿ ದಿವಾಳಿ ಜಾವ್ನೊ ಪ್ರಶ್ನೋಚಿ ನಾ' ಅಶೆಂ ಸಾಂಗೂನು ದೇವು ಅಂತರ್ಧಾನ ಜಾಲ್ಲೊ.

ನೀತಿ : ವರು ದೋನಿ ರೀತೀರಿಯಿ ಸಫಲ ಜಾತ್ತಾ.

ಬುಧ್ವಂತ ಆನಿ ಪಿಶ್ಶೆ

ಗಾಂವ್ಚೆ ಪೂರಾ ಎಕ್ಲ್ಯಾಕ ಪಿಸ್ಸೊ ಮ್ಹಣು ಆಪಯ್ತಾಲೆ. ಆಪ್ಪಣ ಪಿಸ್ಸೊ ನ್ಹಂಯ ್ಹಣು ರುಜು ಕರುಂಕ ತೊ ತಯ್ಯಾರ ಜಾಲ್ಲೊ. ತುಮಿ ಮೆಜ್ಜ್ಯಾ ಪೇಕ್ಷಾಂ ಹೋಡ ಪಿಶ್ಶೆ. ಶ್ಶೆಂ ಮ್ಹಣು ನಿಮ್ಗಿತಾತಿವೆ ? ತುಮಿ ಸರ್ವ ಒಟ್ಟು ಜಾವ್ನು ಮೆಗ್ಗೆಲೆ ಏಕ ಪ್ರಶ್ನಾಕ ಜವಾಬ ತ್ತಾತಿವೆ ? ಅಶೆಂ ತಾಣೆ ಗಾಂವ್ಚೆ ಲೋಕಾಕ ಸವಾಲು ಘಾಲ್ಲೊ. ತಾಗ್ಗೆಲೊ ಹೊ ರಹಸ್ಯಮಯ ್ರಶ್ನೊ ಕಸ್ಸಲೊ ಮ್ಹಣು ಆಯ್ಕುಚ್ಯಾಕ ಗಾಂವ್ಚೊ ಗಾಂವು ಜಮೆಲೊ. 'ಏಕ ಪಿಶ್ಶ್ಯಾಲೆ ್ರಶ್ನಾಕ ಜವಾಬ ದಿವಚ್ಯಾಕ ಇತ್ತುಲೆ ಸಂಖ್ಯಾನ ಜಮೆಲೆಲೆ ತುಮಿ, ಮೆಗ್ಗೆಲ್ಯಾ ಪೇಕ್ಷಾಂ ೋಡ ಪಿಶ್ಶೆ ವ್ಹಯಿ ಕಿ ನ್ಹಂಯೆ ?' ಪಿಶ್ಶ್ಯಾನ ನಿಮ್ಗಿಲೆಂ, ಆಯ್ಯಿಲೆ ಪೂರಾ ಜನ ಮಾತ್ತೆಂ ಕಲ ಘಾಲ್ನು ಉಲಯ್ನಾತಿಲೆಂ ಪರತ ಗೆಲ್ಲೆ.

ನೀತಿ : ಪಿಶ್ಶ್ಯಾಪಣ ಕೊಣಾಕಯಿ ಎಕ್ಲ್ಯಾಕಡಚಿ ಮ್ಹಣು ಸಾಂಗಿಲೊ ವಿಷಯು ನ್ಹಂಯೆ.

ಜೀವು ಕೆದ್ದನಾ ವತ್ತಾ ?

ಹಾಂವ ಅರ್ತಾಂಚಿ ಪುತ್ತೂರಾಕ ಗೆಲ್ಲಲೊಂ. ಪುತ್ತೂರಿ ಥಾವ್ನ್ ಮಂಗಳೂರಾಕ ಗ್ಗೀಚಿ ಯೆವಚ್ಯಾಕ 'ಜೀವು' ಮ್ಹಳ್ಳೆ ನಾಂವಾಚೆಂ ಏಕ ಎಕ್ಸ್‌ಪ್ರೆಸ್ ಬಸ್ಸ ಆಸ್ಸ. ತೆಂ ವಾಟ್ಟೇರಿ ೀಂ ರಾಬನಾತಿಲೆಂ ಪುತ್ತೂರಾ ಥಾವ್ನ್ ಸೊಳ್ಳೆಲೆಂ ಸರೂತ ಮಂಗಳೂರಾಕ ಯೆತ್ತಾ. ಲ್ದಾಣಾಂತಂ ರಾಬ್ಬಿಲೊಂ. ಮೆಗ್ಗೆಲೆ ಒಟ್ಟು ಹರ ಮಸ್ತ ಪ್ರಯಾಣಿಕಯಿ ಬಸ್ಸಾಕ ರಾಕ್ತಲೆ.

ವೆಗಳೆ ಏಕ ಬಸ್ಸಾರಿ ಬಸ್ಸಿಲೊ ಏಕು ಮನುಷ್ಯು ತಾಚೇರಿ ಥಾವ್ನ್ ದೇವ್ನು ಗಡಿಬಿಡಿನ ಮಿ ರಾಬ್ಬಿಲೆ ಕಡೆ ಯೇವ್ನು, 'ಜೀವು ಕೆದ್ದನಾ ವತ್ತಾ?' ಮ್ಹಣು ನಿಮ್ಗುಂಕ ಲಾಗ್ಲೊ. ಳಪಾಸು ಘೆತಲ್ಯಾರಿ ಅತ್ತಂಚಿ ವತ್ತಾ' ಮ್ಹಣು ಏಕ ಪ್ರಯಾಣಿಕಾನ ಸಾಂಗ್ತನಾ ಉರಲೆಲಿಂ ರಾ ಪೊಟ ಭಡರಿ ಹಾಸಲಿಂ.

ಚೆಡ್ರುವಾಂಲಿ ಕಾಣ್ಯೊ

ಯೇಕಿ ನೀತಿ ಕಥಾ :

ಅಲ್ಪಾಂಲೊ ಸಂಗು ಚಾಂಗು ನ್ಹಂಯ

ಯೇಕ ರಾಯಾನ ಯೇಕು ಕೀರು ಮೊಗಾನ ಪೊಶ್ಶಿಲೊ. ತಾಜ್ಜೆ ನಾಂಕಾಕ ಯೇಕು ಬುಲಾಕು ಕರನುಯಿ ಘಾಲ್ಲಲೊ ತಾಣೆ. ತಾಜ್ಜೇನ ಕರತಾಂ ತ್ಯಾ ಕೀರಾ ಅಹಂ ಕಾರು ಆಯ್ಯಿಲೊಕ ರಾಯಾನ ಎದ್ರಾಕ ಚೊವ್ಚಾಕ ಮೆಳ್ತನಾ ತೊ ಕೀರು, 'ಮಾಕ್ಕಾ ಆಶ್ಶಿಲೆಂ ಆಭರಣ ರಾಯಾಕ ನಾ. ಮಾಕ್ಕಾ ಆಶ್ಶಿಲೆಂ ರಾಯಾಕ ನಾ'. ಆಶೆಂ ಮ್ಹಣತಽ ರಾಬತಲೊ.

ಯೇಕ ದಿವಸು ರಾಯಾನ ಕೋಪಾನ ತ್ಯಾ ಕೀರಾಲೆ ನಾಂಕಾಚೊ ಬುಲಾಕು ಕಾಡಯ್ಲೊ. ತೆನ್ನಾ ತೊ ಕೀರು, "ತಾಕ್ಕಾ ನಾಮ್ಹಣು ಮೆಗ್ಗಿಲೆಂ ಕಾಳ್ಳೆಂ, ತಾಕ್ಕಾ ನಾ ಮ್ಹಣು ಮೆಗ್ಗಿಲೆಂ ಕಾಳ್ಳೆಂ" ಆಶೆಂ ಮ್ಹಣುಂಕ ಲಾಗಲೊ.

ರಾಯಾನ ಮೊರೊ ಮ್ಹಣು ತಾಕ್ಕಾ ದುಸರಿ ಬುಲಾಕು ಘಾಲಯ್ಲೊ. ತೆನ್ನಾ ಕೀರು 'ಮಾಕ್ಕಾ ಭೀವ್ನು ಪರತೂನು ದಿಲ್ಲೊ, ಮಾಕ್ಕಾ ಭೀವ್ನು ಪರತೂನು ದಿಲ್ಲೊ' ಮ್ಹಣಾಲೊ

'ತುಗ್ಗೆಲೊ ಸಂಗೂಚಿ ನಾಕ್ಕಾ' ಮ್ಹಣು ರಾಯಾನ ತ್ಯಾ ಕೀರಾಕ ಗೂಡಾಂ ದಾಕುನು ಭಾಯ್ರು ಸೊಳ್ಳೊ.

ಚಕ್ರ ಆನಿ ಬೈಲ

ಏಕ ಗಾಡಿಯೆಚಿಂ ಚಕ್ರಾಂ ಆನಿ ಗಾಡಿ ತಾಂಡುಚ್ಯಾ ಬೈಲಾಂಕ ವಿವಾದು ಶುರು ಜಾಲ್ಲೊ. ಚಕ್ರಾಂನಿ ಬೈಲಾಂಕ ಸಾಂಗ್ಲೆಂ, ತುಮಿ ತಾಂಡೂಚಿ ಗತಿ ವಾಡ್ಡಯ್ಯಾರಿ ಗಾಡಿ ಚಂದಾಯೇನ ಮುಕಾರಿ ಒಚ್ಚಾಕ ಅನುಕೂಲ ಜಾತ್ತಾ'. ಬೈಲ ಸಾಂಗ್ಲಾಲೆ : ತುಮ್ಗೆಲಿ ಖಬರ ತುಮಿ ಪೊಳೋನು ಘೆಯ್ಯಾ. ಆಮ್ಗೆಲೆ ವಿಷಯಾಂತುಂ ತುಮಿ ಹಾತು ಘಾಲ್ಚೊ ನಾಕ್ಕಾ. ಆಮಿ ಆಮ್ಕಾಂ ಜಾಯ ತಶೆಂ ಗಾಡಿ ತಾಂಡತಾತಿ. ಗತಿ ಶೀಘ್ರು ಕರಚ್ಯಾಂತುಂ ಚಕ್ರಾಂಚೊ ವಾಂಟೊ ಕಸ್ಸಲೋಯಿ ನಾ'. ಚಕ್ರಾಂ ನುಲಿತ ಬಸ್ಲಿಂ ಆನಿ ಅಚ್ಚಾ (axle) ವಽಯ್ರಿ ಹಿಡಿತ ಗಟ್ಟಿ ಕರುಂಕ ಲಾಗ್ಲಿಂ. ಗಾಡಿ ಧಾಂವ್ಚೊ ವೇಗು ಊಣೆ ಜಾಲ್ಲೊ ಆನಿ ಗಾಡಿ ತಾಂಡಚ್ಯಾಕ ಬೈಲಾಂನಿ

ತಾಂಗೆಲಿ ಪೂರ್ಣ ಶಕ್ತಿ ಘಾಲ್ಕಾ ಜಾಲ್ಲಿ. ಗಾಡಿ ಹಳೂಚಿ ಒಚ್ಚಿ ಪೊಳೋನು ಗಾಡಿ ಆಂಬುಡ್ತಲ್ಯಾನ ಬೈಲಾಂಚೆ ಘಾಟೇರಿ ಚಾಟಿ ಪ್ರಯೋಗು ಶುರು ಕರಕಾ ಪಳ್ಳೊ. ಅಶ್ಶಾಣ ಚಕ್ರಾಂನಿ ತಾಂಗೆಲೆಂ ಹಿಡಿತ ಆನಿಕೆಯಿ ಬಿಗ್ದಿಲೆಂ. ಪ್ರಯಾಣ ಆಖ್ಯೆರಿಕ ಪಾವ್ತಾನಾ ಬೈಲ ಪೂರ್ಣ ಥಕ್ಕೂನು ಗೆಲ್ಲೆ - ಏಕ ದಿಕ್ಕಾನ ತಾಂಡಚ್ಯಾಕ ಪೂರ್ಣ ಶಕ್ತಿ ಘಾಲ್ನು- ಅನ್ಯೇಕ ದಿಕ್ಕಾನ ಆಂಬುಡ್ತ ಲ್ಯಾಲೆ ಪೆಟ್ಟಿ ಖಾವ್ನು.

ನೀತಿ : ಖಂಚೇಯಿ ಏಕ ಸಂಸ್ಥ್ಯಾಂತುಂ ಸಾನ ಮಟ್ಟಾಚ್ಯಾಂಲೊ ಸಹಕಾರು ಅಮೂಲ್ಯ ಆನಿ ಪ್ರಮುಖ.

ಮನುಷ್ಯಾಲೆಂ ಚಂಚಲ ಮನ

ಭಾರೀ ಫುಡೇ ಕಾಲಾಂತುಂ ಆತ್ತಂಚ್ಯಾ ವರಿ ವೈಶಾಖಿ, ಪಾವ್ಸಾಡಿ, ಶಿಂಯ್ಯೊದೀಸ, ವಸಂತ ಮಾಸು ಆಶೆಂ ಋತುಭೇದು ನಾ ಆಶ್ಶಿಲೊ. ವರಸಾಚ್ಯಾ ಬಾರಾ ಮ್ಹೈನ್ಯಾಂತೂಂಯಿ ಸೂರ್ಯುಂ ಮಾಳಬಾರಿ ಪ್ರಕಾಶಮಾನು ಜಾವ್ನು ದಿಸತಾಲೊ. ಸೂರ್ಯಾಲಿ ಹೀ ಸ್ಥಿತಿ ಪೊಳೋಚ್ಯಾಕ ಜಾಯ್ನಾ ತಿಲ್ಯಾ ಮನುಷ್ಯಾನ ಕಾಹೀಂ ತರಿ ಬದಲಾವಣ ಜಾವ್ಕಾ ಅಶೆಂ ದೇವಾ ಲಾಗ್ಗಿ ಪ್ರಾರ್ಥನಾ ಕರುಂಕ ಶುರು ಕೆಲ್ಲೆಂ. ಈಶ್ವರು ಆನಿ ಪಾರ್ವತಿ ತೆನ್ನಾ ವಿಶ್ರಾಂತಿ ಘೆತ್ತಚಾಲಿಂ - ತಾಂಕಾಂ ಮನುಷ್ಯಾಂಲಿ ಮನವಿ ಆಯ್ಕಾಯ್ಲಿ. ಪರಮೇಶ್ವರಾನ ತ್ಯಾ ದಿಶಾನ ವಿಶೇಷ ಲಕ್ಷ್ಯ ದೀನಿ ತರಿ ಪಾರ್ವತಿ, 'ಮನುಷ್ಯಾಲಿ ಮಾಗಣಿ ಮಾನ್ಯ ಕರಕಾ' ಅಶೆಂ ಘೋವಾಕ ಒತ್ತಾಯು ಕರುಂಕ ಲಾಗ್ಲಿ. ತೆನ್ನಾ ಈಶ್ವರು ಸಾಂಗತಾ : "ಪ್ರಿಯೇ, ತೂಂ ಜಾಣ ನ್ಹಂಯ. ತ್ಯಾ ಮನುಷ್ಯಾಕ ಕಿತ್ತುಲೆಂ ದಿಲ್ಲ್ಯಾರಿಯಿ ತೃಪ್ತಿ ಜಾವ್ಚಿ ಮ್ಹಣು ನಾ. ತೊ ತ್ಯಾ ತ್ಯಾ ವೇಳಿ ಕಾಹೀಂ ನಿಮ್ಮುಗ್ನೂಚಿ ಅಸತಲೊ" 'ಹೋಡ ನಾ ! ಹೀ ಏಕಿ ಆಖ್ಯೆರಿಚಿ ಪರೀಕ್ಷಾ ತಾಗ್ಗೆಲಿ ಕರಯಾಂ' ಮ್ಹಣಾಲಿ ಪಾರ್ವತಿ.

ಶಿವಾನ ತಕ್ಷಣ ಮನುಷ್ಯಾಲಿ ವಿನಂತಿ ಮಾನ್ಯ ಕರನು ಪಾವ್ಸು ರಕ್ಕೈಲೊ. ಪಾವ್ಸು ಕಾಂಡಣಾ ಧಾರೇನ ರಕ್ಕುಚ್ಯಾಕ ಶುರು ಜಾಲ್ಲೊ. ಥೊಡೇ ಸಮಯ ಮನುಷ್ಯಾಕ ಹೀ ಬದಲಾವಣ ಪಸಂದ ಜಾಲ್ಲಿ. ಜಾಲ್ಲ್ಯಾರಿ ಸೋಣ್ಣಾತಿಲೆಂ ಪಾವ್ಸು ಪಡಚೊ ಪೊಳೋನು ತಾಕ್ಕಾ ಬೇಜಾರು ಯೇವ್ನು 'ಜೋರು ಧಗ್ಗು ಆನಿ ಹ್ಯಾ ಸೋಣ್ಣಾತಿಲೆ ಪಾವ್ಸಾ' ಬದ್ಲಾಕ ತಂಪು ವಾರೆಂ ಮಾತ್ರ ಬಿಸ್ಟಲೆಲೆಂ ಜಾಲ್ಯಾರಿ ಕಿತ್ತುಲೆಂ ಚಾಂಗ ಆಶ್ಶಿಲೆಂ ?' ಅಶೆಂ ಲೆಕ್ಕೂನು ತ್ಯಾ ಖಾತಿರ ದುಸರಿ ತಾಣೆ ದೇವಾ ಲಾಗ್ಗಿ ವಿನಂತಿ ಕೆಲ್ಲಿ. ಈಶ್ವರಾನ ಪಾರ್ವತಿಕ ಚೋವ್ನು ಮುಗ್ಲಕೀ ಹಾಸ್ಸೂನು ತಾಣೆ ಪಾವ್ಸು ರಾಬ್ಬೋನು ಥಂಡ ವಾರೆಂ ಭೂಂಯ್ಕ ಪೆಟಯ್ಲೆಂ.

ಮನುಷ್ಯಾಕ ಭಾರೀ ಸಂತೋಷು ಜಾಲ್ಲೊ. ಹೊ ಸಂತೋಷು ಥೊಡೇ ಕಾಳ ತೊ ಭೊಗ್ಲೊ-ಉಪರಾಂತೆಂ ವಾರ್‍ಯಾ ವಯ್ರಿಯಿ ತಾಕ್ಕಾ ಕಂಠಾಳೊ ಯೆವ್ಚಾಕ ಶುರು ಜಾಲ್ಲೊ.

'ಝುಗರಝುಗೀ ಸೂರ್ಯಾಲೊ ಪ್ರಕಾಶು ಆನಿ ಹೂನಽಚಿ ವಽತ ಪಳೈಲೆಂ ಜಾಲ್ಯಾರಿ ಭೋ ಚಾಂಗ ಆಶ್ಶಿಲೆಂ' ಅಶೆಂ ತಾಕ್ಕಾ ದಿಸಲೆಂ. ಪೈಲೆಂ ಖಂಚೊ ಸೂರ್ಯ ನಾಕ್ಕಾ ಮ್ಹಣು ದಿಶ್ಶಿಲೊ ಕಿ ಆತ್ತಾಂ ತ್ಯಾಚಿ ಸೂರ್ಯಾ ಖಾತಿರ ತಾಣೆ ದೇವಾ ಲಾಗ್ಗಿ ಮಾಗಣಿ ಕರುಂಕ ಶುರು ಕೆಲ್ಲೆಂ.

ವಾರ್‍ಯಾಕ ಪರತ ಘೇವ್ನು ಈಶ್ವರಾನ ವಽತ ಧಾಳ್ಳೆಂ. ಈಶ್ವರು ಪಾರ್ವತೀಕ ಪೊಳೋನು, 'ಹಾಂವೆಂ ಸಾಂಗಿಲೆ ಕಶ್ಶಿಂ ಜಾಲ್ಲೆಂ ?' ಮ್ಹಣು ನಿಮ್ಗುಂಕ ಲಾಗ್ಲೊ. ಚಪಲಚಿತ್ತಾಚೆ ಮನುಷ್ಯಾಲೆ ವಿಷಯ ಪಾರ್ವತಿಕಯಿ ಬೇಜಾರು ಯೇವ್ನು ಗೆಲ್ಲಲೊ. ಆನಿ ಮುಕಾರಿ ಕಸ್ಸಲೆಯಿ ನವೆ ವರ ಮನುಷ್ಯಾಕ ದಿವ್ಚೆ ನಾಕ್ಕಾ ಅಶೆಂ ಪತಿದೇವಾ ಲಾಗ್ಗಿ ತೀಣೆ ಸಾಂಗ್ಲೆಂ, ತ್ಯಾ ಉಪರಾಂತೆಂ ಮನುಷ್ಯಾಲಿ ಖಂಚಿ ಮನವಿಯಿ ಈಶ್ವರಾನ ಮಾನ್ಯ ಕೆಲ್ಲಿ ನಾ.

ಪ್ರಾಮಾಣಿಕತೇಕ ಕ್ಷಂಯ ಮೊಽಲ ನಾ?

ಸಿಂಹಾಲ್ಯಾ ನ್ಯಾಯಸ್ಥಾನಾಂತುಂ ದೋಗ ಜನ್ ಕೊಲ್ಯಾಂನಿ ಆನಿ ಮುಕಾರಿ ತಾಂಗೆಲಿ ಶೀಂತ್ರಿ ಪ್ರದರ್ಶನ ಕರನಾತಿಲೆಂ, ಸರ್ವಾಂ ಲಾಗ್ಗಿ ಪ್ರಾಮಾಣಿಕ ರೀತೀರಿ ವರ್ತನ ಕರಚೊ ನಿರ್ಧಾರ ಪ್ರಕಟ ಕೆಲ್ಲೊ.

'ಆನಿ ಮುಕಾರಿ ಆಮಿ ಸತ್ಯಽಚಿ ಉಲೋವ್ನು, (ಸತ್ಯಸ್ಥಿ ಕೆರೀಚಿ) ಚಲಯಾಂ. ಹಾಂವ ಆನಿ ಮುಕಾರಿ ಸಿಂಹಾಲ್ಯಾ ಪಾಂಜಾರಾ ಥಾವ್ನ್ ಕಸ್ಸಲೆಂಯಿ ಚೊರಚೊ ನಾ' ಮ್ಹಣಾಲೊ ಏಕು ಕೊಲ್ಲೊ.

"ಹಾಂವ ಆನಿ ಸಿಂಹಾಕ ಅನಾವಶ್ಯಕ ಹೊಗಳ್ನೂನು ವಯ್ರಿ ಬೊಸೊಚೊ ತಿತ್ತುಲೊ ಪಿಸ್ಸೊ ಜಾವ್ಚೊ ನಾ. ಹಾಂವ ತಾಗೆ ಲಾಗ್ಗಿ ಸರೂತ ಉಲಯ್ತೆಲೊಂ." ತೂ ಖರೋಚಿ ಏಕ ಗಾಡ್ಡವ' ಮ್ಹಣಾಲೊ ಅನ್ನೆಕ್ಲೊ. ಆಶೆಂ ನಿರ್ಧಾರ ಕರನು ತೆ ತ್ಥಂಯ ಥಾವ್ನ್ ವೆಗಳೂನು ಗೆಲ್ಲೆ.

ಬೆಗ್ಗೀಚಿ ಏಕು ಕೊಲ್ಲೊ ಸಿಂಹಾ ಲಾಗ್ಗಿ ಒಚ್ಚೂನು, ಅನ್ನೇಕು ಕೊಲ್ಲೊ ತಾಕ್ಕಾ ಖಂಡಾಪಟ್ಟಿ ಆಡ ನಾಂವ್ ದವೊರ್ನು ಸೊವತಾ ಮ್ಹಣು ಸಾಂಗುಂಕ ಲಾಗ್ಲೊ. ಸಿಂಹು

ಪಾನ ಗರ್ಜನ ದಿವ್ಚ್ಯಾಕ ಲಾಗ್ಲೊ. ತಾಣೆ ತ್ಯಾ ಆನ್ನೇಕ ಕೊಲ್ಲ್ಯಾಕ ಆಪೊವ್ನೆ ತಶೆಂ ಕರನು ಗೆಲಾಗ್ಗಿ ವಿವರಣ ನಿಮ್ಗಿಲಿ.

"ವ್ಹೊಯಿ ಖಾವಂದ್ ! ಹಾಂವೆ ತುಕ್ಕಾ ಆಡ ನಾಂವಾನಿ ಆಪಯಿಲೊ ವ್ಹೊಯಿ" ಣಾಲೊ ದುಸ್ರೊ ಕೊಲ್ಲೊ -ಪೈಲೆ ಕೊಲ್ಲ್ಯಾನ ವಂಚನ ಕೆಲ್ಲಿ ಮ್ಹಳ್ಳೆಲೆಂ ಖಾತ್ರಿ ಜಾವ್ನು ಲ್ಲ್ಯಾರಿ ತಶೆಂ ಹಾಂವೆ ಕೆಲ್ಲೆಲೆ ಮೆಗೆ ಲಾಗ್ಗಿ ದೂರ ಸಾಂಗಿಲ್ಯಾಲಿ ಪ್ರಾಮಾಣಿಕತಾ ಪರೀಕ್ಷಾ ಚೆ ಖಾತಿರ. ವಿಶ್ವಾಸ ಘಾತಕಿ ಆಮ್ಗಲೆ ಮಧ್ಯೆಂ ಆಸ್ಸುಚೆಂ ಕೆದನಾಹಿಂ ಚಾಂಗನ್ಹಂಯಿ".

ತಾಗ್ಗೆಲೆ ಉತ್ರಾಂನಿ ಸಿಂಹಾಕ ಸಮಾಧಾನ ಜಾಲ್ಲೆಂ. ಆನಿ ತಾಣೆ ದುಸ್ರ್ಯಾ ಕೊಲ್ಲ್ಯಾ ಗ್ಗಿ ಮೈತ್ರಿ ಕೆಲ್ಲಿ, ದೂನ್ನೀಚೆ ಕೊಲ್ಲ್ಯಾನ ಸಿಂಹಾಲೆ ಮೈತ್ರಿಚೊ ಸಂಪೂರ್ಣ ಲಾಭು ಘೇವ್ನು ಳೆ ರಾಯಾನೋ, ತೊ ಆನ್ನೇಕು ಕೊಲ್ಲೊ ನಿತ್ಯ ತುಗ್ಗೆಲ್ಯಾ ಪಂಜಾರಾ ಥಾವ್ನ್ ಮಾಸ ರತಾ" ಮ್ಹಣು ಶುರುವೇ ಕೊಲ್ಲ್ಯಾ ವಿಷಯ ದೂರ ದಿಲ್ಲೆಂ.

ಸಿಂಹಾನಾ ತ್ಯಾ ಚೋರ ಕೊಲ್ಲ್ಯಾಕ ಆಸ್ಥಾನಾಕ ಆಪಯ್ಯಿ ಕರಯ್ಲೊ, "ಪ್ರಭೋ ಹ್ಯಾ ಸಾಂತುಂ ವಿಷ ಪ್ರಯೋಗು ಜಾಲ್ಲಾಕಿ ಮ್ಹಳ್ಳೆಲೆಂ ಪರೀಕ್ಷಾ ಕರುಂಕ ಮಾಸ ಚೊರ್ಲ್ಲೆಲೆಂ ವ್ಹೊಯಿ. ಆಮ್ಗೆಲೆ ರಾಯಾಕ ಮಸ್ತ ಶತ್ರು ಆಸ್ಚೆ ಸಹಜ" ಮ್ಹಣು ತೊ ವಿವರಣ ದಿವಚ್ಯಾಕ ಗ್ಲೊ.

ಆಶೆಂ ಆಯಿಲ್ಯಾ ಆಪತ್ತಾ ಥಾವ್ನ್ ಪಾರ ಪಡಚ್ಯಾಕ ದೋಗ ಜನಂ ಕೊಲ್ಲ್ಯಾ ಕಂಯಿ ಂಗೆಲಿ ಶೀಂತ್ರಿ ವಾಪರಕಾ ಪಳ್ಳಿ.

ನೀತಿ : ಪ್ರಾಮಾಣಿಕತಾ ವಂಚಕಾಂಕ ಅಪಾಯಕಾರಿ ಜಾತ್ತಾ,

ಮೂಲ : ವಿ. ಎನ್. ಭಟ್, ಮುಂಬಯಿ [ಅನುವಾದು : ಬಾಳೊ]

ಮೃಗಂ ಆನಿ ತಾಂಗೆಲಿ ಭಾಸ

ಏಕ ಪಂತಾ ರಾನ್ನಾಂತುಲಿಂ ಪೂರಾ ಮೃಗಂ ಒಟ್ಟು ಜಾಲ್ಲಿಂತಿ ಆನಿ ತಾನ್ನಿ ತಾಂಕಾಂ ಮಾನ್ಯ ಭಾಸ ಜಾವ್ಕಾ ಮ್ಹಣು ತೀರ್ಮಾನ ಕೆಲ್ಲೆಂ. ಏಕೆಕ್ಲ್ಯಾನ ಏಕೇಕ ನಮೂನ್ಯಾರಿ ಲ್ಲೋ ಪೇಕ್ಷಾಂ ಏಕಹೀಚಿ ಸಾಮಾನ್ಯ ಭಾಸ ಆಸಲ್ಯಾರಿ ಏಕಮೆಳೇರಿ ಆಸ್ಸೂಂಕ ಬಹುತೇಕ ಹಕಾರು ಮೆಳತ ಅಶೆಂ ತಾಂಕಾ' ದಿಸ್ಲೆಂ. ಹ್ಯಾ ಸಂಬಂಧ ಮತ ಕಾಡತಾನಾ ಸರ್ವ ಸಾಮಾನ್ಯ

ಸಕಡಾಂಕ ಅರ್ಥು ಕರುಂ ಜಾಪ್ಚಿ ಗಾಡವಾಲಿ ಭಾಸ ರಾನ್ನಾಂತುಲಿ ಸಾಮಾನ್ಯ ಭಾಸ ಜಾವ್ನು ಸ್ವೀಕಾರಚೆಂ ಮ್ಹಣು ಜಾಲ್ಲೆಂ.

ತ್ಯಾ ಉಪರಾಂತೆಂ ಹರಯೇಕ ಮೃಗಾನ ಗಾಡವಾನ ರಡಚೆ ಮ್ಹಣಕೆ ರಡುಂಕ ಶುರು ಕೆಲ್ಲೆಂ. ಕ್ರಮೇಣ ಹಾಜ್ಜೇನ ಇತ್ತೆಂ ಜಾಲ್ಲೆಂ ಕಿ ಮ್ಹಳ್ಯಾರಿ ಪ್ರತಿಯೇಕ ಮೃಗಾಲೊ ಸ್ವಭಾವು ಗಾಡವಾಲೆ ಸ್ವಭಾವಾಕ ಘುಂವಲೊ. ಸಿಂಹು, ಚೀಟಾ ವಾಘು, ಸರಪು, ತೋಳು, ಮಾಂಕಡ, ಕೊಲ್ಲೊ, ಕರಡಿ ರಾನರಡ್ಡೊ ಹಾನ್ನಿ ತಾಂಗೆಲೆ ಸ್ವಂತ ನೈಸರ್ಗಿಕ ಸ್ವಭಾವ ಸೋಣ್ಣು ಗಾಡವಾ ಸಾರಖೆಂ ಜಾಲ್ಲಿಂತಿ. ನಮ್ರತಾ, ಸಹನಾ ಆನಿ ಆಲಸ್ಯ ತಾಂಗೆಲ್ಯಾಂತುಂ ಭರನು ಗೆಲ್ಲೆಂ.

ಏಕ ಪಟಿ ಮೃಗಬೇಟೇಕ ಮ್ಹಣು ರಾನ್ನಾಕ ಆಯ್ಯಿಲ್ಯಾ ಬೇಡಾಂಕ ಮೃಗಾಂಚಿ ವಿಚಿತ್ರ ವರ್ತನ ಪೊಳೋನು ಆಶ್ಚರ್ಯ ಜಾಲ್ಲೆಂ. ತಾನ್ನಿ ಭಾರಿ ನಮ್ರ ಜಾಲ್ಲೆಲೆಂ ಪೊಳೋನು ಬೇಡಾಂನಿ ಮೃಗಾಂಕ ತಾಂಡೂನು ವ್ಹೆಲ್ಲಿಂತಿ ಆನಿ ತಾಂಗೆಲ್ಯಾ ಘುರಾ ನಿತ್ಯ ಕಾಮಾಂಕ ತಾಂಕಾಂ ಲಾಯ್ಲಿಂತಿ. ಅತಿ ಕ್ರೂರ ಸ್ವಭಾವಾಚಿಂ ಹಿಂಸ್ರ ಮೃಗ' ಸಿಂಹಾಕ ಆನಿ ಚೀಟಾ ವಾಘಾಕ ಗಾಡ್ಡೊ ಕೊಸ್ನೊಚೆ ನಾಂಗೋರಾಕ ಬಾಂದ್ಲಿಂತಿ. ಕರಡಿ ಉದಾಕ ತಾಂಡುಂಕ ಲಾಗ್ಲಿ ; ತೋಳು ಘುರ ರಾಕ್ವಾಲೊ ಜಾಲ್ಲೊ ; ಗೋರಿಲ್ಲಾಕ ಮಾರ್ಕೆಟಾಕ ಸಾಮಾನ ವ್ಹಾಂವ್ಚ್ಯಾಕ ಲಾಯ್ಲೆಂ.

ಇತ್ಲೆಂ ಜಾತ್ತನಾ ಮೃಗಾಂಕ ವಿವೇಕೊದಯ ಜಾಲ್ಲೆಂ. ಆಮಿ ಆಮಿ ಆಮ್ಗಾಮ್ಗೆಲಿ ಭಾಸ ಆನಿ ಸ್ವಭಾವು ದವೊರ್ನು ಘೆತಲ್ಯಾರೀಚಿ ಬರೆಂ ಆಶ್ಶಿಲೆಂ ಮ್ಹಳ್ಳೆಲೆಂ ತೀಂ ಸಮ್ಜಲಿಂತಿ.

ನೀತಿ : ಕಸ್ಸಲೋಯಿ ಏಕು ನವೊ ವಿಚಾರು ನಿರ್ಧಾರು ಕರಚೆ ಫುಡೆ ತಾಜ್ಜೆ ಬರೆ ವಾಯ್ಟಾ ಬದ್ದಲ್ ದೊನ್ನೇನಿ ಪಟಿ ಆಲೋಚನ ಕರಾ.

ಮೂಂಯಿ ಆನಿ ಮುಟ್ಕೊ

ಏಕ ಮುಂಯ್ಯೇನ ಪಾವಸಾ ದಿವಸಾಂ ಖಾತಿರ ದಗ್ಡ್ಗಾ ದಿವಸಾಂತೂಚಿ ಜಾಯತೆಂ ಖಾಣ ಜಮಾ ಕರನು ಧವರಿಲೆಂ. ಪಾವಸಾ ದಿವಸ ಲಾಗ್ಗಿ ಲೇಚಿ, ಏಕು ಮುಟ್ಕೊ ಮುಂಯ್ಯೇ ಲಾಗ್ಗಿ ಯೇವ್ನು ಮ್ಹಣು ಲಾಗಲೊ !

"ಮೂಂಯಿ ಮಾಂಯಿ, ಮೂಂಯಿ ಮಾಂಯಿ, ಮಾಕಾ ಭೂಕ ಲಾಗಲ್ಯಾಮುಗೆ. ಥೊಡೇಂಚಿ ಖಾಣ ದೀನಾವೆ ? ಮುಕಾರಿ ಧಗ್ಗಾಚೆ ದಿಸ ಯೆತ್ತನಾ ತೆಂ ಹಾಂವ ಪರತ ದೀನ್ಂ."

ಮುಂಯ್ಯೇನ ಮ್ಹಳ್ಳೆಂ : 'ಮುಟ್ಟೆ ಮಾಮ್ಮಾ, ಮುಟ್ಟೆ ಮಾಮ್ಮಾ, ಭೂಕೇನ ವಳ ವಳೇಚಿ ಸ್ಥಿತಿ ತುಕ್ಕಾ ಯೆವಚ್ಯಾಕ ಪುಳ್ಳೆ ಧಗ್ಗಾ ದಿವಸಾಂತುಂ ತೂಂ ಇತ್ತೆಂ ಕರತಾಲೊ?'

ಮುಟ್ಟ್ಯಾನ ಜವಾಬ ದಿಲ್ಲಿ ; 'ಹಾಂವ ತೆನ್ನಾ ಗಾಯನ ಕರನು ಆಶ್ಶಿಲೊಂ'

ಮುಂಯ್ಯೇನ ಸಾಗಲೆಂ ; 'ತಶೆಂ ಜಾಲ್ಲ್ಯಾರಿ ಆತ್ತಂ ಮಾತ್ತೆಂ ಹಾಲೋನು ನಾಚ'

ಮುಟ್ಟೊ ಆಯಿಲೆ ತಶೆಂ ಘಾಟಿ ಗೆಲ್ಲೊ. ಭೂಕೇಕ ಕಾರಣ ತಾಗ್ಗೆಲಿ ಆಳ್ಸಾಯಿ ಮ್ಹಳ್ಳೊ ಪಾರು ಮುಂಯ್ಯೇನ ತಾಕ್ಕಾ ಶಿಕಯ್ಲೊ.

ಗೋಣಿ ಪಾರು ಶಿಕಲಿ

ಏಕ ರುಕ್ಕಾರಿ ಏಕ ಗುರ್ಬಂಜೇನ ಗೂಡು ಬಾಂದೂನು ತಾಂತುಂ ತೀನಿ ಮೊಟ್ಟೆ ದವರ್ಲೆಲೆ. ತ್ಯಾಚಿ ರುಕ್ಕಾಚ್ಯಾ ಪೊಟಾರ್ಯಾಂತುಂ ರಾಬಚ್ಯಾ ಏಕ ಸರ್ಪಾನ ತಾಂತುಲೆ ದೋನಿ ಮೊಟ್ಟೆ ಖಾವ್ನು ಪಳ್ಳೆ. ಗುರ್ಬಂಜಿ ದುಃಖಾನ ಏಕ ಗೋಣಿ (ಗರುಡ ಪಕ್ಷಿ) ಲಾಗ್ಗಿ ಒಚ್ಚೂನು, ಆಪ್ಣ್ಯಾಲೆ ಮೊಟ್ಟೆ ಖೆಲ್ಲೆಲೆ ಸರ್ಪಾಕ ಶಿಕ್ಷಾ ದೀವ್ಕಾ ಮ್ಹಣು ವಿನಂತಿ ಕರುಂಕ ಲಾಗ್ಲಿ. ತ್ಯಾ ಗೋಣಿನ ಗುರ್ಬಂಜೇಲಿ ವಿನಂತಿ ಅಲಕ್ಷ್ಯ ಕೆಲ್ಲಿ. ತುಗ್ಗೆಲೆ ಪಿಲ್ಲಾಂಲಿ ರಕ್ಷಣ ತುಕ್ಕಾಚಿ ಸಂಬಂಧ ಪಾವ್ವಿಲಿ. ತೀ ತೂಂವೆಂ ಕರಕಾ ಶಿವಾಯ ದುಸ್ರ್ಯಾಂನಿ ಕರಚಿ ನ್ಹಂಯ, ವಚ ಹಾಂಗಾ ಥಾವ್ನ್' ಮ್ಹಣಾಲಿ ಗೋಣಿ. 'ತೂಂ ಪಕ್ಷೇಂಕ ರಾಯು. ತುಗ್ಗೆ ಲಾಗ್ಗಿ ಆಯ್ಲ್ಯಾರಿ ಕಾಹೀಂ ಪುಣಿ ಸಹಾಯು ಮೆಳತ ಮ್ಹಣು ಹೋಡಿ ಆಶಾ ದವೊರ್ನು ಆಯ್ಯಿಲಿಂ. ತುಕ್ಕಾ ಹೊ ವಿಷಯು ಅಲ್ಪು ಮ್ಹಣು ದಿಸೂಂಕ ಪುರೊ; ತೋಚಿ ಘಾಯಿ ಅಗಾಧ ಜಾವ್ಚ್ಯಾಕ ಫಾವ ಆಸ್ಸ' ಅಶೆಂ ಸಾಂಗೂನು ಗುರ್ಬಂಚಿ ತ್ಹಂಯ ಥಾವ್ನ್ ದುಸರಿ ತಿಗ್ಗೆಲೇಚಿ ಗೂಡಾಕ ಆಯ್ಲಿ.

ತೊಂಡಾಂತುಂ ಏಕಿ ಮುಳಿಯೇ ಕಾಡ್ಡ ಘೇವ್ನು ಆಯ್ಯಿಲಿ ಗುರ್ಬಂಚಿ ಗೂಡಾಚೆ ಏಕ ಮುಲ್ಯಾಕ ನಿಪ್ಪೋನು ಬಸ್ಲಿ. ದೋನಿ ಮೊಟ್ಟೆ ಖಾವ್ನು ರುಚಿ ಲಾಗ್ಗಿಲೊ ಸರ್ಪು ತಿನ್ನೀಚೊ

ಮೊಟ್ಲೊ ಗಿಳಬ್ಯಾಕ ಗೂಡಾ ಲಾಗ್ಗಿ ಚಽಣ್ಣು ಆಯ್ಲೊ. ಹೆಂ ಪಳಯಿಲೆ ಗುರ್ಬಂಜೇನ ಚೊಂಚಿನಿ ಸರ್ಪಾಚೊ ದೊಳೊ ಕೊಂಕ್ಲೊ. ದೂಕಿ ತಡ್ಸುಬ್ಯಾಕ ಜಾಯ್ನಾತಿಲೆಂ ತೊ ಸರ್ಪು ಬಡಕ್ಕನೆ ಸಕಲ ಉಡ್ಲೊ. ಸಕಲ ಏಕು ಸಿಂಹು ನಿದ್ದಲಲೊ. ಸಿಂಹಾಚೆಂ ನಾಂಕ ಬೀಲ ಮ್ಹಣ ಲೆಕ್ಕೂನು ಸರ್ಪು ಜೀವಾ ಘಾಯ್ಸಕಾಕ ತಾಂತುಂ ರಿಗಲೊ. ನಾಂಕಾಂತುಂ ಕಸ್ಸಲೆಂಕಿ ಶಿರಕಲ್ಯಾ ವರಿ ಜಾವ್ನು ಸಿಂಹು ಲಾಗ್ಗೀಚಿ ಆಶ್ಶಿಲ್ಯಾ ಏಕ ತಳ್ಯಾಂತುಂ ಉಡಲೊ.

ಸಿಂಹಾಕ ಭೀವ್ನು ತ್ಯಾ ತಳ್ಯಾಂತುಂ ಏಕು ರಾಕ್ಷಸ ಸರ್ಪು ವಽಯ್ರಿ ಮಾಳಬಾಕ ಉಡ್ಲೊ (ತಾಕ್ಕಾ ಉಬಚಿ ಶಕ್ತಿ ಆಶ್ಶಿಲಿ). ತಶೆಂ ಉಡ್ತಾನಾ ಗೋಣೆಲ್ಯಾ ಗೂಡಾಕ ಲಾಗ್ಗೂನು ಗೂಡಾಂತುಂ ಆಶ್ಶಿಲೆ ಗೋಣೆಲೆ ಮೊಟ್ಟೆ ಸಕಲ ಪಣ್ಣು ಭೆತ್ತೂನು ಗೆಲ್ಲೆ.

‘ತೂಂವೆ ಇತ್ಯಾಕ ಉಬ್ಬೂನು ಯೇವ್ನು ಮೆಗ್ಗೆಲೆ ಮೊಟ್ಟೆ ಭೆತ್ಲೆ?’ ರಾಕ್ಷಸ ಸರ್ಪಾಕ ಗೋಣೆನ ನಿಮ್ಗಿಲೆಂ.

‘ಹಾಂವೆ ಇತ್ತೆಂ ಕರಚೆಂ? ಸಿಂಹು ತಳ್ಯಾಂತುಂ ಉಡ್ಲೊ, ತಾಕ್ಕಾ ಭೀವ್ನು ಹಾಂವ ವಽಯ್ರಿ ಉಡ್ಲೊಂ’ ಮ್ಹಣಾಲೊ ತೊ.

ಸೂರು ಪಿಲ್ಲಲೊ ಸೊಸೊ

ತ್ಯಾ ದಿವಸು ಸಾಳೇರಿಕಾಂಟಾಲೊ ಜಾಯ ದಿವಸು. ಸೊಸ್ಯಾಕ ಆಮಂತ್ರಣ ಆಶ್ಶಿಲೆಂ. ಸೊಸೊ ಗೆಲ್ಲೊ. ಗಮ್ಮತ ಜೆವ್ಲೊ. ಪಿವ್ಚ್ಯಾಕ ಗೊಡ್ಡೂಚಿ ಸೂರುಯಿ ಆಶ್ಶಿಲೊ. ಧರ್ಮಾ ಮೆಳ್ಳಲೊ ಮ್ಹಣು ಯಥೇಷ್ಟ ಪಿಲ್ಲೊ.

ಪಿಲ್ಲಲೊ ಸೂರು ಸೊಸ್ಯಾಕ ಮಾತ್ತ್ಯಾಕ ಲಾಗ್ಲೊ. ಕರ್ಕಶ ಜಾವ್ನು ಆರ್ಭಟ ದಿವಚ್ಯಾಕ ಲಾಗಲೊ. ತೊಂಡಾ ಆಯ್ಯಿಲೆ ತಶೆಂ ಉಲೋಚ್ಯಾಕ ಲಾಗಲೊ. ತಾಜ್ಜಿ ಅವಸ್ಥಾ ಪೊಳೋನು ಸಾಳೇರಿಕಾಂಟಾಕ ಬೆಜಾರು ಜಾಲ್ಲೊ. ಹಾಕ್ಕಾ ರಾನ್ನಾಂತುಂ ಒಚ್ಚಾಕ ಸೊಳ್ಯಾರಿ ಅನರ್ಥ ಜಾತ್ತೀತ ಮ್ಹಣು ಲೆಕ್ಕೂನು, "ಪುತ್ತಾ ಸೊಸೊ! ತೂಂವೆ ಆಜಿ ತುಗ್ಗೆಲೆ ಘರ್ಸ್ಯಾಗಿ ಒಚ್ಚೆಂ ನಾಕ್ಕಾ. ಪೀವ್ನು ಮಾತ್ತೆಂ ಘುಂವ್ತಾ ತುಕಾ, ರಾನ್ನಾ ವಾಟ ಸಮ ದಿಸ್ಸ ಶಿ ನಾ. ತೂಂವೆ ಒಚ್ಚೆ ರಾನ್ನಾ ವಾಟ್ಟೇರಿ ಮಸ್ತ ಸಿಂಹ ಆಸ ತಿ. ತೂಂ ಆಜಿ ಆಮ್ಗೆಲೇಚಿ ಘರ್ಕಡೆ ರಾಬ. ಫಾಯಿ ಸಕಾಳಿಂ ಗೆಲ್ಲ್ಯಾರಿ ಸೈ" ಮ್ಹಣು ಸೊಸಾ ಕ ಸಾಂಗ್ಲೆಂ ಸಾಳೇರಿಕಾಂಟಾ ನ.

(ಪಿಲ್ಲೆಲಾ ಕ) ಹಿತವಾದು ನಾಟ್ಟುಚೊ ಕಶ್ಶಿಂ? 'ಸಿಂಹು? ಮೆಗ್ಗೆಲೆ ಮುಕಾರಿ ತಾಗ್ಗೆಲೆಂ ಸ್ಸಲೆಂ ಚಲ್ತಾ ? ಮೆಗ್ಗೆಲೆ ವಾಟೇರಿ ಆಯ್ಲಾ ರಿ ತಾಗ್ಗೆಲೆ ಚರ್ಮ ಸೊಲ್ಲಾನು ಚೂರ ಚೂರು ರನು ಉಡಯ್ನ' ಮ್ಹಣು ದೊಳೆ ಹೊಡಡ ಕರನು ಮೀಸೋ ಉಬ್ಬಯ್ಲ್ಯೋ ಸೊಸ್ಯಾನ.

ಸಾಳೇರಿಕಾಂಟ್ಯಾಲೆಂ ಉತ್ತರ ಆಯ್ಕನಾತ್ತಿಲೆಂ ಹೆಕ್ಕಡೆ ತೆಕ್ಕಡೆ ಮಾಲ್ವತsಚಿ ತೊ ಾನ್ನಾಂತುಂ ಮುಕಾರಿ ಸರಲೊ. ವಾಟ್ಟೇರಿ ವತ್ತನಾ, 'ಸಿಂಹು ಕಂಯಿ ಸಿಂಹು! ಹಾಂವೆ ಏಕ ಟಿ ಗಟ್ಟಿ ಉಸ್ರು ಸೊಳಾರಿ ಆಕಾಶಾಕ ಉಬ್ಬೊನು ಒಚ್ಚೊಕಾ, ತಸ್ಸಲ್ಯಾ ಕೀಡ್ಯಾಂಕ ಹಾಂವ ತ್ತಾವೆ ?' ಅಶೆಂ ಕಿಣಚಿ ಮಾರತsಚಿ ವತ್ತಲೊ.

ಸೊಸ್ಯಾಲಿ ಬೊಬ ಏಕ ಗುಹಾಂತುಂ ನಿದ್ದಲೆಲೆ ಸಿಂಹಾಕ ಆಯ್ಕಾಯ್ಲಿ. ಆಪ್ಣಾಕ ೂಸ್ಯಾನ ಹೀನೈಸುಚೆಂ ಆಯ್ಕೂನು ತಾಕ್ಕಾ ರೌದ್ರಾ ವೇಶು ಆಯ್ಲೊ. ತೊ ಗುಹ್ಯಾಂತೂನು ಾಯ್ರ ಯೇವ್ನು ಏಕ (ಬಟ ಕ) ಮಾರನು ಸೊಸಾ ಕ ಧರ್ಲೊ. ಸೊಸಾ ನ ಪೀವ್ನು ಆಯ್ಕಿಲಿ ಬರ ತಾಕ್ಕಾ ಸಮ್ಜಲಿ. 'ಹೊ ! ಹೊ! ತೂಂಚಿವೆ ಪೀವ್ನು ಯೇವ್ನು ತೊಂಡಾ ಆಯ್ಕಿಲೆ ಶೆಂ ಉಲಯ್ತಾಲೊ ?' ಅಶೆಂ ಮ್ಹಣು ಸಿಂಹಾನ ಏಕಿ ಗರ್ಜನ ದಿಲ್ಲಿ.

ತ್ಯಾ ಗರ್ಜನೇಕ ಸೊಸ್ಯಾಕ ಮಾತ್ತ್ಯಾಕ ಲಾಗ್ಗಿಲೆಂ ಅಮಲ ಪುರಾ ಸಕಲ ದೆಂವ್ಲೆಂ. ೀವ್ನು ಕಾಂಪ್ತsಚಿ ಸಿಂಹಾಲೆ ಪಾಯ ಧರ್ನು, "ನಾ ಧನಿಯಾ ! ತುಜ್ಜೆ ಅಸಲ್ಯಾ ಾರ್ವಭೌಮಾಕ (ಹೀನೈಸ ಚ್ಯಾಕ) ಹಾಂವ ಕೋsಣ ? ಹಾಂವ ನಿರಂತರ ತುಗ್ಗೆಲೊ ಸೆ ಕು ಆನಿ ಗುಲಾಮು : ಹಾಂವ ಥೊಡೇ ಚಿ ಪಿಲ್ಲಾಂ ಮ್ಹಳ್ಳೆಲೆಂ ವ್ಹೋಯಿ. ತೆಂ ತುಗ್ಗೆಲ್ಯಾ ಆನಿ ತುಗ್ಗೆಲ್ಯಾ ಸಾಮ್ರಾಜ್ಜಿಲಾ ಆರೋಗ್ಯಾ ಖಾತಿರ ತುಮ್ಗೆಲೆ ಕುಮಾರಾಲೊ ಜಾಯದಿವಸು ಜಿ ಮ್ಹಣು ಕಳ್ಳೂಚಿ ಥೊಡೆಶೆಂ ಪಿಲ್ಲಲೊಂ. ತಾಜ್ಜೇನ ಥೊಡೆಂಚಿ ಅಮಲ ಜಾಲ್ಲಾಂ. ಾಫ ಕರಕಾ" ಮ್ಹಣು ರಡ್ತsಚಿ ಸಿಂಹಾಲೆ (ಪಾ ಯಾಂರಿ) ಲೊಳಚ್ಯಾಕ ಲಾಗಲೊ.

ಸೊಸಾ ಚೆಂ ಹೆಂ ಘಟ್ಟಿ, ನಾಟಕ ಪಾಪ, ಸಿಂಹು ನಮ್ಗಲೊ. 'ಹೂಂ. (ಹೊರೊ ಚಿ) ುಜ್ಜೆಂ ವಜೆಂ ಹಾಂಗಾ ಥಾವ್' ಮ್ಹಣು ಸಿಂಹಾನ ಸೊಸ್ಯಾಕ ಜೀವದಾನ ಕೆಲ್ಲೆಂ.

ಲೋಕಾಕ ಮೆಚ್ಚಾಚೆಂ ಲೋಕೇಶ್ವರಾಕಯಿ ಸಾಧ್ಯ ನಾ

ಏಕ್ಲೊ ಮ್ಹಾತಾರೊ ಬಾಪ್ಪೂಸಂ ಆನಿ ತಾಗ್ಗೆಲೊ ಸಂಮಾರ ಧಾ ವರ್ಷಂ ಪ್ರಾಯೇಚೊ ಏಕು ಪೂತು ಆಶ್ಶಿಲೊ. ತಾಂಚೆ ಲಾಗ್ಗಿ ಏಕ ಗಾಡ್ಡವ ಆಶ್ಶಿಲೆಂ. ಏಕ ದಿವಸು ಬಾಪ್ಪೂಸು ಆನಿ ಪೂತು ಸಾಂತೇಕ ಭಾಯ್ರುಸರ್ಲೆ. ಚಾಂಗ ಮೋಲ ಆಯ್ಲ್ಯಾರಿ ತೆಂ ಗಾಡ್ಡವಯಿ ವಿಕ್ಕೂಯಾಂ ಮ್ಹಣು ಗಾಡ್ವಾಕ ಲಾಗ್ಗಿ ಘೇವ್ನು ಭಾಯ್ರುಸರ್ಲೆ.

ಬಾಪ್ಪೂಸು ಗಾಡ್ವಾರಿ ಬೈಸೂನು ಪೂತು ಲಾಗ್ಗೀಚಿ ಚಮ್ಕೂನು ಯೆತ್ತಲೊ. ವಾಟೇರಿ ವತ್ತಲೆ ಕೊಣೆ ಕಿ ಹಾಂಕಾಂ ಪೊಳೋನು, 'ಇತ್ತೆಂ ಧಾಡಿಗಾ ಹ್ಯಾ ಮ್ಹಾತಾರ್ಯಾಕ ? ರಾಯುಸೋ ಗಾಡ್ವಾರಿ ಬೈಸೂನು ತೆ ತರ್ನೆ ಪಿಂಪೂರ ಚೆಲ್ಲ್ಯಾಕ ಚಮ್ಕಾಯ್ತಾ ನ್ಹಂಯಿ ತೊ ?' ಮ್ಹಣಾಲೆ. ಮ್ಹಾತಾರ್ಯಾಕ ತೆಂ ವ್ಹೋಯಿ ದಿಸ್ಲೆಂ. ತೊ ಗಾಡ್ವಾರಿ ಥಾವ್ನ್ ಸಕಲ ದೆಂವ್ಲೊ. ಚೆಲ್ಲ್ಯಾಕ ಗಾಡ್ವಾರಿ ಬೊಸೊನು ಆಪ್ಪಣ ಬರೀಂತ್ಲ್ಯಾನ ಚಮ್ಕೂಚ್ಯಾಕ ಲಾಗ್ಲೊ.

ಅರ್ಧ ಫರ್ಲಾಂಗ್ ವಾಟ ಚಮ್ಕತಾನಾ ದುಸರಿ ಥೊಡೆ ಜನಂ ಹಾಂಕಾ ಎದ್ರಾಕ ಮೆಳ್ಳೆ. ತಾನ್ನಿ ಚೆಲ್ಲ್ಯಾಕ ಉದ್ದೇಶ ಕರನು, 'ಅರೇ ಪಿಶ್ಯಾ, ದೆಂವರೇ ಸಕಲ ! ಪ್ರಾಯ ಜಾಲ್ಲೆಲ್ಯಾ ಆನ್ನಾಕ ಚಮ್ಕಾನು ತೂಂ ಗಾಡ್ವಾರಿ ಬಸ್ಲಾವೆ ?' ಮ್ಹಣಾಲೆ. ತೆನ್ನಾ ಮ್ಹಾತಾ ರೋಯಿ ಗಾಡ್ವಾರಿ ಚಡ್ಣು ಚೆಲ್ಲ್ಯಾ ಸಂಗಾತಿ ಬಸ್ಲೊ. ಗಾಡ್ವಾಲಿ ಘಾಟಿ ಪಂದಾಕ ಗೆಲ್ಲಿ. ಜಾಲ್ಯಾರಿಯಿ ವ್ಹಾಂವ್ಚೆಂ ಆಪ್ಣ್ಯಾಲೆ ಕಾಮ ಮ್ಹಣು ಮೌನ ರೀತಿರಿ ತೆಂ ಮುಕಾರ್ಸಲೆಂ.

ಚಾರಿ ಪಾಂವ ಚಮ್ಕೂನು ಏಕ ತಿರ್ಕೋಸಾ ಲಾಗ್ಗಿ ವತ್ತನಾ ದುಸರಿ ಥೊಡೆ ಧಾಂಡಿಗಾಂನಿ ಮೇಳ್ಯಾವೆ ಹಾಂಕಾಂ? "ಅರೇ ಖಂಚೆ ಏಕ ಕಸಾಯಿರೆ ಹೆ ? ನ್ಹಂಯ, ತೊಂಡ ಯೆನಾ ನಾತ್ತಿಲೆ ತ್ಯಾ ಪ್ರಾಣೇಚಿ ಘಾಟಿ ಮೊಡುಂಕ ಜಾಲ್ಲ್ಯಾ. ಹೆ ದೋಗ ಜನ ತಾಜ್ಜೆ ಘಾಟೇರಿ ಬಸ್ಲ್ಯಾತಿಮೂ ! ಕೆಲ್ಲೆಲೆ ಹ್ಯಾ ಪಾಪಾ ಖಾತಿರ ತಾಕ್ಕಾಚಿ ತುಮ್ಮಿ ವ್ಹಾವ್ನು ಪ್ರಾಯಶ್ಚಿತ ಕರನು ಘೇನಾತಿ ಇತ್ತ್ಯಾಕ ?" ಮ್ಹಣಾಲೆ ತೆ.

ತೇಂವಯಿ ವ್ಹೋಯಿ ಮ್ಹಣು ಗಾಡವಾಲೆ ಪಾಯ್ಯಾಂಕ ದೋರಿಯೇನಿ ಬಾಂದೂನು ಮಧ್ಯೆಂ ಏಕು ಗಟ್ಟಿ ವಾಸೊ ಘಾಲ್ನು ಬಾಪ್ಪೂಸು ಆನಿ ಪುತ್ತಾನ ಗಾಡ್ವಾಕ ವ್ಹಾಂವಚ್ಯಾಕ ಶುರು ಕೆಲ್ಲೊ. ವಾಟ್ಟೇರಿ ಮೆಳ್ಳೆಲ್ಯಾ ಜನಾಂನಿ ಹೆಂ ದೃಶ್ಯ ಪೊಳೋನು ತೊಂಡಾಕ ಹಾತು ಧರ್ನು ಹಾಸುಂಕ ಶುರು ಕೆಲ್ಲೊ.

ಆಖೈರಿಕ ಹೀ ಕಾಣಿ ಕಂಯಕ ಅಂತ್ಯ ಜಾಲ್ಲಿ ? ವಾಟ್ಟೇರಿ ಏಕು ಸಾಂಕೋವು. ತಾಜ್ಜೆ
ಸ್ಯಾನ ಬಾಪ್ಪೂಸು ಆನಿ ಪುತ್ತಾನ ಗಾಡವಾಕ ವ್ಹಾವ್ನು ವ್ಹರತಾನಾ, ಸಕಲ ಉದಾಕ ಪಳಯಿಲೆ
ಡವಾನ ಪೆರಚೇನು ತೆಂ ಬೊಡ್ಡ್ಯಾರಿ ತಳಮಳೆಲೆಂ. ವ್ಹಾಂವ್ತಲ್ಯಾಂಕ ದೊಗ್ಗಾಂಕಯಿ
ಂದ್ಯಾಕ ದೂಕಿ ಜಾವ್ನು ತಾನ್ನಿ ವಾಸೊ ಸೋಣ್ನು ಪಳ್ಳೊ. ಗಾಡ್ಡವ ಸಕಲ ನಂಯ್ತುಂ
ಣ್ನು ಮೆಲ್ಲೆಂ.

ಸ್ವಂತ ಬುದ್ಧಿ ಉಪಯೋಗ ಕರನಾತ್ತಿಲೆಂ ದುಸ್ರ್ಯಾಂಕ ಮೆಚ್ಚಾವ್ಚ್ಯಾಕ ಒಚ್ಚೊನು
ಪ್ಪೂಸು ಪುತ್ತಾಕ ಗಾಡ್ಡವ ನಾ ಜಾಲ್ಲೆಂ. ಲೋಕಾಕ ಮೆಚ್ಚಾವ್ಚ್ಯಾಕ ಲೋಕೇಶ್ವರಾಕಯಿ
ಧ್ಯ ನಾ ಮ್ಹಳ್ಳೆಂ ಗ್ಯಾದೇ ಉತ್ತರ ಸಾಬೀತ ಜಾಲ್ಲೆಂ.

ಘೊಣಿ ಆನಿ ಕರಡಿ

ಘೋಣಿ ಆನಿ ಕರಡಿ ಕಿತ್ತುಲೆ ಮಟ್ಟಾಕ ಕಡು ಶತ್ರು ಜಾಲ್ಲಿಂತಿ ಮ್ಹಳ್ಯಾರಿ ತಾಂಗೆಲೆ
ತೀ ದಿವಸಾಚೆ ಝುಗ್ಡೆ ಪೊಳೋನು ಇತರ ಸರ್ವ ಪ್ರಾಣ್ಯಾಂಕ ಪುರೋ-ಪುರೋ ಜಾಲ್ಲೆಂ.
ಝಗಡೊ ರಾಬ್ಬೋನು ಇತರಾಂಕಯಿ ಶಾಂತೀನ ಆಸ್ಸುಂಕ ಸೊಡಾ ಮ್ಹಣು ಇತರ
ಪ್ರಣ್ಯಾಂನಿ ತಾಂಚೆ ಲಾಗ್ಗಿ ವಿನಂತಿ ಕರನೂಯಿ ಜಾಲ್ಲಿ.

ಘೋಣೀನ ಆನಿ ಕರಡೀನ ಕಬೂಲ ಕೆಲ್ಲೆಂ-ಜಾಲ್ಯಾರಿ ರಾಜೀ ತೀರ್ಮಾನಾಕ ಸ್ಥಳ
ತಾಗೊ) ಖಂಚೆಂ ಜಾಯ್ತ ಮ್ಹಣು ಪೈಲೆಂ ನಿಷ್ಕರ್ಷ ಜಾವ್ಕಾ ಮ್ಹಣು ಜಾಲ್ಲೆಂ.

ರಾಜೀ ತೀರ್ಮಾನಾಕ ಮುಡ್ಲಾಕ ಆಸ್ಸುಚೊ ಉದಕಾ ತೋಡು ಜಾವ್ಯೇತ ಮ್ಹಣಾಲಿ
ರಡಿ. ಘೋಣೀನ ಥೊಡೋ ವೇಳು ಆಲೋಚನ ಕೆಲ್ಲಿ.

'ಕಿತ್ತುಲೆ ಕಿ ಜಾಗೆ ಆಸ್ತಾನಾ ಹ್ಯಾ ಕರಡೀನ ಉದಕಾ ತೋಡು ಇತ್ತ್ಯಾಕ ಸೊದ್ದೊ ?
ಉದಕಾಂತುಂ ವಾಸ್ತವ್ಯ ಕರಚಿ ಪ್ರಾಣಿ ನ್ಹಂಯ ಮ್ಹಣತಾನಾ ತಿಕ್ಕಾ ಪೊಂವ್ಯಾಕ ಕಳನಾ.
ಂತುಂ ಕಸ್ಸಲಿ ಕಿ ಶೀಂತ್ರಿ ಆಸ್ಸೂಕಾ' ಅಶೆಂ ಸಮ್ಜೂನು ಘೋಣಿ ಕರಡೀಕ ಉದ್ದೇಶ
ರನು ಮ್ಹಣಾಲಿ : 'ನಾ, ಹಾಂವ ಉದಕಾ ತೋಡು ಖಾಯ್ಕಿ ಕರನಾ. ಆಮಿ ಏಕ ಕರಯಾಂ.
ುಡ್ಲಾಕ ಆಸ್ಸುಚ್ಯಾ ತ್ಯಾ ರಾನ್ನಾ ಮಾರ್ಗಾರಿ ಆಮಿ ರಾಜಿ ತೀರ್ಮಾನು ಕರಯಾಂ.

ಘೋಣೇನ ಆಲೋಚನ ಕೆಲ್ಲಿ : 'ಹೂಂ. ಮಾಕ್ಕಾ ಕಳ್ಳೆಂ. ಶಿಕರ್ಯಾಂನಿ ಕೊಣೆ ಕಿ ಥಂಯಿ ಬಲಿಂ ಬಿಸ್ವಲೆಲಿಂ ಹೀಣೆ ಪೊಳೋನು ಆಸ್ಸೂನ್ಕಾ. ತಶೆಂ ಜಾವ್ನು ಮಾಕ್ಕಾ ತ್ಯಾ ಬಲ್ಯಾಂತುಂ ಶಿರಕಾಚೆ ಖಾತಿರ ಹೆ ಹುನ್ನರ' - ಅಶೆಂ ಲೆಕ್ಕೂನು ಘೋಣೆ ಮ್ಹಣಾಲಿ : ನಾ. ಮಾಕ್ಕಾ ರಾನ್ನಾಚಿ ವಾಟ ಖುಶಿ ನಾ. ಆಮಿ ಪಡ್ಲಾಕ ಆಸ್ಸುಚ್ಯಾ ರಾನ್ನಾಂತುಂ ಆಮ್ಗೆಲಿ ರಾಜಿ ಪಂಚಾಯ್ತಿಕಾ ಕರಯಾಂ. ಜಾಯ್ನಾವೆ ?'

ಕರಡೀನ ಆಲೋಚನ ಕೆಲ್ಲಿ : 'ಹೂಂ ! ಹಿಗ್ಗೆಲೆ ಖೆಳ ಕಸ್ಸಲೆ ಮ್ಹಣು ಮಾಕ್ಕಾ ಆತ್ತಾಂ ಸ್ಪಷ್ಟ ಜಾಲ್ಲೆ. ತ್ಹಂಯ ಕ್ಹಂಯ ಕಿ ಹ್ಯಾ ಗೋಣೇನ ಮ್ಹೊವಾ ಮೂಸಾ ಗೂಡು ಪಳಯಿಲೊ ಆಸ್ಸೂನ್ಕಾ. ಹಾಂವ ಮ್ಹೋವು ಚೋರೂಂಕ ಆಯ್ಯಿಲಿಂ ಚೋರಿ ಮ್ಹಣು ತ್ಯಾ ಮ್ಹೊವಾ ಮೂಸಾ ಹಿಂಡಾನ ಮಾಕ್ಕಾ ಧಾಂವ್ಡಾವ್ನು ಯೆವ್ಚೆಂ ಪೊಳೋನು ಪೊಟ ಭಽರಿ ಹಾಸ್ಸೂನ್ಕಾ ಮ್ಹಣು ಹೀ ಘೋಣೆ ಆಸ್ಸ', ತಕ್ಷಣ ತೀ ಸಾಂಗ್ಲಾಲಿ : 'ನಾಕ್ಕಾ. ರಾನ್ನಾಂತುಂ ನಾಕ್ಕಾ. ಆಮಿ ಏಕ ಕರಯಾಂ, ಪರ್ವತಾ ಶಿಖರಾರಿ ಆಮ್ಗೆಲಿ ರಾಜಿ ಪಂಚಾಯ್ತಿಕಾ ದವೊರ್ಯಾಂ'.

ಕರಡೀನ ಆಲೋಚನ ಕೆಲ್ಲಿ : 'ಹೀ ಕಸ್ಸಲಿ ಪಿಶ್ಶಿ ಮ್ಹಳ್ಯಾರಿ ; ಆಖ್ಯೆರಿಕ ಹೀ ಜಾವ್ನು ಚುಕ್ಕೂನು ಪಳ್ಳಿ. ಪರ್ವತಾ ಶಿಖರಾರಿ ಮಾಕ್ಕಾ ಸರ್ವ ವಿಷಯಾನ ಅನುಕೂಲ ಮ್ಹಣ್ಣಾನಾ ತ್ಹಂಯ ಹೀಣೆ ಕಸ್ಸಲೆಂಯಿ ಕುತಂತ್ರ ಕೆಲ್ಲ್ಯಾರಿ ಹಿಗ್ಗೆಲ್ಯಾ ನಾಣ್ಯಾನಽಚಿ ಹಿಕ್ಕಾ ಪಾವತಿ ದಿವ್ಯೇತ' ಅಶೆಂ ಲೆಕ್ಕೂನು ಘೋಣೆ ಮ್ಹಣಾಲಿ : 'ಜಾಯ್ತ. ಪರ್ವತಾ ಶಿಖರಾ ವಽಯ್ರಿ ಪಂಚಾಯ್ತಿಕಾ ಕರಚ್ಯಾಕ ಮೆಗ್ಗೆಲಿ ಸಮ್ಮತಿ .....

ಮೌಕ್ತಿಕಂ

1. ಗುಣವಂತಾಲೆ ಸಹವಾಸಾಂತು ರಮತಾತಿ
ಗುಣವಂತ
ದುರ್ಗುಣಿ ಜನಾಂಕ ದಿಸನಾ ತಾಂತು
ಆನಂದ
ಕಮಲಾ ಕಡೆ ಯೆತಾತಿ ಭ್ಂವರ ದೂರ ದೂರ
ಥಾವ್ನ
ಮಂಡೂಕ ಲಾಗ್ಗಿಂ ಆಸುನೂಯಿ ಚೋಯ್ನಾ
ಘೂವ್ನ

2. ಸ್ವಚ್ಛ ನಿತಳ ಉದಕಾಂತು
ಜಶೆಂ ಆಪಲೆ ರೂಪ ದಿಸತಾ
ತಶೆಂ ಮನ ಶಾಂತ ಆಸತನಾ ಇಂದ್ರಿಯ
ಜ್ಞಾನ ದ್ವಾರಾ ಸಮ್ಜುಚೆಂ ತತ್ವ ಕಳತಾ

3. ಕುಲೋದ್ಧಾರಾಕ ಎಕ್ಲ್ಯಾನ ತ್ಯಾಗು ಕರಕಾ
ಗ್ರಾಮೋದ್ಧಾರಕ ಕುಲಾನ ತ್ಯಾಗು ಕರಕಾ
ಜನಪದ ಹಿತಾಕ ಗ್ರಾಮಾಚೊ ತ್ಯಾಗು ಜಾವಕಾ
ಆತ್ಮೋನ್ನತಿಕ ಇಹ ವ್ಯಾಮೋಹು ಸೋಡಕಾ

4. ಉತ್ಪಲ, ಮೃಣಾಲ, ಮತ್ಸ್ಯ, ಕುಮುದ
ಹೀಂ ಚಾರಿ ಉಬ್ಜತಾತಿ ಏಕಹೀ ಜಾಗ್ಯಾರಿ
ಕಿಂತು ಚೋದ್ಯ ಆನಿ ಸಮ ನಾಹೀ ಖಬರಿ
ವೆಗವೆಗಳೆಂ ಆಸ್ಸ ತ್ಯಾ ಚಾರಿಚೆಂ ಗಂಧ

5. ದೇವು ಆಸ್ಸನಾ ಕಾಷ್ಠಾಂತು ಪಾಷಾಣಾಂತು
ಆಸನಾ ತೊ ಮಾತಿಯೇ ವಿಗ್ರಹಾಂತು
ಆಸತಾ ತೊ ಮನುಷ್ಯಾಲೆ ಭಾವನೇಂತು
ದೆಕುನು ತಾಜೆಂ ದರ್ಶನ ಸಾಧ್ಯ ಕೇವಲ ಭಾವನೇಂತು

6. ಮೋಡಾಚಿ ಸಾವಳಿ, ತಣಾಚ್ಯೊ ಉಜ್ಯೊ
ದುಷ್ಟಾಚೇರಿ ಪ್ರೀತಿ, ಮರುಭೂಮಿ ಉದಕ
ವೇಶ್ಯೇಲಿ ಆಸಕ್ತಿ, ಕುಮಿತ್ರಾಲಿ ಮೈತ್ರಿ
ಉದಕಾಚ್ಯಾ ಫುಗ್ಗ್ಯಾವರಿ ಹೀ ಸ್ಥಹೀ ಕ್ಷಣಿಕ

7. ಮದೋನ್ಮತ್ತ ಹಸ್ತೇ ಸಾರಖೆಂ ತೆಂ ಮನ
ಚಂಚಲ ಆಸ್ಸೂನು ಘುಂವ್ತಾ ಸಗಳ್ಯಾನ
ಜ್ಞಾನಾಂಕುಶ ಆಸಲ್ಯಾರಿ ಮಾತ್ರ ಮನ
ಉರತಾ ನಿಶ್ಚಲ, ಸ್ಥಿರ ಆನಿ ಘನ

8. ಜಶೆಂ ವಿಷ ಕಂಠಾಂತು ಧರುನು
ಶಿರಸಾ ವ್ಹಾಂವಲೊ ಚಂದ್ರಾಕ
ತಶೆಂ ವಿದ್ವಾಂಸ ಗುಣದೋಷ ಪರಿಶೀಲನ ಕರುನು
ಗುಣ ವೆಂಚುನು ಸೊಡತಾಲೆ ದೋಷಾಂಕ

9. ಕಾಶಿಂತು ವಾಸ ಕೆಲ್ಲ್ಯಾ ಮಾತ್ರಾನ
ಮೂರ್ಖು ಪಂಡಿತು ಜಾಯ್ನಾ
ಗಂಗೆಂತು ಸ್ನಾನ ಕೆಲ್ಲೆ ಮಾತ್ರಾನ
ಮಾತ್ತ್ಯಾಕೇಸು ದರ್ಭೊ ಜಾಯ್ನಾ

10. ಫಾಲ್ನಾ ದೇವಾಚೇರಿ ಭಾರು
ಪರಾಕ್ರಮಿ ಆನಿ ವೀರು
ಆಪ್ಲೆಂ ಕಾರ್ಯ ಆಪಣಃಚಿ ಕರ್ತಾ
ಸೋಣ್ಣಾ ಕೆದನಾಹಿ ದೇವಾಕ

11. ನಾ ಅಕ್ಷರ ಮಂತ್ರ ನಾತ್ತಿಲೆಂ
ನಾ ಪಾಳ ಔಷಧಾಕ ಪಣ್ಣಾತ್ತಿಲೆಂ
ಅಯೋಗ್ಯ ಪುರುಷು ನಾ ತೊ
ದುರ್ಲಭ ಚೋಯಿ ಯೋಜಕು ತೊ

12. ಫಲ ದಿವ್ಚೆ ವೃಕ್ಷ ಆನಿ ಬುದ್ಧ್ವಂತ
ಸಮ ಜಾವ್ನು ಬಾಗ್ವತಾತಿ
ಸುಕ್ಕಿಲಿ ಲಾಕ್ಡಂ ಆನಿ ಮೂರ್ಖ
ಮೋಣ್ಣು ವತ್ತೀತ ಶಿವಾಯಿ ಬಾಗ್ವನಾಂತಿ

13. ಸಗಳೇ ವಿಶ್ವ ಜಿಂಕೂನು ತರಿ ಮಾನವು
ನಷ್ಟ ಕರಿತಾ ಆಪಲೊ ಏಕ ಮಾತ್ರ ಆತ್ಮು
ಇತ್ತೆಂ ಕರೀತ ಲಾಭ ತೊ ಮೂಢಮತಿ ?

14. ಹರಯೇಕ ಶೈಲಾಂತು ನಾ ತೆಂ ಮಾಣಿಕ
ಸರ್ವ ಗಜಾಚ್ಯಾ ಕುಂಭಸ್ಥಳಾಂತು ಮೌಕ್ತಿಕ
ಸರ್ವ ಅರಣ್ಯಾಂತು ಚರನ ವೃಕ್ಷ ಮೆಳನಾತಿ
ಸರ್ವ ಸ್ಥಳಾಂತು ಸಾಧು ಜನ ಮೆಳ್ಚೆನಾಂತಿ

15. ವಿದ್ಯಾ, ತಪ, ದಾನ, ಯಜ್ಞ
ಧರ್ಮು, ಚಾಲಿ ಆನಿ ಉಚ್ಚ್ವಗುಣ
ಹಾಂತ್ಲೆ ಖಂಚೇಯಿ ನಾತ್ತಿಲೆ ಜೀವಿ ಹ್ಯಾ ಪ್ರಪಂಚಾಚೆ
ತೆಂ ಮೃಗತುಲ್ಯ ಆಸುನೂಯಿ ಮಾನವ ರೂಪಾಚೆ

16. ಕಾಪೂರಾ ಪಿಟ್ಟೇ ಅಂಕಣಾಂತು
ಪಿಯ್ಯಾವು ಓವ್ನು
ಕಸ್ತೂರಿ, ಕುಂಕುಮ, ಫುಲ್ಲಾಂಚೊ
ಗೊಬ್ಬೋರು ಘಾಲ್ನು
ನಿತ್ಯ ತಾಜ್ಜೆ ಪಂದಾಕ ಪನೀರ ರಕೋವ್ನು
ಫಲ ಇತ್ತೆಂ ಸಾಂಗಾ ? ವತ್ತವೆ
ಘಾಣಿ ಪಿಯಾವಾ ಸೋಣ್ಣು ?

17. ಕರನಾಕಾ ಆಶ್ರಯ ನೀಚಾಲೆಂ
ಕರಕಾ ಹೋಡ ಮನಾಂಚ್ಯಾಲೆಂ
ಆಶ್ರಯ ಘೇವ್ನು ಸರ್ಪಾನ ಈಶ್ವರಾಲೆಂ
"ಕುಶಲರೇ ?" ಮ್ಹಣು ಗರುಡಾಕ ನಿಮ್ಗಿಲೆ

18. ಜ್ಞಾನ ನಾತ್ತಿಲಿ ನೀತಿ ಉರ್ಚಾಕ ಸಾಧ್ಯನಾ
ನೀತಿ ನಾತ್ತಿಲೆ ಜ್ಞಾನ ಉರ್ಚಾಕ ಶಕ ನಾ
ಹೀಂ ದೋನ್ನೀಚ ಉಜ್ಜಾಚಾ ಪ್ರಕಾಶ ಆನಿ ಉಷ್ಣತೆ ಪ್ರಕಾರ
ಏಕ್ಕಾಕ ಏಕ ಮೇಳ್ನು ಆಸ್ಸಾಚಿ

19. ವಿಘ್ನಾಂಕ ಭೀವ್ನು ಕರನಾಂತಿ ಪ್ರಯತ್ನ ಅಧಮ
ಕರತಾತಿ ವಿಘ್ನ ಯೆವ್ಪೊ ಪರ್ಯಂತ ಮಧ್ಯಮ
ವಿಘ್ನ ವಯ್ರಿ ವಯ್ರಿ ಯೇವ್ನುಯಿ ಅಧೀರ
ಉತ್ತಮ ಉರತಾತಿ ಆಖ್ಯೆರ ಮ್ಹಣು ಸರಿ ಪ್ರಯತ್ನ ಶೂರ

20. ಸ್ನೇಹಾಕ ನಾ ತೆಂ ಅಂತರ, ತೆಂ
ಭೊ ಲಾಗ್ಗಿ ನಿರಂತರ
ಗುಡ್ಯಾಚ್ಯಾ ಮೋರಾ ಕಡೆ ಆಸ್ಸ ಸ್ನೇಹ
ಗಗನಾಚೆ ಮೋಡಾಕ
ಭಾರಿ ದೂರ ಆಸ್ಸುಚೊ ಭಾಸ್ಕರು
ಭೂಂಯ್ಯಾ ಕಮಲಾಂಕ ನಿಕಟ ಮಿತ್ರು
ಮಾಳಬಾರಿ ರಾತ್ರಿ ಉದೇಚೊ ಇಂದು
ಚೋಯ ಕುಮುದ ಪುಷ್ಪಾಂಕ ಬಂಧು

21. ಜಾಲ್ಲೆನಾಂತಿ ಸಂತುಷ್ಟ ಕ್ಷೀರಾಬ್ಧಿಚ್ಯಾ ರತ್ನಾನ
ಭಿಲ್ಲೆ ನಾಂತಿ ನಂತರ ಆಯ್ಯಿಲ್ಯಾ ಕಾಲಕೂಟ ವಿಷಾನ
ಶ್ರಮು ಪಾವ್ನೆ ಅಮೃತ ಯೆವ್ಪೊ ಪರ್ಯಂತ
ಕರತಾಲೆ ಸಾಹಸು ಹ್ಯಾಚಿ ತರೇನ ಧೀಮಂತ

22. ಸಂಸಾರಾಂತು ಸಹನಾ, ಕಷ್ಟಾಂತು
ಧೈರ್ಯ
ಸಭೇಂತು ವಾಕ್ಚಾತುರ್ಯ, ಯುದ್ಧಾಂತು
ಶೌರ್ಯ
ಆಸಕ್ತಿ ಕೀರ್ತೀಂತು, ಅಧಿಕಾಸಕ್ತಿ ಶಾಸ್ತ್ರಾಂತು
ಹೆ ಸ್ಹ ಗುಣ ಸಹಜ ಆಸತಾತಿ
ಪ್ರಮುಖಾಲ್ಯಾಂತು

23. ತಳಮಳೆತಾ ತರಿ ಭೂಕೇನ, ಜರ್ಝರಿತ
ವೃದ್ಧಾಪ್ಯಾನ
ಕಷ್ಟಾಂತಾಸ್ಲ್ಯಾರಿಯಿ ಶಕ್ತಿ ಕುಂದ್ಲ್ಯಾನ
ಸೊಡಶಿನಾ ಮಾನ
ಆಯ್ಲಾಂ ತರಿ ಪ್ರಾಣೋತ್ಕ್ರಮಣ ಶಿಗುಳೂಂಕ
ಇಚ್ಛೆತಾ ವಯ್ರಿ ಉಡ್ಲ್ಯಾನ
ಹಸ್ತೇಚೆಂ ಕುಂಭಸ್ಥಳ, ಶಿವಾಯಿ ಖಾವ್ಚ್ಯಾನಾ
ಸಿಂಹು ತಣ

24. 'ಮಮ' ಶಬ್ದಾಂತು ಅಕ್ಷರ ಕೇವಲ ದೋನಿ
ಪಣ್ ಶಬ್ದು ತೊ ಮೃತ್ಯುಕಾರಕು
'ನಮಮ' ಶಬ್ದಾಂತು ಅಕ್ಷರ ತೀನಿ
ಪಣ್‌ಪ್ರಾಪ್ತ ಕರತಾ ಶಾಶ್ವತ ಬ್ರಹ್ಮಲೋಕು

25. ಸತ್ಕುಲ, ಬುಧ್ವಂತಿಕಾ, ಚಾಂಗ್ಪಣ
ಆಶಿಲ್ಯಾಕ ಕರುನು ವಿಸರ್ಜನ
ತೀಂ ಕಾಹೀ ನಾತ್ತಿಲ್ಯಾ ಶ್ರೀಮಂತಾಕ
ಕಲ್ಪವೃಕ್ಷಾ ಸಾರಖೆ ಚೊಯ್ತಾತಿ ಬಹುಜನ

26. ಪ್ರಯತ್ನಪೂರ್ವಕ ಶುರು ಕೆಲ್ಲೆಲೆಂ ಕಾಮ
ಅಕಾಲಾರಿ ಫಕ್ಕನೆ ರಾಬ್ಬೋನು
ಊಹನಾತೀತ ಕಾಮ ಹಾತಾಂ ಘೆವಚೆ
ಹೆಂ ಚೋಯ್ ಖಂಡಿತ ದೈವಿಕ

27. ದೇಹಾಚೆ ದೃಷ್ಟೀನ ಹಾಂವ ತುಜೊ ದಾಸು
ಜೀವನ ದೃಷ್ಟೀನ ಹಾಂವ ತುಜೊ ಅಂಶು
ಆತ್ಮದೃಷ್ಟೀನ ತೂಂಚಿ ಹಾಂವ ಪರಮೇಶು
ಹೋಚಿ ಆಯ್ಕ ಪ್ರಭೋ, ಮಜೊ ದೃಢ ವಿಶ್ವಾಸು

28. ದಾನ ಹಾತ್ತಾಕ ಭೂಷಣ
ಸತ್ಯ ಕಂಠಾಕ ಭೂಷಣ
ಕಾನ್ನಾಂಕ ಶಾಸ್ತ್ರ ಶ್ರವಣ ಭೂಷಣ
ಮ್ಹಣತಾನಾ ಕಿತ್ಯಾಕ ಹೆರ ಆಭರಣ ?

29. ನಾ ಕಹೀ ವೈದ್ಯು, ವೇದಜ್ಞ ಪುರೋಹಿತು
ಸಜಲಾ ನಂಯ, ಉಶಿಣೆ ದಿವ್ಚೊ ಋಣದಾತು
ತಸಲ್ಯಾ ಸ್ಥಳಾರಿ ಉರೂನಾಕಾ ಕೆದನಾಹಿಂ
ಮಿತ್ರಾ, ಆಯ್ಕ ಉತ್ತರ, ಬರೆಂ ಜಾಯಿಶ್ನಾ ತಹಿಂ

30. ಶರತ್ ಮೇಘ ಗುಡ್ಗುಡೆತಾ ಪಾವ್ಸ ದೀನಾ
ವರ್ಷ ಮೇಘ ಪಾವ್ಸ ದಿತಾ ಗುಡ್ಗುಡೇನಾ
ಅಲ್ಪ ಸಾಂಗತಾತಿ ಶಿವಾಯಿ ಕರನಾತಿ
ಉತ್ತಮ ಸಾಂಗನಾತಿಲೇಂಚಿ ಕರತಾತಿ

31. ಬುದ್ಧಿಶಕ್ತೀಚಿ ಸರ್ವಾಂಪೇಕ್ಷಾ ಶ್ರೇಷ್ಠ
ಆಯುಧಾಂನಿ, ಹಸ್ತೀಂನಿ, ಘೊಡ್ಯಾಂನಿ
ಆನಿ ಪಾಯ್ದಳಾಚ್ಯಾ ಸರ್ವ ಸೈನಿಕಾನಿ
ಜಾಯ್ನಾತಿಲೆಂ ಕಾಮ ಸಾಧ್ಯ ಕರತಾ
ಬುದ್ಧಿಶ್ರೇಷ್ಠ

32. ದುಡ್ವಾನ ಲೋಭೀಕ
ವಿನಯಾನ ಕಠಿಣತೇಚ್ಯಾಕ
ಪ್ರಶಂಸೇನ ಮೂರ್ಖಾಕ
ಸತ್ಯಾನ ಪಂಡಿತಾಕ, ವಶ ಕರ್ಯೇತ

33. ಮೃಗ ಮಾಂಸ ಖಾವ್ಚೊ ಮೃಗರಾಜು
ವನಾಂತು ಅತಿ ಭುಕೆಲ್ಯಾರಿಯಿ ತಣ ಖಾಯ್ನ
ತಶೆಂಚ್ ಸತ್ಕುಲ ಪ್ರಸೂತ ಮನುಜು
ಸಂಕಷ್ಟ ಕಾಲಾರಿತಾಂಯಿ ವಾಯ್ಟ ಕಾಮ ಕರನಾ

34. ನೀಚ ಜನಂ ಇಚ್ಛಿತಾತಿ ಕೇವಲ ಸಂಪದ
ಮಧ್ಯಮ ಇಚ್ಛಾ ಪಾವತಾತಿ ಗೌರವ ಆನಿ ಸಂಪದ
ಉಚ್ಚಾಂನಿ ಆಟೌಚೆಂ ಗೌರವು ಏಕ ಮಾತ್ರ
ಕಾರಣ ತೇಂಚಿ ಪರಮ ಸಂಪದ ಮಹಾತ್ಮಾಲೆಂ ಸರ್ವತ್ರ
ಸತ್ಯ ಮಹಾತ್ಮ ಜಾಣತಾತಿ ಮಹತ್ವ ಇತರಾಂಲೆಂ

35. ಧೈರ್ಯ ನಾ ತಿಲಮಾತ್ರಯಿ
ಕಾತರತಾ ಕುಂವಾಂಳಿಂ ತಶೆಂ ಆಸುನೂಯಿ
ಅಪರಿಚಿತಾಂಕ ಹೊ ದಿಸತಾ ಹೋಡು
ಪರಿಚಿತಾಂಕ ಕೇವಲ ಬೊರೊಡು

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
335

ಒವ್ಯಿ

★ ದರಿದ್ರಾಕ ದಿಲ್ಲೆಲೆಂ ದಾನ, ಶೂನ್ಯ ಸ್ಥಿತೀರಿ ಆಶ್ಶಿಲೆ ಶಿವಲಿಂಗಾಕ ಕೆಲ್ಲೆಲೆಂ ಪೂಜನ, ಅನಾಥ ಶವಾಕ ಕೆಲ್ಲಲೊ ಸಂಸ್ಕಾರು ಹೆಂ ತೀನಿ ಬಗ ಅಶ್ವಮೇಧ ಯಾಗಾಕ ಸಮ ಜಾವ್ನಾಸ.

★ ನ್ಯಾಯಾಲಯಾಚೆ ಕಾಟ್ಟ್ಯಾ ಪೇಕ್ಷಾಂ ಚಡ ಉನ್ನತ ಏಕ ಕಾಟ್ಟೆಂ ಆಸ್ಸ. ಆಮ್ಗೇಲಿ ಅಂತರ್‌ಸಾಕ್ಷೀಚಿ ತೆಂ ಕಾಟ್ಟೆಂ. ಹೆಂ ಇತರ ಸರ್ವ ನ್ಯಾಯಾಲಯಾಚೆ ಕಾಟ್ಟ್ಯಾಂಕ ಮಾಕ್ಸಾಯ್ತಾ.

★ ಆಶೇಚೊ ಕಳಸೊ ಭರಚೊ ಅರ್ಥ ಕುಡೊ.

★ ಮಾಯೇಚೊ ಪರಿಚಯು ತುಮ್ಕಾಂ ಜಾಲ್ಲೊ ಮ್ಹಳ್ಳೆ ತಕ್ಷಣ ತೀ ಮಾಯ ಜಾತ್ತಾ.

★ ಜೀವನ ನ್ಹಂಯ ತೆಂ ಬರೆಂ ಜಾವೊ ವಾಯ್ಟ
ತೆಂ ಯೇಕ ಸ್ಥಳ ತ್ಥಂಯ ಉರತಾ ಬರೆಂ ಆನಿ ವಾಯ್ಟ.

★ ಸುದುದ್ದೇಶಾಚಿ ಆತ್ಮ ಜಾಗೃತಿ
ದುರ್ಭಾಗ್ಯಾಂತು ತೀಚಿ ಪರಮ ಶಾಂತಿ.

★ ಆಶೇಂಚೊ ವಿಶ್ವಾಸು ದವೊರ್ನು ಜೋ ತೊ ಉರತಾ
ಉಪಾಶಿ ನಿಶ್ಚಯ ತೊ ಮರತಾ.

★ ಪೈಸ್ಯಾಂಚೆ ಮೌಲ್ಯ ಸಮುರ್ಘಾಂಕ ತರಿಂ ತೂ ಇಚ್ಛಿತಾ
ಚಡಲ ಆನಿ ಉಶಿಣೆ ಘೆವ್ನಾಂಕ ಪ್ರಯತ್ನ ಕರಿ ನಿರುತ.

★ ದಾರ್ಲ್ಲ ಮನುಷ್ಯಾಂಲೆ ಐಶ್ವರ್ಯ ಆನಿ ಬಾಯ್ಲ ಮನುಷ್ಯಾಂಲೆ ಸೌಂದರ್ಯ
ದೊನ್ನಿಯಿ ಸ್ಥಿರ ನ್ಹಂಯಿ.

★ ಖಂಚೇಯಿ ಘರಾಂತು ಪ್ರವೇಶ ಕರಕಾ ಜಾಲ್ಯಾರಿ ವಣ್ತೇಕ ಥಿಕ್ಕಿ ಮಾರಾತಾತ್‌ವೆ? ಬಾಗ್ಲಾ (ದ್ವಾರಾ) ಮುಖಾಂತ್ರಚಿ ನವೇ ಘರಾಂತು ವೊಚ್ಚುಕಾ ? ತ್ಯಾಚಿ ರೀತಿ ಮನುಷ್ಯಾಲೆ ಹೃದಯಾಂತು ಪ್ರವೇಶು ಮೇಳ್ಕಾ ಜಾಲ್ಯಾರಿ ಗುಣ ಮ್ಹಳ್ಳೆಲೆ ಬಾಗ್ಲಾಕ ಮಾರಕಾ. ತೆನ್ನಾ ತೆಂ ಉಗಡ ಜಾತ್ತಾ.

★ ಪಿಕಲೆಂ ಉಪರಾಂತೆ ಬಂಧನ ನಾ ; ಮೀಡಿ ಸಮುಚಿ ಪಿಕ್ಕೊ ವರೇನ ರೂಕು ತಾಕ್ಕಾ ಬಂಧನಾಂತು ದವರ್ತಾ.

ಮತ್ಸರಾಕ ಸಮಾನ ಉಜ್ಜೊ ನಾ. ದ್ವೇಷಾಕ ಎದುರ ರಾಬ್ಚೆಂ ಭೂತ ಪಿಸಾಸ ನಾ. ಮೋಹಾಕ ತೂಕ ಜಾವ್ಚೆಂ ಉದಾಕ ನಾ. ಮಹತ್ತರ ಆಕಾಂಕ್ಷೇಕ ಸಮಾನ ಜಾಲ್ಲೇಲಿ ನ್ಹಂಯಿ ನಾ.

ಗಲೀಜ ನಾ ಮ್ಹಳ್ಳೆಲೆಂ ಖಚಿತ ಕೋರ್ನು ಸ್ವಚ್ಛ ಸ್ಥಳಾರಿ ಪಾಯು ದೊವೊರ್ಕಾ; ಉದಾಕ ಆಂಗ್ಯಾಲ್ಯಾಂತು ಗಾಳ್ನು ಸ್ವಚ್ಛ ಕೋರ್ನು ಪೀವ್ಕಾ ; ಸತ್ಯ ನಿಷ್ಠೇನ ಶುದ್ಧ ಉತ್ರಾಂ ಉಲ್ಲೋಕಾ ; ತಶೆಂಚ ವಿವೇಕಾನ ಯುಕ್ತ ಜಾವ್ನಾಶಿಲೆಂ ಮನಾಂತು ನಿಶ್ಚಯ ಕರನು ತ್ಯಾ ಪ್ರಮಾಣೆ ಉಲಕಾ.

ಶ್ರೀಮಂತ ಹೃದಯನಾಶಿಂ ಐಶ್ವರ್ಯ ಕುರೂಪಿ ಭಿಕ್ಷುಶೆಂ ವರತಲೆ.

ಲೌಕಿಕ ಆನಿ ದೈವಿಕ ಸರ್ವ ವಿಷಯಾಂತು ಸೌಹಾರ್ದ ಸಮ್ಮಿಲನ ಆನಿ ತಾಕಾ ಪರಸ್ಪರ ಸಹಾನುಭೂತಿ ಪ್ರೀತೀಚೆ ಜೋಡಣ ತೇಂಚಿ ಪರಮಸ್ನೇಹ.

ದೇಹ ರಕ್ಷಣ ಕೊರುಂಕ ಹಾತ ತೆ ಜಾವ್ನು ಮುಕಾರಿ ವತ್ತಾಲೆ.

ದೊಳ್ಯಾಂತು ಭಾಯ್ಲೊ ಕಸಲೋಯಿ ಕೋಯ್ರು ಪಣ್ಣಾ ತಶೆಂ ಪಾತ್ತ್ಯೊ ರಾಕತಾಲೆ.

ತಶೆಂಚ ಆಪತ್ಕಾಲಾರಿ ಆಪಯ್ನಾತ್ತಿಲೆಂ ಆಪ್ಪಣ ಜಾವ್ನು ಸಹಾಯಾಕ ಮುಕಾರಿ ಎತ್ತಲೋಚಿ ಪರಮ ಮಿತ್ರು ಮ್ಹಣಕಾ.

ಧರ್ಮಾತ್ಮಾಂಕ ದೀನಾಂಲಿ ಚಿಂತಾ, ಕರ್ಮಾತ್ಮಾಂಕ ವಾಯ್ಟ ಜಾವ್ಚಿ ಚಿಂತಾ, ಭಕ್ತಾಂಕ ಮುಕ್ತಿಚಿ ಚಿಂತಾ, ಮುಕ್ತಾಂಕ ಪರಮಾತ್ಮಾಲಿ ಚಿಂತಾ.

ಮರ್ಯಾದಿ ಆಶ್ಶಿಲೊ ಆನಿ ನಾತ್ತಿಲೊ ಹಾಂಗೆಲ್ಯಾ ಝುಗಡ್ಯಾಂತು ಸುಲಭ ಜಾವ್ನು ಜಿಕ್ಕುಚೆಂ ನಾತ್ತಿಲ್ಯಾನ.

ಸಮುದ್ರಾಂತು (ದರಿಯಾಂತು) ಪಾತ್ತ್ಥೋರು ಯೇಕ ಮೂರ್ಖ ಮನುಷ್ಯಾನ ಸುಧಾಂ ಉಡ್ಡೊಯೇತ ; ಜಾಲ್ಯಾರಿ ತೊ ಸೊದುನು ಹಾಡಚೊ ಶೆಂಬರಿ ಜನ ಬುಧ್ವಂತಾಂಕಯಿ ಸಾಧ್ಯನಾ.

ದುರ್ಬಳಪಣ ಪಂಚೇಂದ್ರಿಯ ಸೋಣ್ಣು ಸ್ಹಂಚೆ ಇಂದ್ರಿಯ ಜಾವ್ನಾಸ್ಸ.

ಕೊಣಾಕಯಿ ದ್ವೇಷು ಕರನಾ ; ಪರನಿಂದಾ ಕೆದನಾಹಿಂ ಕರನಾ ; ಆಪಯ್ಲೆ ಶಿವಾಯಿ ಕಹಿಂ ಯೇನಾ - ದೆಕುನೂಚಿ ಪಾತ್ತ್ಥೋರು ಸುಧಾಂ ದೇವು ಜಾತಾ.

★ ಮಾತ್ತ್ಯಾವಯ್ಲೆ ಭಾರಾಚೆಂ ದುಃಖ ದುಸ್ರೆ ಕೊಣಹಿ ಉಕೋಳ್ನು ದೂರ ಕರತೀತ ; ಜಾಲ್ಯಾರಿ ಭೂಕ ಆನಿ ತಾನ್ನೀನ ಆಸ್ಸ ಜಾಲ್ಲೆಲೆಂ ದುಃಖ ಸ್ವತಹ ಖಾಯ್ನಾತಿಲೆಂ ಪೀನಾತಿಲೆಂ ದೂರ ಕರುಂಕ ಜಾಯ್ನಾ.

★ ಮನುಷ್ಯ ಆಚಾರಾ ನಿಮಿತ್ತ ಆಯುಷ್ಯ, ಇಷ್ಟ ಜಾವ್ನಾಸುಚೆ ವಿಷಯ ಆನಿ ಅಪರಿಮಿತ ಸಂಪತ್ತು ಜಮೈತಾ ; ಆಚಾರು ಅಶುಭಯಿ ನಾಶ ಕರತಾ.

★ ದುಸ್ರ್ಯಾಂಲ್ಯೊ ಚುಕ್ಯೊ ಸೊದ್ದುನು ತಾಂಕಾಂ ವಾಯ್ಟ ಮ್ಹಣಚೆ ಬದ್ಲಾಕ ತೂಂ ಚೂಕಿ ಕರನಾತ್ತಿಲೆಂ ಚಾಂಗು ಜಾವ್ಚಾಕ ಪ್ರಯತ್ನ ಕರಿ. ತಾಜ್ಜೇನ ಶ್ರೇಯ ಆಸ್ಸ.

★ ಗರುಡ ಮಂತ್ರು ಶಿಕ್ಕಿಲ್ಯಾಕ ಸರ್ಪಾಚಿ ಭಾಧಾವೆ ? ಸಿಂಹಾಚೆ ಮಾಗ್ಗಿ ರಾಬ್ಬಿಲ್ಯಾನ ಹಸ್ತೇಕ ಭಿವ್ಚೆಂ ಇತ್ತ್ಯಾಕ ?

★ ಅಂತರ ಜಾಣ ನಾತ್ತಿಲೆ ಅಧಮಾಲ್ಯಾ ಬಾಗ್ಲಾಂತುಂ ರಾಬ್ಬುನು ರಾಕಲ್ಯಾರಿ ಇತ್ತೆಂ ಫಲ ? ದೂದ ಘಾಂಟಲ್ಯಾರಿ ಲೋಣಿ ಮೆಳತ - ಉದಾಕ ಘಾಂಟೂನು ಇತ್ತೆಂ ಫಲ?

★ ಉಪಕಾರು ಕೞರಿ ; ಕರತಲ್ಯಾಂಕ ಕಶ್ಶಿಂ ವ್ಹೊಂಣು ದಾಕ್ಕಯಿ ; ಉಪದ್ರವ ದೀವ್ನಾಕ್ಕಾ ತೊಂಡಾಂತು ಬೋಟ ಘಾಲ್ನಾಕ ; ಮೌನ ಆಶ್ಶಿಲೆ ಕಡೇನ ಉಲ್ಲೋನಾಕಾ.

★ मनुष्यु आचारा निमित्त आयुश्य, इष्ट जान्नासुचे विषय आनी अपरिमीत संपत्तु जमैता; आचारु अशुभयी नाश करता.

★ दुर्स्येल्यो चुक्यो सोड्डुनु तांका वाय्ट म्हणचे बद्लाक तू चूकी करनात्तिले चांगु जाव्वाक प्रयत्न करी. ताज्ञेन श्रेय आस्स.

★ गरुड मंत्रु शिक्किल्याक सर्पाची भाधावे? सिंहाचे माग्शि राब्बिल्यान हस्तेक भिव्वे॰ इत्त्याक ?

★ अंतर जाण नात्तिले अधमाल्या बाग्लांतु॰ राब्बुनु राकल्यारी इते॰ फल ? दूव घांटल्यारी लोणी मेळत - उदाक घांटूनु इत्ते॰ फल ?

★ उपकारु कऽरी; करतल्यांक कश्शी॰ म्होणु दाक्कयी; उपद्रव दीव्नाक्का. तोंडांतु बोट घाल्नाक; मौन आश्शिले कडेन उल्लोनाक्का.

Mouktik (B.V. Baligaale Punjayilen Sahitya) collected by Smt. Sandhya Shevgoor, Mangalore - 575 001.

Copy rights : @ Karnataka State Konkani Linguistic Minority Educational Institutions' Association, Mangalore. (Dakshina Kannada District) 575 001.

Price : **100/-**

Published by : Karnataka State Konkani Linguistic Minority Educational Institution's Association, Mangalore. (Dakshina Kannada District) 575 001.

Srinivas Patashala Complex, V.T. Road, Mangalore - 575 001.

Printed at : Shri Ganesh Printers, IInd Floor, City Point, Kodialbail, Mangalore - 575 003

Cover Photograph : Sri Ramdas Shevgoor
Shevgoor Arts, Carstreet, Mangalore.

प्रकाशकालें उत्रं

श्री बंटवाळ वासुदेव बाळिग - बी.वी. बाळो - कोंकणी कळो - जन संपदांत लोक मोगाळ जाव्न आशिलो । कोंकणी माय भाषेचे उदरगती खातीर तागेले जीवितभरी वावुरल्लो । करावळी कर्नाटकांतु कोंकणी समाजाचे दोनी पिळगिक कोंकणी भास, संस्कृती, कला, संगीत, नाटक इत्यादी क्षेत्रांत माहिती दीव्न सेवा करचाक निरंत उत्साह हाळलो महान् चेतन ।

तागेले तर्नटि प्रायेरी दी. व्ही. एस्. कुड्वांले "सारस्वत" (१९४०-४६) कोकणी नेमाळेंत सहसंपादक जाव्न पत्रिकोद्यमांत अनुभव घेव्न, नंतर १९६७ इस्विंत श्री काशीमठ संस्थानांचे परमगुरु श्री सुधींध्र तीर्थ स्वामीजींगेलो आशीर्वाद घेव्न "पंच्कदायी" कोंकणी म्हैन्याळे ताणे शुरुवात केलें । "पंच्कदायी" पत्रिका मुखेन कोंकणी भाषा प्रचार आनी कोंकणी समाजांत एक्वट हाडचाक तोची एक संस्थो जाव्न अहर्निशी ३० वरस बाळिगा मामान संपादक वृत्ती केलेली । नंता "पंच्कादायी" मास पत्रिका कोंकणी भास उलोवचे वेगवेगळे जाती धर्माचे मुख्य जाव्न कोंकणी क्रैस्त भांव्ड आनी आमगेले समाजाचे मध्येंत एक सांकव जाव्न परस्पर मधुर संबंध वाडुन यवचाक प्रयत्न केलें । ३० वरस संपादक जाव्न आसुन, तागेले उत्तर वयारी मणिपालचे कोंकणी भाषोद्धार ट्रस्ट् संस्थाक पंच्कदायी पत्रिका हातांतर कर्न निवृत्त जालो ।

श्री. बी.वी बाळिगा १-१२-२००५ दिवस अंतर्लो । त्या कोंकणी महामहिमालो उगडास कर्न, तांगेले जीवाताचो संदेश आमगेले मुखावयले पीळगिकय पावका आनी कोंकणी माय भासेचे सेवा करचांत स्फूर्ती दीवका म्हळेले उदेशान आमगेले कर्नाटक राज्य कोकणी भाषा अल्पसंख्यांक विद्या संस्थेचे संघान ०९-०४-२००६ दिवस मंगळूरांत "कोंणी कळो बी.वी. बाळिगा संस्मरण" समारंभ दबाजेन आचरण करचे ठरयलें ।

बी.वी बाळिगा माम्मान बरे पत्रिका चलाय्सूनु व्हरचे कार्य मात्र करनासी, ताजे जवळ ताणे स्वतः बरपूर साहित्य रचना करनु कोंकणी बरोवचें कशें म्होणु

दाखोवनूइ दिल्लां. ताणो बरयिलें काणियों, कविता, भुर्ग्यांची काणियों, तात्त्विक विचार हांतु थोडे पुंजानु हें पुस्तक तयार केलां .

कोंकणी भाशेंतु साहित्य रचना करपी, नावादीक बरोवपी श्रीमती संध्या शेवगूर हीणे, 'पंच्कदायी' म्हयन्याळांत ३० वरसांतु श्री बी.वी. बाळिगात बरेयिले साहित पुंजावचे काम बरें थरान करनु दिलां. तिका देवु बरें कोरो.

'मौक्तिक' (बी.वी. बाळिगाले वेंचिले साहित्य) पुस्तक सुंदर, शोबीत जावन छापसीलें मंगळूरचे श्रुती प्रिंटर्स हाचो धणी श्री सुशील पै हांका देवु बरें कोरो.

पुस्तक प्रकाशन करचांत दुड्वा मदत केलेलें डा. टी. एम. ए.पै फौंडेशन, मणिपाल हांका देवु बरें कोरो.

डा. यु. एस. मोहनदास नायक
अध्यक्ष
कर्नाटक राज्य कोंकणी भाषा अल्पसंख्यातांगेलो
विद्या संस्थ्यांचो संघु, मंगळूर, कर्नाटक

मंगळूर
०१-०४-२००६

मेगेलीं दोनी उत्रं

कोंकणीचे श्रेष्ठ साहिती दि। श्रीमान् बी.वी.बाळिगा हान्नी प्रारंभ कोर्नु तीस वर्सथायी खुद्दा चलासुनु व्हेल्येली नावाधीक कोंकणी मासपत्रिका 'पंच्कादायी'. प्रारंभ धोर्नु तान्नी स्वतः रचन केल्लेलें साहित्यऽची त्या पत्रिकेक फाटिबल. तांतु पैकी थोडे° पुंजानु ह्या पुस्तकांतु प्रकट केल्ला.

दीस नित्याचे सामान्य घडणूक असामान्य दृष्टीरी नियाळ्नु ताज्ञे विश्लेषण कोर्नु मोड्याळ बरपावळेरी विस्काराचिं तांगेली शैली. हांगेले बरपावळ वाच्चितना तांतु फकत वस्तुनिष्ठता न्हंयी, माय भाषेचे पुनरुत्थानाचे प्रती तांगेले अर्पणाभावयी वोळकता. कोंकणी भाषा जागृती कोंकण्यालांतु थीर कोरुंक 'पंच्कादायी' पत्रिका बरोबर वापरल्या.

कर्नाटक राज्य कोंकणी भाषा अल्प संख्यातांगेले विद्या संस्थ्याचे संघान भाळमाम्माले कोंकणी अभिमानाक गौरव दीव्नु तांगेले संस्मरण संदर्भारी हें पुस्तक प्रकट केल्लेले अत्यंत योग्य जाव्नु आस्सा. हाज्ञे संपादन माक्का दिल्ल्याक हांवं तांका कृतज्ञता सांग्ता. सुंदर आनि शोभित मुद्रण कोर्नु दिल्लले कोडियाल्चे गणेश प्रिंटसार्चे श्री सुशील पै कयि हांव आभारी. मुखप्रष्ठारी बी.वी.बाळिगा माम्माले आकर्षक भावचित्र बरयिले मेगेले यजमान श्री रामदास शेवगूर हांकायि हांव कृतज्ञता सांग्ता.

उमेदूवार कोंकणी लेखांकाक तरी हें पुस्तक प्रेरक जाल्लें, प्रकाशकलो उद्देशु, श्रमाक गौरव मेळताले आनी भाळमामाले आत्माकयी शांती मेळतली म्होणु मेगेलो विश्वासु.

WORLD KONKANI CENTRE
LIBRARY
SHAKTHINAGAR D. K.

Acc. No. ____________

1. Books lost, torn, defaced, marked or damaged in any way shall have to be replaced by the borrower.
2. Books issued can be recalled at any time, if necessary.

HELP TO KEEP THIS BOOK
FRESH & CLEAN

मौक्तिक

(बी.वी. बाळिगालें पुंजायिले साहित्य)

संपादकी

संध्या शेवगूर

प्रकाशक

कर्नाटक राज्य कोंकणी भाषा अल्पसंख्यातांगेलो

विद्या संस्थ्यांचो संघु

मंगळूर, कर्नाटक

विषयसूची

1.	कवन	2
2.	काण्यो	6
3.	चेर्डुवाली काण्यो	28
4.	मौक्तिक	37
5.	ओव्ळं	44

हांव, कोंकणी आनी 'पंच्कादाजयी'

हांव एकु सामान्य मनुष्यु. तोंडांतु रुप्प्या चमचे दवोर्नु होड जाल्ललो न्हयी. पितृ प्रेमाना वंचित जाल्लेले माक्का मातृ प्रेमाचे अमृतधारेन कष्टान होड केल्ललो मेग्गेले आव्सून. तिग्गेले बाप्सूल्या (मेग्गेले आज्ञाले) घरा मेग्गेलें बाल्य, शिक्षण, तारुण्य संप्ले. शिक्चि तानि आसिली जाल्यारियि ते मुकार्सुची अनुकूलता नात्तिलें 'इंटरमीडियेट' तांयि मात्र शिकलों.

मेगली मातृभास कोंकणी. त्या भाषेच्या सेवेक माका प्रेरेपण दिलेली अमोघ शक्ति मेग्गेली आवयी. पत्रिके मुखांः त्या भाषेची सेवा करुंक म्हाका (प्रथम वकाश) मेळलो 1941 इस्विंतु. 'सारस्वत' नांवाच्या साप्ताहिक पत्रा द्वारा सेवा करुंक म्हाका अवकाशुकरनु दिललो महानुभाव दि। वामन श्रीनिवास कुडवु. कोंकोणी साहित्य सेवेचो गुरु दि। कुड्पि वासुदेव शेणै. ह्या तीग जनांलो ऋणभारु जीवनांत्य पर्यंता विसोर्चो न्हंय.

'पंच्कादायी' मास पत्रिका आरंभ करुंक प्रेरणा मेळ्ळली धर्मगुरु श्री काशी मठाधीश परमपूज्य श्रीमद् सुधींद्र तीर्थ स्वाम्यांले कडच्यान. मेगेले दोनि हात्तांनी त्या पत्रिकेचे काम एक्वीस वर्ष धर्नु सांग जाव्नु चल्लेले तांगेले आशीर्वाद आनि अनुग्रह बलान हो मेग्गेलो दृढ विश्वासु. पत्रिका आरंभ करताना मेगेलि प्राय पन्नासाक एक ऊणे. आजी ती सत्तरीक पावल्या. हांवे प्रीतीन पालन, पोषण केल्लेले, प्रस्तुतः विशाल गौड सारस्वत समाजाचे एकमात्र मुखपत्रा सारखे आसुचे, ह्या पत्रिकेचे भविष्य भद्र करका म्हळ्ळि एकी आशा मात्र बाकी उरल्या.

दैवानुग्रह आनी धर्म गुरूंल्या आशीर्वाद बलान ताकायी एक सदवकाशु दृग्गोचर जाला. 'कोंकणि भाषोद्धार ट्रस्ट' नांवाचे एक ट्रस्ट निर्माण जाव्नु, मुकारी त्या ट्रस्टाचे नांवारी आनिकेयी सर्वांग सुंदर करनु पत्रिका कायं चलचे व्यवस्थेक हांव सही करनूयी आय्ला. ह्या ट्रस्टाचे प्रधान कार्यालय मणिपालांतु आसतले. ट्रस्टि मंडलांतु हांवयी एकु 'ट्रस्टि' (आजीव) आसूनु पत्रिकेक मेगली सेवा आख्यैरिचो उस्तु म्हणुसरि मुर्कासुचि आश्वासन, पत्रिका सुसूत्र जाव्नु चलच्याक प्रत्यक्ष व परोक्ष सहकारु दिल्लेले सर्वांक दीव्नु, ह्या व्यवस्थेक तांगेली सम्मती आसतली म्हणु दृढ विश्वासु लेकता.

– बी. वी. बाळो

संपादक 'पंच्कादायि'

भाषाभिमान

भाषाभिमानु जायी
आनी तो बरो
देशभिमानु सोण्णु
भाषाभिमानु न्हंय
हे॰व॰यि यादांतु उरो

प्रीतीची ज्योती जोळोया°

वारे°, वत : थंडी पाव्सु
प्रकृती नियम
जाती, मत पंथ भेद
मनुष्याली रचन

गोरो, काळो, दीगु, गुड्डो
देवान केल्लेले
म्हारु, म्लेंछु, भट्टु भेद
मनुष्यान हाळ्ळेले

दारले, बाय्लो, दोनीचि भेद
जात्तना दिस्सुचे
हिंदू, मुस्लिम, क्रैस्त तांका°
मनुष्यानऽची करचे

नेल, जल, वायु, गगन
सर्वा° खातीर
गांवु, जिल्लो गडी बांद्ल्या
स्वार्थ खातीर

तमिळु, तेलुगु, हिन्दी, सिंधि
भासो हजार
आस्ल्यारीत्ते° सर्वयी
भारतीले परिवार

जाती, काती भेदु सोण्णु
नीतीन चलका
भाव, भैणि, प्रीत-ज्योती
सगळ्यान जोळूका

– बी· वी· बाळिगा

आमी सर्व एक

आजियी फायियी आमी सर्व एक
गेलु येव्वो सोलु येम्मो आमि सर्व एक
यो अण्णा, यो अक्का, सरया॰ मुकार

तो मतु हो मतु ती जाती ही जाती
हो भेदु कित्याक ? आमि जावया॰ एक
चंदायेन एकत्र॰ सरया॰ मुकार

कालियी फायियी आमी सर्व एक
दुःखांतु सुखांतु॰ आमी सर्व एक
यो भावा, यो भैणि, सरया॰ मुकार

ते॰ राज्य हे॰ राज्य, ती भास ही भास
हो द्वेषु सम न्हंय आमी सर्व एक
हाताक हातु दीव्नु सरया॰ मुकार

हांगायी थंयियी आमी सर्व एक
हासांतु॰ रण्यांतु॰ आमी सर्व एक
यो आन्ना, यो अम्मा, सरया॰ मुकार

– बी· वी· बाळिगा

(मंगळूर आकाशवाणी कृपेन)

Accn No: 000389
WORLD KONKANI LIBRARY

आम्चि आवै भास कोंकणी

भास कोंकणी अती पुरातनी
गोडि गोडि पयेस्विनी
चारी राज्यांतु॰ होळची वाहिनी
आम्चि आवै भास कोंकणी ॥पल्ल ॥

प्रथम मुद्रित बेरप (बूक) कोंकणी
व्याकरण बी कोंकणि
ज्ञानदेवाची अमर कृती
'ज्ञानेश्वरी' ती कोंकणी
हिंदू, मुसलीम,
क्रैस्त बांधवांली
मातृभाषा कोंकणी ॥ १ ॥

प्राकृतांतून उब्जली ती
मधुर, सुंदर कोंकणी
रायांलाश्रयु नात्तिलेंयी
श्रीमंत उरली तिची ध्वनी
जानपद साहित्य अक्षय
अमर अमगेली कोंकणी ॥ २ ॥

वीसांक विंक्वूनु व्याकरण॰
पंच्वीस शब्द कोशांची गनी
दोनी सहस्र साहित्य कृत्यो-
निर्माण जाल्लेलि कोंकणी
ना स्वतंत्र साहित्य म्हणल्यांक
हीची आमची प्रतिध्वनी ॥ ३ ॥

जन्मभूमी गोमांतकांत ती
राज्य भास कोंकणी
बोली न्हंये आय्का मराठिची
ती स्वतंत्र कोंकणी
केंद्र साहित्य अकाडेमीन
मान्य केल्लेली कोंकणी ॥ ४ ॥

राष्ट्र भाषा मान्यता तिका
अजून ती कित्याक यनी ?
राजकीय कैवाड कस्ले॰ हे॰
अजून आम्का॰ सम्जनी
जाय्या जागृत स्वरु उबार
एक कंठाची ध्वनी ॥ ५ ॥

रचना : . **बी. वी. बाळिगा, मंगलूर**

विट्टपालो विनायकु

★ .... 'गोड्डाचो गणपती' म्हळ्ळि येक म्हण्णि 'आम्गेल्यांतु॰ रूढींतु॰ आस्सत्या म्हण्णे वऽग्रि अवलंबूनु ही काणी गांत्ल्या. हांतु॰ येव्वि॰ सर्वनांव काल्पनिक आस्सति ....★

कत्यार किट्टोपु चौतिचे गणपती करुंक नांव पाव्विलो. विनायक विग्रहाचो आंगलोट्टु आनी आंगाचो वर्णु पोळोनूचि हो कत्यार किट्टपालो हातु म्हणु सांगुयेत - तित्तुले॰ नाजूक काम (किट्ट पाले॰). ताग्गेले विनायकांले किरीटाची नीरनिकेक दीव्का रुप्पयी देडी. इत्तुलो बुद्वंतु जाल्ल्यारीयी विनायकु लेप्पिले कामाक फावँ आश्शिले॰ किमत घेत्तलो शिवाय येक्काक दोनी सांगूनु जनांक सुल्विना आश्शिलो. आशे॰ जाव्नूचि ताग्गेली कीर्ती वाड्डिली आसुंक पुरो. चौति देवाकयी हाग्गेली निस्वार्थ बुद्धि पोळोनु हाज्जेरी अनुग्रह परिपूर्ण दवोर्का म्हणु मन जाल्लेले॰ आस्सूका. कश्शिंयी जाव्वो भोरो वरेन गणपती विग्रह करचे मट्टाक येक्का नंब्राचो हातु म्हणोनु घेव्नूचि अंतर्लो बाव्डो. मरणा दीसयी चांगु मोळ्ळो. माघ शुध्द चौती दिवसु ताग्गेले॰ वसान जाल्ले॰. चौति दिवसु मरण पाव्विले निमित्त (गणपति ल्याचि) पाय्या लाग्गि पाव्लो म्हणु लेक्कुयेत. कश्शिंयी आस्सो. किट्ट पान गेल्यारियी

ताग्गेली कीर्ती उरली. कत्यार खेड्याक (ग्रामाक) (किट्ट पाले॰) नांव येक भूषण जाव्नु उरले॰. चाती विनायकांलो प्रस्तापु आय्यिले कडेन कत्यारच्यानी मिश्शो फुल्लाची रिवाज अत्तंयी आस्स कंय.

'बाप्सु वरी पूतु' म्हणु येकी म्हण्णि आस्स. ही म्हण्णि पुडे कालांतु॰ क्रमानुगत जाव्नु चल्तली जाल्ल्यारियी अत्त॰ कोणाक कोण ना. बाप्पुसु धर्मराया सारखे॰ आसल्यारी पूतु दुश्यासना वरी आसता. गाडवा पोट्टांतु॰ हस्तेन जननाक आयिल्या वरी बरे मूढ बाप्सूक सुज्ञानवंत चेर्डु॰ जाल्लेली घटनायी दोळ्या मुकारी दिसता. आशे॰ आसताना वऽय्ल्या म्हण्येक मोल कशे॰ दिव्येत म्हळ्ळो सवालु मुकारी येत्ता. बाप्सु वरी पूतु आश्शिले कडेन मात्र ती म्हण्णि प्रयोगांतु॰ हाडा, इतर कडेन सोडा म्हणु इत्लीची जवाब दिव्येत शिवायी ताज्ञ्या पेक्षा॰ चऽड कस्सलेंयी सांगूक जाय्ना.

किट्टपाक विट्टोपु म्हणु येकु पूतु आश्शिलो. गुणानन्हंय तरी रूपान तो बाप्सु वरीची आश्शिलो. कीर्तिनयी बाप्सूक सम जाय्यी जाव्का म्हणु विट्टपान मस्त प्रयत्न॰ केल्लिंती. सानपण धरनूची विघ्नेश्वरु करुंक तो प्रयत्न करतालो. जाल्ल्यारी हातु मात्र बड्डु. विघ्नेश्वराक सोंडाली दवर्ल्यारी गाब्ब्या कुडको मोण्णु दवर्ल्या वरी दिसताले॰. पोट लेपल्यारी ग्राणिचे॰ चेर्डुशे॰ जात्तले॰. किरीट केल्ल्यारी गेरशी मात्त्यारी दवर्ल्या वरी दिसताले॰. सर्व गुणान परिपूर्ण जाल्लेली येकि मूर्तीयी करुंक जाय्ना आश्शिली बाव्ड्याच्यान. जाल्यारीयी 'साधन केल्ल्यारी सऽरि जिरोयेत' म्हळ्ळेले॰ आय्कूनु यत्न॰ (मुकार्शि तालो.) सऽरि मात्र जिरचे उलट थोरी जाव्नु आय्यिली. आण्याकयी मूर्ती करची कला येव्का म्हणु विनायका लाग्गी माग्गूनु पुरोजाल्ले॰ बाव्ड्याका. अंग्वण सांगूनु साडितीनी मूडे गोंवाचे आप्पे गणपतिक पाल्ले. जाल्ल्यारीयी हाग्गेली कला वाड्डुना.

आखैरीक विट्टपाली होडी आम्मा नेत्रु मांय्न येकु उपायु सांगलो विट्टपाक. "पुत्ता, विट्टू, विनायकाक तूंवे मस्ति आंग्वण सांगूनु जाल्ली. जाल्यारीय काही॰ फल मेळ्ळेले॰ दिस्सना. तुक्का गणपती विग्रह करच्याक हातु बैसूची इच्छा न्हंयवे॰? ताक्का समजाय्शी येकु गोड्डा गणपती करता॰ म्हणु आंग्वण सांगुनु घे. ताज्ञे निमित्त खंडित तुक्का काही॰ तरि प्रयोजन मेळ्नातिले॰ राब्बशिना. मेग्गेले उत्तर

"खंचे कालाकयी फडट्टि जाय्यिना. जिब्बेक चांग लाशे॰ आस्स मेग्गेल्या" म्हणु रागाची॰ उत्र' उल्लय्ली नेत्र मांयि.

नेत्रुन रागान उल्लयान्ता एदुर बीडी तांडूनु बश्शिल्या विट्टपाक सर्पा एदुरु नागस्वरु वाजल्या वरी जाल्ले॰. होडी आम्मान सांगिले उत्तर व्होयी दिस्ले॰ ताक्का. ते॰ कार्यरूपक हाड्चो निर्धारुयी केल्लो ताणे मनांतु॰.

चवतिक ओट्टु॰ दोनी म्हैने उरल्याती. गोड्डा विघ्नेश्वरा काम आत्तंची धरका म्हणु लेक्कूनु उप्पूरांतु॰ आश्शिले (चेड्डु पैक) अड्डेच मण चांग उप्पूर गोड दीव्नु पेटोच्याक बरैले॰ विट्टपान. ते॰ कागद वाजूनु 'सेरगड्ड्यानी गोड घेव्च्याक माक्सी सरचे विट्टपाक अड्डेच मण गोड कित्याक अब्बा ! नाण्णीक (विट्टपालि धूव) व्हार्डीक आय्लिवे ?" म्हणु चेड्डुपै आश्चर्य पाव्लो. गोड्डा विघ्नेश्वरा खबर ताक्का कश्शी॰ कळका पाप ! विट्टपाले काग्दा प्रकार गोड ताणे दीव्नु पेटेय्लें. किट्टपान मरतची विट्टपा लाग्गी विघ्नेश्वरु करुंक कोणयी दीनांती आश्शिले. किट्टपाले दाय्जांले येक दोनी विघ्नेश्वर मात्र विट्टोपु लेपतालो. त्या वरस गोड्डा विघ्नेश्वरु करचे गौजेन ते विघ्नेश्वरयि सोण्णु दिल्ले विट्टपान.

येक हस्तानीची गोड्डा विघ्नेश्वरा काम शुरु जाल्ले॰. येक दिवस भितरी फाटी, पोट आनी हात लेप्पूनु जाल्ले. हेर्दिवसु फाल्ल्यारी उटानु पळय्ता, विघ्नेश्वराकु बडरि मूंयी भरल्या. मूंयी येना तशि॰ कस्सले उपाय म्हणु नेत्रु मांय्ये लाग्गी निम्मिलेल्याक. 'विघ्नेश्वरा माणयी येक मेजेरी दवोर्नु, त्या मेजेचे पाय उदकांतु॰ दवोर्काति', म्हणु तीणे मुंय्येक वक्कद सांगूतु दिल्ले॰. हेर्दिवसु ते उपाय करनु पळय्ले विट्टपान. हेर्दिवसु ते लेप्पिल्या विघ्नेश्वरालो अर्ध पाय्यु विंद्रांनी खेल्लो. "अरे, गणपतीलें वाहन विंदूरु गणपतीले पाय खात्ता. अस्सले वाहनारी कशी॰ बस्ता अब्बा तो विनायकु ?" म्हणु विट्टपान नांकारी बोट दवर्ले॰. आखैरीक चवतीक दोनी दिवस आस्ताना गणपती तय्यार करचो म्हणु विट्टपान ठरैले॰.

भाद्रपद शुद्ध बी. चवतीक दोनि दिवस उरल्याती. विटपातंय गोड्डा विघ्नेश्वराची तय्यारी भरभराटेन चलता. बाप्पूसु विट्टोपु आनी पूतु आन्नोपु दोग्गंयी मेळ्नु दीस रात्री काम करताती. रात्रीचे॰ विघ्नेश्वराक मूंयी येना तशे॰ पोळोच्याक सर्ती प्रकार

जागरण बसताती. गोड्डा विघ्नेश्वरा खबर भांयल्यांक कळच्याक नज्ञ म्हणु बाग्ल॰ घाल्नु काम करताती.

चवती तेसु कश्शिंयी पुणि विघ्नेश्वरु सुखमुकीची पूर्ण जाल्लो. गोड्डाचो केल्लेले निमीत्ती की इत्ते॰ की विघ्नेश्वरु विट्टपाले हात्ताचोसो दिस्सना आश्शिलो. सर्व अंग॰ विट्टपान मेणमात्तेन लेप्ल्या विघ्नेश्वरा पेक्षा॰ चंद जाल्लेलिंती.

दंर्पारा पूजा जाल्ली. गणपतील्या नांवारी चारीपांच बगेची॰ भक्ष॰ करनु गम्मते जेवणयी जाल्ले॰ जेवणा॰ जाव्नु उटाय्तना गणपतीक भऽरीमूंयी आय्यिले विट्टपाले नज्रेक आय्ले॰ आरतीच्या हूनसाणीक गोड तेंवेल्या वरी जाव्नू त्या तेंवसाणीक मूंयी भरलेली म्हणु माग्गीरी कळ्ळे॰ : रात्री तांय विघ्नेश्वरु दवर्ल्यारि विघ्नेश्वरु पोळोच्याक आय्यिलो लोकु हास्सत म्हणु भीव्नु दंर्पाराची विघ्नेश्वरु बांय्तु॰ घाल्ची आलोचन केल्ली विट्टपान. "विसर्जेनेची आर्ती आत्तंचे जाव्वो भट्टो" म्हणालो विट्टोपु जेव्नु ढेंकु काडच्या भट्टा लाग्गि, "हां जाव्येत, नैवेद्याक भितरी साक्कर आसल्यारी हाडा" म्हणाले भट्ट. "व्होयीगो थोडी साक्कर हाडी" म्हणालो विट्टोपु बाय्लेक आप्पोनु. "गोड्डा ढब्बो धुल्ला ; साक्रे भरनि पुसल्या" म्हणाली गिरिजा मांयि (विट्टपाबाय्ल) वासरेंतूनु. अत्त॰ कस्सले॰ करचे॰ ? तित्तुले भितरी विटपाक येकु उपायु सूचेलो. "भट्टो, विघ्नेश्वराक माक्शि गोऽड जास्ति लेप्ला॰ थोडेंची खरडूनु काडाती" म्हणालो विट्टोपु. विट्टपान सांग्ले नंतर भट्टु माक्शि सरतावे ? ताणे तीर्था चिप्टानी विघ्नेश्वराले पाटीचे॰ थोडे॰ गोऽड खरडूनु नैवेद्य केल्ले॰. आरती दाक्कोनु विसर्जने पूजा जाल्लि.

कुंकुमा उदकांतु॰ विघ्नेश्वराले॰ प्रतिबिंब पोळोनु जाले॰ बांय्तु॰ धालुंक म्हणु व्हरताना विट्टपालो धाक्लो चेल्लो नाण्णोपु सांगता". आन्ना विघ्नेश्वरु बांय्तु॰ घूलताना चारी लिंबियेयी बांय्तु॰ पीळी ; थोडी एळाची पिट्टीयी उड्डयी. फायी सकाळी॰ काफी नाक्का. गम्मत पानक पीव्या॰ जाय्नावे ? नाण्णपालि॰ चेर्डुपणाची॰ उत्र॰ आय्कुनु पुरोहित भट्टाक पोट भऽरि हासु आय्लो. विट्टोपु मात्र भट्टा एदुर पुत्तान आप्ल्याली मर्यादी काळ्ळि म्हणु दांत वंट चाबतलो.

घडियारारी तीनी मारताना 'दुढ्ढुम॰ म्हणु विट्टपाले बांय्तु॰ शब्दु आय्काय्लो. गोड्डाचो गणपती उदकाक पाव्लो. गणपती माणयि वऽग्रि आश्ली ताक्का चाबूनु बश्शिले गोड्डु कुडक्का खातीर नाण्णोपु आनी प्रेमा (विट्टपालि धाक्लि चेल्लि) झगड्तालींती. मुकावेले वरस आण्ण्याले॰ नांव माळबाक पाव्लले॰ म्हळ्या संतोषान मिश्शो फुल्लानु विट्टोपु पेंटांतु॰ गेल्लो.

दुस्री चवती येत्तना विट्टोपु उरलो ना. फाटीक येकु बावु जाल्ललोची विषमाक ओच्चूनु अंतर्लो. गोड्डा गणपतीक पूजा कल्ललो अनंत भट्टु सांगता : "विघ्नेश्वराले फाटिचे॰ गोड खरडीललो दोषची ताक्का मात्यारी बस्लो". विट्टप्पान मोरचे दोनी म्हैन्या पैले॰ नेत्रु मांय्येन वऽय्ल्या राज्याक पोट्लि बांदीली. तिक्का कस्सलो दोष मात्त्यारी बस्लो अनंत भट्टो ?

न्याय देवता कुरडी न्हंय

येक दोळ्याक चुन्नो : आन्येक दोळ्याक लोणी - हो वीसा शतमानाचो न्यायु जाल्ला. कित्तुले॰ म्हळ्यारीयी न्यायदेवता कुरडी (अंधि) न्हंयवे ॰? येक वेळा जात्तनाची कुरडि न्हंय जाल्ल्यारीयी श्रीमंतांल्या दुड्वाचो (पैस्याचो) झगझगु तिग्गेल्या दोळ्यांक मिंचु सो मारनु ती कुरडी जाल्ल्या. जाल्ल्यारी दुर्बळ्ळयांनी चूकी (करताना) तिक्का दोळे दिसताती. तान्नी बिदुं (सानु बोट्टु) प्रमाणारी चूकी केल्लेली तिक्का होड पर्वता प्रमाणारी दिसता.

लेक्कारी आश्शिल्याकयी केवल दोनी सेर तांदूलु ज्यास्ती दवोर्नु घेत्तीले खातीर येक गरीब दुकानदाराक दोन्शि रुप्पयी जुल्मानो, दिवच्याक चुकल्यारी दोनी म्हैन्याची शिक्षा जाल्ली.

आन्नेक्डे येक श्रीमंताले (घरका डे) नेला पांदांतु॰ पूर्नु (दवरला लो) येक वर्षाक जाय जावचो तांदूलु निप्पूनु आश्शीलो. अधीकार्यांनी ही खबर उज्वाडाक हाण्णु, 'अरे पाप्या, अक्रम रीती तांदूलु संग्रहु केल्लोवे?' म्हणु निम्मिलेल्याक "ना स्वामी ! देव साक्षि हे॰ काम हांवे॰ केल्लेले॰ न्हंय (केल्लेले॰ न्हंय - करयिले॰) मेग्गे आज्जाल्या कालारी तांदूलु दास्तानु करचो क्रमु आश्शीालो. विंद्रांनी तांद्ला चील्लाक ओट्टो करनु, तोतांदूलु नेला पंदाक व्हेल्ललो आस्सूका. दुस्री कस्सलीयी खबर हांव जाण न्हंय" म्हणालो घराचो धनी. न्यायालयांतु॰ ताग्गेले॰ केस सोण्णु गेल्ले॰.

दोनी सेर तांदुलु संग्रह केल्लेल्याली चूकी चूकीची - दोनी कोर्जी संग्रह केल्लेल्याली चूकी चूकी न्हंय. न्यायदेवतेक ही दृष्टि क्हंयतानु आय्ली ?

नीति शिकोट्यो चारी काण्यो

[निती शिकोच्यो काण्यो हरयेक भाषेंतु॰, हरयेक प्रांतांतु॰ रूढींतु आस्सती. रष्यन मूलांतूनु संग्रह केल्लेल्लो सत्रा शतमानांच्यो चारी काण्यो हांगा वेंचूनु दिल्ल्याती]

बोळ (मात्त्या च्यांनी) तांगेलो केसांचो लोपु दुसर्यांक कळचो नाक्का म्हणु 'टोपन' (कृतक केशराशी) दवोर्नु भोंव्चो येकु कालु आश्शीलो. येक्ल्यान तस्सले॰ येक 'टोपन' घेव्नु मात्त्याक दवर्ले॰, ताज्ञे कृतक केस सत्य केसा सारखचि दिस्ताले.

येक दिवसु तो ताग्गेले मित्रांले संगाती अश्व सवारीक भाय्‌रा सरललो. वाट्टेरी जोरु वारे॰ बिस्वलें. त्या वार्याक मात्त्यारी आश्शीलि टोप्पी 'टोपन' समेत उब्बूनु गेल्ली, हाग्गेले॰ बोळु मात्ते॰ पोळोनु संग्वडीचे हास्ले. ताक्कायी हासु अय्लो, तोवयि कुचकुचीचि हासलो. हास्तना म्हणालो : 'दोस्तानो हांवांयि इत्त्याक हास्वाक नज्ञ, ही खबर हास्जीची आसताना ? मेग्गेले स्वंत केस रक्षण करुंक जाय्नातीले हांवे दुस्रे केस दवोर्नु घेवच्याक इत्याक प्रयत्न करका ?'

तात्पर्य : कस्सलोयी अहीत जाव्नास्सुचो विषयु विसोर्चे खातीर उत्तम उपायु कस्सलो म्हळ्ळारी, तो हित विषय आप्ल्याले स्वरूपाचो अंशु म्हणु लेक्कूनु आम्का॰ आमीची हासूनु घेव्का.

★

तूंवे आम्गेरी येव्नु राबचे॰ जाल्ल्यारी माक्का भो संतोषु ? म्हणु विंगाळो विक्तलो येक्लो मडिवाळांचेलाग्नी येक पटी सांग्लालो.

तुग्गेले नय, विनय, दया, दाक्षिण्य हे॰ सर्व माक्का पसंद जाल्ला॰. जाल्ल्यारी आम्का॰ दांपत्य सम पोण्णु येशीना, कारण तुग्गेलि॰ आंग्वाली॰ हांवे कित्तली॰ धवी॰ केल्ल्यारीयी तू॰ ती॰ काळी॰ करतलाची' म्हणाली मडिवाळांची.

तात्पर्य : मित्रांक व जीवनाचे संगातीक सोदुनु काडताना मनुष्यान स्वंत विवेचन आनी मनाची परिपक्वता व्यक्त करका.

★

येक पटी येकु मंडलु सरोपु आण्याल्या धुवे लाग्गी म्हणताः 'पुत्ता, तूं चम्कताना, ओरे कोरे वच्चनात्तीलें सरूत वऽचं.

"अन्ना, सरूत ओच्चे कश्शीं म्हणू तूवे दाक्कोनु दिल्ल्यारी हांवंयी तशेंच ओच्चाक प्रयत्न करतां" म्हणाली धूव.

तात्पर्य : तोंडानी सांग्चाकयी कार्यान करनु दाक्कोचें मुख्य.

★

येक पटी येकु काय्ळो घूव्नु धूव्नु दण्वूनु आय्लो. ताक्का विपरीत तानि लाग्गीलि, लाग्गीची यकी उदकाची हूजीयी ताक्का दिसली. जाल्ल्यारी त्या हूजींतुं पंदाक मात्र थोडची उदाक आश्शिलें. काय्ळ्याली चोंची त्या पंदाक तांय पाव्ना आश्शीली. मात्त्येची ती हूजी आड घाल्नु बेतूनु, तांतुं आश्शिलें उदाक पीव्का म्हणु काय्ळ्यान शुरुवेक लेक्किलें जाल्ल्यारीयी ताक्का दुसरेकी आलोचन, येव्नु, सान सान फात्तर चोंचीनी हाण्णु त्या हूजींतुं घालुंक लाग्लो. फात्तर हूजिंतुं भरले तशें पंदाक आश्शीलें उदाक वऽग्री आय्लें. चोंचीक पाव्वे तित्तुले वऽग्रि आय्ले तक्षण काय्ळो उदाक पीव्नु, तानी शमन करनु उबूनु गेल्लो.

तात्पर्य : आवश्यकताऽची, अन्वेषणाक आनी विवेकाक वाट दाकय्ता. बलात्कारान करुंक साध्य जाय्नातीलें काम ताळ्मेन, विवेकान सुलभ जाव्नु साध्य करुंक जात्ता.

याचकाक उपदेशु

रघुरामु होड्डु आस्तिवंतु. एक दिवसु एकु याचकु ताग्गे लाग्गी गेल्लो. ताणे आय्यिलें कारण रघुरामाक सम्जलें "आय्लोवे, यो, यो!" म्हणु रघुरामान याचकाक स्वागत केल्लें, रघुरामु खंडीत अपण्याक काहीं तरी दित्तलो आशें याचकाक संतोषु जाल्लो. "हें घर दानी लक्ष रुप्पयी खर्चूनु बांदय्लें" म्हणालो रघुरामु.

"चांग स्थितीरी अस्सती तुमी" म्हणालो याचकु. रघुरामान याचकाक सगळे घरांतुं भोंवडाय्लो. एक कूडांतुं होडी लोकंडा पेट तांतुं भऽरी भांग्रा दागीनं.

अन्येक कूडांतु॰ रुप्याची सामान. तिसर्या कूडांतु॰ धान्याची॰ चिल्ल॰, नव्या नमून्याची॰ आसन॰ - हे॰ सर्व दाकय्ले॰.

"खंडिताकयि तुमि लक्ष्मी पुत्र स्वामी" म्हणालो याचकु.

आखैरीक रघुरामान याचकाक मागशी बाग्ला, लाग्गी व्होरनु, 'हे॰ सर्व हांवे॰ कष्ट पाव्नु संपादन केल्लेले॰ शिवायी कोणा लाग्गीयी याचना करनु न्हंयी' अशे॰ म्हणु मागशी बागिल उदारे॰ करनु, 'ह्या वाट्टेन तूंवे॰ वोच्चुयेत' म्हणु सांगले॰.

याचकु दुस्र॰ उत्तर उलय्नातीले॰ त्हंयी थाव्नु निसरल्लो.

अभ्युदयाची॰ रहस्य॰

एक गरींब पंडितान लेक्ले॰ की अभ्युदयाची॰ रहस्य॰ शास्त्रांतु॰ निप्पूनु आस्सती. अशे॰ जाव्नु ताणे गाढ शास्त्राध्ययन शुरु केल्ले॰. लेऽक नात्तीली॰ पुस्तक॰ वाचतऽची गेल्लो. इत्ले॰ वाचिले॰ आस्सुनूयी मरण सन्नीहीत जाव्चे कालाक आप्पण आनीकेयी शोधाचे वाट्टरी आस्स म्हळ्ळेलें ताग्गेले मनांतु गेल्ले॰ तेन्ना ताणे एक मुनीक आपोव्नु, 'कित्तली॰ शास्त्र॰ अध्ययन करनूयी तांतून अभ्युदयाचे॰ रहस्य सम्जुक जाल्ले नामु ?' आशे॰ तो प्रलाप करुंक लाग्लो. मुनी हास्लो आनी सांगुंक लाग्लो : 'अरे पिशा, तुक्का चम्कूचे॰ आनि उलोवचे॰ अभ्यास करुंक पुस्तकांचो सहायु जायीवे ? नाक्का. आशे॰ जाव्नु कस्सलो वस्तु जाव्का म्हणु इच्छा पावताकी, अभ्युदय खंचे वस्ता॰ निमित्त मेळताकी ते॰ अभ्यास केल्ल्यारी पाव्ना आश्शिलेवे॰?'

नीती : अभ्यासान मात्र कस्सलेंयी साध्य करनु घेव्येत.

दुस्र्यांले दोष सोडूचे

गाडवाक हेरांले अथवा दुस्र्यांले दोष मात्र दिसतले शिवायी आप्प्याले दिस्सना आश्शिले. दुस्र्यांक सुधारण करचे उत्साहारी ताणे मांकडाक वेंचले॰. "तूंवे॰ करचे सुधारणेक हांव तय्यार आस्स॰. जाल्ल्यारी माक्का जायी जाल्ललो

आहारु तूंवे° दीवका"? आशे° सांग्लाले° मांकड. उत्साहभरीत गाडवान आपण्यालो स्वंत आहारु मांकडाक दिल्लो. पाठ शिक्कुंक शुरु करचे पैले° मांकडान आनेक शर्त गाडवा मुकारि दवर्ले° की गाडवान ताची आंगा रोम दीवका म्हणु. हाक्कायी गाडवान कबूल केल्ले°. पाठा° दिशान लक्ष्य दिव्चे पैले गाडवान रुक्कारी चडका म्हळ्ळे° तिन्निचे° शर्तयी मांकडान मुकारी दवर्ले°. मांकडान सांगल्या वरी रुक्कारी चडुंक ओच्चूनु, अर्धयिरी थाकुनु सकल पण्णु गाडवान गळो मोण्णु घेत्लो.

नीती : कोऽणाक सुधारण नाक्काकी तांका° सुधार्चा पोळोचे° पिश्यापण

पाप आनी पुण्य

पाप आनी पुण्य एक पटी एक मनुष्याल्या घरा बाग्लाक मांरुक लागलींती. तूंवें माक्का कस्सले° हाळ्ळा° ?' मनुष्यान पापा लाग्गी निम्मीले°'. 'स्वर्गाचे° आनी भूलोकाची° सवॉ सुख, विलासु तुग्गेले खातीर हाळ्ळा" म्हणाले° पाप.

'तू° कस्सल्याची आश्वासन दित्ता ?' पुण्याक मनुष्यान निम्मीले°,

"कस्सलेंयी ना. हांव आनी मेग्गेले° आगमनंची तुक्का होड भाग्य" पुण्यान जवाब दिल्ली.

मनुष्यान पुण्या दिशान तात्सारु व्यक्त करनु, पापाक (ताग्गे तंय) प्रवेशु दिल्लो. थोडे काळ मनुष्यु भारी विलास वैभवु अनुभव्सूच्याक लाग्लो. सुख म्हणु खंचे° दिसताकी ताचो संपूर्ण भोगु मनुष्यान घेतलो. जाल्यारी थोडे काळानी एकी परिवर्तन ताणे एदुर्सूका पळ्ळी. पापान जोरूंक शुरु केल्ले°. मनुष्याले° आरोग्य संपूर्ण पाड जाल्ले°. तशेंच ताणे कमायीलो पैसूयी सरलो, ताग्गली प्रसिद्धीयी धूळींतु° मेळ्नु गेल्ली. सर्वनाश जाल्ले°, तेन्ना मनुष्याक विवेकोदय जाव्नु ताणे पापाक धांव्डानु, पुण्याक भितरी रीगु दिव्चे° ठरैले°.

आशे° केल्लेले थोडे काळानी ताग्गेले° आरोग्य सुधारले°. कमायी वाडलि. प्रसिद्धीयी आपोअप परत आय्ली. हाचेन ह्या फुडे केदनाही° अनुभव्शिनात्तीले° तस्सले° अत्यमोघ सुख तो अनुभव्सूच्याक लागलो. पुण्याचे अस्तित्वान कस्सले° सौभाग्य प्राप्त जात्ता म्हळेल्याचो ताक्का प्रत्यक्ष अनुभवु मेळ्ळो.

नीती : निम्गिनातीले॰ कोऽण विपुल दित्ताती कि ते आम्गेले कडच्यान विपुल खचुनूयी घेत्ताती.

ताणे पळयिली॰ तीनी दृश्य॰

तो येक दीसु परमात्माले॰ दर्शन घेव्चे खातीर देव्ळांतु॰ गेल्लो. ताग्गेले वरीची त्हंय मस्त जन॰ भक्त जमेलेले.

येकु होडु श्रीमंत काररी बैसूनु त्हंय आय्लो. जरा कांबीची धोती, मात्त्याक पेटा, हात्ताक मुद्यो अशे॰ सर्वालंकृत जाव्नु आय्यिल्या त्या श्रीमंतान देव्ळाचे पूजारीक पांच रुप्पयो दक्षिणा दिल्ली. ताक्का येक सेरा इत्तुलो प्रसादु मेळ्ळो !

आन्केक्लो आय्लो ताणे दोनी रुपयो दक्षिणा दिल्ली ताक्का अर्ध सेरु प्रसादु मेळ्ळो.

तिस्रो आय्लो. ताग्गेले हातांतु॰ येकि दम्डियी ना आश्शीली. 'पत्र पुष्प, फलं, तोयं' म्हळ्यावरी देवाक थोडी पुल्ल॰ अर्पणकरनु तो पांयपण्णु राबीलो. ताक्का पूजारीन येक चिम्टि सुधा॰ प्रसादु दीनी. पूजारी सरूत भितरी गेल्लो. हो कस्सलो पूजारी ? दुड्वा पूतु !

तांगेले घरा भारी गौजेची व्हार्डिक चल्ताली. कोणाक व्हार्डीक म्हणु ताणे येक शेजारी लाग्गि निम्गिलेले वेळारी, 'घरचे धनियाक, ही तिन्नीची व्हार्डीक' म्हणु जवाब आय्ली. त्याची घराच्या येका काळ्का कूडांतु॰ श्रीमांताली सोळा, वषाची विधवा दूव खोळ्शे काण्णु रडताली. तिग्गेले दिशान दोळे उबार्नु सुधा॰ चोय्तले नांती. विचित्र समाज !

त्या दीसु त्या गांवांतु॰ येकी होडी सभा भरची आश्शीली. सभा भवनाचे द्वारारी सेवक राब्बीले. येव्च्या आगंतुकांक तोंड पोळोनु भितरी सोड्ताले. भितरी बोस्चाक पुष्कळ जागो आश्शिलो जाल्ल्यारीयी ते सेवक थोडे जनांक भितरी सोण्णाती आश्शिले. तान्नी मलीन वस्त्र॰ न्हेसल्याती म्हळलोची तांगेलो अपराधु. थोडे वेळानी येकु श्रीमंतु ताग्गेले तीनी वर्ष प्रायेचे चेल्याक आनी सूण्याक घेव्नु

त्हंय आय्लो. त्या चेल्याक आनीं सूण्याक भितरी प्रवेशु मेळ्ळो. बोस्च्याक योग्य आसनंयी मेळीळंती. भाग्र राब्बिल्ल्या मनुष्यांक मेळीन. विचित्र जगत्त ?

खांड्याचे॰ मोऽल

एकु होडु शिल्पी आश्शीलो ताणे शिल्प सौंदर्यान भरीत जाव्नास्सुचे॰ एक खड्ग तय्यार करनु, रायाले जायदीस तेसु ते॰ व्होरनु, विनयपूर्वक रायाक उडगीरे॰ जव्नु दिल्ले॰.

रायान ते॰ घेव्नु कोशाधिकारी लाग्गि, 'हाक्का शेंबरि वर दीव्नु पेटयी' आशे॰ आज्ञा केल्ली.

'इत्तुल्या अपूर्व शिल्प सौंदर्याक एद्दो सानु बहुमानु?' शिल्पीन निम्मीले॰.

'पोळोच्याक चंद आसल्यारी जाल्लेवे ? हें प्रदर्शनाक दवोर्येत शिवायी दुस्रे कस्सलयी प्रयोजनाक येना' म्हणालो रायु.

'कलेची॰ मोऽल गोत्तु नात्तिल्या तुज्जे असल्या रायान आसल्यारी इत्ते॰, मेल्ल्यारी इत्ते॰?' म्हणु कोपान शिल्पीन ताग्गेल्या कुरटा बांदील्या शालांतु॰ खोंबूनु दवर्लेली कठारी काण्णु रायाक फालुंक गेल्लो.

रायान ताग्गेल्या हातांतु आश्शील्या शिल्पा खड्गान शिल्पीक एदुर्सूनु ताग्गेल्या हातांतली कठारी सकल पाडय्ली।

तक्षण शिल्पी म्हणालो : 'प्रभो, मग्गेल्या धूर्तत्वाक क्षमा करा. हांवे॰ तय्यार केल्लेले॰ खड्ग. केवल प्रदर्शनाचे॰ बोम्मे न्हंयी म्हळ्ळेलें साबीत करुंक अशे॰ केल्ले॰.

रायाक खुशी जाल्ली, ताणे शिल्पीक हजार वर बहुमान दिवय्ले.

बुद्धंतिका

एक होड शहरांतु॰ एक व्यापार्याले घर्कडे चोरी जाल्ली. सुमार वीस हजार रुप्पये सोत्तु चोरनु गेल्लो. परम लोभी (जाव्ना स्सूचे) ताक्का इत्तुले॰ होड नष्ट म्हणताना एक पटी जीवु उड्डूनु गेल्यावरी जाल्लो. ताणे राया लाग्गी फिर्यादी केल्लि. रायान चोरांक धरचे॰ प्रयत्न केल्ले॰. दिवस गेल्ले तशे॰ व्यापार्याक मनोव्याधी लाग्ली.

तो प्रतीनित्य शहरांतुले प्रती देवळाक वोच्चूनु, "देवा, श्रावण पुन्नंव भितरी गेल्ललो मेग्गेलो सोत्तु मेळ्ळ्याली त्या दिवसूची तुक्का धा हजार रुप्पयी काणिक दित्ता०" अशे० गट्टी सांगतलो. धा देवळांतंयी ताणे तशे० म्हणचे० आय्कूनु गांवचे जन०, हाक्का इत्ते० पिश्शेवे० ? गेल्लेली ओट्टु वीस हजार' म्हणतालींती.

राजभटांल्या बुध्वंतिकेन की त्या व्यापार्याले अदृष्टान चोर मेळ्ळे. चोरी जाल्ललो सोत्तूयी मेळ्ळो.

श्रावण पुन्नंव आय्ली. व्यापार्यान खंचे देवळाकयी सांगीली अंग्वण पाव्वयीली ना. देवळांचे पूजारींनी ताक्का मेळ्ळ्यु निम्मिलेल्याक, 'सांगीली अंग्वण अत्त० हांव पावोच्याक तय्यार आस्सं खंचे देवळाचे देवाल दयेन चोरी जाल्ललो म्हालु मेळ्ळो म्हळ्ळेले० गोत्तु जाय्नामु" म्हमालो.

शांती प्रिय एकनाथु

प्रसिद्ध संतांल्या यादींतु० एकनाथाले० नांवयी आम्का० मेळता. शांती प्रियतेक नांव पाव्विलो एकु संत महाशयु हो. कोपम्हळ्ळलो हो जाण न्हय. हाक्का खंच्येयी रीतीन कोपु हाडोक म्हणु एकनाथाले गांवचे एक दुर्जनाक हट पळ्ळे०. कोपु हाडोचो उपायूयी ताक्का तक्षण सूजेलो.

एकनाथान नित्य स्नानाक गंगा नदी तटाक ओच्चे० वडग्री सांगिलो दुष्टु जाण. एक दिवसु एकनाथान स्नानार्थी जाव्नु ओच्चे वाट्टेरी हो दुष्टु राकूनु बस्लो. स्नान, संध्या वंदन पूर्ण करनु शुचीर्भूत जाव्नु एकनाथान नदी तीरारी ताकुनु परत येत्ताना मध्ये० मार्गारी हाणे ताक्का आड येव्नु तोंड भडरी जमा करनु दवर्लेली तांब्डी पीक एकनाथाले आंगारी तो दुष्टु 'थू' कर्चाक लागलो. एकनाथाक कोपु यनी. तो परत नंय्चे तीराक ओच्चूनु स्नान करनु आयलो. दुष्टान दुसरेक पटी पैले वरीची एकनाथाले आंगारी पिक्केचो पाव्सु विरकाय्लो. दुसरयी पटी एकनाथाली शांती भंग जाल्ली ना. तो थंडु उरीलो. दुसरी स्नानार्थी जाव्नु गांगातीराक गेल्लो.

एकनाथान स्नान करनु येव्चे०, दुष्टान ताग्गेले आंगारी 'थू' कर्चे ही क्रिया त्या दिवसु सकाळी० धर्नु सांज पर्यंत एक्शे आट पटी (108) चेल्ले उपरांते दुष्टु

थकवलो. एक्शे नव्वा पटी एकनाथान परत येत्तना तो दुष्ट मनुष्यु नितंब संताक आड पण्णु, "तुम्का॰ कोपु हाडोका म्हळ्ळेले॰ मेग्गेले॰ यत्न व्यर्थ जाल्ले॰। हांव हार जाल्लो॰. मेग्गेलो अपराधु क्षमा करका" म्हणु माग्गुंक लागलो.

एकनाथु ताक्का वऽय्री उबार्नु हास्त्यची सांग्ता : 'हांवे कोप्पुका इत्त्याक? तुग्गेले निमीत्त माक्का एक्शे आटपटी गंगेंतु॰ स्नाना केल्लेलें पुण्य आजी प्राप्त जाल्ले॰'.

दुष्ट मनुष्य मान बाग्सूनु त्हंय थाव्नु दूर गेल्लो.

म्हाल्गडी नाक्का धाक्ली जायत

सुंदर नाय्कु आम्गेल्या सुमाजाचे एक कुलीन घराण्याचो गृहस्थु. विशेष श्रीमंतु न्हंय जाल्यारीयी ताग्गेलो म्हळ्ळलोची एकु जवळे व्यारु, घरदार करनु आस्स बावडो. कमल मांयि ताक्का नुकूल बाय्ल. विमला आनि निर्मला आशें दोग जनं चेलीये चेर्डुंव ; एकु चेल्लो - वामनु. चेल्लो दाखलो. आजकालच्या नियमीत कुटुंबाक सांगील्या ह्या संसारांतु॰ विमलाक आनी निर्मलाक दोनी वरसांक मात्र फरक.

व्हार्डीकेक वाड्तना दोग्गंयी ओट्टची वाड्ल्यो. विमलाले॰ शिक्षण एस.एस.एल.सि. पास जात्तनाऽची राबय्ला॰. निर्मला शिक्पांतु॰ हुश्शार आशील्यान तिक्का कोलेजाक दाखल करनु ती आत्त॰. बि.एस.सि. शिकता. लग्नाक वाड्डुले चेलियांले विवाहाचो समस्सो अनुकूलस्थ सुंदर नाय्का कयी होडूची जाल्ला. म्हाल्गडेक सुमार एक वरस धर्नु सोय्रीक सोड्डुनु सोड्डुनु तोवयी कंगाल जाल्ला. घल्र्यागीची होडु जाल्ललो स्वंत भैणीलो पूतु वेंकट्रायु लाग्गीची आस्स, अनुकूलयी आस्स, नुप्रो जाल्लेल्याक म्हाल्गडी विमलाकयी ताज्ञरी मन आस्स. जाल्यारीयी 'हित्लांतुले॰ झाड वक्दाक न्हंय' म्हळ्याग्यादी वरी कमल मांय्येक तो नाखशी. अशे॰ जाव्नु नाय्का माम्काकयी तो नाक्का जाल्ललो जाव्नास्स, (व्हार्डीकि समस्याक शीघ्र आनी सुलभ परीहारं लाग्गीची आस्तनायि थोडे कडे चेलियो प्राय जाव्नयी भितरी उरच्याक हेंवंयी एक कारण).

सोय्रीको करनु घालचो एक धंधोची करनु घेत्तीलो आप्पाभट्टु, श्रीमंतु म्हणं गांवांतु॰ पुकार आश्शिले सांतप्प काम्तीलो चेल्लो नाण्णूली साग्रीक सुंदर नाय्काक दाक्कोनु दित्ता. वधु परीक्षेक चेल्लो. चेल्ल्यालो बाप्पूसु आप्पा भट्टाक घेव्नु नाय्कातंयी येत्ताती. चल्ली पसंद जाल्ली म्हणु जात्तची, देण्याचें चर्चें जात्ता. खांडी वऽग्री मूळ ['पंच्वीस' संख्याक आम्गेलो एक कोड (Code) शब्दु हो] मेळका म्हणता सांतप्प कामती. नुप्रो जाल्ल्यारी दोन्नीयी कान्ना फाळ्यायी परशिता - हाक्का इत्ते॰ आयाचित कान्ना दूकी बिनी शुरु जाल्लीवे ? केप्प्याले॰ तेऽल सोदोका जाय्तकी म्हण्तान ताज्ञो अर्थु वेगळाची म्हणु माग्गीरी कळता. पंच्वीस हजार रुप्पयी नगदी देणे, चेलियेले कान्नाक वज्रा कुटीक घाल्का म्हळ्ळो काम्तीलो 'कोड' शब्दाचो आनी नटनेचो अर्थु. काहीं नात्तीलो सामान्यु जाल्ल्यारी हे॰ आय्कुनची दोळ्यां काळोकु येव्नु धड्डुने पड्चे व्यारु. जाल्ल्यारी नाय्कु बिनी तशें पण्णि. गुल्गुलो हाडोनु घटघटी दोनी गोट उदाक पित्ता. शर्त॰ कबूल करुंक गेल्ल्यारी राबच्याक आश्शिले॰ घर विक्नुनु जवळे दुकानांतूची बिडार करचे व्यार. जाल्ल्यारीयी म्हाल्गडी चलीयेले॰ कारण न्हंयवे॰ ? दुड्वा तोंड पोळोनु बोस्वाक जाय्ना म्हणु कोणालाग्गीयी उशीणे घेव्नु पुणी सांतप्प काम्तिले नाण्णूकची विमलाक लग्न करनु दिव्वे॰ ठरैता. लग्नाची तय्यारी भरभराटेन चलता.

कोलेजामेऽट चळ्ळेले निर्मलान, तिक्का अनुकूल जाल्लेले वातावरणाक सम जव्नु, तिग्गेली साग्रीक तिणची करनु घेव्वे॰ ठरौनु डाक्टर नारायण पैंलो चेल्लो रवींद्राली दास्ती करनु जाल्ल्या. रवींद्रु चेल्लो जाव्येत. ह्या सोय्रीकेक निर्मलालो हक्काचो बाम्मुणु (सुंदर नाय्कालो भाचो) वेंकट्रायूयि अनुकूल आस्स. ताणे प्रीती करचे विमलान मात्र सांतप्प काम्तीले नाण्णूले गळ्याक माळा घाल्वें ताक्का कबूल ना रवींद्राली आनि निर्मलालि प्रीती (निष्कळंक आनी निष्कल्मष व्हायी) क्हंय तांय मुकारी गेल्ल्या म्हळ्यारी बाप्सून पय्यनूराक गेल्ललो एकु दिवस॰ पोळोनु रवींद्रान निर्मलाक तांगेले घल्यागी आप्पोनु होरनु घंटे कट्ल्यानी तिग्गेलाग्गी कूडांतु॰ उल्लोनु बश्शीलो सन्निवेशूयी आस्स. दोळे धांपूनं दूद पिल्लेले माज्रान कोणही पळय्नी म्हणु लेक्किले॰ कंय. जाल्ल्यारी खब्बर डाक्ट्रा त्हंचो रानपो पंडरीक

कळीळ. 'कूडांतुं गुणगुणं शब्दु कस्सलो तो ?' म्हणु पंडरीन निम्गिलेल्याक ते॰वे॰ ? ते॰ हांव ट्रान्सिस्टर दवोर्नु बूक वाचीतलो॰. धारवाड स्टेशन 'पंच्कादायी' कार्यक्रम ताचरी प्रसार जाल्ललो. तू॰ भाग्रतानु आय्कललो म्हण दिसता' म्हणु रवींद्रान कारण सांगुंक प्रयत्न केल्ल्यारीयी, घरा वोच्चाक वेळु जाल्लो म्हणु भाग्र आय्यीले निर्मलाक पोळोनु, हेंचीवे धारवाड स्टेशन, रवी ?' म्हणु पंडरीन तोंड भऽरी दांत सोडतान रवींद्रु शिक्किलो जाल्ल्यारीयी शेळु जाल्लो.

प्रीतीन हातु धरलेले रवीक निर्मला, वेंकट्रायाक ताग्गली हक्काची विमला हान्नी मेळ्नु नायक माम्माले मात्त्यावेले॰ वजे॰ हूगर कश्शि॰ जाव्का ? दैवानुकूल आस्ल्यारी कस्सलेंयी साध्य म्हळेल्याक ह्या काणीयेचे॰ पर्यावसानऽची साक्षी. सांतप्प काम्तीलो चेल्लो नाण्णून सुंदर नाय्काले धाकले चेलियेक पळयलीची ताक्का म्हाल्गडी विमला नाक्का जाल्ली. लग्नाचो दिवसु निश्चय जाव्नु लग्नपत्रिका वांटूनु जाल्या जाल्ल्यारीयी 'म्हाल्गडी नाक्का धाक्लीची जाव्का' म्हणु तो हटाक बस्लो. हे॰ आय्कूनं नाय्काक आकाशु तुंटूनु मात्त्यारी बस्ल्या वरी जाल्ले॰. धाक्लेक दिवची जाल्यारीयी देणेयी नाक्का म्हणं, दिल्लेली देण्या रुप्पयीयी परत आय्ली. दीव्या॰ म्हणु निर्धाराक येत्तना डाक्ट्रा पूतु रवींद्रान निर्मलाक बरयीले॰ प्रेम पत्र सुंदर नाय्काल्या हाताक पाव्कावे ? डाक्ट्राली सोग्रीक करया॰ म्हणु गेल्ल्यारी (पूर्वा द्वेषु) कस्सलो कि आडयेत्ता (थोडे कडेन अर्थु नात्तिले अस्सले द्वेषानयी चलीयांल्यो व्हार्डीको राब्बील्यो आस्सती). म्हाल्गडेक भाच्चाकऽदीव्या॰ म्हळ्यारी विना कारण ताग्गेले वऽग्री हात करनु तो घर सोण्णु गेल्ला. तशें जाल्ल्यारी हाज्नें सुखांत्य कश्शी॰ जाल्ले॰ ?

एकु रानपो आनी बोंबय्चो एकु सि.ऐ.डी. हान्नी घडी भित्तरी समस्या परीहार केल्लि. सोग्रीके नेवनारी बनावट नोट॰ चलावण करचे काम्तीले नाण्णूले॰ पूर्व वृत्तांत बोंबय्चे सि.ऐ.डी.न बहिरंग केल्लें. रवींद्रालें जन्म वृत्तांत, रवींद्रान जाव्चे पशी धा वरस फुडे धर्नु डाक्ट्रा त्हंय रान्पाक आश्शिले पंडरी माम्मान सांगूनु निर्मलाले आनि रवील्या व्हार्डीकिक आश्शीलि म्हाल्गड्यांली पूर्व द्वेषा अडचण दूर केल्ली.

सुंदर नाय्काक चेलींयांले व्हार्डिकि समस्सो परिहारं जाल्लो. चेलियांक तान्नी मनांतु॰ लेक्किले चेल्लेची बाम्मुण जाव्नु मेळ्ळे. सर्व सुखांत्य जाव्नु पर्यवसान जाल्ले॰. म्हैन्याची काणीयी हांगांक अंत्य जाल्लि.

[वऽग्री दिल्लेली म्हैन्याची काणि तची नांवाचे एक सुंदर सामाजीक नाटकाची काणीयी जाव्नास्स. नाटककर्ता ; तरुण कलाविद श्री के. श्रीधर भट मंगळूरचे मित्रवृंद कलाविदांनी, तीनी कडेन हें नाटक एद्दोळु प्रदर्शन केल्लें. हास्य प्रधान जाव्नास्सुचें हें नाटक आम्गेल्या व्हार्डीकिंच्या समस्या वऽग्रीयी योग्य क्ष किरण पसरता. मंगळूर सुजीर सि.वि. नायक होलांतं प्रथम कोंकणी नाटकाचो कार्यक्रमु जाव्नु वऽय्लें नाटक मार्च तविस तारीक दिवसु गौड सारस्वत ब्राह्मण सेवा संघ मंगळूर हाज्ञे आश्रयारी प्रदर्शीत जाल्लेलें.]

मौल्विलो॰ मौलीक उत्तर॰

एक नवाबाक दोग जन॰ पूत. तांगेलो गुरु जाव्नास्सुचे मौल्वीक दोग्गालीयी गुरुभक्ती परीक्षा करकाम्हणु दिसले॰. आपण्याले पाय्याची॰ चप्पल॰ न्हाणीये लाग्गी सोण्णु येव्नु, ती॰ हाडच्याक मौल्वीन शिष्यांक आदेशु दिल्लो.

तक्षण दोग्गंयी चप्पल॰ आस्सुचे जाग्याक धाव्नु गेल्ले, हांव तू॰ म्हणु लडायी करनु. आखैरिक तांचे तांचे भितरी राजी जाव्नु एकेक्लू एकैक चप्पल हातांतु॰ धरनु मौल्वि लाग्गि आय्ले.

ही खबर नवाबाक कळ्ळि. ताणे मौल्वीक आपण्याले कूडाक आपोव्नु, ही खबर ती खबर उलवोव्नु, 'ह्या कालारी प्रपंचांतु॰ विशेष अदृष्टवंतु कोऽण म्हणु सांगतातिवे"? अशे॰ एकु प्रश्नो केल्लो.

"राज्य आळसुचे तुक्का मिक्वललो अदृष्टवंतु दुस्रो कोऽण आस्स ?" म्हणालो मौल्वि.

तशे॰ न्हंये, कोणाले॰ चप्पल व्हांवच्याक नवाबाले पूत झगळ्ळे की तो न्हंयेवे अदृष्टवंतु ?' रायाले॰ व्यंग्य.

तस्सले सुपुत्रांलो बाप्पुसु न्हंयवं होड अदृष्टशाली ?' मौल्विली सटक्कनी जवाब.

नवाबाक मौल्विले हे॰ मौल्विक उत्तर पसंद जाव्नु ताणे ताक्का खूब इनां दिव्नु पेटय्लो.

महात्मांलें होडपण

दयानंद सरस्वति एक पटि फरूखाबाद गंगा तीरारी वास्तव, करनु आसिलो. ताणे राबीले कडेन थाव्नु थोडची दूर एक साधुले॰ कुटीर आसिले॰. त्या साधुक दयानंदाली॰ सिद्धांत आवड्नांत आसीली॰. दयानंद सरस्वतीक पळय्लो म्हळ्यारी तो साधु खंडापट्टे सोवतालो. ताग्गेले सोवे आय्कूनु दयानंदु हासतालो. हाचेन साधुलो कोपु दुबारी जात्तलो.

शिष्याक हे॰ पोळोनु पुरो जाल्ले॰. एक पटी तान्नी सर्व गुरु कडे येव्नु, तुमी सै म्हळ्यारी पुरो, आमि त्या साधुक सम करतांती'आशे॰ म्हणाले. 'तुमि कष्ट पावचे॰ इत्त्याक ? तो जाव्नु सम जात्ता' अशे॰ दयानंदु तांका॰ समाधान सांगतालो. तश्शाण साधुले सोवे चडतऽची वत्तले.

एक दिवसु दयानंदाक ताग्गेले एक भक्तान फलवस्तूची बुट्टी पेटय्लि. त्या बुट्टे थाव्न् चांग फल॰ वेंचूनु आन्येक बुट्टेंतु॰ घाल्नु दयानंदान 'ही बुट्टि त्या साधुक दीव्नु यो' म्हणु आज्ञा केल्लि. शिष्याक आश्चर्य दिसले॰. जाल्यारी गुरूल्या 'आज्ञेक एदुर उलय्नातिले॰ तो ती बुट्टि घेव्नु साधु लाग्गी आय्लो. 'हांवे॰ नित्य ताक्का सोवचे॰ आय्कूनूयी॰ ताणे माक्का बुट्टी इत्त्याक पेटय्ली' म्हणु सांगूनु साधून बुट्टी परत पेटय्ली.

जाल्यारी दयानंदान दुसरी ती बुट्टि साधुक पेटोव्नु, 'नित्यऽची सोव्यांचो पाव्सु रखोका जाल्यारी शक्ती जाक्का. ह्या बुट्टेंतली॰ फल॰ खाव्नु ती शक्ती रक्षणकरनु घेय्या' अशें ताचे जवळ संदेशयी पेटय्लो.

शिष्याले मुखांत्र संदेशु आय्कूनु साधु लज्जेलो, आण्याले आश्रमा थाव्न भ्राग्र येव्नु दयानंद सरस्वतिले पाय्यारी पळ्ळो. ही परिवर्तन पोळोनु दयानंदु प्रसन्न जाल्लो.

विरोध्यांक आत्मीय करनु घेवच्यांतूचि महात्मांली श्रेष्ठता निपूनु आस्स.

धर्मशीलु

एक परोपकार बुद्धिच्या धर्मशीलान जनांक जाल्ले तित्तुले॰ बरेपण करचे उद्देशान यात्रीकांक, वाट्सुर्यांक अन्न, वसती सौकर्य दिव्चे॰ एक धर्मछत्र करयेय्ले॰. विशाल कूड॰ मोवूचि हांत्ल चंद मांचे, बण्णबण्णाचे ...... आशे॰ यात्रिकांक उपयुक्त सर्व वस्त्र त्या धर्मॉ छत्रांतु॰ आश्शीले.

छत्र जनानी कश्शी॰ वापर्नु घेव्का बद्दल त्या धर्मशीलान निर्दिष्ट सलहा सूचनायी दिल्लेली। भितरी येव्चे जाग्यारीची ते॰ बोरोनु आसिले॰. छत्रांतु॰ कित्तुलेयी दिवस राब्बुनु जायी जाल्लेल खाव्नु, पीव्नु आराम जाव्नु अस्सुयेत, त्हंय असु चो प्रती एक वत्तु आपण्याल्य मनाक तृप्ति जाव्वो वरेक अनुभव्यूयेत. अनावश्यक वाय्ट करुंक नज्ज. हे॰ छत्र व्होयी जाल्यारी जनांनी तांगेले आवश्यकतेक मिक्वूनु वापर्नु वाय्ट करुंक नज्ज. छत्र फुटऽची आनी व्यवस्थीत जाव्नु दवोर्का अश्शी. होड फलका वऽग्री सूचनो बोरोनु आबील्यो. ही व्यवस्थाकरनु तो धर्मशीलु छत्राचे जवाब्दारे थाव्नु निवृत्त जाल्लो.

कालक्रमेण छत्रांतु॰ राब्बुंक येवच्या यात्रिकानी सूचनो अलक्ष केल्ल्यो खंडापटी खाव्नु, पीव्नु, डेंक काळ्ळे. सहयात्रिकांले॰ हित पळय्नाती अगत्य न्हंय जाल्यारीयी आहार वस्तु पाड केल्ले. नित्य झगडे, सोवे, मारामारी शुरु जाल्ली. प्रती एक्त्याल्यांतु॰ दुराशा आनी स्वार्थ भूतान प्रवेश केल्ले :

अशें त्हंय आशीले॰ सर्व पाड केल्ले उपरांते॰ तान्नी भूकेन, वेदनेन रोड्डु लाग्ले आखरीक सर्वांनी धर्म-शीलाक सोव्चाक शुरु केल्लो. छत्रांतु॰ पोट भरचो तित्तुलो आहारु मेळना राब्बुंक जायती व्यवस्था ना, नीच व्यक्तिंकयी हांगा प्रवेशु आस्स अशे॰ धर्मशीलाक तेगळसुच्याक शुरु केल्ले॰. कोणाकयी सोव्वु प्रयोजन ना. तें छत्र उद्धव जाल्ले॰ ; देकुनु हो जागोची वाय्ट अशे॰ जाग्याक सोव्वा लागले, ह्याची रीती आजि जगत्याची परीस्थिती जाल्ल्या. कोणही सांगच्या विवेकाक अमी कानु दीनांती . आम्गेले॰ जीवन सम जाव्नु आस्सुचे वाट्टेरी होरच्याक जायी जाव्वी सलहा. सूचना आमी तिरस्कारु करतांती मनु कुलाच्या महान संतानी सार्वुनु सांगिल्यो दिव्यबोधनो आलक्ष करतांती. सकडाकयी देवु कोप्पिलाची कारण म्हणु दुर्वितांती.

आम्गेलो उद्धारु आम्गेलेची हातांतुं आस्स. आम्गेले संरक्षकालो संकल्पु पूर्ण केल्ल्यारी अपूर्व मनश्यांति, कल्पन करूंकयि असाध्य मनश्यांति आम्का॰ जात्ता.

[विश्वविख्यात साहिती, दार्शनिकु लीयो टॉलस्टॉयिले नीती कथाचो अनुवाद. - सं.]

नारद तुंबुरांक हनुमंतान माक्साय्ले

नारद आनि तुंबुरु वैकुंठाचे नांव पाव्वीले संगीतगार. संगीत कलेंतु॰ होड कोऽण म्हळ्ळे विषयांतु॰ एकपटी तांगेल्यांतु॰ विवादु आय्लो. दोग्गंयी श्रीमन्नारायणा लाग्गी तीर्पु निम्गुच्याक गेल्ले.

"तीर्पु दिवच्याक हांव इत्ते॰ संगीतरागुवे ? ओ त्हंय मुल्याक तो येक्ळो बस्ला चोय्या. तो संगीत विद्वांसु. ताग्गेलाग्गी निम्गिया" - आशे॰ म्हणु श्रीमन्नारायणान दोग्गांकयी हनुमंता लाग्गी पेटय्ले.

नारदु आनि तुंबुरु आंजनेया लाग्गी वोच्चुनु तांगेली हकीकत निवेदन करुंक लाग्ले. तो पूर्ण आय्कलो. 'पैले' हांव संगीत म्हण्ता॰ जाय्नावे ? म्हणालो 'जाव्येत' म्हणु नारदु आनी तुंबुरु तांगेले॰ तंम्बूर आनी वीणा एक पात्राक वरगानु त्हंय राब्ले. हनुमंतान संगीत शुरु केल्ले॰. ताग्गेले संगीताक फात्थरु करगलो. आंजनेयान संगीत राबय्ताना तो दुसरी गट्टि जाल्लो. नारदाले॰ तंबूर आनि तुंबुराली वीणा पात्ता मध्ये॰ शिरकली॰. तान्नी हो विषयु हनुमंताले नज्रेक हाळ्ळेले तेन्ना, 'तुमी होड संगीत विद्वांस. संगीतान तो पात्थरु करगशीया॰ म्हणालो

दोग्गानिंयी शक्ती मीर्वूनु प्रयत्न॰ केल्लिंती. पात्थरु करगना. दोग्गालेंयी गर्वभंग जाल्ले॰. हनुमंतान दुसरी संगीत म्हण्णु तो पात्थरु करगशीलो.

नारदु आनी तुंबुरु तांग्तांगेली॰ संगीत साधन॰ घेव्नु हनुमंताक पांय पण्णु तांगेले स्वस्थानाक चमकले.

1985

मोस करतालो मोसांत पळ्ळो

एकु महा पंडीतु कृष्ण देवरायाल्या आस्थानाक वोच्चोनु, ताग्गेलें पांडित्य प्रदर्शन करनु एक हजार वरह बहुमान घेव्व्याक लाग्लो.

ताक्का त्या गांवांतु॰ कोणही परिचयाची॰ नात्तीले निमीत्त त्या दिवसु रात्री एक छत्रांतु॰ राबलो. त्या पंडीताक रायाले कडच्यान एक हजार वरह मेळ्ळेले छत्रांतुल्यांक कश्शी॰ की कळ्ळेले॰.

रात्री पंडीतान सक्डा॰ वरी छत्राचे चावडेरी आपण्याली मांद्री घाल्ली. ताग्गे लाग्गीची अन्नेक्ल्यानयी मांद्री घाल्लि. पंडीताले हजार वरहांक हातु दीव्का म्हणु ताग्गेलो इरादो आश्शीलो.

मध्य रात्री सक्डांनी गाढ निद्देंतु॰ आश्शीले तेना त्या मोसगारान पंडीताले मात्त्या पंदाक आश्शीले॰ चील काण्णु पळय्ले॰. तांतु॰ वरह॰ दिस्लि॰ नांति. पंडीताले मांद्रे पंदाक कित्तुले॰ सोदल्यारीयी ताक्का काही मेळ्ळे॰ ना. हाणे वरह घाल्लेले॰ चील क्हंयी निप्पोनु दवर्ले॰ म्हणु आलोचन करनु तो फाल्ले॰ तांये जागोची उरलो.

फाल्ले॰ जात्तना पंडीतान उटानु, त्या मोसगाराल्या उश्श्या पंदाक हातु घाल्लु आण्याले॰ वरह घाल्लेले॰ चील काण्णु घेव्नु त्हंये थाव्नु भाग्रसर्नु गेल्लो. नीद खोळ्तु बश्शीलो मोसगारु ताणे वोच्चे॰ टुकटुकीची चोय्तलो.

1972

माद्दूली माव्शी

माधवाक आट वर्ष॰ प्राय. मर्तीमांय्येक तो एक्कूची चेल्लो. ऊरी काण्णु, मस्त देवांक आंग्वण सांगूनु जाल्ललो. तऽयी दिवसु जाल्लेले निम्मीत्त महा देवाले उड्डासाक माधवु म्हणु नांव दवर्लेले॰.

माधवु आत्त॰ विस्कूलाक बरप शिक्कूंक वत्ता. तिन्नीचे क्लासांतु॰ शिकता. शिक्कूंक हुश्यार आस्स. जाल्यारी ताक्का एकु वाय्टु अभ्यासु आस्स. केदनायी॰ हात्ता बोट्ट॰ तोंडांतु घाल्नु नांकूट चिंवचे॰.

ताग्गेलो हो दुरभ्यासु सोड्वाचे. खातीर मर्तेन भारी प्रयत्न° केल्लिंती. जाल्यारी काही° प्रयोजन मेळीन. आखैरीक एकी भिस्वावण घाल्नु ताका समवाट्टेक हाडची यत्न° तीणे केल्लिंती.

"तुग्गेल्या वरीची तोडांतुं बोट्टं घाल्नु नांकुट चिंव्चो अभ्यासु फुडे एक्ल्याक आश्शीलो. आखैरीक तो पुग्ग्यावरी पुग्गुनु भेतुनु गेल्लो" म्हणाली मर्ती.

माधवु भिल्लो. तोंडा लाग्गी हात्ता बोट्ट° व्हरुंक भय केल्ले° बाव्ड्याक. दोनि दीस तांयी तो नांकुट चिंवीलो ना. तिन्नीचे दिवसु (तांगे तंयी) सोय्री° आय्लींती. (अप्रु बाय्ये) सोय्री° माधवाली माव्शी केञ्जी मांयी आनी तिग्गेल्यो चेलियो तारु आनी मीरु.

सोर्यांक सम्माना जेवण तय्यार जाल्ले°. सर्व ओट्टूंची जेव्णांक बस्लींती. माधवु आपण्याली माव्शी केञ्जे एद्राक वाट्ट° दवोर्नु बश्शीलो. जेव्तना तिक्काची टुकटुकीची चोय्तलो. तिग्गेले° भाणा एद्दे° पोट. गाब्या वरि हात हे° पोळोनु माधवाक कस्सले° दिस्लेकी ! आम्मान आण्याक सांगिलो उपदेशूयी उड्डासाक आय्यीलो आस्सूका. तक्षण, "माव्शे, तुक्का नांक्ट° चिंव्चो अभ्यासु आस्सवे ?" म्हणालो.

नांक्ट° चाब्बूनु पुग्गूनु माव्शी भेत्तुनु वोच्चाक तय्यार जाल्ल्या म्हणुताणे अभिप्रायु केल्ललो आस्सूका कश्शी ? चेर्डुंवाली कल्पना शक्ती ?

वरप्रदानाचे दोष

एक प्रामाणीक मनुष्यु देवा लाग्गी वोच्चूनु, अधिकाधीक दान दीव्नूयी केदनाही दिवाळी जाय्नातीले राबचो वरु मागच्याक लागलो. देवान ताक्का रायु केल्लो. एक स्वार्थी श्रीमंत जमीनदारन हे° पळय्ले. तोवयी देवा लाग्गी वोचूनु प्रामाणीक मनुष्यान माग्गीलाची वरु मागुंक लागलो. देवु आपण्याकयी रायु करतालो अशे तो लेक्कूनु आश्शीलो. तोवयी देवा मुकारी राब्बूनु. दीव्नु, दीव्नूयी सरना तस्सलो वरु दी देवा म्हणु माग्गुंक लागलो. देवान 'तथास्तु' म्हळ्ळे°. 'ताणे दानधर्मु जाव्नु ताग्गेलो संपत्तु वितरण करुंक लागलो. काही जाल्लेले° ना. अधीर जाय्ना

तिले॰ सर्वस्व दान दीव्नु ताक्का भीक मागची गती आय्ली. इत्तुले॰ जाल्ल्यारीयी देवु आपण्याक रायु करतलो म्हणु ताक्का भरवसा आश्शीली. आशापूर्णा वाङ्वले उपरांते॰ ताणे देवा लाग्गि दुसरी प्रार्थना केल्ली आनी देवान प्रत्यक्ष जाव्नु आण्णेन दिल्ललो वरु सफल जाल्लो म्हणु सांग्ले॰. वरु माग्गिल्याक आश्चर्य जव्नु ताणे देवा लाग्गी विवरण निम्गीली, देवान सांग्ले॰. तू॰ भिक्षुकु जाल्लो केद्दनाकी आनी दिवाळी जाव्चो प्रश्नोची ना' अशे॰ सांगूनु देवु अंतर्धान जाल्लो.

नीती : वरु दानी रीतीरीयी सफल जात्ता.

बुध्वंत आनी पिश्शे

गांव्चे पूरा एक्ल्याक पिस्सो म्हणु आपय्ताले. आप्पण पिस्सो न्हंय म्हणु रुजु करुंक तो तय्यार जाल्लो. तुमी मेज्या पेक्षा॰ होड पिश्शे. कश्शि॰ म्हणु निम्गितातीवे? तुमी सर्व वोट्टु जाव्नु मेग्गेले एकं प्रश्नाक जवाब दित्तातीवे ? अशे॰ ताणे गांव्चे लोकाक सवालु घाल्लो. ताग्गेलो हो रहस्यमय प्रश्नो कस्सलो म्हणु आय्कुच्याक गांव्चो गांवु जमेलो. 'एक पिश्याले प्रश्नाक जवाब दिवच्याक इत्तुले संख्यान जमेलेले तुमी मेग्गेल्या पेक्षा॰ होड पिश्शे व्हयी कि न्हंये ?' पिश्यान निम्गिले॰, आय्यिले पूरा जन मात्ते॰ सकल घाल्नु उलय्नातीले॰ परत गेल्ले.

नीती : पिश्यापण कोणाकयी एक्ल्याकऽची म्हणु सांगिलो विषयु न्हंये.

जीवु केद्दना वत्ता ?

हांव अर्तांची पुत्तूराक गेल्ललो॰. पुत्तूरा थाव्नु मंगळूराक बेग्गीची येवच्याक 'जीवु' म्हळ्ळे नांवाचे॰ एक एक्सप्रेस बस्स आस्स. ते॰ वाट्टेरी कही॰ राबनातीले॰ पुत्तूरा थाव्न सोळ्ळेले॰ सरूत मंगळूराक येत्ता. निल्दाणांतं॰ राब्बिलो॰ मेग्गेले वोट्टु हर मस्त प्रयाणीकयी बस्साक राक्तले.

वेगळे एक बस्सारि बस्सिलो एकु मनुष्यु ताचेरी थाव्नु देव्नु गडिबिडीन आमी राब्यिले कडे येव्नु, 'जीवु केद्दना वत्ता ?' म्हणु निम्गुंक लाग्लो. 'गळपासु घेतल्यारी अत्तंची वत्ता' म्हणु एक प्रयाणीकान सांग्तना उरलेले॰ पूरा पोट भऽरी हासली॰.

चेर्डुवा॰ली काण्यो

एकी नीती कथा :

अल्पांलो संगु चांगु न्हंय

येक रायान येकु कीरु मोगान पोश्शिलो. ताज्ञे नांकांक येकु बुलाकु करनयी घाल्ललो ताणे. ताज्ञेन करता॰ त्या कीरा (अहं कारु) आय्यिलो रायान एद्राक चोव्वाक मेळतना तो कीरु, 'माक्का आश्शिले॰ आभरण रायाक ना. माक्का (आशी शिले॰) रायाक ना'. आशे॰ म्हणतs राबतलो.

येक दिवसु रायान कोपान त्या कीराले नांकाचो बुलाकु काडय्लो. तेन्ना तो कीरु, "ताक्का नाम्हणु मेग्गेले॰ काळ्ळे॰, ताक्का ना म्हणु मेग्गेले॰ काळ्ळे॰" आशे॰ म्हणुंक लागलो.

रायान 'मोरो' म्हणु ताक्का दुसरी बुलाकु घालय्लो. तेन्ना कीरु 'माक्का भीव्नु परतूनु दिल्लो, माक्का भीव्नु परतूनु दिल्लो' म्हणालो 'तुग्गेलो संगूची नाक्का' म्हणु रायान त्या कीराक गूडां दाकुनु भाय्र सोळ्ळो.

चक्र आनी बैल

एक गाडियेची॰ चक्र॰ आनी गाडी तांडुच्या बैलांक विवादु शुरु जाल्लो. चक्रांनी बैलांक सांग्ले॰, तुमी तांडची गती वाडुय्ल्यारी गाडी चंदायेन मुकारी वोच्चाक अनुकूल जात्ता'. बैल सांग्लाले : तुम्गेली खबर तुमी पोळोनु घेय्या. आम्गेले विषयांतु॰ तुमी हातु घाल्चो नाक्का. आमी आम्का॰ जाय तशे॰ गाडी तांडताती. गती शीघ्र करच्यांतु॰ चक्रांचो वांटो कस्सलोयी ना'. चक्र॰ नुलित बस्ली आनी अच्छा (axle) वsग्री हिडित गट्टी करुंक लाग्ली॰. गाडी धांव्चो वेगु ऊणे जाल्लो आनी गाडी तांडच्याक बैलांनी तांगेली पूर्ण शक्ती घाल्का जाल्ली. गाडी हळूची वोच्चि पोळोनु गाडी अंबुड्तल्यान बैलांचे घाटीरी चाटी प्रयोगु शुरु करका पळ्ळो. अश्चाण चक्रांनि तांगेले॰ हिडित आनिकेयी बिग्दिले॰. प्रयाण आखेरीक पात्ताना

ल पूर्ण थक्वूनु गेल्ले - एक दिक्कान तांडच्याक पूर्ण शक्ती घाल्नु - अन्येक दिक्कान ांबुड्त ल्याले पेट्ट खाव्नु.

ती : खंचेयी एक संस्थ्यांतु॰ सान मट्टाच्यांलो सहकारु अमूल्य आनी प्रमुख.

मनुष्यालें चंचल मन

भारी फुडे कालांतु॰ आत्तंच्या वरी वैशाखु, पाव्साडी, शिंय्योदीस, वसंत ासु आशे॰ ऋतुभेदु ना आश्शिलो. वरसाच्या बारा म्हैन्यांतूयी सूर्यु माळबारी काशमानु जाव्नु दिसतालो. सूर्याली ही स्थिती पोळोच्याक (जाय्ना तिल्या) नुष्यान काही॰ तरी बदलावण जाव्का अशे॰ देवा लाग्गी प्रार्थांना करुंक शुरु ल्ले॰. ईश्वरु आनी पार्वती तेन्ना विश्रांती घेत्तचाली - तांका मनुष्यांली मनवी ाय्काल्यी. परमेश्वरान त्या दिशान विशेष लक्ष्य दीनी तरी पार्वती, 'मनुष्याली ागणी मान्य करका' अशे॰ घोवाक ओत्तायु करुंक लाग्ली. तेन्ना ईश्वरु सांगता : प्रिये, तू॰ जाण न्हंय. त्या मनुष्याक कित्तुले॰ दिल्ल्यारीयी तृप्ती जाव्ची म्हणु ना. ो त्या त्या वेळी काही॰ निम्गुनूची असतलो" 'होड ना ! ही एकी आखैरीची रीक्षा ताग्गेली करया॰' म्हणाली पार्वति.

शिवान तक्षण मनुष्याली विनती मान्य करनु पाव्सु रक्केलो. पाव्सु कांडण ारेन रक्वुच्याक शुरु जाल्लो. थोडे समय मनुष्याक ही बदलावण पसंद जाल्लि. ाल्ल्यारी सोण्णातीले॰ पाव्सु पडचो पोळोनु ताक्का बेजारु येव्सु 'जोरु धग्गु आनी ा सोण्णातीले पाव्सा' बद्लाक तंपु वारे॰ मात्र बिस्वलेले॰ जाल्ल्यारी कित्तुले॰ ांग अश्शिले॰ ?' अशे॰ लेक्नु त्या खातीर दुसरी ताणे देवा लाग्गी विनंती केल्लि. श्वरान पार्वतिक चोव्नु मुग्लकी हास्सूनु ताणे पाव्सु राब्बोनु थंड वारे॰ भूंय्य टय्ले॰. मनुष्याक भारी संतोषु जाल्लो. हो संतोषु थोडे काळ तो भोग्लो - उपरांते॰ वार्या वऽग्रीयि ताक्का कंठाळो येन्वाक शुरु जाल्लो.

'झगझगी सूर्यालो प्रकाशु आनी हूनऽची वऽत पळ्ळेले॰ जाल्ल्यारी भो चांग आश्शिले॰' अशे॰ ताक्का दिसले॰. पैले॰ खंचो सूर्य नाक्का म्हणु दिश्शीलो कि आत्त॰ याची सूर्या खातीर ताणे देवा लाग्गी मागणी करुंक शुरु केल्ले॰.

वार्याक परत घेव्‌नु ईश्वरान वsत धाळ्ळे°. ईश्वरु पार्वतीक पोळोनु, 'हांवे° सांगिले कश्शी° जाल्ले° ?' म्हणु निम्गुंक लागलो. चपलचित्ताचे मनुष्याले विषय पार्वतिकयि बेजारु येव्‌नु गेल्ललो. आनी मुकारी कस्सलेयी नवे वर मनुष्याक दिव्चे नाक्का अशे° पतिदेवा लाग्गी तीणे सांग्ले°, त्या उपरांते° मनुष्यालि खंची मनवीयी ईश्वरान मान्य केल्ली ना.

प्रामाणिकतेक क्हंय मोsल ना ?

सिंहाल्या न्यायस्थानांतु° दोग जन° कोल्ल्यांनी आनी मुकारी तांगेली शींत्री प्रदर्शन करनातीले°, सर्वा° लाग्गी प्रामाणीक रीतीरी वर्तन करचो निर्धार प्रकट केल्लो.

'आनी मुकारी आमी सत्यsची उलोव्नु, (सत्यस्थि केरीचि) चलया. हांव आनी मुकारी सिंहाल्या पांजारा थाव्न कस्सलेंयी चोरचो ना° म्हणालो एकु कोल्लो.

"हांव आनी सिंहाक अनावश्यक होगळ्सूनु वsग्री बोसोचो तित्तुलो पिस्सो जाव्चो ना. हांव तागे लाग्गी सरूत उलय्तेलो°." तू खरोची एक गाडुव' म्हणालो अन्नेक्लो. अशे° निर्धार करनु ते त्हंय थाव्न वेगळूनु गेल्ले.

बेग्गीची एकु कोल्लो सिंहा लाग्गी वोच्चूनु, आन्नेकु कोल्लो ताक्का खंडापट्टि आड नांव° सोवता म्हणु सांगुंक लाग्लो. सिंहु कोपान गर्जन दिव्वाक लाग्लो. ताणे त्या आन्नेक कोल्ल्याक आपोव्चे तसे° करनु तागेलाग्गी विवरण निम्गीली.

"व्होयी खावंद ! हांवे तुक्का आड नांवानी आपयिलो व्होयी" म्हणालो दुस्रो कोल्लो - पैले कोल्ल्यान वंचन केल्लि म्हळ्ळेले° खात्री जाव्‌नु "जाल्यारी तशे° हांवे केल्लेले (मेगे लाग्गी) दूर सांगील्याली प्रामाणीकता परीक्षा कोंरचे खातीर. विश्वासघातकी आम्गले मध्ये° आस्सुचे° केदनाही° चांगन्हंयी".

ताग्गेले उत्रांनी सिंहाक समाधान जाल्ले°. आनी ताणे दुस्र्या कोल्ल्या लाग्गि मैत्री केल्लि, दोन्नीचे कोल्ल्यान सिंहाले मेत्रीचो संपूर्ण लाभु घेव्‌नु "पळे रायानो, तो आन्नेकु कोल्लो नित्य तुग्गेल्या पंजारा थाव्‌नु मास चोरता" म्हणु शुरुवे कोल्ल्या विषय दूर दिल्ले°.

सिंहान त्या चोर कोल्ल्याक आस्थानाक आपय्शि करय्लो, "प्रभो ह्या मासांतु° विष प्रयोगु जाल्लाकी म्हळ्ळेले° परीक्षा करुंक मास चोर्लेले° व्हायी. आम्गेले रायाक मस्त शत्रु आस्चे सहज" म्हणु तो विवरण दिवच्याक लागलो.

आशे° आयिल्या आपत्ता थाव्न पार पडच्याक दोग जन° कोल्ल्या कंयी तांगेली शींत्री वापरका पळ्ळि.

नीती : प्रामाणीकता वंचकांक अपायकारी जात्ता.

मूल : ए. एन. भट, मुंबयि (अनुवादु : बाळो)

मृगं आनी तांगेली भास

एक पंता रान्नांतुलीं पूरा मृगं ओट्टु जाल्लिंती आनी तान्नी तांका° सामान्य भास जाव्का म्हणु तीर्मान केल्ले°. एकेकल्यान एकेक नमून्यारी उल्लो पेक्षा° एकहीची सामान्य भास आसल्यारी एकमेळेरी आस्सूंक बहुतेक सहकारु मेळत अशे° तांका दिस्ले°. ह्या संबंध मत काडतान सर्व सामान्य सकडांक आर्थु करुं जाव्वि गाडवाली भास रान्नांतुली सामान्य भास जाव्नु स्वीकारचे° म्हणु जाल्ले°.

त्या उपरांते° हरयेक मृगान गाडवान रडचे म्हणके रडुंक शुरु केल्ले°. क्रमेण हाज्ञेन इत्ते° जाल्ले° कि म्हळ्यारी प्रतीयेक मृगालो स्वभावु गाडवाले स्वभावाक घुंवलो. सिंहु, चीटा वाघु, सरपु, तोळु, मांकड, कोल्लो, करडी रानरड्डो हान्नी तांगेले स्वंत नैसर्गीक स्वभाव सोण्णु गाडवा सारखे° जाल्लींती. नम्रता, सहना आनी आलस्य तांगेल्यांतु° भरनु गेल्ले°.

एक पटी मृगबेटेक म्हणु रान्नाक आय्यील्या बेडांक मृगांची विचित्र वर्तन पोळोनु आश्चर्य जाल्ले°. तान्नी भारि नम्र जाल्लेले° पोळोनु बेडांनी मृगांक तांडूनु व्हेल्लिंती आनी तांगेल्या घरा नित्य कामांक तांका° लाय्लींती. अती क्रूर स्वभावाची° हिंसृ मृग' सिंहाक आनी चीटा वाघाक गाद्दो कोस्सोचे नांगोराक बांद्रींती. करडी उदाक तांडुंक लाग्ली ; तोळु घर राक्वालो जाल्लो ; गोरिल्लाक मार्केटाक सामान व्हांव्च्याक लाय्ले°.

इत्ले॰ जात्तना मृगांक विवेकोदय जाल्ले॰. आमी आम्गम्गेली भास आनी स्वभावु दवोर्नु घेतल्यारीची बरे॰ आश्शीले॰ म्हळ्ळेले॰ ती॰ सम्जलींती.

नीती : कस्सलोयी एकु नवो विचारु निर्धारु करचे फुडे ताज्ञे बरे वाय्टा बद्दल दोन्नेनी पटी आलोचन करा.

मूंयी आनी मुट्टो

एक मुंय्येन पावसा दिवसा॰ खातीर दग्गा दिवसांतूची जायते॰ खाण जमा करनु धवरीले॰. पावसा दिवस (लाग्गि लेचि,) एकु मुट्टो मुंय्ये लाग्गी येव्नु म्हणु लागलो !

"मूंयि, मांयि, मूंयि मांयि, माका भूक लागल्यामुगे. थोडेंचि खाण दीनावे ? मुकारी धग्गाचे दिस येत्तना ते॰ हांव परत दीन॰".

मुंय्येन म्हळ्ळे॰ : 'मुट्टे माम्मा, मुट्टे माम्मा, भूकेन वळ वळेची स्थिती तुक्का येवच्याक पुळ्ळे धग्गा दिवसांतु॰ तू॰ इत्ते॰ करतालो ?'

मुट्ट्यान जवाब दिल्लि ; 'हांव तेन्ना गायन करनु आश्शीलो॰'

मुंय्येन सागले : 'तशे जाल्ल्यारी आत्त मात्ते हालोनु नाच'

मुट्टो आयीले तशे॰ पाटि गेल्लो. भूकेक कारण ताग्गेली आळसायी म्हळ्ळो पाठु मुंय्येन ताक्का शिकय्लो.

गोणी पाठु शिकली

एक रुक्कारी एक गुर्बंजेन गूडु बांदूनु तांतु॰ तीनी मोट्टे दवर्लेले. त्याची रुक्काच्या पोटार्यांतु॰ राबच्या एक सर्पान तांतुले दोनि मोट्टे खाव्नु पळ्ळे. गुर्बंजी दुःखान एक गोणी (गरुड पक्षि) लाग्गी ओच्चूनु, आण्याले मोट्टे खेल्लेले सर्पाक शिक्षा दीक्का म्हणु विनती करुंक लागली. त्या गोणीन गुर्बंजली विनती अलक्ष्य केल्लि. तुग्गेले पिल्लांली रक्षण तुक्काऽची संबंध पाव्वीली. ती तूंवे॰ करका शिवाय दुस्र्यांनी करची न्हंय, वऽच हांगा थान्न' म्हणाली गोणी. 'तू॰ पक्षेंक रायु. तुग्गे

लाग्गी आय्ल्यारी काही॰ पुणि सहायु मेळत म्हणु होडी आशा दवोर्नु आय्यिली॰. तुक्का हो विषयु अल्पु म्हणु दिसूक पुरो ; तोची फायी अगाध जव्व्याक फाव आस्स' अशे॰ सांगूनु गुर्बंची त्हंय थाव्न दुसरी तिग्गेलेची गूडाक आय्ली.

तोंडांतु॰ एकी मुळिये काड्डी घेव्नु आय्यिली गुर्बंची गूडाचे एक मुल्याक निष्पोनु बस्ली. दोनी मोट्टे खाव्नु रुची लाग्गिलो सर्पु तिन्नीचो मोट्टो गिळच्याक गूडा लाग्गी चडण्णु आय्लो. हे॰ पळ्वीले गुर्बंजेन चोंचीनी सर्पाचो दोळो कोंक्लो. दूकी तड्सुच्याक जाय्नातिले॰ तो सर्पु बडक्कने सकल उड्लो. सकल एकु सिंहु निद्दललो. सिंहाचे॰ नांक बील म्हण लेक्कूनु सर्पु जीवा घाय्सोकाक तांतु॰ रिगलो. नांकांतु॰ कस्सले॰ कि शिरकल्या वरी जाव्नु सिंहु लाग्गीची आश्शिल्या एक तळ्यांतु॰ उडलो.

सिंहाक भीव्नु त्या तळ्यांतु॰ एकु राक्षस सपुॅ वऽय्री माळबाक उड्लो (ताक्का उबचि शक्ति अश्शिली). तशे॰ उड्ताना गोणिल्या गूडाक लाग्गूनु गूडांतु॰ आश्शिले गोणिले मोट्टे सकल पण्णु भेत्तूनु गेल्ले.

'तूंवे इत्याक उब्बूनु येव्नु मेग्गेले मोट्टे भेत्ले ?' राक्षस सपॉक गोणीन निम्मिले॰.

`हांवे इत्ते॰ करचे॰ ? सिंहु तळ्यांतु उड्लो, ताक्का भीव्नु हांव वऽय्री उड्लो॰ म्हणालो तो.

सूरु पिल्ललो सोसो

त्या दिवसु साळेरीकांटालो जाय दिवसु. सोस्याक आमंत्रण आश्शिले॰. सोसो गेल्लो. गम्मत जेव्लो. पिव्व्याक गोड्डूची सूरुयी आश्शिलो. धर्मा मेळ्ळलो म्हणु यथेष्ट पिल्लो.

पिल्ललो सूरु सोस्याक मात्त्याक लाग्लो. कर्काश जाव्नु आर्भाट दिवच्याक लागलो. तोंडा आय्यीले तशे॰ उलोच्याक लागलो. ताज्ञी अवस्था पोळोनु साळेरिकांटाक बेजारु जाल्लो. हाक्का रान्नांतु॰ वोच्चाक सोळ्यारि अनर्था. जात्तीत म्हणु लेक्कूनु, "पुत्ता सोसो ! तूंवे आजी तुग्गेले घर्ल्यागी ओच्चे॰ नाक्का. पीव्नु मात्ते॰ घुंव्ता ताका, रान्ना वाट सम (दिस्स शी) ना. तूंवे ओच्चे रान्ना वाट्टेरी मस्त सिंह (आस ती) तू॰ आजी आम्गेलेची घर्कडे राब. फायी सकाळी॰ गेल्यारी सै" म्हणु सोसा क सांग्ले॰ साळेरीकांटा न.

पिल्लेला क हितवादु नाट्टचो कश्शि॰ ? 'सिंहु ? मेग्गेले मुकारी ताग्गेले॰ कस्सले॰ चल्ता ? मेग्गेले वाटेरी (आय्ला री) ताग्गेले चर्म सोल्लानु चूर चूरु करनु उडय्न' म्हणु दोळे होऽड करनु मीसो उब्बय्ल्यो सोस्यान.

साळेरिकांट्याले॰ उत्तर आय्कनात्तिले॰ हेक्कडे तेक्कडे माल्वतऽचि तो रान्नांतु॰ मुकारी सरलो. वाट्टेरी वत्तना, 'सिंहु कंयि सिंहु ! हांवे एक पटि गट्टि उस्रु सोळारी आकाशाक उब्बूनु ओच्चूका, तस्सल्या कीड्यांक हांव भित्तावे ?' अशे॰ किणचि मारतऽची वत्तलो.

सोस्याली बोब एक गुहांतु॰ निद्दलेले सिंहाक आय्काय्ली. आप्ण्याक सोस्यान हीनैसुचे॰ आय्कूनु ताक्का रौद्रावेशु आय्लो. तो गुह्यांतूनु भाग्र येव्नु एक बेटा न मारनु सोसा क धर्लो. सोसा ना पीव्रु आय्यीली खबर ताक्का सम्जली. 'हो ! हो ! तूंचिवे पीव्नु येव्नु तोंडा आय्यिले तशे॰ उलय्तालो ?' अशे॰ म्हणु सिंहान एकी गर्जन दिल्ली.

त्या गर्जनेक सोस्याक मात्त्याक लाग्गीले॰ अमल पुरा सकल देंव्ले॰. भीव्नु कांप्तऽची सिंहाले पाय धर्नु, "ना धनिया ! (तुज्ञे सल्या) सार्वभौमाक हीनैस च्याक हांव कोऽण ? हांव निरंतर तुग्गेलो (से वकु) आनि गुलामु : ह़ांव थोडे चि पिल्ला॰ म्हळ्ळेले॰ व्होयी. त॰ तुग्गेल्या आनी तुग्गेल्या साम्राज्ञिल्या आरोग्या खातीर तुम्गेले कुमारालो जाय दिवसु आजी म्हणु कळ्नूची थोडेशे॰ पिल्ललो॰. ताज्ञेन थोडेंची अमल जाल्ला॰. माफ करका" म्हणु रड्तऽची सिंहाले (पा यांरि) लोळच्याक लागलो.

सोसा चे॰ हे॰ फट्टि नाटक पाप, सिंहु नम्गलो. 'हूं. (होरो चि) तुज्ञे॰ वजे॰ हांगा थावनु' म्हणु सिंहान सोस्याक जीवदान केल्ले॰.

लोकाक मेच्वाचे॰ लोकेश्वराकयि साध्य ना

एक्लो म्हातारो बाप्पूसं आनी ताग्गेलो संमार धा वर्ष॰ प्रायेचो एकु पूतु आश्शीलो. तांचे लाग्गि एक गाड्डुव आश्शीले॰. एक दीवसु बाप्पूसु आनी पूतु सांतेक भाय्रासरर्ले. चांग मोऽल आय्ल्यारी ते॰ गाड्डुवयी विक्र्या॰ म्हणु गाड्वाक लाग्गि घेव्नु भाय्रसर्ले.

बाप्पूसु गाड्वारी बैसूनु पूतु लाग्गीची चम्कूनु येत्तलो. वाटरी वत्तले कोणे कि हांका॰ पोळोनु, 'इत्ते॰ धाडिगा ह्या म्हातार्याक ? रायुसो गाड्वारी बैसूनु ते तर्ने पिंपूर चेल्ल्याक चम्काय्का न्हयी तो ?' म्हणाले. म्हातार्याक ते॰ व्हायी दिस्ले॰. तो गाड्वारी थान्न सकल देंव्लो. चेल्ल्याक गाड्वारी बोसोनु आप्पण बरींत्ल्यान चम्कूच्याक लाग्लो.

अर्ध फर्लांग वाट चम्कताना दुसरि थोडे जन॰ हांका एद्राक मेळ्ळे. तान्नी चेल्ल्याक उद्देश करनु, '

'अरे पिश्या, 'अरे पिश्शा, देंवरे सकल ! प्राय जाल्लेल्या आन्नाक चम्कानु तू॰ गाड्वारी बस्लावे ?' म्हणाले. तेन्ना (म्हाता रोयि) गाड्वारि चडण्णु चेल्ल्या संगाति बस्लो. गाड्वुली फाटि पंदाक गेल्लि. जाल्ल्यारीयी व्हांव्चे॰ आण्याले काम म्हणु मौन रीतीरी ते॰ मुकार्सले॰.

चारी पांवल चम्कूनु एक तिर्कोसा लाग्गि वत्तना दुसरी थोडे धांडिगांनी मेळ्कावे हांका॰ ?" अरे खंचे एक कसायिरे हे ? न्हंय, तोंड येना नात्तिले त्या प्राणीची फाटि मोडुंक जाल्ल्या. हे दोग जन ताज्ञे फाटीरी बस्ल्यातीमू ! केल्लेले ह्या पापा खातीर ताक्काची तुम्मी व्हाव्नु प्रायश्चीत करनु घेनाती इत्त्याक ?" म्हणाले ते.

तेंवयि व्होयी म्हणु गाडवाले पाय्यांक दोरीयेनी बांदूनु मध्ये॰ एकु गट्टी वासो घाल्नु बाप्पूसु आनि पुत्तान गाड्वाक व्हांवच्याक शुरु केल्लो. वाट्टरी मेळ्ळेल्या जनांनि हे॰ दृश्य पोळोनु तोंडांक हातु धर्नु हासुंक शुरु केल्लो.

आखैरीक ही काणि कंयक अंत्य जाल्लि ? वाट्टरी एकु सांकोवु. ताज्ञे वेल्यान बाप्पूसु आनि पुत्तान गाडवाक व्हाव्नु व्हरताना, सकल उदाक पळयिले गाडवान पेरचेनु ते॰ बोड्डुयारि तळमळेले॰. व्हांत्तल्यांक दोग्गांकयी खांद्याक दूकी जव्नु तान्नि वासो सोण्णु पळ्ळो. गाड्डुव सकल नंय्तु॰ पण्णु मेल्ले॰.

स्वंत बुद्धि उपयोग करनात्तिले॰ दुस्र्यांक मेच्चाच्याक ओच्चूनु बाप्पूसु पुत्ताक गाड्डुव ना जाल्ले॰. लोकाक मेच्चाच्याक लोकेश्वराकयी साध्य ना म्हळ्ळे॰ ग्यादे उत्तर साबीत जाल्ले॰.

घोणी आनी करडी

घोणी आनि करडी कित्तुले मट्टाक कडु शत्रु जाल्लीति म्हळ्यारी तांगेले प्रती दिवसाचे झग्डे पोळोनु इतर सर्व प्राण्यांक पुरो-पुरो जाल्ले॰. झगडो राब्बोनु इतरांकयी शांतीन आस्सुंक सोडा म्हणु इतर प्राण्यांनी तांचे लाग्गी विनंती करनूयी जाल्ली.

घोणीन आनी करडीन कबूल केल्ले॰ - जाल्ल्यारी राजी तीर्मानाक स्थळ (जागो) खंचे॰ जाय्ता म्हणु पैले॰ निष्कर्ष जाव्का म्हणु जाल्ले॰.

राजी तीर्मानाक मुड्डाक आस्सुचो उदका तोडु जाव्येत म्हणाली करडी. घोणीन थोडो वेळु आलोचन केल्ली.

'कित्तुले कि जागे आस्ताना ह्या करडीन उदका तोडु इत्त्याक सोद्लो ? ती उदकांतु॰ वास्तव्य करची प्राणि न्हंय म्हणताना तिका पोंव्चाक कळना. हांतु॰ कस्सली की शींत्री आस्सूका॰ अशे॰ सम्जूनु घोणि करडीक उद्देश करनु म्हणाली : 'ना, हांव उदका तोडु खाय्शि करना. आमी एक करया॰. मुड्डाक आसुच्या त्या रान्ना मार्गारी आमी राजी तीर्मानु करया॰.

घोणीन आलोचन केल्लि : 'हूं. माक्का कळ्ळे॰. शिकर्यांनी कोणे कि थंयी बली॰ बिस्वलेली॰ हीणे पोळोनु आस्सूका. तशे॰ जाव्नु माक्का त्या बल्यांतु॰ शिरकाचे खातीर हे हुन्नर' - अशे॰ लेक्कूनु घोणी म्हणालि : ना. माक्का रान्नाची वाट खुशी ना. आमी पड्डाक आसुच्या रान्नांतु॰ आम्गली राजी पंचाय्तिका करया॰. जाय्नावे ?

करडीन आलोचन केल्लि : 'हूं ! हिग्गेले खेळ कस्सले म्हणु माक्का आत्त॰ स्पष्ट जाल्ले. त्हंय क्हंय की ह्या गोणीन म्होवा मूसा गूडु पळयीलो आस्सूका. हांव म्होवु चोरूंक आय्यिली॰ चोरी म्हणु त्या म्होवा मूसा हिंडान माक्का धांव्डाव्नु येव्चे॰ पोळोनु पोट भऽरी हास्सूका म्हणु ही घोणि आस्स', तक्षण ती सांग्लालि : 'नाक्का. रान्नांतु॰ नाक्का. आमी एक करया॰, पर्वता शिखरारी आम्गेली राजी पंचाय्तिका दवोर्या'.

करडीन आलोचन केल्लि : 'ही कस्सली पिश्शी म्हळ्यारी ; आखरीक ही जाव्नु चुक्कूनु पळीळ. पर्वता शिखरारी माक्का सर्व विषयान अनुकूल म्हण्ताना त्हंय हीणे कस्सलेंयी कुतंत्र केल्ल्यारी हिग्गेल्या नाण्यानऽची हिक्का पावती दिव्येत' अशे॰ लेक्कूनु घोणी म्हणाली : 'जाय्त. पर्वता शिखरा वऽय्रि पंचाय्तिका करच्याक मेग्गेली सम्मती .....

मौक्तिक°

1. गुणवंताले सहवासांतु रमताती
गूणवंत
दुर्गुणी जनांक दिसना तांतु
आनंद
कमला कडे येताती भ्व्वर दूर दूर
थाव्नु

2. स्वच्छ नितळ उदकांतु
जशं आपले रूप दिसता
तशं मन शांत आसतना इंद्रीय
ज्ञान द्वारा सम्जुचे° तत्व कळता

3. कुलोद्धाराक एक्ल्यान त्यागु करका
ग्रामोद्धारक कुलान त्यागु करका
जनपद ही ताक ग्रामाचो त्यागु जावका
आत्मोन्नतिक इह व्यामोहु सोडका

4. उत्पल, मृणाल, मत्स्य, कुमुद
ही° चारि उब्जताति एकही जाग्यारी
किंतु चोद्य आनि सम नही खबरी
वेगवेगळे° आस्स त्या चारिचे° गंध

5. देवु आस्सना काष्ठांतु पाषाणांतु
आसना तो मातिये विग्रहांतु
आसता तो मनुष्याले भावनेंतु
देकुनु ताजें दर्शन साध्य केवल भावनेंतु

6. मोडाची सावळी, तणाचो उज्जो
दुष्टाचेरी प्रीती, मरुभूमी उदक
वेश्शेली आसक्ति, कुमित्राली मैत्री
उदकाच्या फुग्ग्यावरी ही स्हही क्षणीक

7. मदोन्मत्त हस्ते सारखें॰ ते॰ मन
चंचल आस्सूनु घवंता सगळ्यान
ज्ञानांकुश आसल्यारी मात्र मन
उरता निश्चल, स्थिर आनी घन

8. जशे॰ विष कंठांतु धरुनु
शिरसा व्हांवलो चंद्राक
तशे॰विद्वांस गुणदोष परिशीलन करुनु
गुण वेंचुनु सोडताले दोषांक

9. काशींतु वास केल्ल्या मात्रान
मूर्खु पंडितु जाय्ना
गंगेंतु स्नान केल्ले मात्रान
मात्त्याकेसु दर्बा जाय्ना

10. धाल्ना देवाचेरी भारु
पराक्रमी आनी वीरु
आप्णे॰ कार्य आपणऽची कर्ता
सोण्णाकेदनाही देवाक

11. ना अक्षर मंत्र नात्तिले॰
ना पाळ औषधाक पण्णात्तिले॰
योग्य पुरुष ना तो
दुर्लभ चोयी योजकु तो

12. फल दिव्चे वृक्ष आनी बुध्वंत
सम जाव्नु बाग्वतती
सुक्किली लाक्ड आनी मूर्खा
मोण्णु वत्तीत शिवायी बाग्वनांती

13. सगले विश्व जिंकूनु तरि मानवु
नष्ट करिता आपलो एक मात्र आत्मु
इत्ते॰ करीत लाभ तो मूढमती ?

14. हरयेक शैलांतु ना ते॰ माणिक
सर्वा गजाच्या कुंभस्थळांतु मौक्तिक
सर्वा अरण्यांतु चरन वृक्ष मेळनाती
सर्वॉ स्थळांतु साधु जन मेळ्चेनांती

15. विद्या, तप, दान, यज्ञ
धर्मुं, चाली आनी उच्छगुण
हांत्ले खंचेयी नात्तीले जीवी ह्या प्रपंचाचे
ते॰ मृगतुल्य आसुनूयी मानव रूपेचे

16. कापूरा पिट्टे अंकणांतु
पिय्यावु ओव्नु
कस्तूरी, कुंकुम, फुल्लांचो
गोब्बोरु घाल्नु
नित्य ताज्ञे पंदाक पनीर रकोव्नु
फल इत्ते॰ सांगा ? वत्तवे
घाणी पियावा सोण्णु ?

17. करनाका आश्रय नीचाले॰
करका होड मनांच्याले॰
आश्रय घेव्‌नु सर्पान ईश्वराले॰
"कुशलरे ?" म्हणु गरुडाक निम्मीले

18. ज्ञान नात्तीली नीती उर्चाक साध्यना
नीती नातीले ज्ञान उर्चाक शक ना
ही॰ दोन्नीच उज्ञाचा प्रकाश आनी उष्णते प्रकार
एक्काक एक मेल्नु आस्साची

19. विघ्नांक भीव्‌नु करनांती प्रयत्न अधम
करताति विघ्न येव्टो पर्यांत मध्यम
विघ्न वघ्री वघ्री येव्नुयी अधीर
उत्तम उरताती आखैर म्हणु सरी प्रयत्न शूर

20. स्नेहाक ना ते॰ अंतर, ते॰
भो लाग्गि निरंतर
गुड्याच्या मोरा कडे आस्स स्नेह
गगनाचे मोडात
भारी दूर आस्सुचो भास्करु
भूंव्च्या कमलांक निकट मित्रु
माळबारी रात्ती उदेचो इंदु
चोय कुमुद पुष्पा बंधु

21. जाल्लेनांती संतुष्ट क्षीराब्दिच्या रत्नान
भिल्ले नांती नंतर आय्यील्या कालकूट विषान
श्रमु पाव्ले अमृत येव्टो पयत
करताले साहसु ह्याची तरेन धीमंत

22. संसारांतु सहना, कष्टांतु
धैर्या
सभेंतु वाक्चातुर्या, युद्धांतु
शौर्या
आसक्ति कीर्तींतु अधिकासक्ति शास्त्रांतु
हे स्ह गुण सहज आसताती प्रमुखाल्यांतु

23. तळमळेता तरी भूकेन, जर्झरीत
वृद्धाप्यान
कष्टांतास्ल्यारीयी शक्ती कुंव्दुन
सोडशीना मान
आय्ला॰ तरी प्राणोत्क्रमण शिगुळूंक
इच्छेता वय्री उड्डून
हस्तेचे॰ कुंभस्थळ, शिवायी खाव्चोना
सिंहु तण

24. 'मम' शब्दांतु अक्षर केवल दोनी
पण शब्दु तो मृत्युकारकु
'नमम'शब्दांतु अक्षर तीनी
पण प्राप्त करता शाश्वत ब्रह्मलोकु

25. सत्कुल, बुध्वंतीका, चांग्पण
आशिल्याक करुनु विसर्जन
ती॰ काही नात्तिल्या श्रीमंताक
कल्पवृक्षा सारखे चोय्याती बहुजन

26. प्रयत्नपूर्वक शुरु केल्लेले॰ काम
अकालारी फक्कने राब्बोनु
ऊहनातीत काम हाता॰ घेवचे
हे॰ चोय खंडीत दैविक

27. देहाचे दृष्टीन हांव तुजो दासु
जीवन दृष्टीन हांव तुजो अंशु
आत्मदृष्टीन तूंचि हांव परमेशु
हाची आय्क प्रभो, मजो दृढ विश्वासु

28. दान हात्ताक भूषण
सत्य कंठाक भूषण
कान्नांक शास्त्र श्रवण भूषण
म्हणताना कित्याक हेर आभरण?

29. ना कही वैद्यु, वेदज्ञ पुरोहीतु
सजला नंय, उशिणे दिव्वो ऋणदातु
तसल्या स्थळारी उरूनाका केदनाही॰
मित्रा, आय्क उत्तर, बरे॰ जायीश्ना तही॰

30. शरत मेघ गुग्डुडेता पाप्सु दीना
वर्शा मेघ पाप्सु दिता गुड्डुडेना
अल्प सांगताती शिवायी करनाती
उत्तम सांगनातीलेंची करताती

31. बुद्धिशक्कीची सर्वा॰पेक्षा श्रेष्ठ
आयुधांनी, हस्तेंनी, घोड्या॰नी
आनी पाय्दळाच्या सर्वा सैनिकानी
जाय्नातीले॰ काम साध्य करता
बुद्धिश्रेष्ठ

32. दुव्र्ान लोभीक
विनयान कठिणतेच्याक
प्रशंसेन मूर्खाक
सत्यान पंडिताक, पश कोर्येत

33. मृग मांस, खाव्वो मृगराजु
वनांतु अती भुकेल्यारीयी तण खाय्ना
तशेंच सत्कुल प्रसूत मनुजु
संकष्ट कालारि तांयि वाय्ट काम करना

34. नीच जन॰ इच्छे ताती केवल संपद
मध्यम इच्छा पावताती गौरव आनी संपद
उच्छांनी आटौचे॰ गौरवु एक मात्र
कारण तेंची परम संपद महात्माले॰ सर्वत्र
सत्य महात्म जाणताती महत्व इतरा॰ले॰

35. धैर्य ना तिलमात्रयी
कातरता कु॰वा॰ळी॰ तशे॰ आसुनूयी
अपरिचितांक हो दिसता होडु
परिचितांक केवल बोरोडु

ओव्ळ

★ दरिद्राक दिल्लेले॰ दान, शून्य स्थितीरी आश्शिले शिवलिंगाक केल्लेले॰ पूजन, अनाथ शवाक केल्ललो संस्कारु हे॰ तीनी बग अश्वमेध यागाक सम जाव्नास.

★ न्यायालयाचे कट्ट्या पेक्षा॰ चडड उन्नत एक काट्टे॰ आस्स. आम्गेलि अंतरसाक्षीची ते॰ काट्टे॰. इतर सर्व न्यायालयाचे काट्ट्यांक माकसाय्ता.

★ आशोचो कलशो भरचो अर्ध कुडो.

★ मायोचो परिचयु तुम्का॰ जाल्लो म्हव्ळे तक्षण ती माय जात्ता.

★ जीवन न्हंय ते॰ बरे॰ जावो वाय्ट

★ सुदुद्देशाचि आत्म जागृती

दुर्भाग्यांतु तीचि परम शांती.

★ आशेंचो विश्वासु दवोर्नु जो तो उरता

उपाशी निश्चय तो मरता.

★ पैस्यांचे मौल्य समझुक तरि तू इच्छेता

चडल आनी उशिणे घेवूंक प्रयत्न करी निरुत

★ दार्ल मनुष्यां॰ले अैश्वर्य आनी बाय्ल मनुष्या॰ले सौंदर्य दोन्नियि स्थिर न्हंयी.

★ खंचेयी घरांतु प्रवेश करका जाल्यारी वण्तीक ढिक्कि मारातातँवे ?बाग्ला (द्वारा) मुखांत्रडची नवे घरांतु वोच्चुका ? त्याची रीती मनुष्याले हृदयंतु प्रवेशु मेळ्का जाल्यारी गुण म्हव्ळेले बाग्लाक मारका. तेन्ना ते॰ उगड जात्ता.

★ पिकले॰ उपरांते बंधन ना; मीडी समडची पिक्को वरेन रूकु ताक्का बंधनांतु दवर्ता.

★ मत्सराक समान उञ्जो ना. द्वेषाक एदुर राब्वे॰ भूत पिसास ना. मोहाक तूक जाव्वे॰ उदाक ना. महत्तर आकाक्षेक समान जाल्लेरि न्हंयी ना.

★ गलीज ना म्हळ्ळेले॰ खचीत कोर्नु स्वच्छ स्थळाली पायु दोओकॉ; उदाक आंग्वल्यांतु गाळ्नु स्वच्छ कोर्नु पीव्का; सत्य निष्ठेन शुध्द उत्र॰ उल्लोका; तशेंच विवेकांन युक्त जाव्नाशीले॰ मनांतु निश्चय करनु त्या प्रमाणे उलका .

★ श्रीमंत हृदयनाशि॰ अैश्वर्य कुरूपी भिक्षुशे॰ वरतले.

★ लौकीक आनी दैवीक सर्वा विषयंतु सौहार्दा सम्मिलन आनी ताका परस्पर सहानुभूती प्रीतीचे जोडण तेंची परमस्नेह.

★ देह रक्षण कोरुंक हात ते जाव्नु मुकारी वत्ताले.

दोल्यांतु भाय्लो कसलोयि कोय्रु पण्णा तशे॰ पात्त्यो राकताले. तशंच आपत्कालारी आपय्नात्तिले॰ आप्पण जाप्नु सहायाक मुकारी एत्तलोची परम मित्रु म्हणका.

★ धर्मात्मांक दीनांलि चिंता, कर्मात्मांक वाय्ट जाव्वी चिंता, भक्तांक मुक्तिची चिंता, मुक्तांक परमात्माली चिंता.

★ मर्यादी आश्शिलो आनी नात्तिलो हांगेल्या झगड्यांतु सुलभ जाव्नु जिक्वुचे नात्तिल्यान.

★ समुद्रांतु (दरियांतु) पात्थोरु येक मूर्खा मनुष्यान सुधा॰ उड्डोयेत; जाल्यारी तो सोदुनु हाडचो शंबरी जन बुध्वंतंकयी साध्यना.

★ दुर्बळपणत पांचेंद्रिया सोण्णु संचे इंद्रीय जाव्नास्स।.

★ कोणाकयि द्वेषु करना; परनिंदा केदनाही॰ करना; आपय्ले शिवायी कही॰ येना - देकुनची पात्थोरु सुधा॰ देवु जाता.

★ मात्त्यावय्ले भाराचें दुःख दुस्रे कोणहि उकोळ्नु दूर करतीत; जाल्यारी भूक आनी तान्नीन आस्स जाल्लेले॰ दुःख स्वतह खाय्नातिले॰ पीनातिले॰ दूर करुंक जाय्ना.

मौक्तिक

(बी.वी. बाळिगालें पुंजायिलें साहित्य)

बरपी

संध्या शेवगूर